

# मृगजळ

डो. एड्वर्ड एल. नज्रेत

कथापाठांतलीं अध्ययन लेखनां

आनीं मोट्व्यो काण्यो

आशावादी प्रकाशन
यदाहं जीवमि, अहमाशंसे
आशावादि प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# मृगजळ

डो. एडवर्ड एल. नज्रेत

आशावादि प्रकाशनाच्या
कथापाठ शिंकळ ५ अंतरराश्ट्रीय वेबिनारांनी
सादर जाल्लीं प्रपत्रां आनीं काणयो

**MRIGZOLL** - *Collection of Konkani short stories written by Dr. Edward L Nazreth, and and study articles presented in the International webinar series; Kathapatt Series V (6 July 2024 to 3 August 2024) edited by Valley Quadros and published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2024 (Digital)

Cover : Enigma Creations

Layout : Enigma Creations, Goa

Pages : 172

For communication

**Email**: ashawadi@gmail. com, WhatsApp: **7021967880**

ಐ

# मांडावळ

प्रसतावन: **कोंकणी साहित्यीक शेत फकत एक मृगजळ?........ ०४**
**धिन्वास. ........................................................................ ०९**
**डो. एडवर्ड एल नज्रेताची मोटवी ओळोक.............................. १०**
**सूरिवलीं दोन उत्रां..................................................................... ११**

**प्रपत्र – १. मनशापण आनी मनशा नातीं (शैलेंद्र मेहता)........ १२**
**प्रपत्र – २. असतुरेचीं वेग–वेगळीं पात्रां (लवी गंजिमठ)........ २२**
**प्रपत्र – ३. समाजीक मौल्यां (मान्सी धावुसकार).................. ३०**
**प्रपत्र – ४. संबंध (डो. रेश्मा अमीत खोल्कार)...................... ३९**
**प्रपत्र – ५. धर्मीक आनीं समाजीक मौल्यां (मेगान डे सोजा). ४८**
**प्रपत्र – ६. कथा अभ्यास (रिया वेरोनिका सिकवेरा)............ ५९**
**मृगजळ...................................................................................... ६५**

१. आन
२. आंकवार आवय
३. भारावी माळय
४. भाड्याची आवय
५. चक्रसर
६. चामादोराचो पूत
७. चेड्येची धूव
८. मतांतर
९. डाडा परत काजार जाता
१०. दोन मरणां
११. एक मूट माती
१२. यूथनेसिया
१३. घूट
१४. इमाज
१५. जुबलेव
१६. किडनी दान
१७. मांय रेतिरेक गेल्ली
१८. मोर्नाची तयाराय
१९. मृगजळ
२०.सोरयागुसतुच्चे आवयचें मोर्न

# प्रस्तावनः **कोंकणी साहित्य फकत एक 'मृगजळ?'**



**मृगजळ** खऱ्या अर्थान मरुभुंयचेर पयस थावन उदकाभाशेन दिसची सुवात पूण खरेंपणीं थंयसर उदक ना. कोंकणी साहित्य सयत फकत एक मृगजळकाय म्हळ्ळें प्रश्न उभें करून आमी कांय इल्लो वेळ आटोव करुयां. पूण ताच्याकी पयलें हकीगतेचें विडंबन पळेव्यां. अगोस्ताची वीस तारीक आयली म्हणतच सुरू जातात पिसांट उलवपां; कोंकणी भास सरस्वती न्हंय देगेर उदेल्ली आनी पांच लिपियांनी सोभची; राश्ट्र भास, सोभीत, सुंदर, ग्रेसत भास.... तीं फकत कानांनी आयकुंक मात्र उपकार्चीं शिवाय ती उत्रां उलयिल्ल्या दूसऱ्या खिणांत आमी लिपी सोड्यां, एकाच लिपिंत सयत बोलिचे, एकाच बोलिंत धर्माचे, जातिचे दोरे भांदून सोडतांव. कित्याक म्हळ्यार आमीं बांयतले माणके, आमच्या बांयत अमिंच मासे, अमिंच राय. देकून कोंकणी नीब घेवन वेग–वेगळ्या 'तुकडा–तुकडा ग्यांग' चलवन जियेतांव. कोंकणी संघटनां जांव, कोंकणी संस्थे जांव, कोंकणिच्या नांवांनी आसचे वेग–वेगळे वाटसाप पंगड वा हेर सामाजीक माध्यमां जांव. आमची पाट आमिंच खोर्पून घेवन, आमकांच अमी रायपाटोसार बसवन संतोस पावतांव.

**खोलायेन पळेल्यार कोंकणिंत दोन प्रकार आसात;**

एक – दुडवाक लागून, दुडवा पासत आसचो. हांगासर हांचो मुळावो शेवोट दुडू. कोणेंकी जोडून दवरल्लो दुडू खावंक आनी मिरवंक. उपरांत अपल्या तुकडा–तुकडा ग्यांगाच्या पाट खोर्पितेल्यांक खाववंक आनी समाजीक माध्यमांनी, खबरे पत्रांनी गाजवंक. हांची नदर अपलोच तळहात उत्रोन वचाना आनी हे वेदिचेर चडोन कोंकणिच्या भविश्याचेर उलवपां कर्चे, प्रवचन दिंवचे. हाणीं खोंकली/पुसकी सोडल्यारी ती कोंकणी खोंकली/पुसकी देकून दुडू माग्तात. हांच्या नाक्षे इड्यांनी सयत लज–मऱ्याद म्हळ्ळी ना. हे जल्मल्लेच दुडू करुंक.

ඞ

दोन – कोंकणीक लागून. कोंकणी एदोळ पासोन उरल्या तर ह्या वर्गाच्या लोकां थावन; तांकां कोंकणी म्हळयार दुडू कर्चें विधान न्हय. ते अपलोच दुडू मोडून कोंकणी सोभयतात, कोंकणिच्या फुडाराक फकत दीवन वेतात शिवाय कोणाय थावन किंतेंच अपेक्षा करिनांत.

कन्नड लिपिंत साहित्याचो इतिहास भोव पर्नो आसा तरयी, कन्नड लिपियेंतलें पयलें कोंकणी नेमाळें अजीक एक्षें भारा वर्साधीं सुर्वातलें. ब्रिटिशांच्या राज्वटकेचो काळ तो जावनासलो जाल्ल्यान स्वतंत्र रितीन हें नेमाळें चलवंक जालेंना. पूण १९५० उपरांतल्या काळार कन्नड लिपियेच्या कोंकणी साहित्याचो भांग्राळो काळ म्हण्येत. वी. जे. पी. सलडान्ह, जो. सा. अलवारीस, ए. टी. लोबो, चा. फ्रा. दे' कोस्ता, गब्बू उर्वा, सिरिवंत.... ह्या सर्वांनी कोंकणीक कांटभर दिलां आनीं कोंकणी थावन मूटभर सोड्यां, चिमटीभरयी पाटीं घेतलां म्हणचें धयर म्हाका ना. पूण लोकांचो पाटिंबो तांकां आसलो. देकून नेमाळीं चल्तालीं, पुसतकां विखून वेतालीं. एक महत्वाची गजाल म्हळयार हे कोणयी विशेस शिकपी न्हय आसले पूण भर्पूर समजणेचे. कोंकणिच्या फुडाराक मतिंत दवरून हाणीं दिल्ल्या योगदानाचो फळ जावन आज 'शिकपी वर्गांत' जियेतेल्या आमकां कोंकणी साहित्यांत बरें साहित्य आसा म्हणुंक साध्य. आतां शिकपी वर्गांत जियेंवचे आमी दोळे असोन कुड्डे, कान सोन केप्पे, तोंड आसोन मोने. अशें कित्याक?

आयचो काळ लाब–नश्ट पळेंवचो. एकल्याकडे उलंवच्यादीं सयत, अपणाक तांतून किंतें फायदो(लाभ) व लुक्साण (नश्ट) म्हळ्ळी वोरावणी दर एकलो कर्ता म्हळयार फट जायत? मनशापण, अपलो–पेलो, नयतिकता... सगळे पुसतकांनी सोभचे वा वेदिचेर उलवंक आसचे सब्ध मात्र शिवाय पाळुंक न्हय. आमचो महत्व कामाच्याकी चड जावन त्या कामाचेर मेळाजय आसच्या प्रतिफळाचेर. देकून पुसतक बरंवच्यादिंच पुरसकाराची खंत, पुसतकाची मार्केटिंग, त्या पासत कोणाक हाडां/बिसकुटो घाल्ची म्हळ्ळी खंत. पुसतक आयलें तर पुसतक परिचय बरंवचो सयत एक वेवसतीत दंदो. परिचय बरवन अपणाक किंतें फायदो मेळता म्हळ्ळें लेक (क्याल्कुलेशन). पुसतक परिचय पर्गटचो संपादक सयत, अपणाक किंतें फायदो मेळता म्हळ्ळेंच चिंतून तें पर्गटता वा सोडता. त्ये उपरांत पुरसकाराची लायन, सगळे त्या लायनीर उभे आसात देकून आमिंय उभें रावुंक जाय म्हळ्ळीं चिंत्नां. पोयर पोयर बरवंक लागल्ल्या लाद्रू/पेद्रूक सयत पुरसकार मेळ्ळे, पूण अपणाक मेळुंक ना म्हळ्ळी खंतीर पडचें कांय एका विडंबनाच्याकी उणें

ना. पुरसकारांची गजाल अशी तर, मान–सम्मानांचें विडंबन पळेव्यां. जशें कोंकणिंत एक सोभीत सांगणी आसा; 'मापळयाचें सुणें तोपी दवरलेल्यां पाटल्यान धांवता' . हांगासर मान–सम्मान आसा तर खंयसरयी, कोणेंय लाद्रू/पेद्रून आपयल्यारी वेचीं नेणतीं तशें जाणतीं; वरिष्ट (?) साहितिंची लायन पळेताना हासचेंगी रडचें तें कळाना. मान सम्मान दिवपी सयत ओसकर अवार्ड दिंवचेपरीं कर्तात आनी मान सम्मान घेवपी नोबेल पुरसकार घेवप्यांपरीं कर्तात. खरेंपणीं हीं फोकाणां नास्तां आनी कितें? हांगासर मान दिवपी जांव मान घेवपी जांव हेरांचीं एक–दोन पुसतकां वाचल्लीं नांत. पुसतकां वासचें सोडा, पुसतकांचीं नांवां सयत आयकल्लीं नांत म्हळयार अज्याप नाका. हो कोंकणिंतलो डिजिटल काळाचो एक आधुनीक सर्कस.

पूण ह्या सर्व गजालीं मधें कुसकता, लाचार जाता फकत कोंकणी साहित्य. सर्व पुसतकां सोड्यां, पुरसकार जोडलेलीं पुसतकां सयत कोण वाचता? वाचता तरयी साहित्यीक चर्चा त्या पुस्ताकाचेर जाता? आध्ययन जाता? विचार–विमर्सो जाता? आमच्या ग्रेसत, सुंदर कोंकणी भाशेक आज अकाडेमी आसा, दोन आध्ययन पीठ आसात. पूण कोंकणी साहित्याचेर आध्ययन नद्रेन कोणच काम करिना, तांकां तें पडोन गेल्लेंय ना. नां तर कथापाठ अध्ययनांत पाटल्या वीस वर्सांनी आध्ययन जाल्लीं पुसतकां, कथाकारांचें साहित्य केदनांकी लिपियंतर जावंक जाय आसलें. जावंक ना. लिपियंतर जालें तर कोंकणिच्या हेर लिपिच्या साहित्यीक अभिमानिंक वाचुंक एक संधी मेळती.

डो. एडवर्ड एल. नज्रेत **'२०२४ वर्साचो पयणारी कथाकार'**, फकत नांवाखातीर एक पुरसकार दिवन पिलातान हात धुल्लेपरीं आमकांय करुंक नाका. आमी हो पुरसकार जवाभदारेन दिल्लेपरीं ती जवाभदारी सांबाळुंक आसा; देकून डो. एडवर्डच्यो कथा डिजिटल आडियो पुसतकाचेर हाडल्यो. ह्या कथेंचेर खोलायेन अध्ययन करुंक एक आवकास कर्न दीवंक सकलें. हांतूं सादर जाल्लीं सात प्रपत्रां सात वेगळया मापाचीं. आनी कथापाठाच्या आधल्या शिंकळेंनी जशें आमी आध्ययन वेबिनारां मांडून हाडलीं तशेंच ह्या शिंकळेंत सयत भोव वेवसतीत रितीन हीमहीं वेबिनारां मांडून हाडलीं. तें समधान आमकां आसा. हें लिपियंतर केल्लें डिजिटल पुसतक ताची गवाय.

कोंकणी साहित्यीक नद्रेन पळेल्यार 'कोंकणी साहित्य फकत एक मृगजळ?' फकत एक भ्रमा वा हकीगत? सुर्वात केल्ल्या प्रश्नाक आतां तुमिंच जवाब दिया. डो. एडवर्ड नज्रेतापरीं साहितीक

ಐ

सत्तेचे कथाकार आसात पूण तसल्यांक सोधुंक, तांकां मुकार हाडुंक, तांच्यो कथा लिपियंतर/डिजिटायज करुंक 'बरें मन' मात्र पयलें सोधुंक पडलां. तें सोधुंक मनशा तकली पावाना, कांय आर्टिफिशल इंटलिजेन्साची मजतेन साध्य जायत कोण्णा. पूण अखेरीक उदेता प्रश्न एक; 'तो काळ केदनां येतलो?'

## वल्ली क्वाड्रस

(संपादक, पयणारी)

ಔ

# धिन्वास

## कथापाठ शिंकळ ५ अंतरराश्ट्रीय वेबिनारां चलवंक आधार दिल्ल्या तुमकां

**मानेस्त मायकल डिसोज, दुभाय**
**डो. आसटीन डिसोज प्रभू, चिकागो**

**कथापाठ शिंकळ ५ सह–संयोजक**
**बाय अंजू साखरदांडे** (धेंपे कोलेज गोंय)

**बाय क्वीनी वेगस** (कार्मेल कोलेज नुवें)
**डो. पूर्णानंद च्यारी** (श्री मल्लिकार्जून कोलेज)
**मा. बा. लुवीस गोम्स** (सैंट झेवियर्स कोलेज)
**बाय राजश्री सैल** (फा. आग्नेल कोलेज पिलार)
**बाब डेनीस वास** (रोसरी कोलेज गोंय)
**मा. बा. रोमन रोड्रिगस** (रोसरी कोलेज गोंय)
**डो. एडवर्ड एल. नज्रेत**
**बाय विधिता शेट, बाब गौरंग भांद्ये**
**बाय दीपा रायकार**
**बाब शैलेंद्र मेहता, बाय लवी गंजिमठ**
**बाय मान्सी धावुस्सार, डो. रेश्मा अमीत खोल्कार**
**बाय मेगान डे सोज, बाय रिया वेरोनिका सिकवेरा**
**रोशन क्वाड्रस शंकरपुर, मोनिका डे'सा मथायस, डब्लीन**



## डो.एडवर्ड एल. नज्रेत

पाटल्या पन्नास वर्सां थावन कोंकणिंत कथाकार जावन दोन कादंबरी, शेंबोरां वयर मोटव्यो कथा बरयल्यात. थोड्यो काणयो कन्नड भाशेंत तर्जण जाल्यात. भलायकेक लग्ती जाल्लीं सभार अंकणां वेग–वेगळ्या नेमाळ्यांनी बरयल्यांत. तशेंच सभार पुस्तकां प्रकाशीत केल्यांत. कोंकणी साहित्यीक कार्‍यांनी संघटक जावन मोटो आधार दिवून आयला. मोटव्या काणयांचीं पुस्तकां ह्ये परीं आसात;

- भुमी वैकुंठांत (१९९४)
- आडवारल्लें फळ (१९९५)
- संयबाचें पाताक (१९९८)
- चामादोराचो पूत (२००३)
- गोलिमार (२०१०)
- व्हडलें फेस्त (२०१६)
- मृगजळ (२०२४)

## पुरस्कार

- कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी थावन उत्तीम पुस्तक (१९९८)
- टी.एम.ए.पै. फौंडेशन थावन उत्तीम पुस्तक (१९९७)
- रचना वृत्तिपर पुरस्कार (२००७)
- कोंकणी कुटम पुरस्कार (२००८)
- संधेश पुरस्कार (२००९)
- कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो जिण्ये आवदेचो पुरस्कार (२०११)
- दायजिदुबाय पुरस्कार (२०१२)
- विकटर रोड्रिगस स्मारक कोंकणी साहित्यीक पुरस्कार (२०१२)
- पयणारी वर्साचो कथाकार (२०२४)

- आशावादि प्रकाशन

# सुरविलीं दोन उतरां

मोगाळ वाचप्या,

मृगजळ डिजिटल पुस्तक तुज्येसमोर आसा तर हाचें कारण आशावादी प्रकाशन.

म्हज्या साहित्यीक सुर्वातेर (अजीक कांय पन्नास वर्साधीं) हांवें केदिंच चिंतुंक ना; म्हज्या कथेंचेर एका दिसा अंतर राश्ट्रीय वेबिनारांनी प्रपत्रां सादर जातेलीं म्हणून, व म्हज्यो मोटव्यो कथा डिजिटल आडियो फुस्तका रुपार संसारभर प्रसार जातल्यो तशेंच लिपियंतर जावन आमच्या समाजेच्यो गडी उत्रोन, विदेशाच्यो तडी उत्रोन वेतल्यो म्हणून. हें मोटव्या कथेंक, प्रत्येक जावन कोंकणी साहित्याक लाभचो मान म्हण हांव लेक्तां.

हांव कथाकार जायजेच म्हळळया इराद्यान केदिंच बरवंक वचुंक ना, म्हजी वृत्ती एक दोतोर जावन वेग–वेगळया मनशाच्या दुकिंक लागशिल्यान पळेंवचें, समजुंचें जाल्ल्यान एकेक पिडेस्त म्हज्या कथेंनी वेग–वेगळया पात्रांनी आयल्यात. म्हज्या कथेंचेर आध्ययन करून वेग–वेगळया प्रकाराचीं स प्रपत्रां सादर जालीं, पूण हांवें म्हज्या कथेंनी कसलेच प्रकार जायजय म्हळळया नद्रेन बरवंक नांत. हांवें जियेंवची समज, म्हज्या दिस्पोडत्या जिण्येचेर एका ना एका रितीन प्रभाव घाल्ताना म्हज्या कामाच्ये राटावळेमधें सयत म्हजी अभिव्यक्री अप्सोच वेळ काडन उदेल्ली जावनासा. पूण म्हज्या कथेंक एक वेगळयाच हंताक वेल्ल्याक हांव म्हजो मित्र वल्ली क्वाड्रसाक धिन्वासतां. ताचें ’आशावादी’ सपण, कोंकणीक आशावादी करुंक पावुंदी म्हण माग्तां.

ह्या अंतरराश्ट्रीय वेबिनारांचें आयोजन केल्ल्या धेंपे कोलेजिच्या वांगड्यांक तशेंच गोंयच्या हेर कोलेजिच्या वांगड्यांक म्हजे धिन्वास.

**डो. एडवर्ड एल. नज्रेत**

हाडांचो तजन, कोंकणी साहिती

ಐ

# डॉ. एडवर्ड नज्रेत हाच्या कथांमदलीं मानवी मूल्यां

**– शैलेंद्र मेहता**



मनशाचे वागणुकेक, परस्पर संबंदाक आनी निर्णय घेवपाक मार्गदर्शन करपी आनी आकार दिवपी मुळाव्या तत्वांक, समजुतींक आनी आदर्शांक मानवी मुल्यां अशें पाचारतात. ह्या मुल्यांमदीं नैतिक आनी संस्कृतीक तत्वांचो विस्तृत आस्पाव जाता, जीं वैयक्तीक बरेंपण, समाजीक समरसताय आनी सामुहीक प्रगती वाडोवपाखातीर गरजेचीं मानतात. मनशाचीं मुल्यां चड करून संस्कृतीक, धर्मीक आनी तत्वगिन्यानी परंपरेंत खोलायेन किल्लल्लीं आसतात आनी तीं वैयक्तीक अस्मिताय, संबंद आनी समाजीक नेम घडोवपाची बुन्याद म्हूण काम करतात.

मनशाचीं मुल्यां वेगवेगळीं असतात आनी तीं उत्क्रांत जायत रावतात. तीं वैयक्तीक अणभव, संस्कृतीक प्रभाव आनी समाजीक बदल हांचेवरवीं तयार जातात. संस्कृताय आनी व्यक्तींमदीं मुल्यांचो अर्थ लावप आनी प्राधान्य दिवप हातूंत फरक आसूं येता, पूण मनशाच्या मुल्यांचो सोद घेवपही एक थांबनाशिल्ली प्रक्रिया. मनशाचो स्वाभिमान, संवसारांत फुलप आनी सामुहीक बरेपणाचो प्रसार करपाची एक समान आकांक्षा म्हूण ती काम करता.

हीं मुल्यां जिणेंत जायत्या कारणांक लागून गरजेचीं आसतात. तीं आमच्या विचारांक, कृतींक आनी निर्णयांक आकार दिवपी मार्गदर्शक तत्वां. हीं मुल्यां सांबाळून, आमी हेरां कडेन जावपी संवादांत विस्वास, समजूत आनी परस्पर आदर वाडयतात, जाका लागून चड घट संबंद आनी मनशांमदलीं बंधनां खोल मेरेन वाडटात.

साहित्यांत मनीसपणाचीं मुल्यां अविभाज्य आसात कारण तातूंतल्यान कथा सांगपाची, अर्थ लावपाची आनी कदर करपाची एक नैतिक चौकट मेळटा. अभिजात ग्रंथांतल्यान आसूं वा समकालीन कृतींतल्यान आसूं, साहित्य मनशाचे परिस्थितीच्या घुस्पागोंदळाचेर उजवाड घालता आनी वाचप्यांक चड न्यायपूर्ण, दयाळ आनी सद्गुणी संवसाराची कल्पना करपाक प्रेरीत करता.

ꙍ

खंयचेय भाशेंतल्या साहित्या प्रमाणें कोंकणी साहित्यांत लेगीत समाजाच्या सांस्कृतीक, समाजीक, नैतीक मुल्यांचें दर्शन घडटा. कोंकणी साहित्यांत सादारणपणान मेळपी कांय मनीस मुल्यां थळाव्यो परंपरा, चालीरीती, समाजीक नेम हांचेकडेन संबंदीत आसात. हातूंत सांस्कृतीक अस्मिताय बरेच फावट ठळक पणान दिसता जी कोंकणी भास उलोवपी लोकांचें गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी भाशीक विविधताय चड करून मनयता. कोंकणी भास, साहित्य, संगीत, आनी कला कलेची राखण आनी प्रसार करपाच्या म्हत्वाचेर भर दिवन आपल्या सांस्कृतीक मुळां आनी परंपरेचेर खोलायेन अभिमानाची भावनाय तातूंतल्यान दिसून येता. जायत्या कोंकणी साहित्यकृतींनी कुटुंबीक संबंद आनी समाजीक एकचाराचें म्हत्व उक्तें जाता. पुत्रभक्ती, जाण्ट्यांचो आदर आनी समाजांतलो सुसंवाद, कुटुंबांतल्या आनी समाजांतल्या जाण्ट्यांचो आदर आनी सहकार्याचें म्हत्व सांगून हे विशय त्यो मुखार मांडटात, कोंकणी साहित्य अध्यात्म, नैतिकता ह्या विशयांचेर लेगीत खूबदां खोलायेन वता. धर्मीक शिकवण, लोककथा आनी तत्वगिन्यानी अंतर्दीश्टी वापरून बरें –वायट, सद्गुण आनी दुश्टपण आनी जिणेचो अर्थ आनी उद्देश सोदप ह्या प्रस्नांचो सोद तें घेता. स्थलांतर, समाजीक–आर्थीक आव्हानां सयत कोंकणी भास उलोवपी लोकांचे इतिहासीक अणभव पळयल्यार कोंकणी साहित्यांत चड करून लवचीकपण, अनुकूलताय आनी प्रतिकूलतायेचेर मात करपाची तांक हांचेंय दर्शन घडटा. अनेक कोंकणी साहित्यकृतींतलीं पात्रां कश्टां मुखार धैर्य, जिद्द, साधनसंपत्ती हांची देख दितात. कोंकणी साहित्यांत मोग, करुणा, सहानुभूती ह्या विशयांचेर बरीच बरपावळ जालां. प्रणयसंबंदांतल्यान आसूं, कुटुंबीक बंधनांवरवीं आसूं वा अनोळखी मनशां कडेन दयाळपणाच्या वावरांतल्यान आसूं, कोंकणी साहित्यकृतींतलीं पात्रां चड करून मोग आनी करुणेचीं मुल्यां मुखार दवरतात, मनशाच्या संबंदांत सहानुभूती आनी समजूत हांचें म्हत्व उजवाडाक हाडटात.

कथेभितर वाचप्यांक भावनीक रितीन घुस्पावपाची, सहानुभूती आनी नैतीक चिंतन वाडोवपाची एक आगळीच तांक आसता. पॉल जॅक हाच्या संशोधनांतल्यान हें स्पश्ट जाता. आकर्शक कथनांनी सहानुभूती आनी समाजीक वागणूक हांचेकडेन संबंदीत आशिल्ल्या 'ऑक्सिटोसीन' ह्या तंत्रिका रसायनाची निर्मिती सुरू जावंक शकता. "कथा येरादारी" ह्या नांवान वळखतात ती प्रक्रिया वाचप्यांक पात्रां कडेन आनी तांच्या संघर्शां कडेन भावनीक रितीन जोडपाक मदत करता तेभायर करुणा आनी उदारताय अशा मनशाच्या मुल्यां विशीं खोलायेन समजून घेवपाक मदत करता.

ꣻ

हे फाटभुंयेचेर डॉ. एडवर्ड नज्रेत हाच्या 'मृगजळ' ह्या कथासंग्रहांतल्या साबार कथांचो नियाळ केल्यार वयर उल्लेख केल्लीं अनेक मानवी मूल्यां तातूंत दिसतात.

पयलीच कथा मृगजळ. मृगजळ हो एक आभास. तो हय न्हय सो दिसता पूण तो खरो न्हय. मृगजळाचें आभासी उदक तान भागयना. हे कथेंतल्या निवेदका खातीर बापायचो मोग हें फकत एक मृगजळ. मनीस आपल्या जीवितांत अनेक नातीं घेवन जल्माक येता, जाल्यार कांय नातीं तयार करता. रगताचीं नातीं हीं सैमीक देखून त्या नात्यां कडल्यान अपेक्षा दवरप हें सभावीक. पूण ही सगळींच नातीं आपल्या कर्तव्याक वा मोगाक जागताच अशें ना. कथेभितरलीं दोन वाक्यां पुराय कथेचें सार उक्तायता आनी मनीसपणांतल्या मोगाच्या तासाचो उणाव वाचप्या मुखार हाडटात.

पयलें वाक्य: सुकया धरणीर दसच्या मगृजळाक पळेवन तानेल्ल्या मनजातीन धांवोन येंवचेपरीं हांव तुजेसरी येवांक लालेतालों पाप्पा. तूं म्हाका केदनांच उदक जालो नाय. तुज्या मोगा चेतानेन म्हजेंज जवीतच गार जालें.

दुसरें वाक्य: तूं एक मगृजळ म्हळ्ळो अनबोग आसल्यारयी परत परत तुजेसरी येवांक लालेवन हांव पस्वोन पडतालों. म्हजें सगळें भूरगेंपण असल्या कोडू अनभोगान पाशार जालें.

'आंकवार आवय' ही आवय आनी भुरग्यामदलें मोगाचें नातें पितारपी कथा. सिल्व्हीचेर तिच्याच भावजीन केल्लो बलात्कार मनीस वासनेचे भकीक पडून जनावरापरस चड नीच जावंक शकता हाची देख. दुसरेवटेन आपल्या रगताच्या भुरग्याक आपल्याकडल्यान वेगळो करपाचे कल्पनेन कासावीस जावपी आवयचें काळीज. हातूंत मोग आनी आपल्या भुरग्याविशींची माया हेर सगळ्या भावनांचेर जैत मेळयता. हे कथेंतलें आनीक एक म्हत्वाचें तास म्हळ्यार सेवाभावी वृत्तीच्या माद्रींच्या करुणेचें दर्शन.

आन हे कथेंत मनीसपणाक जागपी पात्रांचें दर्शन घडटा. सद्याच्या संवसारांतच न्हय तर इतिहासांत पळयल्यार लेगीत आमकां बैमानपणाच्यो देखी सर्रास सांपडटात. न्याय – अन्याय हांचेविशीं मनांत चलपी झगड्याचेर जैत मेळोवप सोंपें नासता. कसलेय परिस्थितींत आपली विवेक बुद्द जागृत दवरून निर्णय घेवप हें मनीसपणाचें लक्षण.

'बारवी म्हाळय' हे कथेंत शारांतल्या लोकांचें यांत्रिक जीवित पितारलां, जे सुवातेर कोणाकूच हेरांखातीर वेळ ना. सादी सरळ कथा जातूंत वेगळेपण वा alienation ची शिकार जाल्ले बायलेचें चित्र आसा. आमी माळयेर माळयो चडोवन उंच उंच पावले पूण धर्तरेकडल्यान आनी

जीवितांतल्या दिसपट्ट्या मूल्यां कडल्यान पयस पावल्यात आनी ते गजालीची आमकां जाणीव लेगीत ना अशें हे कथेंचें सार.

सरोगसी चो प्रस्न 'भाड्याची आवय' हे कथेंत खूब प्रभावी पद्दतीन मांडला. भुरग्याक जल्माक घालप हो आयच्या संवसारांत धंदो. थंय 'नो सेंटीमेंट्स प्लिज' ही शिटकावणी मतींत दवरून जगप सक्तीचें. संवेदनशील मनाक तें पटना पूण ती आयच्या संवसारांतली वस्तुस्थिती. मनीसपणाची व्याख्याच थंय बदलता. पारंपरिक भाव – भावनांक थंय कसलोच थारो ना.

समाजांत प्रचलित आशिल्ली पूर्वग्रहीत नदर आमच्या विचारांक कशी पोसवण दिता हाची देख म्हळयार 'चेडीयेची धुव' ही कथा. "ह्या पयलेंय ओमाांयन आनी आमच्या सेजारच्याांनी कम्लककाक चेडी म्हण वोलानयल्लें आयकाल्यारयी, चेडी म्हळयार कितें तें हाव नेणासलों. कम्लककाक कित्याक चेडी म्हण आपयतात, चेडयेच्या घरा वेची बूद आमच्या रगताांतच आसा म्हण ओमाांयन कित्याक साांगल्लें तें म्हाका झळकल्लेंच ना. " ह्या ओळींनी हे कथेचें सार सांगुं येता.

'चामादोराचो पूत' ही कथा status quo क आव्हान दिवपी. समाजनेमांक लागून वाडटे पिरायेच्या भुरग्यांचीं सपनां कशीं भूंयभरवण जावंक शकतात हाचेर उजवाड घालपी ही कथा. "चामादोराच्या पुतान चामादोर जायजे म्हण कांय नेम आसा?" ह्या वाक्यान प्रचलित समाजभावनेक आव्हान दितना ही कथा प्रवाहा आड पेंवपाची प्रवृत्ती उक्ताडार हाडटा. भौतिक वस्तूंचेर आशिल्लो मोग आनी तांचो हव्यास हें मनीस सभावाचें तास आमचे दिसपट्टे वेव्हार थारायता. 'चक्रसर' हे कथेंत पळोवंक मेळटा.

जातीवेवस्थेचेर भाश्य करपी 'डाडा परत काजार जाता' ही कथा. तेभायर, मनशाचो आपसुवार्थ आनी भौतिक गजालींची आसक्ती कशी मनांतल्या विचारांचेर परिणाम करता हाचेरूय ही कथा उलयता 'मतांतर' ही एक मार्मिक कथा. आमी जल्माक येताना नागडे जाणीवयेतात. कसलीच जाणीव नाशिल्ले आमी निर्विकार आसतात पूण धर्म, जात हांची मुस्तायकी घाल्याबगर समाजांत कोणाकूच सुवात मेळना. "गोपू हिंदू म्हण मात्र कळीत सवाय तो बोणकयांचो, दवरांचो, कां◌ुबाराचां वा मडवळांचो. हें कोणायक खबर नातल्ली; कोणेंय तें ह्या पऱ्यांत सोधून काडुंक नातल्लें. पूण केदनां गोपू मतांतर जाला म्हण खबर जाल्ली, तेदनां गोपू खंयच्या पांगडाचो म्हण सोधनां सुरू जाल्ली. "भारतीय संविधान नागरिकांक जाय तो धर्म आपणावपाचें स्वातंत्र्य दिता पूण जात वेंचपाचें स्वातंत्र्य ना. कथा वाचून सोंपता तेन्ना मनांत होच प्रस्न परत परत उबो जाता. जगप सोपें न्हय पूण मरण लेगीत सोंपें न्हय. पयशांच्या

ꩻ

उणावक लागून मरणाच्या संस्काराचे कशे हाल जावं येतात हांचेर 'दोन मोरणां' ही कथा बोट दवरता.

'एक मूठ माती' ही कथा म्हळ्यार single mother's dilemma. भोंवतणचे परिस्थितीक लागून कांय नातीं धांपून दवरचीं पडटात. जाचेकडल्या संबंदांतल्यान आपल्याक धुव जाल्ली त्या आपल्या आदींच्या घोवाकडेन आशिल्लो मोगाचो मोयपास हे कथेंत दिश्टी पडटा. तोंड धांपून मोन्यानी दुख्ख सहन करपाबगर पर्याय नासता अश्या प्रसंगाचें चित्रण हे कथेंत प्रभावीपणान केलां.

युथॅनेशियाची दुविधा हो एक कीचकटीचो आनी खोलायेन नैतीक विशय. युथॅनेशिया म्हळ्यार दुयेंस वा न सोंसपासारकी वेदना आशिल्ल्या मनशाचें जिवीत सोंपवप, सादारणपणान तांचे संमतीन. युथॅनेशियाचे वटेन आनी ताचे आड जायते वाद आसात. युथॅनेशियाचे वाद चड करून दया आनी स्वायत्तता ह्या तत्वांभोंवतणी घुंवतात. व्यक्तींक गरजे भायर दुख्खापसून मुक्ती आनी स्वाभिमानान मरपाचो अधिकार आसूंक जाय. युथॅनेशियाक परवानगी दिल्यार मरण येवपी दुयेंतींची शारिरीक आनी भावनीक वेदना उणी जावंक शकता आनी तांकां स्वताच्या जिविताचेर नियंत्रण दवरपाची भावना मेळूंक शकता. दुसरे वटेन युथॅनेशिया म्हळ्यार जिणेची पवित्रताय उणी करप आनी दुरुपेगाची शक्यताय असो मतप्रवाह आसा. दुबळे व्यक्तीचेर आपलें जिवीत वेळा पयलींच सोंपवपाचो दबाव दिसूं येता असोय वाद आसा. तेभायर वेगवेगळ्या समाजांत आनी न्यायक्षेत्रांत धर्मीक, संस्कृतीक आनी कायदेशीर विचार खूब वेगवेगळे आसात. कांय धर्म आनी संस्कृतायो युथॅनेशियाक नैतीक नदरेन परवानगी ना अशें मानतात, जाल्यार कांय जाणांक कांय परिस्थितींत ती दयाळपणाची कृती अशें दिसूं येता. 'यूतनेसिया (दयामरण)' हे कथेकडेन अश्या व्यापक परीदृश्यांतल्यान पळोवं येता.

'घुट' ही दोन बायलांमदले इश्टागतीची काणी. एकेमेकांचें बरें जावंचें हो हेत आनी एकमेकांविशीं आशिल्लो हुस्को परागटावपी ही काणी. 'इमाज' कथेंत भावार्थ, गुन्यावकारपणाची भावना, दुबाव, देवाची भिरांत आनी विनोदी झालर वाचूंक मेळटा. वेसनाचो अतिरेक आनी ताचो घरांतल्या भुरग्यांचेर जाल्लो परिणाम 'मांय रेतिरेक गेल्ली' हे कथेंत आसा. बेबद्या बापायविशीं भुरग्याची माया आनी आपल्या फुडाराविशींचो हुस्को हातूंत उक्तो जाता. 'मोरनाची तयाराय' ही कथा अचकित येवपी मरणाक लागून हेरांचेर कसलो मानसिक परिणाम जाता हाचें संशोधन. Man proposes God disposes अशें एक वचन आसा तें 'जुबलेव' कथा

वाचतना याद जाता. मनीस चिंतता एक पूण घडटा भलतेंच आनी देखून कुटुंब, आपले – पेले हांचेरुय ताचो प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष परिणाम जावं येता हाचो प्रत्यय हे काणयेंतल्यान येता.

किडनी दान' ही आपल्या मरणान हेरांक जीवित दिवपाविशींचीं कथा. हे कथेंत लेगीत अनपेक्षित घडणूकांक लागून मनशाचें जीवित पुरायपणान कशें बदलता हांचेर भाश्य आसा.

'सोऱ्या गुसतूच्या आवयचें मोर्न' ही निमाणी कथा. मनीसपणाचीं मूल्यां म्हळयार फकत जितेपणांत पाळपाचे नेम न्हय तीं ताचे पलतडीं वचून एकमेकांकडेन वांटून घेवपाचीं तत्त्वां. "जीवितांत त्रास भोगले. पूण निमाणे संस्कार बरे जाले. " अशें समाधान व्यक्त करपी ही कथा मानवी तत्वांचें काळाभायर पावपी म्हत्व दाखोवन दिता.

मानवी मुल्यां मदीं जांचो आस्पाव जाता तीं कांय मूल्यां सादारणपणान जीविताचीं वेगवेगळीं तासां उक्तायतात. तीं म्हळयार:

1. करुणा: जातूंत दुसऱ्यां कडेन सहानुभूती आनी दयाळपण दाखोवप, आनी तांचें दुख्ख वळखून तें उणें करप.

2. प्रामाणीकपण: प्रामाणीकपणान, नितीमत्तेन आनी पारदर्शकतायेन वागप आनी नैतिक तत्वांक पाळो दिवप.

3. आदर: वंश, लिंग, धर्म वा समाजीक–अर्थीक स्थिती हांचेमदीं फरक करीनासतना दरएक व्यक्तीच्या स्वाभिमानाक, स्वायत्ततेक आनी हक्कांक मोल दिवप.

4. जापसालदारकी: स्वताविशीं, दुसऱ्यांकडेन आनी पर्यावरणाविशीं आपलीं कर्तव्यां मान्य करप आनी आपले कृतीची जापसालदारकी घेवप.

5. न्याय: समाजाच्या सगळया आंगांनी न्याय, समता आनी समानताय राखप, आनी कुशीक काडिल्ल्या आनी पिडिल्ल्या गटांच्या हक्कांचो आनी कल्याणाचो पुरस्कार करप.

6. धैर्य: संकश्टां मुखार धाडस आनी लवचीकपण दाखोवप, आनी कठीण परिस्थितींत लेगीत आपलो विस्वास आनी तत्वां खातीर उबो रावप.

7. बुध्दी: स्वताविशीं आनी संवसाराचेर गिन्यान, समजूत आनी अंतर्दीश्टी सोदप आनी निर्णय घेवपाक विवेक आनी विमर्शीक विचारांचो उपेग करप.

8. उपकार: आपल्या जिवितांतल्या आशीर्वाद आनी संदींची कदर करप आनी दुसऱ्यांचे उपकार मानप.

ꕤ

9. सहिश्णुताय: विविधताय आपणावप आनी समजुती, मतां आनी जिणे पद्दतींतले फरक मान्य करप आनी संस्कृतीक आनी वैचारीक मळाचेर संवाद आनी समजूत वाडोवप.

10. मोग: स्वता कडेन आनी हेरां कडेन आशिल्लो मोग, काळजी आनी सहानुभूती पोसप, आनी परस्पर आदर आनी आदाराचेर आदारिल्ले अर्थपूर्ण संबंद वाडोवप.

ही सगळीं मूल्यां वेगवेगळ्या रूपांनी आनी वेगवेगळे परिस्थितींनी आमकां डॉ. एडवर्ड नज्रेताच्या कथासंग्रहांतल्या साबार कथांनी पळोवंक मेळटात.

मनशाच्या मुल्यांचेर भर दिवपी साहित्य भरपूर आनी विविधतायेन भरिल्लें आसून तें वेगवेगळ्या प्रकारांत, काळांत आनी संस्कृतायांनी पातळ्ळां. मनशाचीं मुल्यां मुखार दवरपी साहित्यकृतींच्यो कांय देखी म्हळ्यार: हार्पर लीची टू किल अ मॉकिंगबर्ड ही अभिजात कादंबरी आपल्या बापाय कडल्यान मोलादीक धडे शिकताना सहानुभूती, न्याय आनी वंशीक विशमता ह्या विशयांचेर संशोधन करता. ॲन फ्रँकची 'द डायरी ऑफ ॲन फ्रँक' ही दुसऱ्या म्हाझुजाच्या काळांत नाझीं कडल्यान लिपून आसतना बरयल्ल्या ॲन फ्रँकच्या दिसपटेंतल्यान मनशाच्या आत्म्याची लवचीकता, आशेचें म्हत्व, मोग आनी करुणेची टिकपी शक्त हांचेविशीं मार्मिक म्हायती मेळटा. खालेद होसेनी हाची 'द कायट रनर अफगाणिस्तानाच्या अशांत इतिहासाचे फाटभुंयेर इश्टागत, विश्वासघात आनी सोडवणूक ह्या विशयांचेर आसा. ही कादंबरी नैतिक निवडीचे परिणाम आनी निश्ठा आनी क्षमा हांचे तिगपी बंधनांचो अभ्यास करता. पावल कोएल्लो, लिओ टॉल्स्टॉय, चार्ल्स डिकन्स, जॉन स्टायनबॅक हांच्याय साहित्यांतल्यान मानवी मूल्यांचेर बरोच उजवाड घाला.

पीटरसन आनी सेलिगमन हांच्या मता प्रमाणें कथानकांतल्या पात्रांचें नैतिक बळगें ही संकल्पना " दिसपट्टे कृतींतली मुल्यां" अशें अधोरेखित करून मनशाच्या मुल्यांकडेन जोडटा. उपकार, नम्रताय आनी धीर हे सारके सद्गुण खासा चरित्र बळग्यां वरवीं व्यक्त जातात, जे परतून सकारात्मक समाजीक परिणाम आनी वैयक्तीक बरेपणाक पोसवण दितात. तांचो अभ्यास केल्यार व्यक्तीक आनी समाजाक फायदो जावपी वागणूक निर्माण जाता अशें प्रायोगीक अभ्यासांतल्यान दिसून आयलां.

मानवी मुल्यांबगर जिणेक अर्थ ना अशी कल्पना ही एक खोलायेन तत्वगिन्यानी भुमिका आसून, जिणेचें म्हत्व आमी पाळटात त्या तत्वांवयल्यान आनी सद्गुणां वयल्यानआमकां मेळटा असो समज ती दाखयता. जिणेच्या अंतर्गत मोलाचेर वाद जावंक शकता, पूण मानवी मुल्यांच्या भिंगांतल्यानच जायत्या जाणांक उद्देश, दिका आनी पूर्णतायेची भावना मेळटा. आमच्या

अणभवांक आकार दिवपाक, आमच्या कृतींक मार्गदर्शन करपाक तशेंच संवसाराकडेन जोडपाची आनी आपलेपणाची भावना वाडोवपाक हीं मुल्यां गरजेचीं.

**संदर्भ:**


- https://greatergood.berkeley.edu/article/item/how_stories_change_brain Paul J. Zak.
- Literature and the Moral Imagination" edited by Richard A. Rosengarten
- "Moral Fiction" by John Gardner
- "The Company We Keep: An Ethics of Fiction" by Wayne C. Booth
- मानव मूल्य और साहित्य: धर्मवीर भारती
- https://www. frontiersin. org/journals/psychology/articles/10. 3389/fpsyg. 2021. 576189 Shiri Lavy and Maya Benish- Weisman
- "The Moral of the Story: An Anthology of Ethics Through Literature" edited by Peter Singer and Renata Singer


ꙮ

# असतुरेचीं वेग-वेगळीं पात्रां

– **लवी गंजिमठ**



संसारांतल्या सरव जिवी पयकीं मनशा जिवी एक विशिषठ स्थानार रावता तर, तांतूय स्त्री, जर मानून घेतांव तर, विभिन्न भोगणां भावनांचो एक पुंजो. आशें आसतां साहित्यांत सरव काळीं पुरुषवर्नीं चड मापान स्त्री वर्णीत जाल्ली आसता, बापायवर्नीं चड आवय पाठार चडल्ली आसता, चल्यावर्नीं चड चली साहित्यांत आकरषीत दिसता. स्त्री पात्र सर्व काळीं मनाक आवडचे आनी वाचप्याक रोसाळ अनभोग दिंवपी आसतात. स्त्री संवेदनां आनी स्त्रीत्वाचीं भोगणां दादल्याक तुलन केल्यार चड उग्त्यान उजार जातात जाल्ल्यान, वाचप्या थंय वाचतां वाचतां एक नैज संसार उग्तो करन दवरुंक हे स्त्री पात्र सक्तात तें नेगारुंक नजो.

हर भाषेचें साहित्य जर एक नदर भोंवडायली तर, स्त्री पात्रांचे वेवेगळे प्रकार दिषटीक पडतात. संबंधांचेर होंद्वोन – आवय, पतीण, धूव, भयण, रखेल असले विवीध पात्र देक्येत तर, स्त्रीयांच्या भावनां आनी नडत्याचेर होंद्वोन द्वेशी, मोवाळ, मोगाळ, स्वार्थी, आबलेशी, दुबावी, खबराळी, असकत मनस्थितेची, देवोत, निर्भागी असलीं विंगडणांय कऱ्येत.

संसाराच्या सूरवेर थावन मनशा चिंत्पांचेर प्रभाव घाल्ल्या आनी एका काळा पऱ्यांत फकत एक साहित्य प्रकार जावन ऊरल्ल्या धार्मीक साहित्यान स्त्रीयेक एक पुरूष अधीन जीवी जावन प्रतिबिंबीत केल्लें आसून, मुकार समाजेन हेंच मानून घेतलें आनी स्त्री एक अधीन जीवी जावन्च ऊरली आस्येत. साहित्य धार्मीक थावन हेर सामाजीक प्रकारांक स्थित्यंतर जाताना, हेंच धोरण मुकारून गेलें व समाजिचो आर्सो जावन साहित्यानय हेंच धोरण पुसून हाडलें.

**चाल्ते पात्र**

आतां ह्या उलवपाच्या मुखेल विषयाक येंवचें तर डा. एडवर्ड नज्रेत हांच्या साहित्यांतल्या विवीध स्त्री पात्रांची परिचय कर्ची जावनासा म्हजी जवाब्दारी. डो. एडवर्ड नज्रेताच्या साहित्यांत स्त्रीत्व आनी स्त्री पात्रांचो भर्पूर व्हाळो दिसता. डो. एडवर्ड नज्रेताच्या काणियांनी वाचप्याक

मेळचें पकवान म्हळयार बोव सरळ आनी साध्या लोकांक म्हणजे नाडांतल्या कामेली तशेंच, थोडेंच शिकाप आसून कोंकणी साहित्याचे पोसणार जावन आपली व्हड देणगी कोंकणी साहित्याच्या उदरगतेक दिल्ल्या लोकाक आवडचे आनी तांकां सोंप्यान समजोंक साध्य जांवचीं संभाषणां. एक पुरूष जावन स्त्रीयेच्या तोंडांतलीं संभाषणां इतल्या नाजूकायेन डो. एडवर्ड नज्रेतान पिंत्रायल्यांत तीं देक्ताना, आमचे मधली आनी आमचेच भितरली एक स्त्री हांगासर आमच्या दोळयां मुकार रावता. दाकल्याक, भुमी वैंकुटांत काणियेंत म्हाका पुरो जालां ग्रेषन, ह्या गांवच्या कामांत कितलें वयर पंदा केल्यारी आमकां जागो सोड, ल्हान रूम सयत मोलाक घेवंक साध्यना. जेसिंताचीं हीं उत्रां २१ व्या शेकड्यांतल्या मध्यम वर्गांतल्या स्त्रीयांचो ताळो जावन दिसतात मात्र न्हय चाल्त्या जिवितांतल्या म्हारगायेच्या भोरया पंदाक आपणाचो आदाय खंयसरी पावानासताना, कितेंच उरवणी करुंक साध्य ना म्हण समजाल्ल्या आनी आपणाकय समृद्ध जिण्ये रीत जाय म्हण आशेंवच्या (हें चूक म्हणुंक साध्य ना) एका सामान्य मध्यम वर्गाच्या स्त्रीयेच्या तोंडात थावन आयकोंक मेळचीं सामान्य उत्रां म्हळयार चूक जांवचिना.

**दुरबळकायेचें रूपक जावन स्त्री पात्र**

दुबळिकाये थावन स्थितिवंत हंताक मंगळुरी क्रीसतांव लोक स्थित्यंतर जांवच्या वक्ता दुरबळकाय आनी स्त्री पात्र सांगाता वेच्ये तसल्यो कांय थोड्यो काणियो डो. नज्रेताच्या संग्रहांत वाचुंक मेळतात. धाकल्याक मरी मागदेलीन काणियेंतल्या मागदेलीन बायेचो पात्र, मोगाचो पूत काणियेंतल्या लुविजामियेचो पात्र, जशें मोगान वागयिल्ल्या भुर्ग्यांनी आपल्या आवय बापायचे कषट विचरोन तांकां आपल्या अंतस्थच्या प्रदर्शनाक अडकळ म्हण लेकून चिल्लून सोडताना आवय काळजाक जांवची दूक विवरितात. हें एका बगलेचें सन्निवेश.

अन्येका बगलेन, एका काळार मंगळुरी कुटमांनी सदां दिषटीक पडची पियोवण्याची सवय आनी कुटमांतल्या स्त्रीयेन भुर्ग्यां खातीर आनी कुटमाच्या राकणे खातर काडचे कषट नैजतेन निरूपण जाल्ल्यो थोड्योश्यो काणियो डो. नज्रेताच्या काणियांची विशेषता तशी दिसतात. मेल्लो बरें जालें, पुताचें मोरण, फुगासांव, मोरणाची तयाराय असल्या काणियांनी, दीसभर शेतांनी व भायर कूली काम कर्चीं आवय बापूय, अख्खो दीस जोडल्लें सरव सांजेर सोरयाक घालन, घरच येमकोंड करचे बापूय, आनी ह्या मधें आपणाचो आनी आपल्या भुग्यांचो जीव राकुंक तशें रात फाली करच्याक कषटोन उर्डोंच्यो आवयो, आजियो ह्या काणियांनी दिसतात. एक उरूट पात्र जावन असल्या काणियांनी कुटमांतल्या दुरबळकायेक दर्पण धरची स्त्री दुरबळकायेक आपुण्ंच रूपक जाता. आर्थीक अडचणेसवें दादल्याच्या दुबावाच्या देंवचाराक लागून कषटोंची

स्त्री आपणाचेर मात्र न्हय आपल्या भुर्ग्यांचेर सयत माल्दिसांव सोसता तें कराळ चित्रण ह्या काणियांनी दिसता. दाकल्याक मेल्लो बरें जालें, मृगजळ काणियेंतल्यो आवयो आपलें निसकळपण्ंच घोवा मुकार साभीत करुंक सकानासतां कषटातात. असले सन्निवेश थंय हांगा म्हळ्ळयेबरी चाल्त्या वातावरणांती जळकोंचे जाल्ल्यान, असल्या जिव्या पात्रां थंय सूक्षम संवेदन लेखकांक आसचें दिसून येता. १९व्या आनी २०व्या शेकड्यांत सर्वेसामान्य तशें दिसच्या ह्या स्त्रीयांक सदां आमच्या सेजारा पळेंवचेबरी दिसता. असल्या स्त्रीयांनी आपल्या काळजांत जिरवन घेंवचें दूक, अशिकपी व उणें शिकाप आसल्यारी तांचे थंय दिसची अगाध सोसणिकाय, कुटमा स्पिरीत उरवन घेंवच्याक काडची म्हिनत आतांच्या दिसांनी नांच म्हणचे तसल्या कासताची दिसता.

**मानसीक अस्वस्थता आनी स्त्री पात्र**

परिस्थितेच्या बांदपासांत शिर्कोन मानसीक स्थिमीत होगडावन घेंवच्या स्त्रीयांचें चित्रणय हांगासर दिषटीक पडता. दोन रितिंची मनस्थिती दोन विभिन्न काणियांनी चित्रीत जातात. पयल्यान, मांय रेतिरेक गेल्ली काणियेंत आपल्या दादल्याक दैहीक सूख दिवंक नेगार करची मांय ताचे थावन चुकवन घेंवच्या कातीर, रेतीर एक हातेर करन घेता तर वासतविकता थावन चुकारी मारची तिची मानसीक स्थिती पिंत्रायता. दूसऱ्यान, चक्र सर काणियेंतल्या आकयचो पात्र एक विशिषठ चित्रण आमचे मुकार दवरता. ह्या काणियेंत आपल्या घोवाक दैहीक सूख दिवंक नेगारच्या स्त्रीयेचेर, आपल्या घोवाक होगडावन घेतल्या उपरांत जांवचो मानसीक परिणाम उत्रायता मात्र न्हय घोवाक सोडन वचनाकातगो, रांडो जायनाकातगो... हीं आकयचीं उत्रां, स्त्री जावन जल्माल्या उपरांत, दादल्याक सूख दिंवचें तिची जवाब्दारी म्हणचें समाजेन थिरायिल्लें नियम जाहीर कर्ता. ह्या आकयच्या पात्राचीं उत्रां, कसल्याच विवरणाविणें जायते अर्थ दितात आनी वाचप्याक चिंत्पाक घाल्तात.

**स्त्रीत्व आनी आवयपणाचो युगळ**

डो. नञ्रेताच्या काणियांनी आवय काळजाच्यो काणियोय जायत्यो आसात. असल्या काणियांनी एका स्त्रीयेचें आवय काळीज समजुंक भुर्ग्यांच्या पात्राचो वापरापय बोव सुललीत थरान जाला. ह्या काणियांनी आवय संगीं तिचीं मासूम भुर्गिंय आसून काणियांची जडाय चडयतात. असल्या थोड्या काणियांचें निरूपण भुर्ग्यांच्या दिषटीन तांच्या उत्रांनी जालां तरी आवयचो पात्र उरूट पात्र जावन्च ऊरला. व्हडलें फेसत, मांय रेतिरेक गेल्ली, मरी मागदेलीन, पयलो कुमगार, मांय मेली असल्या काणियांनी आवयच्या हुसक्याची, आवयच्या जवाब्दारेची,

आवयच्या खंतिची, आवयच्या भोगणांची, साय भुर्ग्यां मुकांत्र उगडापण जाता. आशें आवय काळजाचीं विवीध रुपां दिश्टीक पडतात.

पयलो कुमगार काणियेंतली लेसटर आनी जेन्निची माम्मी, दुबळ्या कुटमांत चडून येंवच्या कष्टां निमतीं पाडाव जाल्ली दिसून येता. मांय रेतिरेक गेल्ली काणियेंतल्या जेन्नी आनी ताच्या बायेच्या माम्मीन तिच्या कष्टांतलें भायर येवंक व तात्कालाक त्या कष्टांत थावन सुटका जोडुंक रेतिरेचो आस्रो घेतल्ल्यान तिच्या मतीक समाधान लाभतालें तरी जेन्नी आनी ताच्या बायेक संदिग्ध जाल्लें. हांगासर ती आपल्या मतिच्या समाधाना खातीर कुटमाचो हारभारच साक्रिफीस कर्ता. ह्या दोनी काणियांतल्या आवयांक तुलन कर्ताना, पयलो कुमगार काणियेंतल्या आवयचें काळीज आपल्या भुर्ग्यांक आरावन धर्ता तर, मांय रेतिरेक गेल्ली काणियेंत, आकांताच्या वेळा मांयची गयर हाजरी तिच्या आवय काळजाचें विचलीतपण दाकयता.

**स्त्री आनी शोषण**

डो. नज्रेताच्या काणियांचेर नदर भोंवडायल्यार, कुटमाची आर्थीक स्थिती पिंत्रावंक त्या कुटमांतल्या स्त्रीयेचो प्रयोग केल्लो खरयान दिसता. समाजेचेर एक नदर घालुंक गेल्यांव तर, सामान्य जावन शेंभरांत नोवोद ठक्के ही पिंत्रावणी व हें रूपक सार्केंच बसता. कित्याक म्हळयार कुटमाची, भुर्ग्या बाळांच्या जत्नेची गजाल येताना, थंयसर दादल्यावर्नीं स्त्री एक मेट मुकार दिसता. ह्या काणियांचें अन्येक बगल पळेंवची तर, दुबळिकाय आनी शोषण एका नाण्याचीं दोन तोंडां तशीं दिसतात. एक दुबळी स्त्री समाजेंतय शोषीत जाता आनी कुटमांती शोषीत जाता तें लेखकान खरयान रूपीत केलां.

**सामाजीक बदलापाचो आर्सो जाल्ली स्त्री**

डो. नज्रेताच्या काणियांतल्या स्त्री पात्रांक पळेताना, वेळ काळ आनी समाजिची बदलोन येंवची परिगत विशलेषण जाता. कृषी समाजेथावन सूरवातून उद्यमशीलता म्हणासर, स्त्रीयेचें पयण आनी त्या त्या परिगतेक सरी जावन तिच्या सामाजीक आनी कुटमांतल्या पात्रांनी, तशेंच मंगळुरी क्रीसतांव कुटमांच्या आर्थीक आनी सामाजीक अंतस्थेंत जाल्ली बदलावण झळकाता. एक सामाजीक आनी आर्थीक स्थित्यंतराचो आठोव हांगासर करुंक जाता. १९७५ व्या वर्सा लिखलेली कथाकाराची पयली काणी व्हडलें फेसत हांतल्या सेलीन बायेची आर्थीक आनी कौटुंबीक स्थिती थावन सूरवातून, २०११ व्या वर्सा उपरांत लिखलेल्या मांय सांगाता काणियेंतल्या माग्गी बाय व रेन्निची स्थिती आनी भोंवार, तशेंच फुगासांव काणियेंतल्या मर्सिबाय आनी रेषमाचो वावर, तांचें चिंताप आनी भोंवार जायत्या बदलावणेक साक्स दितात. घरांत आपल्या

घोवाच्या धोशीं निमतीं भिरांतेन दीस काडच्या स्त्रीये थंय शिकाप चडताना, कृषी आनी कूली कामा भायर आफिसांत, तशेंच गांवा भायर व पर्गावांत वावूरताना, आर्थीक थरान सुदृढ जातासताना, कुटमांत तिच्या ताळ्याकच मोल वाडल्लें आनी तिच्या हिश्यारयांक आनी सलहा सुचनांक इल्लो चडच म्हणचे तितलो महत्व मेळल्लोय पळेव्येत. फुगासांव काणियेंतल्या रेश्माचो आनी मांय सांगाता काणियेंतल्या रेन्निचो पात्रच हाका दाकलो जावन घेव्येत.

विभिन्न कालेतिंचे स्त्री पात्र

ह्या सर्वे थंय हांगा म्हणचेबरी थोडे विशिषट कालेतिचे स्त्री पात्रय डो. एडवर्डाच्या काणियांनी घुसतात. यूतनेसिया काणियेंतल्या सेलीन टीचरिचो पात्र एका पतिणेन आपल्या पतिचे कषट वोळवोळे पळेवंक तांकानासतां, ताका दयामरण मागचें आनी दाक्तेरान निराकरिसल्ल्या वेळार आपुण्ंच ताका दयामरण दितां म्हळ्ळया निर्धारान ताका दूतऱ्याच्या फळांचो रोस भरवंक मन करचें, वाचप्याक सेलीन टिचेरी थंय आपल्याच कालेतीक तेकीत विभिन्न भोगणां आनी भावनां रचुंक आपवणे दिता. थोड्यांक सेलीन टिचेरिच्या पात्रांत तिका तिच्या घोवा थंय आसचें धोरण विशेस मोग म्हण भोगल्यार, हेर थोड्यांक ती घोवाक चाक्री करुंक पुटवानातलली कर्मी स्त्री तशी दिसात. तशेंच आंकवार आवय काणियेंतल्या सिलविचो पात्र, स्त्रीत्वाकच एक सवाल उडवन प्रारंब जांवचो तो आवयपणाच्या ग्रेसतकायेक उजार करन निर्गमीत जाता. चामदोराचो पूत काणियेंतल्या आवयचो पात्र आपल्या भुर्ग्याच्या फुडारासांगीं खेळ खेळच्या व्यक्तिंची खरीं चिंत्नां समजानातल्ल्या एका सत्ती स्त्रीयेक दाकयता. मेल्लो बरें जालें काणियेंतली पेच्चाची आवय आपणाक इतली इजा दितेल्या आपल्या घोवाच्या मरणा थंय रडताली कित्याक म्हणचें काणी संपल्यारी एक मिसतेर जावन्च ऊरता. सोडवोण काणियेंत सगळया जिवितांत बेजवाब्दारेन जियेल्ल्या भाव दुमगा खातीर कषटार पडची पावलीन टीचर भिर्मतिची मूर्ती तशें वाचप्याक सतायता. दोन मरणां काणियेंतल्या लिल्ली बाय आनी कमलाचे पात्र दोन वेवेगळया संसक्रती आनी संसकारांक आर्सो धरतात मात्र न्हय, रिती–रिवाजिंचें पोकोळपणय प्रदर्शीत करतात. भुमी वैकुंठांत काणियेंतल्या ग्रेसिचो पात्र नितळ दुदाक लिंबो पिळच्या अन्नाडी कासताचो तर, जेसिंताचो पात्र, आपूण दादल्याक खंच्यार रितीन उणीं ना म्हण दाकवन दितेलीं म्हळ्ळया जिद्दाक पडून, आपलें जिवीत होगडांवच्या सर्वे आकेर जाता.

**संपवणी**

आशें डो. नज्रेताच्या हर काणियांनी आसचो स्त्री पात्र किर्ते तरी नवेंसांव दाकवन चल्ता. हाका कारण समजुंचें तर, कथाकाराक मनशा कालेतिचेर आसचें गिन्यान आनी जोक्त्या वेळार जोक्त्या रितीन ह्या कालेतिचो वापराप आनी त्या पात्रांक खेळंवची कला. ह्या काणियांनी जिणियेचें प्रतिफलन दिसता. दोळ्यां मुकार घडल्लीं जायतीं घडितां हांगासर आपली प्रतिमा रचतात. भोंवारीं चल्च्या मूळ घडितांक जीव भरताना जायत्यो जिवाळ काणियो उबजाल्यात आसतां तांतले पात्र रोसाळ तशेंच आघातकारी अनुभवय दितात. हाका स्त्री पात्रय अडवाद न्हय. डो. नज्रेताच्या काणियेंतले स्त्री पात्र, थोडे शीतळ वारयापरीं व्हाळतात तर, हेर थोडे आटेविटे उबजायतात. यूतनेसिया काणियेंतल्या सेल्ली टीचरिचें मानसीक तुमूल, घूट काणियेंतल्या एलीज बायेचे आटेविटे, जुबलेव काणियेंतल्या ग्रेस सुवारिसाची मिजासकी, मांय सांगाता काणियेंत आवयच्या चाक्रेच्या जवाब्दारेथावन चुकवन घेवंक निबां सोधचीं भुर्गीं असलीं घडितां, आमचे मधें घडचीं जिवंत घडितां जाल्ल्यान जिवाळ अनभोग दीवन वाचप्याक तांडून धरुंक सक्तात.

कथाकाराच्या पयल्या काणिये थावन आयलेवारच्या काणियां म्हानासरय पळेताना, तांतले स्त्री पात्र सरव काळांक प्रसतूत तशें दिसतात. वेळ काळ बदल्ता. मनशाचें चिंताप तशेंच चाल चमकण बदल्ता, गर्जो आनी परिगत बदल्ता तरी खंयगी मतिच्या एक कोणशार, स्त्रीत्व, आवयपण, आनी स्त्रीयेचीं हेर रुपां जावन आसचीं पतीण, भयण, सून, धूव, आनी हेर संबंध सरव काळाक प्रसतूत जावन ऊरतात जाल्ल्यान डो. एडवर्डाच्या काणियांनी चड मापान आपलो पात्र खेळोन वेचे स्त्री पात्र मतिंत एक तुफान उठवन उगडासांत ऊरचे तसले पात्र जातात म्हणचें म्हजें चिंताप.

**ग्रंथ ऋण:**

१) नज्रेत एडवर्ड एल.; व्हडलें फेसत: ७५ काणियांचो समग्र पुंजो; मार्च २०१६

२) तिप्पार मल्लिकार्जुन; स्त्री संवेदनेय कथेगळु; कन्नड प्रभ, २० जुलै २०१३

३) home grown. co. in;8 Indian Stories That Offer Refreshing Female Perspectives We Need;8th june2021

ꙮ

# सामाजीक संदर्भांचे नदरेन

– मान्सी प्रे. धावुस्कार.



**सारांश:**

कोंकणी कथा फाटल्या दोन दसकांत हेर भासांचे पंगतीक वचून बसल्या. कोंकणी कथेचो प्रवास मुखेलपणान चार लिपयांतल्यान जायत आसा. कोंकणीचें मुळपीठ गोंय. गोंयांत कोंकणी कथा देवनागरी तशेंच रोमी लिपयेंत, जाल्यार कर्नाटकांत कन्नड आनी केरळांत मल्याळम लिपयेंत मुखार वचत आसा. कर्नाटक राज्यांत कन्नड लिपयेंत कोंकणी कथा बरोवप्यां मदीं कांय कथाकार आपले कथेंतल्यान खाशेलो छाप दवरतात तातूंत एड्वीन जे. एफ. डिसौझा, डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत आनी वल्ली क्वाडरस आदी मुखेलपणान नदरेक पडटात.

ह्या कथाकारां मदल्या डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांच्या मूळ कन्नड लिपयेंतल्या 'मृगजळ' ह्या कोंकणी कथा संग्रहांतल्यो कांय कथा वल्ली क्वाडरस हांणी रोमी तशेंच नागरी लिपयांतर केलां. तातूंतल्यो कांय वेंचीक कथा घेवन त्या कथांनी दिसून येवपी सामाजीक संदर्भांचो वेध घेवपाचो यत्न ह्या सोदप्रपत्रांत केला.

**विशयकेंद्रीत उतरां:**

समाज, मानसिकताय, व्यसनां, दुयेंसां, समाजप्रवृत्ती, भाड्याचो कुसवो, किडूक मिडूक, रेतिर, किडणी दान.

**प्रस्तावना:**

कन्नड लिपयेंत कोंकणी कथा बरोवन कोंकणी कथेक विंगड– विंगड आशय विशयांतल्यान एक खाशेली उंचाय दिवपी डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हे कोंकणींतले एक खडेगांठ कोंकणी

कथाकार. तांच्यो कन्नड लिपयेंतल्यो कोंकणी कथा वल्ली क्वाडरस हांणी देवनागरी तशेंच रोमींत लिपयांतरीत केल्यात. ह्या कथांनी कथाकारान आपले सरभोंवतणचो समाज, तांची मानसिकताय, तांचीं व्यसनां, तांचीं दुर्येसां, एखाद्रे घडणुके कडेन समाजाची पळोवपाची नदर आदील समाजप्रवृत्तींचे वर्णन बारिकसाणेन केल्लें दिश्टी पडटा. कथांतलो विशय, तातूंतलीं पात्रां, पात्रांचे संवाद आनी एकंदर सभावविशेश कथाकारान नकसूदपणान कथेंत हाडला. ही तांची कळाशी तांच्यो कथा सशक्त करताच त्या भायर त्या वाठारांतलो समाज जिवो तट्टीत जावन कथांनी आयिल्लो पळोवंक मेळटा. होच समाज तांच्या कथांनी कशे तरेन चित्रीत जाला ताचो सोद घेवपाचो यत्न तांच्या मृगजळ ह्या कथा संग्रहांतल्यो वेंचीक कथा घेवन ह्या सोदप्रपत्रांत मांडपाचो हो सुपुल्लो यत्न.

### डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांचे कथेंतलें समाजदर्शन

कोंकणी कथा आपआपल्या वाठारांतली समाजजीण घेवन येता आनी ह्या समाजाचे गूण – दुर्गूण समजून घेवन त्या समाजाक जागोवपाचो यत्न करता. त्या खातीर कथा ही मनरिजवणेचें साधन उरनासतना तें समाज सुधारणेचोय वावर करता. नज्रेत हांच्या 'मृगजळ' ह्या कथा संग्रहांत वट्ट वीस कथा आसात. ह्या विसूय कथांनी तांणी आपल्या सरभोंवतणच्या वाठारांतल्या समाजाचें निरिक्षण करून ताचें दर्शन कथांच्या आशयांतल्यान नकसूदपणान नोंद केलां. ही नोंद कितली यशस्वी थारल्या तें ह्या संग्रहांतल्यो वेंचींक अश्यो धा कथा घेवन तांचें कथाविश्व समजून घेवपाचो हो सुपुल्लो यत्न.

कथा जावं हेर साहित्य जेन्ना मनीसजिणेचें खोलायेन निरिक्षण करता आनी त्या मनशाचे सामाजीक नदरेन मोलावणी करीत ती जीण आपल्या साहित्यांत मांडटा तेन्ना त्या साहित्याक वा कथेक खाशेली उंचाय येता.

समाजशास्त्रज्ञ डॉ. विलास संगवे हे आपल्या समाजशास्त्र2 ह्या ग्रंथांत मनशाच्या सामाजीक वर्तनाचो खोलायेन विचार मांडटा. मनीस समाजांत कसो वागता, तो तसो कित्याक वागता ताच्या त्या वागपाचेर बंधना आसूंक जाय जाल्यार ती कश्या स्वरूपाची आसूंक जाय आनी तांचो समाजाचेर आनी तातूंतल्या व्यक्तिंचेर कितें परिणाम जाता हाचें वर्णन केलां.

हे नदरेन जेन्ना नज्रेत हांच्या सोदप्रपत्रा खातीर घेतिल्ल्या वेंचीक धा कथांतल्या सामाजीक आशयाचे नदरेन मोलावणी जाता तेन्ना डॉ. विलास संगवे हांच्या समाजशास्त्रीय विधानाचो रूपकार दर घडणुके फाटल्यान पळोवंक मेळटा. ह्याच रूपकाराचे कसवटेर कांय कथा हांगां चर्चेक घेवं येतात. समाजांत वावुरपी जण एकल्याची सामाजीक अपेक्षा आसता. समाजांत मनीस कुटूंब वेवस्थेंत वावुरता. कुटुंबांत ताचो मुखेली आपल्या भुरग्यांक अपुरबायेन आनी मायेमोगान वागयता. पूण 'मृगजळ' हे कथेंतलो नायक जो भुरगे पिरायेचो आसता तो आपल्या मरण आयिल्ल्या बापाय कडेन ह्याच सामाजीक अधिकाराची जाप मागता. ताच्या दरेक उतरांतल्यान ताचो बापूय ताका सामाजीक न्याय दिना हें स्पश्ट जाता. समाजांत असल्यो घडणुको मुखेलपणान दिसतात ज्यो कथाकार मृगजळांत घेता.

'भाड्याची आवय' हे कथेंत कथाकारान समाजांतल्या सुवार्थी आनी गिरेस्तकाये मुखार गरिबांक किकोंत करपाचे वृत्तीचेर भर दिला. आपल्याक भुरगीं जायनात म्हूण गिरेस्त म्हारवाडी आपल्या दुडवांच्या नेटार भाड्याचो कुसवो घेता. शांता ही भाड्याची आवय जिका दोगां भुरगीं आसात आनी तांकां पोसपा पासत तें आपलो कुसवो भाड्याक दिता. पूण जाका ताणें तो भाड्याक दिल्लो तो म्हारवाडी आपलें भुरगें व्हरचे आदींच काळजाच्या आताकान भायर पडटा आनी तें भुरगें शांताच्या गळयांत पडटा. ज्या कारणाक ताणें भाड्याची आवय जावपाची जापसालदारकी घेतिल्ली त्याच कारणांत अशे तरेन भर पडिल्ली पळोवंक मेळटा. ताचे हे अवतिकायेचो भार समाज घेना.

'चेडयेची धूव' हे कथेंत एका निश्पाप भुरग्याचे तकलेंत समाज आपली विकृत मानसिकताय कशे तरेन भरता आनी ताची हांसपा खेळपाची जीण कशी उध्वस्त करता ताचें उदारण पळोवंक मेळटा. सत जाणून घेना आसतना समाज कशे तरेन हेरांची मनां भ्रश्ट करतां तें हांगां पळोवंक मेळटा.

'चामादोराचो पूत' हे कथेंतूय समाज नवे पिळगेक स्वतंत्र विचार करूंक दिना. चामादोराचो पूत सिरील आपूण शिकून व्हड मनीस जावपाची सपनां पळयता आनी ते नदरेन प्रयत्नूय करता. पूण ताचो बापूय जो चामादोराचें म्हणल्यार मेल्ल्यां पासत शिमितरींत फोंड काडपाचें काम करतालो तीच परंपरा ह्या भुरग्यानूय चलोवंची असो समाज पारंपारीक हट्ट धरतां. पाद्री

सारको जाणवाय आशिल्लो समाजांतलो शिक्षीत मनीसूय तोच हट्ट धरून रावता. पूण सिरील आपल्या मना प्रमाणेंच निर्णय घेता.

ही घडणूक सगळ्या पारंपारीक व्यवसायां भितर दिसून येता. गोंयचो कथाकार डॉ. प्रकाश पर्येकार आपली कथा वर्सल3 हातूंतय मधू ह्या पात्राच्या रूपान समाजाची परंपरा पयस मारून नवी परंपरा सुरू करूंक पळयता.

कुटूंब वेवस्थेंत कुटूंब होय समाजाचो घटक आसता. 'डाडा परत काजार जाता' हे कथेंत जाणटे पिरायेर आशिल्लो एकसुरो मनीस आपली घरकान्न भायर पडल्या उपरांत आपले आदलींचे मोगिके कडेन काजार जावंक पळयता. ती विधवा आसता. तरणेपणार तांच्या काजराक विरोध करता तें कुटूंबूच सकयले आनी वयले जातीच्या भेदा खातीर. पूण आतां तो भेद करपी लोक नासले तरी तांचीं भुरगीं समाज कितें म्हणटलो ह्या विचारान तांच्या काजराक विरोध करतात. हे कथेंत सामाजीक परंपरा तकली वयर काडून दोगां जापसालदार आनी जाणकार जोडप्याक सुखां पासून कशें वंचीत करतात हें चित्रायल्लें दिसता.

डॉ. नज्रेत आपले 'दोन मोरनां' हे कथेंत मरियाण आनी किट्ट ह्या दोन वेगवेगळ्या जातिच्या पूण भावाभावां परी जियेतल्या दोन इश्टांच्या आकस्मीक मरणाची खबर बारीकसाणेन चित्रायता. हे दोगूय तरणाटे कश्टकरी आसतात. तांचो वावर आनी मजत पुराय गोलिमार गांवांक जाय आसता. पूण तांचे मरण करपा पासत जे दुडू जाय आसतात ते दिवपाक मात समाजांतलो एकलोय फुडें सरना. तांची मरणां तांच्या बायलांच्या आंगांवेल्या किडूक मिडूक विकून करचीं पडटात अशे तरेन एक सुवार्थी समाज हे कथेंत दिश्टी पडटा.

'मांय रेतिरेक गेल्ली' ही एक डॉ. नज्रेत हांची सामाजीक आशयाची कथा घोवाक तरातरांची दुयेसां आसात आनी ताचे भितरली डायबेटीस नियंत्रणां भायर गेल्या हें ताचे घरकान्नीक खबर आसा. आपले घोवाचें दुयेंस वखदांनी सारकें जातलें हें खबर आसुनूय ती परतून परतून रेतिरेक वता आनी देवूच दुयेंस बरें करतले अशें चिंतून वेळ आनी दुडू व्हगडायता. हाका लागून घरांत भुरग्यांक त्रास जातात आनी रेतिरेच्या भ्रमाक लागून त्या गरीब कुटूंबाची वाताहात जाता तें हे कथेंत पळोवंक मेळटा.

ꙍ

'जुबलेव' आनी 'किडणी दान' ह्या दोनीय कथांचे कथानक लागीं लागीं सारकेंच आसा. जुबलेव कथेंत जुबली सुवाळो आसता आनी त्याच वेळार तो मनोवपाची तयारी करपी सैमन सुवारीस चिंतेस्त जाता. ताचो भाव पिटर किडणी फेल जाल्ल्यान मरणा धडेर आसता. तो मरून आपलो जुबली सुवाळो उरत म्हूण तो जावंचे आदीं भावाक मरण येवंक फावना म्हूण प्रयत्न करता. हातूंत शेवटाक सैमन ह्याच टेन्शनान काळजाचो आताक येवन हातुणार पडटा आनी जुबली सुवाळो उरपाक ताचो भाव न्हय जाल्यार तोच जापसालदार थारता.

दुसरी कथा किडणी दान, हे कथेंत रोशनाची आवय किडणी फेल जाल्ल्यान दुयेंत आसा. ती किडणी दोनराची वाट पळयता. पूत रोशन एक किडणी दिवंक पळयता पूण ताची व्हंकल शालेट ती दिवंक विरोध करता आनी काजार जावंची ना म्हूण धमकायता. तेच चिंतनेंत रोशन मोटरसायकलीन वतना अपघातांत सांपडटा आनी मरचे आदीं आपले मांयक किडणी दिवन तिका सालवार करता. ह्यो दोनीय कथा समाजांतलो चुकिचो विचार आनी दैववाद हाचेर भर दिवन बरयल्यात. जुबलेव कथेंत घडपाचें आसा तें चुकना आनी किडणी दान हे कथेंत नियतीन बरयलां ताका पर्याय ना अशे तरेचो सामाजीक विचार अधोरेखीत जाल्लो दिसता.

ह्या सोदप्रपत्रा पासत वेचिल्ली निमणी कथा 'सोरय्यागुसतुचे आवयचें मोर्न' हे कथेंत आलीसबाय वर्सभर मांन्द्रेर वळवळटा आनी गुसतू तिचें सगळें करता. ते पासत तो कश्ट करून जोडटा आनी आपली तकालस काडूंक इल्लो सोरोय पियेता. आपले आवय पासत जागरणां केल्ल्यान गुस्तुचें दोळे तांबडे जाल्ले आसतात. पूण पाद्री सयत सगल्यांक सोऱ्याक लागून ताचे दोळे तांबडे जातात असो गैरसमज करून ताका हिणसायतात. आवयच्या मरणा उपरांत तिचें मरण करूंक पयशे खंयच्यान हाडप हे चिंतेंत गांव आसतना पाद्री गुस्तुच्या गिरेस्त भावाक मुंबयच्यान आपयता आनी लोकांक मोठेपण दाखोवंक तो दबाज्यान मरण करता. गुसतून इतलीं वर्सां काडिल्लें आवयच्या त्रासांची दखल कोण घेना. ताचेंच दुख्ख गुसतूक आवयच्या मरणा परस चड जाता. अशी ही कथा गिरेस्तकायेक भुलपी समाजाचें बारकायेन चित्रण करतां. ताच्या ह्या कथांनी समाजाचें पुराय दर्शन घडटा.

कथाकाराच्या वाठारांतल्या समाजाचें विस्कळीतपण

कथाकार डॉ. नज्रेत हे जरी कोंकणी मनीस आसले तरी तांचे सामाजीक वातावरण कन्नड भुंयेंतलें आसा. तांचेर कन्नड संस्कृताय, कन्नड सामाजीक रचणाय आनी एकंदरीत कन्नड परिवेश हाका लागून तांची निजाची कोंकणी संस्कृताय कन्नड संस्कृतायेच्या प्रभावाखाल चेपिल्ली जाणवता. कन्नड परिसराच्या प्रभावांत भरसून गेल्लो हो मुळचो कोंकणी समाज विस्कळीत समाजजीण जियेता हाची तांच्या दरेक कथेंतल्यान दिश्टी पडटा.

ह्या प्रपत्रा पासत वेंचून काडिल्ल्या कथांच्या आदाराचेर हे संबंदी नियाळ करीत जाल्यार हो समाज कशे तरेन आनी कित्याक लागून विस्कळीत जाला ताचो सोद कथाकार घेवपाचो यत्न करता म्हणपाचें अदीं मदीं जाणवता. दरेक कथेंतल्या घडणुकांत नात्यां नात्यां मदली वितुश्टताय, दुबाव, कुन्नाटकाय आनी मोगाचो तशेंच आपलेपणाचो उणाव कथांतल्या समाजजिवनांत दिश्टी पडटा. सोरो आनी अमलीपदार्थ वा आनी कसल्या अमलांत कथेंतलें एक तरी पात्र दिसता. घरांतलो कोण तरी एकलो आपली जल्मभूंय वा गांवभूंय सोडून गल्फांत वा आनीक खंय तरी पोट भरूंक गेल्लो आसता. ह्यो सगळयो गजाली मृगजळ कथा संग्रहांतल्या भोवतेक कथांनी खंय ना खंय दिसतात. हो विस्कळीत समाज फकत डॉ. नज्रेत हांच्या कथांनीच दिसना जाल्यार त्याच वाठारांतल्या कोंकणी कथा–कादंबरीकार एड्वीन जे. एफ. डिसौझा हांच्या 'काळें भांगार' 4 हे कादंबरींतूय अश्या प्रकारचो विस्कळीत समाज दिश्टी पडटा. मूळ कन्नड लिपयेंतली ही कादंबरी देवनागरींत हाडून ती गोवा कोंकणी अकादेमीन उजावडाक हाडल्या. हे कादंबरीचे प्रस्तावनेंत तेन्नाचे अध्यक्ष पुंडलीक ना. नायक बरयतात, "काळें भांगार मंगळुरांतल्या कोंकणी लोकांची परिस्थिती दाखयता. जावं गोंय जावं मंगळूर जो जो कोंकणी लोक आखाती देशांत गेलो आनी तांगेल्या जिविताचेर जो बरो वायट परिणाम जालो तांचें एक समग्र अशें चित्रण कादंबरींत आयला. "

कथाकाराक कथेचो विस्तार करतना विशय आनी आशयाच्या संदर्भांत आपल्या भोंवतणच्या समाजाचें भान आशिल्ल्यान तांच्या कथांनी आपणें अणभवल्लो समाजीक विस्कळीतपणा ते नोंद करतात.

कथाकाराची समाजा कडेन पळोवपाची नदर

कथाकार डॉ. नज्रेत समाजभान बाळगून आदर्श समाजाची अपेक्षा बाळगून आशिल्लो एक आघाडेचो कथाकार तांची समाजा कडेन पळोवपाची आपली अशी एक नदर आसा. कोंकणींतले

ꣳ

एक परखड समिक्षक आपल्या ‘क्ष: समिक्षेंतलो’ ह्या समिक्षे वयल्या ग्रंथांत कोंकणी कथेक लागिल्लो एक नवो सोद ह्या लेखांत म्हणटात, “संस्कृताय आनी साहित्य हीं एकामेकाक पोसवण दीत आसाता. ”5 तांचें हें मत डॉ. नज्रेत हांच्या कथां विशीं प्रमाण थारता. तांचो समाज भुरग्यां कडेन आपलेपणान, मायेमोगान चलपी आसा. भुरगी पिराय नवे नवे प्रस्न घेवन फुडाराचीं पावलां मारता. तांच्या दरेक प्रस्नांक खरी खरी जाप दिवपी आनी ह्या भुरग्यांक आदर्श समाजाच्या फुडाराचे खांबे करपाचे नदरेन कथाकार ह्या भुरग्यांचें नाजूक विश्व आपल्या खुबश्या कथांनी चित्रायतात. देख दिवंची जाल्यार मृगजळ कथेंतलो भुरगो, चेडयेची धूव कथेंतलीं सुशिला आनी फेड्डी, मांय रेतिरेक गेल्ली हे कथेंतली जेन्नी आनी ताची भयण आदी.

हीं समाजांतलीं आतांचीं माणकुलीं भुरगी फुडाराक समाजाचे आदर्श नागरीक जातलीं. तीं तशीं जावचे पासत तांचे कडेन आवय बापायन वा समाजांतल्या हेर घटकांनी बरे तरेन आदर्श रितीनूच वागूंक जाय अशी कथाकाराची नदर आसा. तशेंच समाज परंपरा आनी हेर गजालींनी घुस्पला. तातूंतल्यान भायर सरूंक तो तयार ना. ताका लागून समाजाची उदरगत जावंक पावना अशें कथाकाराक दिसता. देखून तो समाजांतलीं सोरो पियेवपी, अंमाल सेवन करपी पात्रां, तांचीं दुर्येसां, तांची समाजघातक वर्तणूक सोदून तांच्या चित्रणांतल्यान कथा रचता आनी समाजाक जागो करपाचो यत्न करता. ताची समाजा कडेन पळोवपाची तांची नदर आदर्शवादी आसा देखून तांकां समाजांतल्या वायट प्रवृत्तीच्या लोकांचो सोद घेवन तांची ही प्रवृत्ती अधोरेखीत करपाची आसा अशेंय म्हणूं येता.

## निश्कर्श आनी समारोप

डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांच्या देवनागरींत लिपयांतर केल्ल्या मृगजळ ह्या कथा संग्रहांतल्यो वेंचीक धा कथा सामाजीक संदर्भाचे नदरेन विचार करपाक हांगां घेतल्यांत ताचो निश्कर्श मांडटना तांच्या ह्या कथांनी कांय म्हत्वाच्यो घडणुको अधोरेखीत जातात. ताचे वयल्यान जो निश्कर्श समाजान वा वाचप्यांनी गांभिर्यान काडूं येता तो म्हणल्यार समाजांत खंयच्याय धर्माचें, खंयचेय जातीचें, खंयचेय परिस्थितींतलें भुरगें हें निर्व्याज, निरागस आनी गिन्यान सांठोवन दवरपाक धडपडपी आसतात. तांकां भ्रश्ट करपी समाज आसता. समाजान भुरग्यां कडेन शादुरकायेन रावन तांकां घडोवपाचें आसता. दुडू करपाचे खर इत्सेन सामाज आपली खुशालकाय

व्हगडावन बसता. व्यसनां तांची जीण पोखरता. ताका लागून पुराय घराब्याचेर ताचो असर जाता. त्या पासत एक आदर्श समाज निर्माण जातलो जाल्यार समाजांत आपले भितर खूब मर्यादा घालून घेवंक जाय. अंधविश्वास आनी परंपरेच्या नांवांन भडवोचार आपणावप हें समाजाक लागिल्लें दुशण असो निश्कर्श ह्या प्रपत्राचो समारोप करतना काडूं येता.

**संदर्भ ग्रंथ**

1. नज्रेत, डा. एडवर्ड एल. मृगजळ. मुंबय: आशावादि प्रकाशन, एप्रील, 2024.

2. संगवे, डॉ. विलास. समाजशास्त्र. 35 सी ताडदेव रोड, मुंबई 34: पॉप्युलर प्रकाशन, मार्च 1972. पान क्र – 95.

3. पर्येकार, प्रकाश. वर्सल. पाजीफोंड, मडगांव–गोंय: जाग प्रकाशन, 2021. पान क्र. 178–184

4. डिसौझा, एड्वीन जे. एफ. काळें भांगार. पाटो कॉलनी, पणजी–गोंय: गोवा कोंकणी अकादेमी, 2013. पान क्र. 4.

5. कानोळकार, डॉ. बाळकृष्ण. क्ष: समिक्षेंतलो. तुयें, पेडणें–गोंय: परा– प्रतिमा प्रकाशन, मार्च 2008. पान क्र. 94–95.

# चित्रीत जावपी नातें–संबंद



– डॉ. रेश्मा अमीत खोलकार

**सार– संक्षेप:**

नातें हें नाजूक धाग्यावरी आसता जितलें ताणटा तितलें तें तुटपाचो भंय आसता. डिवोर्स, सो–याचें व्यसन, शिंदळकी व्यवसाय हाचो भुरग्यांच्या मानसीकतायेचेर विपरीत परिणाम जाता. विभक्त कुटुंब जरी पयशिल्ल्यान दिसपाक बरें दिसलें तरीं तातूंत संस्कारांचो अभाव आशिल्ल्याचो जाणवता. नात्यांत जेन्ना इबाड जाता, तेन्ना हे वायट परिणाम दिसपाक लागतात. ह्याच वाडट्या समस्यांचेर आपल्या कथांवरवीं लेखकान बोट दवरपाचो यत्न केला. म्हणुनूच संयम, विवेक आनी विश्वास सारकिल्यो भावना जागृत करप तितल्योच गरजेच्यो आसता. ज्या मनशाभितर संयम, विवेक आनी विश्वास हांचो समन्वय साधिल्लो आसता, ताचेभितर मानसीक ताण पेलपाची शक्त सहज निर्माण जाता. ताचें मन भंयान व्याकूळ जायना. तो आपल्या विश्वासाच्या बळग्याचेर कठीणांतल्या कठीण प्रसंगांक तोंड दिता. डॉ. ऍडवर्ड नाजारेथ हांच्या कथांनी चित्रीत जावपी नातें–संबंदांचो आपरोस हांवें म्हज्या प्रपत्रांत मांडला.

**मृगजळ कथाझेल्यांत आस्पाविल्ली मद्यासक्ती** (Alcoholism) आनी पात्र–संबंद

सोऱ्याचे व्यसन हें एक सामकें भिरांकूळ व्यसन जाका लागून कितल्याश्याच कुटुंबांतले संबंद इबाडटात आनी उध्वस्तूय जातात. ह्याच सोऱ्याच्या व्यसनाक लागून मनशाच्यान भिरांकूळ वागूं येता. जें स्वताक तशेंच हेरांक घातक थारू येता. सोऱ्याचो वायट परिणाम म्हळ्यार मनीस पोशारूच जायना तर ताची विचार करपाची शक्त, भावना, उमेद, शारिरीक शक्त, मनशां सगलेंच ताचे पसून पयस वता.

"ई. एम. जेलींक हाच्या मताप्रमाण सोऱ्याच्यो चार पायऱ्यो आसात. पयली म्हणल्यार प्री आलकोहोलीक, दुसरी प्रोड्रोमल, तिसरी क्रुशीयल आनी चौथी क्रॉनीक पायरी. "1 पयले पायरेंत मनीस "समाजांत लोकां वांगडा तांकां वांगड करूक घेता. उपरांत सोरो घेतिल्ल्यान आपलो ताण उणो जाता हें पळयता. आपूण सुरवातीक घेतालों ताचे परस चड पचोवं येता हें मनशाक कळिल्ल्यान तो आनीक घेता. दुसरे पायरेंत केन्ना आपूण फुडें घेतलों हाची

चिंता जाता. पूण तो सोऱ्या बद्दल संवाद सादूंक सोदिना. लिपोवन घेवपाक सोदता. मनशा–

——————

क मदींच कांयच उगडास येना अशें जावं येता. तिसरे पायरेंत सोऱ्याक लागून घरदार लेगीत सोडपाची ताची तयारी आसता. खंयच्याय वेळार एकटोच रावून भरपूर पियेवप. चवथे पायरेंत मनशाचो आपले वागणुके वयलो ताबो सुट्टा. सोरो घेना जाल्यार हात पांय थरथरूक लागतात देखून तो सोरो पियेता. हाकाच क्रॉनीक सोरो अशें म्हणटात. ”2

**क्रॉनीक पांवडो** (Chronic alcoholism)

डॉ. नाजारेथ हांच्या मृगजळ ’कथेंतल्या ‘सो–यागुस्तुच्या आवयचें मरण’ हे कथेंत गस्तु ह्या पात्रा भितर क्रॉनीक पांवडो पायरेची लक्षणां दिसतात: “सकाळींच दोन तोटे पियेनाजाल्यार ताचे हात पांय कांपताले सांजेचें मात बरे पियेतालो” 3 तशेंच “पोलिसांनी तीन पावटीं सोरया भाणा साांगाताच वेल्लो जाल्लान गसतू आसल्लो, सोरयागसतू जाल्लो!” 4 हाचे वयल्यान अशें दिसता, पियेना जाल्यार गुस्तुचे हात पांय थरथरतात. हे कथेंत लेखक डॉ. नाजारेथ हाणी सोरो पियेवन धूंद जावपी गुस्तुचें वर्णन केलां. आनी म्हणुनूच सोरो + अगस्तु = सो–यागुस्तु असो जुस्त माथाळो दवरला. आनी आपली बायल आलीस बायकूय ताणे सोरो पिवपाची संवय केल्ली आसता. शेताचें काम करपाची उमेद गुस्तूक खूब आसता पूण कोणाच्याच वाटेक तो केन्नाच वचनासता. अशा मनशांक जे सोरो भरपूर पियेतत तांकां कोंकणींत बेबदो हें उतर वापरतात. भाड्याची आवय हे कथेंत सो–याचो उल्लेख येता. पूण हे कथेंत घोवाची सो–याची खंयची पायरी आसुयें तें कळपाक मार्ग ना. घरांत गरीब परिस्थीती निर्माण जावपा खातीर शांताचो घोव जवाबदार आसता. शांताच्यान घोवाचें सोऱ्याचें व्यसन सोसूंक जायना आशिल्ल्यान आवयगेर येवन ती रावता. आनी थंयच तिका हॉस्पिटलांत वावराडिचें काम मेळटा. आपली आवय आनी दोन चलयांच्या पोटाक घालपाखातीर भाड्याची आवय जावपाचो निर्णयूय ती घेतना दिसता. देखीक “एक वरस रावोन भाड्याची आवय जाल्यार जेवन खावन देड लाक रूपय दितात ” 5

मृगजळ कथाझेलो: मरणाचें सांवट आनी आत्म्याच्यो वेदना अणभविल्ल्या नात्यांतलो संबंद.

युतनेसिया म्हणल्यार दयामरण. हे कथेंत दान्येलामाक दुयेंस आशिल्ल्यान ताचो आत्मो ती कूड सोडपाक तळमळटा. तेन्ना दान्येलमाची तडफड कुडीक जावपी यातना पयस करपा खातीर सेल्लि टिचरीक दान्येलामाक वीख दिवपाचें सोडून हेर खंयचीच वाट उरना तेन्ना ती दूतऱ्याचीं फळां खुटून तीन खेपो दान्येलमाक दिवपाची खटपट करता खरी पूण सेल्लि

टिचरीचें अंतस्कर्ण तिका तशें करपाक दिना. देखीक "वीक दीनाका' तिचे अंतसकर्न तिका सोडिना जालें." 6 डॉ. सिग्मंड फ्रॉयड म्हण्टात "ज्यो गजाली आमकां जगाची जाणविकाय करतात तांकां कॉन्शसनॅस वा जाणविकाय अशें म्हणूं येता. "7

निमणे मेरेन सेल्लि टिचरीची जाणविकाय वा कॉन्शसनॅस तिका दान्येलामाचो प्राण घेवपाक दिना आनी दान्येलामाचो प्राण स्वताच ताची वेदनामय कूड सोडपांक जैत जोडटा. दोन मरणां, एक मूट माती, सोरयागुसतुचे आवयचे मोर्न, मरणाची तयारी, सारकिल्यो कथा मरणाचो नकारात्मक सूर घेवन येतात. मरणाचें वातावरण कथेची गरज म्हणून येतना लेखकान 'विजा तयार करप', 'चिमणी पुक्क जावप' 8 सारकिले वाक्–प्रचार वापरल्यात. तशेंच मरणाची तयारी हातूंत "तथास्तु" ह्या संस्कृत उतराचो उल्लेख येता. जी भारतीय संस्कृतायेची बुनयाद आसा. 'ततू' आनी 'अष्टु' ह्या दोन उतरांचें मिश्रण म्हणल्यार तथास्तु. ततू म्हणल्यार 'करप' आनी अस्तु म्हणल्यार 'घडप' म्हणून हाचो अर्थ 'तुमच्या इत्सेप्रमाण घडप असो जाता' घरांत जेन्ना आमी सकारात्मक उलयतात तेन्ना वातावरणूय सकारात्मकूच जाता. देखीकः "एकेकपावटी आमी माग्ताना देव असत् म्हणता खंय" 9

मरणाची तयारी हे कथेंत दान्येल ह्या पात्राक मरणाचो भंय दिसना म्हणलें तरी सगळयांत चड मरणाचो ताका दिसपाक लागता. हाका old age depression म्हणल्यार म्हातारपणाक लागून आयिल्लें उदासपण म्हणचें पडटलें. उदासपणाचीं लक्षणा सांगचीं जाल्यार, दिसपट्टे जिणेंतले मानसिक ताण भंय चिंता वा कसलोय आघात हाका लागून ते येवं येता. म्हातारपण जाल्ल्यान न्हिद येनासप, भूक लागनासप, मरणाचेंच विचार येवप ही लक्षणा दान्येल ह्या पात्रा भितर दिसतात देखीकः 'तो भलायकेंत सदांचेपरिच आसा. मोरनाची गिरांत लागल्या दिसता". 10 पूण निमणेकडेन दान्येल ह्या पात्राची घरकान्न सेल्लिबाय कॅन्सर जाल्ल्यान ती संसाराक अंतरता आनी दान्येल हाका आपल्या फुडाराची परत एकदा चिंता लागून उरता.

## मृगजळ कथाझेल्यांत आस्पाविल्ले कांय मनोविकार

ओमाय चेडियेची धूव ह्या कथेंतल्या पात्राभितर (Hoarding) साठोवणी आशिल्ल्याचें जाणवता. कारण तीणे पेन्सिलीची बारीक जाल्लीं तोकां सुद्दां सांबाळून दवरिल्लीं दिसतात. मनशा भितर जेन्ना अशी भावना आसता जे आपल्याकडेन आसा तें कमी आसा तेन्ना अशे तरेचीं साठोवणी करप जाता. देखीकः "अरदी फूटल्ली स्लेट आनी मोडल्ल्या कड्डेंचे

कुडके जमवन दवरल्ली ओमांयची परनी पोती" 11 'इमाज' हे कथेंत अचर्यां घडोवपी सांत आंतोनीचो उल्लेख येता. जंय चामादोर चार्ली ह्या पात्राक निराशा येता आनी तो नास्तीक जावपाक प्रवृत्त जातना दिसता. चार्ली ह्या पात्राच्या जीणेंत जेन्ना अर्थीक परिस्थीतिक लागून दुबळेपण येता आनी आपल्या मनाप्रमाण गजाली घडनात तेन्ना तो देवाक दोश दिता. हाका projection प्रक्षेपण म्हणचें पडटलें. अहंकाराची राखण करपाखातीर आपले उणाव, चुको आनी दुर्भाग्य हेरांक लागून करप म्हणल्यार प्रक्षेपण. नकारात्मक भावनांचो अणभव घेवपी आनी आपल्या भावनांचेर नियंत्रण दवरपाक असमर्थ आशिल्यान दुस–यांक दोश दिवप चड प्रमाणांत दिसून येता. प्रक्षेपण चड काळ मनशान मनांत बाळगून दवरल्यार नात्याभितर वा देवावेले श्रद्धेंत वेर येवपाक वेळ लागना. हेंच चमादोर चार्ली ह्या पात्राभितर जाल्ले दिसता. देखीक:"म्हाका कामांतलें काडिनाशें राक म्हण मागलें. सांत आंतोनी तेंय आयकालोना. "12

**मृगजळ कथाझेलो: भुरगें आनी पालकत्व**

जॉन बाऊलबाय हांच्या मताप्रमाण: "भुरगें जेन्ना रडटा, किळच्यो मारता तेन्ना तें आवयन आपल्या कडेन लक्ष दिवचें म्हणुनूच आसता. अशा वेळार जर भुरग्याक आवयचो मोग मेळत जाल्यार ताका आपूण सुरक्षीत आसा अशें दिसता. ह्या काळांत जर ताका मोग मेळूंक ना जाल्यार ताका बरीच मानसीक अस्थीरताय भोगची पडटा. "13

**पालकत्व शैली:**

निश्काळजीपण बाळगुपी पालकत्व शैली (Uninvolved parenting)

मृगजळ हे कथेंत बापूय पियेवन आयिल्ल्यान भुरग्याक बापायचो भंय दिसता. बापायक भुरगो (तो) मृगजळ म्हण्टा. देखीक: "तू म्हजो पाप्पा म्हळ्ळी गजाल म्हज्या जिवीतांत फकत एक भ्रमीद जाल्ली. तू एक मृगजळ म्हळ्ळो अनबोग आसल्यारयी परत परत तुजे सरशीं येवंक लालेवन हांव पस्वोन पडतालो" 14 लेखक नाजारेथ हाणी मृगजळ हो माथाळो जुस्त पालक आनी भुरग्याच्या नात्याकडेन सुंदर रितीन जोडपाचो यत्न केला. 'तो' ह्या पात्राचो बापूय आसून सुद्दां ताचे खातीर नासता. जशें वाळवंटात केन्नाकेन्ना आमकां पयशिल्ल्यान उदकाचें तळें दिसता पूण लागी गेल्या उपरांत तातूंत उदकूच नाशिल्याचें जाणवता. अशेच तरेचें नातें बापूय आनी भुरग्याच्या जिणेंत आसता. ह्या कथेंतल्या बापायक भुरग्यान स्वता वयर सरचें अशें दिसता. भुरग्यांक बरी देख, ताची जतनाय घेवंक वा मार्गदर्शन दिवंक बापूय पावना. हांगा पावना म्हणचे परस जैवीक बापूय नाशिल्ल्यान बापूय मुद्दाम आपल्यावेली जवाबदारी फाफुडटा अशें म्हणचें पडटलें. जेन्ना

भुरग्याक तो आपलो जैविक बापूय न्हय हें जाणवता तेन्ना आपलो पालक आशिल्ल्याचो भास जालो, तरी तो आपल्याखातीर बापूय ह्या नात्यान फकत एक भ्रम आशिल्ल्याचें ताका जाणवता. आनी ताची बापायवेली माया रक्तदान करचे पयलींच आटता. माय रितेरीक गेल्ली हे कथेंत माय आनी बापूय हांच्या भितर सो–याक लागून वाद जाल्ल्या कारणान ती घरांत रावपाक सोदिना. पप्पा हें पात्र सोरो पिता तेन्ना माय विट्टा आनी घोवा–बायलेच्या नात्यांत दरी निर्माण जाता. पूण अशे तरेन वागताना ती भुरग्यांचो विचार करपाक विसरता. आनी भुरग्यांकडेन सामकी निश्काळजीपणा करता. तातूंत पप्पाक गोडेमुताची भर आसता. देखीक "आता मायक आमचे विशीं चितूंक वेळ सुद्दा ना. "15 माय रितेरीक गेल्ली हे कथेंत सुरवातीक मायन आपणायिल्ली पालकत्व शैली जी अधिकारपूर्ण आसता पूण काळांतरान ती शैली घोवाच्या व्यसनाक लागून बदलता आनी माय भुरग्याबाळांची परिक्षा सोडून रितेरीक वचूंक लागता. तिचें पालकत्व निश्काळजीपण बाळगुपी पालकत्व शैलींत परिवर्तीत जाता. व्हडले भयणीक घरांतलें काम तशेंच बापूय बरो नाशिल्ल्यान भायलें भितरलें सगळेंच काम करचें पडटा. देखीक "म्हाका परीक्षा आसल्या दिसांनी सांजेर वेंगी येवन म्हजें लिसांव शिकयताली. तेदना हांव क्लासिंत पयलें/दुसरें स्थान जोडतालीं. जेन्निच्या नशिबांत मांयन शिकंवचे बरवंकच नासल्लें दिसता. "16

**अधिकारपूर्ण पालकत्व शैली.** (Authoritative Parenting)

चेडियेची धूव हे कथेंत ओमाय (आजी) आनी भुरग्याभितर आशिल्लें पालकत्वाचें नाजूक नातें वायट दिशेन गेल्यार मार तशेंच ब–याक इनाम अशी ही शैली ओमाय आपणायता. ओमायक मागीर मारिल्ल्याचो पश्चाताप जावप हो आपुलकीचो बंध हांगां लेखकान नकसुदपणान मांडला. देखीक "चोवकेंतल्या आड बांकाचेर बूक दवर्न मनकेलस करतेल्या म्हजें मातें पोशेवन 'दुकलेंयेरे पेड्डे' म्हण्टाली ओमांय" 17

एक मूठ माती ही कथा एक दूखद स्वर घेवन फुडें येता. 'ती' हें पात्र आरोन ह्या पात्राच्या मोगान पडून काजार जाली तरी आरोन आनी 'ती' ह्या पात्राचो डिवोर्स जाता. डिवोर्स जालो तरी दादल्या परस चड फरक बायलेक पडटाना दिसता. ह्या पात्राची जोडिदाराभितर विसंगत आशिल्ल्यान तांच्या काजाराक यश येना. तांचें काजार फक्त स म्हयने टिकता. आनी तातूंत शेरलाचो जल्म जाता. आनी ती हे पात्र एकल पालक (single parent) आसुनूय ती शेरलाप्रती अधिकारपूर्ण पालकत्वाची जवाबदारी बेस बरे तरेन निभायताना दिसता.

**स्रीत्व: मातृत्वाचीं विविधांगी रुपां**

ꙍ

भाड्याची आवय, चेडयेची धूव, आंकवार आवय ह्यो कथा मातृत्वाच्या विविधांगी रूपांकडेन निगडीत आसात. भाड्याची आवय कथेंत लेखक नाजारेथ हांणी शांता ह्या गरीब दुबळ्या परिस्थितीच्या विळख्यान सापडिल्ल्या पात्राचें संवेदनशील वर्णन केलां. अशें म्हण्टात बायलेचो जल्म आवय जाल्या बगर अपूर्ण आसता. पयशांक लागून जरी गर्भाशय भाड्याक दिलो तरी णव म्हयने गर्भाशयांत भुरग्याचें संगोपन करताना स्त्रीक त्या गर्भाची ओढ निर्माण जावप साहाजीक आसता. 28 वर्साच्या शांता सारकिल्ल्या बायलाचेरुय अशेच तरेचो प्रसंग येता.

हांगां लेखक नाजारेथ हाणी नकळत तीन आवयांच्या मनस्थितींच्या विविधांगी रूपांच्या पाय–यांचेर भाश्य केलां. पयली आवय जिचो घोवाच्या विर्याकडेन संभोगावरवीं संबंद येता. दुसरी आवय जिच्या कुसव्यांत गर्भाशयाचें बीज मुद्दाम जावन दोतोर पेरतात. तिसरी आवय जिणे आपल्या घोवाचो वंश वडोवपा खातीर दुसऱ्याच्या कुसव्याचो आदार घेतिल्लो आसता. तिनूय स्थितींतल्यो आवयों आपल्या जाग्यार सक्षम आनी वेगळ्यो आसताच पूण स्वताच्याच कुसव्यांत स्वताचे भुरगें वाडोवपी एका आवयची भुरग्याप्रती ओढ तीव्र आनी संवेदन संपूर्ण आसता. पूण तेंच जेन्ना शांता सारकिलें पात्र जिच्या गर्भाशयाचो आदार गर्भ संगोपनाखातीर घेतिल्लो आसता. तिची दुदान भरिल्ली स्तना भुरग्याक ताच्या आवय बापायच्या सुवादीन करपाचो दीस लागीं आयलो तरी तिका भुरगें दिवपाचे प्रक्रियेंतल्यान आपसूक फाटीं ओडटा. देखीक "भाड्याच्यो आवयो खंय बाळश्याक घेवन धांवतीत म्हळ्ळी चत्राय.... सेंटरांतयी आसल्ली. "18 गर्भधारणा ते भुरग्याचो जल्म जाय मेरेनचो प्रवास तातूंत भुरग्याच्या यादीन गळपी स्तना शांताच्याय मनात भुरग्याप्रती ओढ निर्माण करता खरी, पूण भाड्याचो गर्भ दिवपी बापूय ऍटेक येवन मेल्ल्यान ताच्या बायलेकूय भुरग्याप्रती ओढ उरनाशिल्ल्यान, तें भुरगें शांताकूच उरतलें हें कळनाफुडें जाय जाय दिसपी भुरगें शांताकूय वजें जाता आनी तें घुंवळ येवन पडटा. ह्या कथेवरवी लेखकान एका व्हड जिणेच्या आवयपणाच्या तत्वाक हात घाला. शांताच्या समोर जेन्ना सत्य परिस्थीती येता तेन्ना ती बदलता आनी तिका फुडाराची चिंता लागून उरता.

आंकवार आवय ह्या कथेंतूय सिलवी हें पात्र भुरग्याक आंगावयलें दूद दितना एक अपरूप मोग अणभवता. स्तनपान केल्ल्यान बंधन वाडटा हांचें एक मुखेल कारण म्हणल्यार काती–कातीच्या संपर्कातल्यान आवय आनी भुरग्याच्या सकारात्मक हार्मोनल क्रियेची वाड जाता. होच बदल आंकवार आवय आसली तरी सिलवी ह्या पात्राभितर जाणवता.

शिंदळकीचो वेवसाय करपी वा लैंगीक कामाक कलंक मानिल्ल्यान बायलेचेर शिंदळकी करपाची परिस्थीती मुद्दम वा बळजबरीन कशीय येवं, अशा वेवसायांत वांटो घेवपी व्यक्तींक अशा कलंकाक लागून जावपी परिणामांचो भार सोंसचोच पडटा. आनी तांकां जावपी भावनीक, मानसीक लैंगीक वा शारिरीक आघाता बरोबर भेदभावाकूय तोंड दिवचेंच पडटा. ओमाय आपलो नातू जेन्ना अशा पात्राकडेन उलयता आनी तांगेर वता तेन्ना अशे तरेचो मानसीक ताण अणभवताना दिसता.

**निश्कर्श:**

ह्या कथाझेल्यांत चडश्या पात्रांच्या नावांची पुनरावृत्ती जाल्ली जाणवता. कथा जरी वेगळयो आसल्यो, कांय प्रमाणांत सुरवातीक सकारात्मकतायेकडेन ओडटाना दिसल्यो तरी, डॉ. ऍडवर्ड नाजारेथ हांच्या कथांनी निराशा मोठ्या प्रमाणांत आशिल्ल्याची जाणवता. डॉ. नाजारेथ हांचो कथाझेलो मरणाचो नकारात्मक विचार मोठयाप्रमाणांत मांडटाना दिसतात. तशेंच तांच्या कथाझेल्यांत मरणा उपरांतचे हिंदू– क्रिस्तांवाचें विधीपूर्ण निमणे संस्कार दोन मरणा ह्या कथेंत खोलायेन मांडल्यात. देखीक: 'लांब घांटी मारप' 'आंब्याचें जिवें लाकूड' 'परमळाच्यो काडयो' आदी. तशेंच जेवणांतली तीनूय काळ संस्कारी पेज जेवपाची पद्धत, तशेंच पानपळे, पोळे, नाल्ला रोस आनी आपे अशा निरोगी पक्वान्नांचो उल्लेख चेडयेची धूव हे कथेंत आयिल्लो दिसता.

भारतीय संस्कृतींत मुळांत भुरगेपणांतूच एके चलयेचेर संस्कार करताना तिका मद्यपान करप म्हणल्यार सामके वायट. अशें तिच्या बालमनाचेर कोरातिल्लें आसता. पूण चल्या बाबतींत तशें घडना. चल्यान कितेंय केल्यार ताका मेकळीक आसपाक जाय अशे तरेचो सूर मोटया प्रमाणांत चल्याचें संगोपन करताना जाणवता. म्हणनूच पालकांनी चलयेचें आनी चल्याचें संगोपन करताना नितीक मुल्यां दोगांकूय समान शिकोवप गरजेचीं. मतांतर हे कथेंत राजकारणाक लागून तयार जाल्ले धर्मीक मतभेद व्यक्त केल्यात. आदल्या काळार धर्म जाती हांचो भेद मोटूया प्रमाणांत आशिल्लो जाणवता. लेखक निवेदन करताना म्हणटा "सक्कड हिंदवांच्या घरा वचनातल्ल्याव कोरगारांच्या, म्हारांच्या आनी पंबदांच्या घरा वचनाये" असो उल्लेख करताना दिसता. खंयच्याय नात्यांत मोग आसल्यार तें नातें तिगून उरता. पूण डॉ. नाजारेथ हांच्या कथांनी घोवा बायलां भितर मतभेद जाल्ल्यान मोगाचो अभाव मोठ्या प्रमाणांत जाणवता जी सत्य परिस्थीती आमी वर्तमानांत पळयता आनी म्हणुनूच तांच्या कथांतल्या नात्यांनी वेर आयिल्ली अधोरेखीत जाता. खंयच्याय नात्यांत मनशाभितर संयम, विवेक आनी विश्वास हांचो समन्वय आसल्यारूच तें नातें फुलपाक आनी फळपाक पावता अशेंच म्हणचें पडटलें.

ꙭ

**संदर्भ वळेरी**


- Cashdan, Sheldon: Abnormal psychology: prentice hall, Engle woods Cliffs, New Jersey 1972 Pg. no. 39-40
- डॉ. नाजारेथ ऍडवर्ड: मृगजळ: Kotthapatt series V पान. क्र. 113, 25, 71, 96, 99, 31, 91, 5, 90–92, 30, 26
- Riviere, Joan: Sigmund Freud The Ego & The Id; The Hogarth Press Ltd, London 1927 Pg no. 09
- Jones Susanne M. : The International Encyclopaedia of Interpersonal Communication: December 2015

# धर्म आनी समाजाचें मिश्रीत स्वरूप

– मेगन दे सौजा



**प्रस्थावना**

जे. मिल्टन यिंगर (J. Milton Yinger), अमेरिकेंतले समाजशास्त्री, हांच्या मताप्रमाण, “Religion is a system of beliefs and practices by means of which a group of people struggle with the ultimate problem of human life”. हाचो अर्थ, “मानवीय जिवनांतल्या समस्यांक फुडो करपाक लोकांनी आदार घेतिल्ल्या श्रद्धा आनी कृतीची वेवस्था म्हणल्यार धर्म” . जाल्यार पॅट्रीक एछ. मॅक’ नमारा (Patrick H. McNamara) कॅलफोर्नीया म्हालांतले एक पाद्री अशे म्हणटाले, “Try to define religion and you invite an argument. ” हाचो अर्थ, “धर्माची व्याख्या मांडप म्हणल्यार वादविवादाक आपोवणे धाडप” . जाल्यार हेर जाणकार आप–आपले परीन धर्माविशीं व्याख्यां मांडटात.

‘धर्म’ ह्या उतराचो अर्थ आमका खबर आसलो तरीय धर्माविशीं व्याख्या मांडपाची परिपक्वताय आमच्यांत ना. पूण हय, धर्म हो मानवीय जिणेंतल्या समस्यांक फुडो करपाक आदार दिवपी एक म्हत्वाचो मार्ग थारता. धर्मान दिल्ल्या शिक्षणांतल्यान एखादो मनीस घडटा, ह्या मनशांत मनीसपणाची रुजवात जाता आनी ह्या मनीसपणांतल्यान निर्माण जावपी समाज टिगून उरूंक पावता.

धर्मांतल्यान निर्माण जाल्लो समाज आमी पळयला, पूण तेच बरोबर, एखाद्या समाजांत आसपाविल्ले वेग–वेगळे धर्म लेगीत आमी पळयल्यात. मानवीय समाजाची चर्चा करतना रवीन्द्र केळेकारांचें मत पळोवया, “मनीस सदांच समाज घडोवन रावता. जे लोक एकामेकांकडेन भरसल्ले आसतात तांचो समाज एक आसता” . विचार केल्यार, समाज हो धर्मांतल्यान घडला वा धर्म हो समाजांतल्यान उपजला हाचे फाटलो तर्क काडप भोवच कठीण.

धर्मान निर्मिल्लो मनीस आनी मनशाक–मनीस जुळून तयार जाल्लो समाज हे दोनूय घटक एकरूप जावन जिवन घडयतात. धर्म आनी समाज हांच्या मिश्रणावरवीं आयुश्यांत पुंजायिल्ले

अणभव, तातूंतल्यान मेळिल्लें शिक्षण आनी ताचे पासून आयिल्ली परिपक्वताय हाका अर्थ फाव जाता.

धर्म आनी समाजाचो मानवीय जिणेचेर पडिल्लो सखोल प्रभाव जायत्या भासांनी, जायत्या लेखकांनी आपल्या लिखणेंतल्यान उक्तायिल्लो आसा. ह्या प्रपत्रांत, मंगळूरचे प्रभावी कोंकणी लेखक आनी 2024 वर्साचे पोयणारीचे कथाकार, डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांच्यो कथा घेवन तांच्या कथांनी आयिल्ल्या 'धर्म आनी समाजाचें मिश्रीत स्वरूप' हाचेविशीं चर्चा केल्ली आसा.

डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत, हांणी साबार कथांची निर्मणी करून कोंकणी साहित्य गिरेस्त केल्लें आसा. 5 मे 2024, 'मृगजळ', आशावादी प्रकाशनाच्या 7व्या डिजिटल ऑडियो पुस्तकाचें विमोचन जाल्लें. ह्या पुस्तकांत, डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत, हांच्यांनी रचिल्ल्यो वीस कथा आसपावतात. ह्या कथांचो संदर्भ घेवन हें प्रपत्र तयार केल्लें आसा आनी कथांचेर भासाभास करून धर्म आनी समाज लेखकान कशे तरेन चित्रायला हाचेर भर घातिल्ली आसा.

**मांडावळ**

I. कुटुंब, धर्म आनी समाज

II. मरणा वेळार दर्शायिल्लो धर्म आनी समाज

III. समाजाची विचार सरणी दर्शावपी कथा

IV. निश्कर्श आनी आदारावळ

## I. कुटुंब, धर्म आनी समाज

कुटुंब, ह्या समाज वेवस्थेंतल्या संस्थेचो जल्म धर्मांतल्यान जाल्लो आसा. समाजाचेर नियंत्रण दवरपाच्या उद्देशान समाज हे संस्थेक पाटिंबो दीत आसा. पूण ह्या संस्थेंत आयिल्ल्या आडखळींचो–आडमेळींचो प्रभाव वयक्तीक स्थराचेर कसो पडपाक शकता, मनशाच्या मान्सीकतायेचेर ताचो कसो परिणाम जावपाक शकता हाचे विशीं चर्चा डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांच्यो कथा घेवन केल्या.

1. 'मृगजळ'

क्रिस्ती धर्म शिकोवणेंत कुटुंब हो एक म्हत्वाचो घटक थारता. जेजू, मारीया आनी झुजे, हांचो 'नज्रेतचो पवित्र घराबो' , घराब्याची एक प्रभावी देख म्हूण आमच्या दोळ्या मुखार येता. झुजे आनी मारीयाचें काजार जावचे पयलींच मारीया गरबेस्त कशी जाली हाची जाण झुजेक ꠸

नाशिल्ली, समाजाच्या कानार ही गजाल पडली जाल्यार मारीयाच्या चरित्राचेर दाग पडटलो हें झुजेक होलमल्लें, म्हूण, कोणाकूच ही खबर कळयनासतना तो मारीयाक दिल्लें काजाराचें उतर फाटीं घेवंक सोदतालो. एका अनवळखी बयलेच्या चरित्राची राखण करपाक झुजे फुडें सरिल्लो दिसता. पूण 'मृगजळ' ह्या कथेंतलो बापूय (पाप्पा), आपले बायलेच्या पोटांत आशिल्लो नव जीव आपल्याचो न्हय म्हणपाचें चिंतून त्या भुरग्याक केन्नाच माया दाखयना. आपल्या स्वताच्या रगताक तो वळखूंक विसरता. मनांत उपजल्लें वीख बापायच्या ह्रदयांत विखारी भावनांक रुजवात दिता आनी त्या विखारी भावनांचो एका भुरग्याच्या कवळ्या मनाचेर पडिल्लो परिणाम लेखक ह्या कथेंतल्यान दर्शायता.

2. 'आन'

बापूय–भुरग्याच्या नात्याचें वर्णन करपी आनीक एक कथा म्हणल्यार 'आन' . आन म्हणल्यार बापूय. काजाराच्या साक्रामेंता वरवीं घोव–बायलेच्या मिलनांतल्यान एका नव्या कुटुंबाचो आरंभ जाता. समाजान हो कुटुंब मान्य केल्लो आसता, धर्मांतल्यान ताका एक खाशेली सुवात फाव जाता. पूण ह्या कथेंतल्या कुटुंबांतलो आन आपली बायले आसली तरीय दुसऱ्या बायले वांगडा शारिरीक संबंद दवरता आनी एक नव कुटुंब निर्माण जाता. एकाच दादल्या उदेशीं काजाराच्या संस्कारांतल्यान जल्मल्लो कुटुंब आनी लैंगीक संबंदांतल्यान उपजल्लो कुटुंब लेखक वाचकां मुखार दवरता.

3. 'आंकवार आवय'

आमच्या समाजांत काजार जायनासतना गरबेस्त जाल्ले आवयक मान आसा? ताच्या भुरग्याक रेस्पेदान वागोवपाची तांक आसा? बापूय नाशिल्ल्या ह्या भुरग्याक स्विकारपाची धिटाय ह्या समाजाक आसा? स्वताच्या भंयणीच्या घोवान केल्ले आगळीकेचो परिणाम म्हूण एके आंकवारीच्या कुसव्यांत भुरगें खेळूंक लागता. आपणाचें अस्तित्व थारायिल्लो धर्म आनी तत्वगिन्यानाची शिकवण दिवपी समाज ह्या आंकवारीची फाट सोडटा आनी आवय जावपाचें भाग्य, श्राप जावन, तिच्या वांट्याक येता. अश्या वेळार, मनीसपणाच्या नात्यान धर्मीक सिस्टरींचो कॉन्वॅन्ट ह्या आंकवारीची मदत करता आनी हे आंकवारीक आपले परिस्थितीक तोंड दिवपाक शिकयता.

रवीन्द्र केळेकार, हांचे, 'तुळशी' ह्या नवलिकेंत, तुळशीचो व्हडलो देर (तुळशीच्या घोवाचो भाव) तुळशीचेर आगळीक करता पूण तुळशीक ह्या भयांकृत प्रसंगाच्या चपक्यांतल्यान भायर

ꙍ

सरपाची संद मेळटा, ही संद मात आंकवार आवयच्या नशिबांत येना. आवय ही काजारी जिवनांतल्यान न्हय तर भुरग्याच्या अस्तित्वांतल्यान कशी घडटा हाचें वर्णन लेखक ह्या कथेंतल्यान करता.

4. 'भाड्याची आवय'

आयच्या तंत्रीक युगांतलो 'सर्रोगेट मदर्ज' (surrogate mother) सारकेलो नाजूक विशय लेखक हाताळटा. शरिरांतल्यान आवय जावंक मेळटल्या अस्तुऱ्यांचें वर्णन लेखक करतासतना तांच्या मानसीक स्थरावेलो ताण लेखक उक्तायता. होच विशय आमकां, लक्ष्मण उटेकाराच्या 'मीमी' ह्या हिंदी फिल्मांत हाताळिल्लो मेळटा. मीमींतलें मीमी आनी भाड्याची आवय हातूंतलें शांता सर्रोगेट मदर्ज जातात. मीमी ह्या फिल्मांत, भरगें अपंगूळ जल्माक येतलें ह्या भिरांतेन मीमीच्या पोटांत आशिल्ल्या भुरग्याक ताचे आवय–बापूय सोडून दितात, जाल्यार, भाड्याची आवाय हे कथेंत शांताच्या पोटांत आशिल्ल्या भुरग्याच्या जल्म जातकीर त्या भुरग्याचो बापूय भायर पडटा आनी भुरग्याची आवय आपल्याच भुरग्याक स्विकारूंक नाकारता. अश्या वेळार जाल्ली मीमी आनी शांताची परिस्थिती सर्रोगेट मदर्जाचे संकल्पनेक प्रस्न करता. धर्माच्या आनी समाजाच्या नदरेंतल्यान ही संकल्पना मान्य नाशिल्ल्यान, निश्पाप आंकवार चेडवांचेर जाल्लो अन्याय हांगा दर्शायिल्लो आसा.

5. 'एक मूट माती'

ह्या कथेंत लेखकान मरणाचो विशय हाताळ्ळो तरीय कुटुंबीक प्रस्न हांगा चड उफाळून आयिल्लो दिसता. आपल्या बापायच्या अस्तित्वाची जाण नाशिल्लें भुरगें त्याच बापायच्या मरणाक पावता आनी सताची जाणविकाय नासून मडें मातयेक लावन घरा परतता, तेन्ना ही कथा एका वेगळ्याच स्थरार पावता. 'डिवोर्स' आनी ताचो जाल्लो परिणाम जावं तो घोव–बायलेच्या नात्या संदर्भांत वा भुरग्याच्या जिवना संदर्भात लेखक खूब नकसूद उतरांनी मांडटा.

6. 'मांय रेतिरेक गेल्ली' धर्म हो कुटुंब घडयता, ताका थिरायता आनी ताचें संवर्धन करता. पूण ह्याच धर्मा फाटल्यान मनीस कुड्डो जाता आनी आपल्या कुटुंबाक फाटीं उडयता तेन्ना कुंटुंबाचें जाल्लें निसंटाण ह्या कथेंत लेखकान मांडला.

बापूय हो घराचो खांबो जाल्यार आवय ही घराचो दिवो. भावार्थान कुड्डी जाल्ली मांय दुयेंत आशिल्ल्या आपल्या घोवाक सोडून, आपल्या दोगां सुपुल्ल्या भुरग्यांची चिंती करीनासतना फक्त रेतिरा फाटल्यान धांवपाक लागता. रेतीर हो क्रिस्तांव लोकांचो आपलो भावार्थ थीर करपा

खातीर, देवा कडेन आशिल्लें नातें खोलावपा खातीर घडोवन हाडिल्लो एके तरेचो मेळावो. भावार्थ थीर करपाच्या उद्देशान आनी देवाक लागीं करपाच्या उद्देशान, मनीस आपल्याच सर भोंवतणच्या, आपल्याच घराब्याच्या मनशांक विसरता तेन्ना असल्या भावार्थाचो फायदो कितें म्हणपाचो प्रस्न पडटा. घराचो दिवो काळखांत सांडटा, घराचो खांबो कोसळटा आनी हातूंत भुरगीं कशीं फसतात हाचें वर्णन लेखकान हे कथेंत केल्लें आसा.

**II. मरणा वेळार दर्शायिल्लो धर्म आनी समाज**

मरण, धर्म आनी समाज हांचे मदें आशिल्लें सखोल नातें डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेतच्या कथांनी प्रखरपणान दर्शायिल्लें दिसता. तांच्यांनी आपल्यो कथा क्रिस्तांव समाजाक ध्यानांत दवरून रचिल्ल्यो आसात. क्रिस्तांव धर्माच्या पवित्र ग्रंथांत बरयिल्लें मेळटा, "तूं धूल आनी परत तूं धुलींत वतलय" , हो विचार घेवन लेखकान आपल्यो कथा रचिल्ल्याची अणुभुती जाता. क्रिस्तांव लोकांचो धर्म, मान्यतायो, रिती–रिवाज तांच्या कथांनी झळकतात.

1. 'दोन मोरनां'

दर एका धर्मांत मरणाकार्या वेळारच्यो वेग–वेगळ्यो पद्दती आसता. ह्या कथेंत क्रिस्तांव आनी हिंदू धर्मांतल्या मरणाकार्यांचेर भर घातिल्ली आसा. क्रिस्तांवांच्या मरणा घरांत पाद्रीक आपोवपाची रीत, निरजीव कुडीक धवें खोमीस घालून तिका न्हेसोवपाची पद्दत, कूड घालपाक काशांव, पेटेक घालूंक मोगरे फुलां, मेल्ल्या मनशा खातीर मागणी उबारप, मीस भेटोवप, ताका मात्येक लावप सारकेले रिवाज लेखकान दर्शायल्यात. तेच बरोबर, हिंदू धर्मांतल्या मरणाकार्यांचेर लेगीत लेखकान वाचकांचें लक्ष ओडला. निरजीव कूड केळम्याच्या पाळेत्यार दवरून तिच्या माथ्या कुशीक परमळाच्यो काडयो पेटोवन दवरप, तुळशीची पानां भरशिल्लें उदक तिच्या ताळ्यांत सोडून अंतीम संस्काराची रीत पाळप, नाल्लाची सोण्णां, आंब्याच्या जिव्या लाकडांचो वापर करून सारी आयती करप, मोसूंडेचेर मडें जळयतासतना बायल मनशेक वचपाची परवांगी नासप आनी उजो पेटोवन मड्याक जळोवप सारकेले रिती–रिवाजांचें चित्रण लेखकान केल्लें आसा. मातयेंतल्यान जावं वा उज्याच्या माध्यमांतल्यान जावं, प्रकृतींतल्यान आयिल्लो मनीस प्रकृतीकडेन कसो परतो एकरूप जाता हाचें सोबीत वर्णन लेखकान केल्लें आसा.

2. 'चामदाराचो पूत'

क्रिस्तांव धर्मांत कोणूय मरता तेन्ना ताचे निमाणे संस्कार ताका मातयेक लावन करप जाता. शिमितेरींत फोंड उस्तुवपाक, मडें मातयेंत पुरपाक, तीन वर्सांनी तो फोंड परत उक्तो करपाक

आनी शिमितेरींतली हेर कामां करपाक इगर्जे वटेन एक मनीस दवरिल्लो आसता. ह्या मनशाक चामदार म्हणटा. मरणाच्या वेळार लागिल्ली ह्या चामदाराची गरज भेस बरे तरेन लेखकान हांगा उक्तायिल्ली आसा. आयज गोंयच्या संस्कृतायेंतले कितलेशेच म्हत्वाचे घटक ना जायत गेल्यात, देखीक रेंदेर, काजकार, आनी तातूंतले तातूंत हो चामदार, हाचेरूय लेखकान आमचें लक्ष ओडिल्लें आसा. तेच बरोबर आयचे पिळगेचो, जिवितांत कितें तरी करपाचो, कितें तरी जावपाचो दृढ निश्चय लेखकान उक्तायला, ह्याच निश्चयाक लागून आपल्या बापायच्या उद्योगार अवलंबून ना रावन आयच्या पिळगेचो भुरगो स्वताचो फुडार थारावपाची आनी तो घडोवपाची तांक बाळगिता म्हणपाचें लेखक सांगता.

3. 'एक मूट माती'

हे कथेंत लेगीत मरणाच्या देखाव्यांतल्यान क्रिस्तांव समाजाच्या मरणा कार्याचेर लेखक वाचकांचें लक्ष ओडटा. क्रिस्तांव धर्मांत मड्याचेर माती घालपाची एक अर्थपूर्ण रीत आसा. मनीस हो आपल्या मरणा उपरांत आपणाक जल्माक घातिल्ले मातये कडेन एकरूप जाता, ह्या सताचो उगडास लेखक आपले कथे वरवीं करता. मड्याचेर घातिल्ल्या मातयेची ती एक मूट लेगीत कितली म्हत्वाची थारता हें लेखकान ह्या कथेंत पटोवन दिल्लें आसा.

**III. समाजाची विचार सरणी दर्शावपी कथा**

डॉ. एडवर्ड एल. नज्रेत हांच्यांनी आपल्या कथांच्या माध्यमांतल्यान समाजाच्या अनुचीत विचारांक बोट दखोवन तांकां खोडून काडपाचो प्रयत्न केल्लो आसा.

1. 'चेडियेची धूव' आनी 'चामदाराचो पूत'

2019 वर्सा, 'Super 30' (सुपर 30) नांवाची हिंदी भाशेंतली फिल्म आयिल्ली. ह्या फिल्मांत एक सुंदर वळीचो वापर जाल्लो, 'राजा का बेटा राजा नहीं बनेगा, राजा वही बनेगा जो हकदार होगा' , हाचो अर्थ, फक्त राजाचो पूत राजा जावचोना, पूण फावो आशिल्लोच राजा जावंक पावतलो. होच विचार ह्या कथांनी आयिल्लो दिसता. समाजाच्या विचार सरणेन बदल घडोवन, समाजाक सुदरावपाचो प्रयत्न लेखक ह्या कथांनी करता. चेडयेची धूव ही चेडीच जातली आनी चामदाराचो पूत हो चामदारूच जातलो अशें समाजान गृहीत दवरिल्लें आसता. म्हूण लेखक चामदाराचो पूत ह्या कथेंतलो सिरील उबो करता आनी ताचे वरवीं समाजाच्या ह्या विचार सरणीक बडी मारता.

2. 'डाडा परत काजार जाता'

ꙍ

ह्या कथेंत, दोगां वाडलेल्या भुरग्यांचो बापूय आनी एका वडलेल्या धुवेची आवय आपलें एकसुरपण पयसावपाक आनी भुरग्या पणायलो मोग तडेक पावोवपाक परत काजार जावंक फुडें सरतात. ह्या काजराक आशिल्ल्या तांच्या भुरग्यांच्या विरोधा वरवीं लेखकान समाजाची ह्या विशयाकडेन पळोवपाची नदर उक्तायल्या.

3. 'एक मूट माती'

काजराच्या साक्रामेंतान भितर सरिल्ल्या दादल्या बायलेचो संबंद स म्हयन्यांनी तुटिल्लो दाखोवन आयच्या समाजाची वास्तविक्ताय लेखक उक्ती करता. दादल्याक ताची बायल सोडून वतकीर दादलो आपल्या भुरग्या–बायलेचो विचार करिनासतना दुसरे फावट काजार जावन, नव संबंदाची सुरवात करूं शकता, आपल्या पयले बायलेच्या भुरग्याचेर नदर मारिनासतना सुखान जगपाची परवांगी समाज दादल्याक दिता, पूण हीच परवांगी एखादे बायलेक ह्या समाजाकडल्यान मेळत म्हणपाचो प्रस्न पडटा. कथेची नायिका आपले वतीन जाता तितले प्रयत्न करून आपल्या धुवेक ल्हानाचें व्हड करता, काजारी जिवितांत आपले परीन जाता तितलो आपल्या घोवाक आदार–सहकार दिता आनी सर्व बायलां वटेन एक प्रस्न करता, 'काजरांत सर्व साक्रिफीस बायलेचेच जाय म्हण आसा?' असले विशय आपल्या कथांनी हाडून समाजान केल्लो दादल्या–बायलेच्या संदर्भांत भेद–भाव लेखकान चित्रायला.

4. 'सोरयागुसतुचे आवयचें मोर्न'

समाज व्यक्तीचें चरित्र कशें घडयता हाची ही कथा एक भेस बरी देख थारता. गुसतुचो सोऱ्यागुसतु करपी हो समाज, ताच्या नांवा बरोबर ताच्या चरित्रांत लेगीत बदल कसो हाडटा हाचें चित्रण लेखकान हे कथेंत केल्लें मेळटा. देखीक, आवय मेल्या उपरांत, तिचे दुखींत बुडून गेल्लो गुसतु सोऱ्याक हात लेगीत लायना, पूण पाद्री ताचे तांबडे जाल्ले दोळे पळोवन तांणे सोरो पियेला म्हणपाचें गृहीत धरता. गुसतु सोरो पियेता, ताका पोलीसांनी धरून व्हेला, आपल्या फामीलीक पोसपाची तांक तो बाळगिनां सारकेल्यो गुसतुक उणाक लेखपी गजालींचेर सगळ्यांची नदर वता, पूण गुसतुच्या कामा संदर्भांत आशिल्ल्या फिशालकायेचेर कोणाची नदर वचना, सोरो पियेलो तरीय गुसतुचें स्वताचेर आशिल्लें नियंत्रण कोणाक दिसना आनी आपले परीन आपल्या कुटुंबा पासत जो तकस गुसतु घेता तो लेगीत कोणूच पळोवपाक सोदना. मनीस स्वताक सुदारूंक पसून फुडें सरल्यार हो समाज आपल्या नकारात्मक विचारांच्या म्हालवजार ताका कशे तरेन फाटीं ओडटा हें लेखकान हे कथे वरवीं मांडलां.

ꙍ

## निश्कर्श

कथा ही वास्तवीक तायेक उद्देशून, मानवीय उमाळे, उत्फर्के, विचार, प्रसंग घेवन जल्माक येतना आपले बरोबर लेखकाच्या संवेदनशील मनाचेर वाचकांची नदर ओडटा आनी एडवर्ड एल. नज्रेतच्यो कथा हें सत पटोवन दिता.

क्रिस्तांव समाजांतल्या लोकांक आपल्या कथांचो केंद्र बिंदू करून लेखकान आपल्यो कथा रचल्यो तरीय, मानवीय समाजाक उद्देशून ते बरयतात. बरो समाज, बरो मनीस घडपाक आपले परीन जिवनाची शिकवण लेखकान आपल्या कथां वरवी दिल्ली आसा. लेखकाच्या दर एका कथेंत ताची तिक्ष्ण नदर दितसा. दर एके गजालीक, दर एका प्रसंगाक तांच्यांनी लागिंच्यान अणभवला म्हणपाचें जाणवता. वेग–वेगळ्या घडणुकांचो दिश्टावो जाल्ल्यान ह्या कथांनी विशयांचो विस्तार आयिल्लो दिसता. दोतोर जाल्ल्यान, साबार व्यक्तींकडेन तांचो संबंद आयिल्ल्यान तांच्या बरपांत ही बारीकसाण आयल्या आसत. तांची दर एक कथा एक वेगळो विशय, वेगळो आंवाठ, वेगळो संदर्भ घेवन येता आनी वाचकांक आपल्या कथांच्या संवसारांत ओडटा. कथेंतले शेवट अनपेक्षीत आशिल्ल्यान कथा आनीक प्रभावी जावंक पावल्या. ह्या कथांनी लेखकान धर्म, समाज आनी मनीस हांचो सुमेळ दर्शायिल्लो आसा.

## आदारावळ

1. 'मृगजळ' , आशावादी प्रकाशन

2. डिजीटल ऑडियो पुस्तक नज्रेत, एडवर्ड एल. 'मृगजळ' , आशावादी प्रकाशन, यु–ट्यूब, मे 2024

3. पुस्तकां

a. केळेकार, रवीन्द्र. भौ–भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र, कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव–गोंय, 1974.

b. केळेकार, रवीन्द्र. तुळशी, जाग प्रकाशन, प्रियोळ गोंय, 1971

c. क्रिस्तांवांचो धर्मीक ग्रंथ, 'पोवित्र पुस्तोक', न्यू एज प्रिंटर्ज, वेर्ना–गोंय, 2006

--------

ಐ

# डो. एडवर्ड एल नज्रेताच्या कथेंचेर अध्ययन

– रिया वेरोनिका



नामनेचो कोंकणी कथाकार डॉ. एडवर्ड नाज्रेत हांचो मृगजळ हो कथा संग्रह 5 मे 2024 ह्या दिसा ओडीयो पुस्तक रूपांत आयलें. ह्या पुस्तकांत सगळ्यो मेळून 20 मोटव्यो कथा आसा. लेखकान दर एका कथेंत वेग-वेगळे विशय हाताळयांत. मृगजळ म्हणल्यारूच oasis. मृगजळ आमच्या जिवीताक सर केल्यार, आमच्या कठीण गजालीसावन आलाशीरो वा सुटका दिता. लेखक एक दोतोर जावन ताणीं मृगजळ ह्या माथाळ्या खाळा जिणेक बोद दिवपी कथा बरयल्यात.

दर एका कुटूंबाची काणी वेगळी आसता. बायल्यान पळोवपाक तो एक खुशाळ गराबो दिसता पूण भितरल्यान त्या कुटूंबात कितें जाता वा कसलें त्रास सोसचें पडटा तें त्या कुटूंबांच्या वांगड्याक खबर आसता. जायते फावटी त्याच घरांतलो मनीस केणा आपल्या मनशाचो घात गेयित तें सांगपाक जायना. एका कुटूंबांत एका परस चड नातीं आसता तीं दाखोवपाक जायना वा ति लिपोचीं पडटा. घोव-बायलेचें नातें, आवय-बापायचें नातें, हेर नेतीक संबद आपली बायल आसून दुसऱ्या बायलेचो सांगांत दवरप, वायट व्यासनाक बली पडप आनी घराचो सतयनाश करप, कुटूबांत तयाग करप, हें सगळे घटक आमकां ह्या कथांनी पळोवपाक मेळटा. पयली कथा- मृगजळ हातूंत एक पाय-पूताचें नातें दिसता. एक पूत आपल्या पायच्या मोगाक आशेता. पाय ताका आपलो पूत न्हय तर लोकांचो पूत म्हण केंनटा, पुताक पाय आसून ताका पायचो मोग अणभोवपाक मेळना. पाय मरता पूण ताच्या मरणाचेर तो रडणां. दिस बर सोरो पिवोन घराची वाट लायता. तो हेरा पूतां भाशेन पायच्या फोंडार रडोन लोकांक दाखयना, तो खूब पावटी आपल्या पायक प्रशण करता कि आपलो घुणयांव कितें?, कितें वायट केलां, पायक दिसतालें की हो आपलो पूत न्हय पूण निमाणे घडयेक पायक रगत जाय आसलें आनी ताका ताच्या इश्टांचें न्हय पूण आकरेक पायक आपल्याच पुताचें रगत मैच जाता आनी तो ताच्याच रगताचो पूत आनी तो आपलोच बापूय हें पुताक थावें जाता पूण पायच्या नशीबान पुताचें रगत फावो नासलें.

दुसरीं कथा- ‘आंकवार आवय’ हे कथेंत आपल्या घरांतलोच मनीस कसो आपली बायल आसोन नंड्डेचो फायदो घेता हें पळोवपाक मेळटा. जाल्यार दुसरे वाटेन सिल्वी आपल्याचेर अन्याय जाला हें ताका खबर आसा आनी ताच्या कुसव्यांत आशिल्ल्या भुरग्याक तें नाटाक करपाक सोदता पूण थंय आशिल्ल्यो सिस्टरि ताका समजायता तीं जाणां ताचेर अत्याचार जाला म्हण पूण तरि आसतना ताका सांगतां भुरग्यांक जल्माक हाडल्या उपरांत ताका हांगां गिरेस्त क्रिस्तांव आवय-बापूय पळोवन दवरिली आसा म्हण आनी

ಬ

भुरग्याक जल्मांक हाडून ताणें परत एक नवें जिवीत सुरू करपाक जाता अशें ताका सांगता. भुरग्याक जल्माक हाडून सिल्वी ताका दूद दिवपाक सोद नासलें, तरि आसतना 2-3 दिसा भितर ताका त्या भुरग्यांत आपलेपण, मोग, माय दिसपाक लागता. जेणा दिस लागीं पावता त्या भुरग्याक आश्रमांत दवरपाक, सिल्वीक त्या भुरग्याक सोडपाक नाका आसलें कारण ताका खऱ्यांनी ताची ओड लागली खऱ्यांनी आवय ती आवय तिचो कोणे थाव घेवपाक जायना. आवय आपल्या भुरग्याक केनाच सोडना.

तिसरि कथा- 'आन' म्हणल्यार पाय – बापूय. हि कथा जेरि आनी ताच्या पाय मदीं गुंवता. जेरिक अकस्मात बिझ्निस मीटिंगेक घेल्या कडेन लिलीचो फोन येता सांगून आन भायर पडलो, पूण जेरिक येवपाक मेळनासलें, जेरिच्या पायन आपलें मरण कशें जांवचें तें आदींच फुडें बरोवन दवरीलें, ताच्या पायक जाय आसलें कि मेळया उपरांत ताची कुड मेडिकळ कोळेजिक दिली. जेरिक कामा खातीर आपल्या पायच्या मरणाक वचपाक मेळूंक ना तशेंच ताच्या आवयच्या मरणाक लेगीत तो कामा खातीर बायर आसलो. ताच्या पायक सोदांच दिसतालें कि आपलो पूत आपल्या दोळयां सामकार आसचो, हांगाच काम करचें म्हण. जेरि सांगता आपूण काम खातीर पयस आसा खरो पूण लिगोरी ताचोच पूत जाल्यान ताका पाय जिव घालतालो. लिगोरिक पायन पोसपाक घेतलो ताका शिकयलें कामाक लायलें आनी आंकरेक लिल्ली लागीं ताचें लग्न केलें. तीं दोगांय तांगेर रावताली. पायच्या म्हयन्याच्या मिसाक जेरि घरा पावता, जाल्यार ताका पायन एक चिट बरोवन दवरली जातूंत ताका सोत आयकपाक मेळें आनी तें सत म्हणल्यार लिगोरि ताचोच भाव पूण दुसऱ्या आवयचो हें आयकून जेरिक आपल्यान कितें करचें तें कांयच कळना आनी हांगा काणी सोपता. आदल्या काळार आनीक सुख सोदपाक दादले असल्यो चूक करतालें आपलें नेतीक संबंद लिपून दवरताले.

चवथी कथा- 'बारावी म्हाळय', ह्या कथेंत सेल्लिलबाय दूद हाडपाखातीर फलेटांत सावन सोकला येता पूण वेता आसतना फलेटाची लिफ्ट चळना आनी ती रावता ती बारावी म्हाळय तिचो घोव दुवेंत आसा आनी ती जाणटीं जाल्यान तिका फलेटाच्यो इसकादी चळपाक आवगड जाता. आपलो घोव दुवेंत आसतना पुतान आपल्याक हाडून ह्या फलेटांत दवरला जंय कोण आनीक रावना ति येता वेता लोकांच्या पायां पडली मातशे वयर वचून आपल्या घोवाक चाव घालपाक पूण कोणे काण आल्लयो ना. तिणें ह्या वेळार चिंतलें आपल्या गांवांत आपून सुसेगाद आसली म्हण हांगां फ्लेटाणी रावून कोण-कोणाक जाप दिना, सगळीं दारां बंद करून रावता. जायत्या वेळान स्वता आपूण जावून रोजार कोरीत फ्लेटाच्यो इसकादी ल्होव-ल्होव चडटा आनी अकस्मात ति इसकादी वेल्यान सोकला पडटा. भुरगीं आसून त्या वेळार भुरगीं पांवळी ना, आपूण आपणाक देव समेस्तांक. आयज जर ती आपल्या गांवांत आसली जाल्यार हो दिस येवचों नाशिल्लो आयज आमी आमच्या जाणट्या आवय- बापायक गांवांत सावन फरसाण शारांनी फ्लेटान हाडून दवरता पूण ताची निमणी आस आसता आपल्या गांवांत आपल्या घरांत भुरग्या सांगता निमण्यो घोडयो सुखान सारपाक.

ꙮ

पांचवी कथा- 'भाड्याची आवय' हे कथेंत लग्न जाल्या घोव-बायलेक भुरगे जायना तेणा भाड्याची आवय पळोवन 9 म्हयने ही आवय आपल्या कुस्वयांत भुरग्याक जल्माक हाडटा हाका Surrogacy अशें म्हणटा हांतूंत हे आवयक खूब पयसो मेळटा आनी अशेंच कितें शांताच्या जिवीतांत घडटा ती भुरग्याक जल्माक हाडटा पूण ते भुरगें त्या आवय-बापायक दिवपाक सोदना पूण अकस्मात त्या दूहनयांचो घोव संवसाराक अंतरता आनी घोवा फाटल्यान आपल्याक भुरगें नाका म्हण रेकाद दाडता अशें आयकना फुडें शांता गोळ येवन पडटा. आयच्या समाजांत Surrogacy करूण घोव-बायलेक भुरगें दिवप म्हणल्यार एक देणें, पूण त्या आवयांचें कितें जी भुरग्यांक जल्मांक हाडटा, तांची त्या भुरग्या लागीं कसलींच भावनां नासता काय?

लेखकान दर एका कथेंत भेस-बरि वातावरण र्निमिती वापरल्या. ह्या कथासंग्रहांत आपल्या कन्ड - कोंकणी भाशेंत दर एक कथा बरयल्या. हो म्हजो पयलो अणभव एक कन्नड कोंकणी कथा संग्रह वाचप, पयलें म्हाका वाचपाक खूब कठीण जालें, सुरवेची एक कथा वाचपाक म्हाका कठीण दिसपाक लागलें, पूण म्हाका ती कथा समजताली, हांवें परत वाचपाक निर्णय घेतलो आनी वाचता-वाचता म्हाका एक थावें जालें कि ही कर्नाटकांतलीं भास आमच्या गोंयच्या भाशे सामकी मोवाळ आनी गोड. तांच्या चडश्या कथांनी क्रिस्तांव पात्रां आयल्यात देखीक – दुमिंग, रोब्नि, रोनिं (मृगजळ), सिल्वी, सिस्टर क्लेमेटिंन, सिस्टर मारगरिन (आंकवार आवय), लिगोरी, जेरी, ल्लिली(आन), इनास, सेल्लीलबाय (बारावी म्हाळय) आदीं. ताच्या कथांनी गाळयांचो वापर जालो आसा. ताणें त्यो बश्ट्यो वापरूक ना पूण खंय गरज आसा तंयच वापरल्या. देखीक- 'मृगजळ' (माम्मिच्या मिंडाचो पूत) -पान 5 तशेंच 'चेडियेची धूव' ह्या माथाळया खाळा एक कथा आसा, जातूंत आवय एक पोदुवार करपी पूण ताची धूव एक निरओपरादी, तांच्या परिस्तीतीक लागून तिच्या आवयक हें पावळ मारचें पडटा.

तांच्या कथेनीं देव- देवसपण, लोकांचो भार्वाथ खूब मोट्या प्रमाणांत दिसता. क्रिस्तांव धर्मांतल्यो चाली-रिती तांच्या कथांनी दिसता. देखीक 'बारावी म्हाळय' ह्या कथेंत (सायबा सांतांतोन)-पान 17 आमी क्रिस्तांव लोक आमी कसल्या आकांतांक सांपडल्यार वा आमची कसली वस्त शेंडळयार आमी ह्या सांतांक उलो मारता, ताचें देव सांव दर मंगळारा जाता. जाल्यार हांगा हे कथेंत जेन्ना सेल्लिलबायक कळटा कि फ्लेटाची लिफ्ट बंद पडल्या आनी ताका बाराव्या म्हाळयेर वचपाक मेळना आनी ताचो दादलो बरो ना हें जाना जावन दुसरो उपाय नासून ति सांत आंतोनीक उळो मारता, आपल्याक ह्या वेळार पाव म्हूण. जाल्यार, तशेंच निमाणे सुवातेर (तेर्स म्हणीत वच)-पान 22 जाल्यार आमच्या धर्मांत एक रित आसा चळत वेताना वा खंय कसलें काम करतना आमी तेर्स रोजार करीत वता आमी आमच्या घरा -दारा सामकी सुरक्षीत पावपाक. तशेंच क्रिस्तांव धर्मांतल्यो मरणाच्यो चाली-रिती खूब सुंदर पद्दतींनी मांडल्यात. तशेंच

क्रिस्तांव धर्मांत गरबपाट करचो न्हय ही शिकोवन आमी पाळटा तें खूब सुंदर पद्दतीन मांडटां. तशेंच सर्ग आनी नरक हांचो उळेख कथांनी जाला.

दर एक कथा वाचप्यांक समजता तशीं लेखकान बरयल्या. लेखक कथा खूब सुंदर पद्दतीन बरयता पूण आंकरेक वाचकां चिंतपाक लायता. पात्रांच्या तोंडांत सादे आनी सरळ संवाद घातल्या, दर एक पात्र एक काणी सांगता. कथांनी वाकप्रचाराचो वापर केला. इतलेंच न्हय तर ह्या कथांनी कायदे, रिती-रिवाज, धर्म, अर्थ, जाती, वेवस्था, बायलेची समाजीक सुवात हे विशय कथेंत कशें आयल्यात ते पळोवपाक मेळटा. ह्या घटकां वरीं लेखकान कथांनी वास्तवताय हाडपाचो यत्न केला. ताणी आपल्या कथांनी समाजीक बांदिलकी दाखयल्या. परंपरा आनी नवेपण हाचो दिश्टावो ताणीं घडयला.

--------

# मृगजळ

**पा**प्पा, तुका मात्येंत धांपून आज सात्वो दीस; तुज्या मोरनाचे दिसा हांव रडोंक ना म्हळ्ळें दूरसोणें, ह्या सात दिसांनी कांय सत्तर पावटीं जायत हांवें आयकाल्लें. पाप्पा, पेटेंत निदायिल्ल्या तुजे नीरजीव कुडिचो उमो घेनातल्लें वा तुज्या मोरनाचे पेटेचें दांपणें दांपचे पयलें आनी तुज्या मुसकरार तुवालो दांप्ताना हांवें दुकां गळयनातल्लें तुका चूक दिसता?

सत सांगचें तर, म्हाका तुज्या मुसकराचेर तुवालो घालुंकयी नाका आसल्लो, पूण सरशीं आसल्ल्या दुमगा मामान तुवालो म्हज्या हातांत दीवन तो तुज्या मुसकराचेर दांपुंक ओत्तायेचो हिशारो करिनातल्लो तर हांव तुज्या नीरजीव कुडीक आपडतोंच ना. पाप्पा जीव आसताना तुका हांवें आपडल्लेंच म्हज्या उडासांत ना. तर तुज्या जीव नातल्ल्या कुडिचेर पडोन हांवें विळाप करिजे म्हण तूं अपेक्षितोय? नीज सांग्तां तुवें मोर्न पावल्लें म्हाका कसल्याच उमाळ्यांक प्रेरण जाल्लें ना; तशें आसतां हांव कशें रडों पाप्पा? एकावेळा माम्मी तुज्या मोरनाक हाजीर आसल्ली आनी ती रडल्ली तर, तिणें रडचें पळेवन तरयी हांव रडतों. आमचें नशीब खोटें. माम्मी थंय नातल्ली.

तरयी हांवें रड्येतें. हांवें पळयलां पाप्पा, जीव आसताना बापयक कांटाळचे आनी धणसुंचे पूत सयत आपल्या बापयच्या मोरनाचे दिसा दुकां गळयतात. म्हजेथंय तसलीं सिस्रिचीं दुकांय नातल्लीं. पाप्पा, तुज्या मोरनाच्या दिसा म्हजें नडतें हेरां पुतांपरीं कित्याक नातल्लें म्हण हांवें कितेंय विवरण दीवंक जाय तर तें तुका. तसलें स्वश्टीकरण हांव तुका मात्र दीवंक सक्तां. आनी तें तूं मात्र समजोंक सक्ताय. पूण, हेरांक तशें तुका हें विचित्र दिसोंक पुरो पाप्पा. तूं जिवंत आसताना असलें एक पत्र सोड, तुजे मुकार दोन मिनुटां सयत रावोन हांव उलोवंक ना. तसल्या तुज्या एकल्याच पुतान, तुका मात्येंत दांपल्ल्या हप्त्या उपरांत तुज्या मोरनादिसा कित्याक रडोंक ना म्हण विवरण दिंवचें तुका गरज म्हण भोग्ता? आसचें ना. पूण पाप्पा म्हाका हें गरज दिसता. हें वाचून दुस्रो एक पूत आपल्या बापयच्या मोरना दीस तरयी दूक पाचारुंदी म्हण न्हय, वा तुजेपरीं आसचो एक बापय जिणिभोर आपल्या भूरग्यांक मोरानासतां जियेंवदी म्हळ्ळया अपेक्षेनयी न्हय. म्हज्या अंतरमळांत जीं भोगणां आतां उब्देस जावन म्हाका दोसतात, तीं व्यक्त करुंक हाचेपरास दुस्री वाटच म्हाका दिसाना. देकून हें पत्र बरोवन आसां.

सत सांग्तां पाप्पा, हांव ल्हान भूरगो आसताना म्हजो बापय म्हण तुवें ओळकोंक जाय म्हण म्हाका जब्बोर अपेक्षा आसल्ली. माबलाण्णान ताच्या पुताचो हात धर्न तोटांत भोंवडांवचेपरीं म्हाकाय तुवें शेतां मेरेंनी आपवन व्हरिजे म्हण, दुमगामाम ताच्या पुताक आपल्या सायकलाचेर बसोन मिसाक आपवन व्हरचेपरीं तुवें म्हाकाय व्हरिजे म्हण च्यार–पांच वरसांचे ल्हान प्रायेचेर म्हाका कितली आशा आसल्ली? ती आशा आजून म्हजेथावन वचोंक ना. पूण पाप्पा तुका ताचो कितें तरयी जोप आसल्लो? मिसाक वेचीं वसत्रां नेसोन जालांत रावल्ल्या म्हजें कितेंच गण्णें करिनासतां तूं तुजें स्कूटर घेवन वेतालोय. म्हाका तुजेसांगाता येवंक जाय म्हण विचारुंक तवळयी म्हाका उत्रां सुटानातल्लीं. हांव आनी माम्मी चलोन्च मिसाक वेतेल्यांव. मीस जाल्लेंच माम्मिची पासळी सोडून घांटिचे तोरिकडे हांव धांवोन येवन तुका राक्तालों पाटीं वेतनां तरयी तूं म्हाका स्कूटरार बसयशी म्हण आशेतालों. पूण पाप्पा तूं म्हाका पळेवनयी पळेयनासतां आपणासतकीं वेतालोय.'पाप्पाच्या इसकुटारार बसोवंक सांग' म्हण हांव माम्मिकडे विनंती करतालों. तुवें आनी माम्मीन उलोंवचेंच सोडलां म्हण म्हाका तवळ कळीत नातल्लें.

ಐ

सामकार रावोन हेर भूरग्यांनी आपल्या बापयक 'पाप्पा, ड्याडी, बाबा.'म्हण उलो मारचेपरीं तुका आपवंक म्हाका अवकासच मेळोंक ना. ल्हान भूरगो आसताना कसो आतां सोळा वरसांचो जाल्ल्या वेळारयी तसोच, म्हाका तुजेकडे उलोवंक धयरच नातल्लें. तूं एक भिरांकूळ म्हनीस जाल्लोय म्हज्या जिवितांत. सांजेर पियेवन येवन तुवें करचे अवतार मात्र म्हाका भिरांतेचे न्हय. तूं म्हज्या भोंवतीं आसाय म्हळ्ळो जोपच म्हाका कावजेणी उबजयतालो.

पाप्पा तुवें म्हाका केदनां तरयी तुजो पूत म्हण ओपून घेतल्लें आसा? एका दुस्मानाक द्वेशुंचेपरीं तूं म्हाका कांटाळतालोय.

हांव तीन वरसांचो आसताना, रातीं पियेवन आयिल्ल्या तुवें मांड्रेर नीदल्ल्या म्हाका भायर उडयिल्लोय खंय. तुवें तशें उडयिल्लो हांव भायर जालांत दाळन दवरल्ल्या भातेण्याचेर पडल्ल्यान वांचलों म्हण मांय आतांय उडास काडता. ते रातीं कटीण पावस येतालो, भातेण्याचें मुटें चूकल्लें तर हांव, जालाकुशिच्या व्हाळांत पडोन व्हाळोन वेते आसल्लों. ताचो म्हाका उडास ना, पूण मांय केदनांय सांग्तेली. पाप्पा हांव तेच दीस तुज्या वांट्याक मेल्लों दिसता. म्हाका तुवें भायर उडयिल्लो जांव, हांव भातेण्यामुट्यार थावन लोळोन सकला पडतना म्हज्या कपलाचेर घाय जाल्लो जांव म्हाका उडास ना. म्हज्या कपलाचेर आतांय आसची त्या घायाची माव, तुजे आनी म्हजे मधें मेल्ल्या संबंदाची निशानी तशी आसा. आरश्यांत केन्नां केन्नां म्हजें मुसकर पळेतां तेन्ना ती माव तो उडास जीव करता. हर पावसाळ्या रातिंनी हांव त्या रातिचो उडास विस्रोंक प्रेतन करित्त आयलां. पूण घायाची ती माव तो उडास माज्वोंक सोडिना.

म्हज्या लोवे लोवेंत 'पाप्पा' म्हळ्ळी भिरांत लिपोन आसल्ली. उडास आसा पाप्पा तुका, ते एका आयतारा मिसाक गेल्लो पाटीं आयिल्ल्या तुवें म्हाका सरसरीत मारल्लें? म्हाका आजून तो दीस जिवो जिवो आसा. हांव तवळ दूसऱ्या क्लाशिंत आसल्लों. दोतोर्न आसल्ल्यान माम्मी सांगाता व्हडांच्या मिसाक वचनासतां हांव इसकोलाक वेच्च्या भूरग्यांच्या मिसाक वेतालों. मिसाथावन घरा येताना म्हारांच्या काजुरुकांक फातोर उडोवन काजू काडुंक हांव गेल्लों म्हण तूं रागार जाल्लोय. पूण पाप्पा आबूट बाप्पुच्या पुतां सांगाता मिसा थावन हांव शीदा पाटीं आयिल्लों. वाटेर स्कूटरार येंवच्या तुवें म्हाका पळयिल्लेंय. आमी म्हारांच्या कोमटासरशीं गेल्लेंच ना. आबूट बाप्पुच्या पुतां सांगाता गेल्लें तुका बरें दिसोंक ना?. पाप्पा कितेंच चूक करिनातल्ल्या म्हाका तुवें इतलें मारल्लेंय. माम्मीन मांयक मधें पडोंक ओत्ताय करिनातल्ली आनी मांयन म्हाका तिच्या पासळेंत आरावन धर्न स्वताः तुजेथावन पोडकोळाच्या मोट्या आडारांत मार खावंक नातल्ले तर हांव ते दीस तुज्या हातांत मोरतोंच कोण्णा. पाप्पा, म्हाका एक मात्र स्वश्ट जाल्लें तूं आमाल पियेवंक नातल्ले वेळारयी म्हाका कांटाळतालोय. ते दीस मारताना तूं सोरो पियेवंक नातल्लोय. ते दीस थावन तूं भोंवतीं आसाय म्हळ्ळेंच म्हजेथंय भिरांत उबजयताली.

पाप्पा आमाल सेंवची तुका एक पिडा जाल्ली म्हण पोयर तुज्या मोरना दिसा श्रद्धांजली दिताना गूरकरान सांगोन तुजे सवयेक एक नीब दिल्लें. म्हाका मात्र तें ओपोन घेवंकच जायना. आमच्या सेजारच्या दुमगा मामाक, आबूट बाप्पूक, दिवरांच्या माबलण्णाक तर ती पिडा आसल्ली, तुका न्हय.

पाप्पा, सोरो पियेवन आबूट बाप्पूय गलाटो करतालो, तुजे तितलें न्हय आस्येत– पूण आमाली तोय जातालो. आमाल पियेवन दुमगामामान दिंवचे गाळी–सोवे कांय इतले आनी तितले? आमाली जाल्ले वेळार तोय माम्येक आनी भूरग्यांक दोशी दितालो. पूण आमाल सेविनातल्ल्या वेळार तो तांका मोगान पळेतालो.

ಐ

आमाल पियेल्ल्या वेळार भूरग्यांक–बायलेक म्हारुंक वेचो आबूट बाप्पूय रजेच्या दिसांनी भूरग्यां सांगाता तळयांत न्हावंक येतालो. तो तांकां उप्येवंक शिकयतालो. ताच्या भूरग्यां सांगाता तळयाक गेल्ल्या म्हाकाय उपेवंक शिकयिल्लेंच आबूट बाप्पून. उप्येवंक शिकोंवचें नाका पाप्पा तुवें एकच एकपावटीं म्हाका तुज्या वेंगेंत जांव पासळेंत जांव घेतल्लें आसा?

हांवें तुका 'पाप्पा' म्हण आपोवंक जाय म्हण तुका केदना तरयी भोगल्लें आसा? सुक्या धरणीर दिसच्या मृगजळाक पळेवन तानेल्ल्या मनजातीन धांवोन येंवचेपरीं हांव तुजेसरशीं येवंक लालेतालों पाप्पा. तूं म्हाका केदनांच उदक जालो नांय. तुज्या मोगाचे तानेन म्हजें जिवीतच गार जालें.

पाप्पा तूं म्हाका कित्याक कांटाळताय म्हण कळतना हांव चवत्या क्लाशिंत आसल्लों. तुजे थावन हांवें आयकाल्लें पयिल्लें उतरच हांव माम्मिच्या मिंडाचो पूत म्हण! म्हाका ही तुवें दिंवची गाळ वा ती म्हाका दिंवची होगळीक म्हण कळीत जांवचे पयलेंच हांवें ते सब्द जिकून धरल्ले आनी म्हज्या सांगात्यांकडे हांव माम्मिच्या मिंडाचो पूत म्हण कितलेशेपावटीं सांगल्लें. दुमगामामाचो पूत रोबून ती गजाल ताचे आवय कडे आनी तिणे मांय कडे सांगोन, मांयन हांवें तशें कोणायकडे सांगोंक नजो म्हळ्ळे उपरांत म्हाका 'मिंडाचो पूत' म्हळ्यार कितें म्हण समजोंचे गुपित्त अत्रेग चडोन गेल्ले. म्हाका त्या उत्रांचो अरत कळताना हांव आजून ल्हान. बोवश्या म्हजेपरायेच्या खंच्याय चल्याक कळचेपयलेंच दादल्या–स्त्रियेमदल्या कुडिच्या संबंदाचो विवर म्हाका लाबल्लो. हांव तुजो पूत न्हय बगार आबूट बाप्पू आनी माम्मिच्या पात्काथावन जल्माल्लों म्हण गांवार उलयतात म्हण रोबुन्च म्हाका सांगल्लें. आयकाल्ल्या म्हाका शेळो घाम सूटल्लो. थोडे हप्ते हांवें कटीण बेजारायेन पाशार केल्ले. निमाणें तुका हांवें म्हजो पाप्पा म्हण लेकचें चडुणें पूरतें बंध केलें. माम्मिचेर म्हाका नेगार उदेलोना. पाप्पा, माम्मीन चूक केल्ली म्हण लेकची ती प्राय म्हजी न्हय आसल्ली.

पाप्पा, तुका माम्मिकडे काजार जावंक मन नातल्लें म्हण म्हाका कळल्लें माम्मीन बिकुणांक म्हारुंक हाडल्लें तेल पियेवन जीवगात केल्ले उपरांत. तुका दिवरांच्या कोणा चलियेची चंगाय आसल्ली आनी ती चुकोंवचे खातीर तुका आबान माम्मिकडे ओत्तायेन काजार केल्लें; तुज्या काजाराच्या दिसाच त्या दिवरांच्या चलियेन गळपास घेतल्लो. त्या वरवीं तूं असो देदेस्पोर जाल्लोय म्हण म्हज्याच सांगात्यांनी म्हाका सांगल्लें. सरव सांगाता घाल्ताना कसलो नालिसायेचो गोंदोळ तसो जाल्लो पाप्पा. हें सरव समजोन म्हाका आतांय कळवळे भोग्तात.

पाप्पा, माम्मीन कितें चूक केल्ली? तुका खुशी नातल्ली तर तूं कित्याक तिचेकडे काजार जाल्लोय? कित्याक तिचो आनी म्हजो गोळ केलोय? तुका माम्मी कडे काजार नाका आसल्लें तर, 'नाका' म्हण सांगचें धयर सयत नातल्लें तुका? पाप्पा तुज्या बेपरव्या मधें माम्मी तितलीं वरसां जियेल्लीच व्हड. उडास म्हाका येता. मोरच्या थोड्या मयन्यांथावन माम्मिचें नडतें म्हाकाय विरारायेचें जाल्लें. माम्मी कोणायकडे उलयनातल्ली, वेळावेळार जेविनातल्ली. पयलेंचेपरीं घरचें काम करिनातल्ली. माम्मीक मतिची पिडा म्हण शिकप आसल्ल्या तुका तरयी कळीत जायजे आसल्लें. पाप्पा तुका माम्मिचो कुसकुटातितलो तरयी हुसको आसल्लो? माम्मी तिच्या पिडेन्च जीवगात कर्न मेली आनी म्हाका अनाथ केलें. आसोन मेल्लो तूं बापय आनी सांडून गेल्ली आवय. म्हाका आतां ऊरल्ली मांय मात्र.

८

माम्मी मेल्ल्या उपरांत मांय म्हाका चड लाग्गीं जाली. तिच्या ओत्तायेक तुवें म्हाका दोशी दिंवचे बंध केलेय. पूण म्हाका तूं बापय जालोच नांय. आवय नातल्लो, निराधारी भूरगो म्हळ्ळया मनश्यापणान तरयी तूं म्हाका पासळेक घेतोय. ना पाप्पा. तुका हांव तुजो पूत म्हण भोगणांच नातल्लीं मात न्हय हांव तुज्या बायलेच्या पात्कावरवीं जल्माल्लों म्हण द्वेश आसल्लो. तूं म्हजो पाप्पा म्हळ्ळी गजाल म्हज्या जिवितांत फकत एक भ्रमीद जाल्ली. तूं एक मृगजळ म्हळ्ळो अनबोग आसल्यारयी परत परत तुजे सरशीं येवंक लालेवन हांव पस्वोन पडतालों. म्हजें सगळें भूरगेंपण असल्या कोडू अनभोगान पाशार जालें.

पाप्पा, सत कितले दीस दांपून दवरयेत?

पोयर स्कूटर अवगडांत घायेल्ल्या तुका रगताची गरज आसा म्हण दाक्तेरांनी सांगल्लें. आबूट बाप्पुचे पूत रोनी, जेमी आनी हांव रगत दान करुंक गेल्ल्यांव. म्हजें रगत तुका दीवंक म्हाका कितेंच ऊरबा नातल्ली. हांव आबूट बाप्पुचो पूत जाल्ल्यान, म्हजें रगत तुका जमचें ना म्हण हांवें लेकल्लें. ओत्तायेक लागोन म्हजें रगत तपासणेक दिलें. गजाल बोल्तीच घडली. म्हाका पात्येवंकच कश्ट जाले. पाप्पा तुज्या रगतासांगाता म्हजें रगत मात्र जमतालें–रोनिचें जांव जेमिचें जांव न्हय! म्हजें रगत तांच्या रगता सांगाता मेळानातल्लें.

पूण तुका दीवंक म्हजें रगत काडचे भितर तुजो प्राण तूटल्लो.

*** ——— ***

# आंकवार आवय

हरयेक दीस तुजेकडे परत्तूंक म्हाका दुस्रीं कामांय आसात. चीत दीवन आयक. हांवें सांगचें हेंच निमाणें. रागान म्हणाली, सिसटर ऐरीन, आपला हातांत आसल्ला च्यार दिसांच्या बाळशाक पाळणात दवरित्त.

सिलवी नीदल्लें, उटोन बसलें.

बाळशाक तीन म्हयने भरता परयांत पानो दीजे म्हण हांगा भरती करतनांच तुका सांगल्लें. इतलो तेंप बरयान पळेयल्ला क तुवें अशें करचें? तुजें हट कशें सुटयजे म्हण हांव जाणां. सांगचें सारकें आयक. उज्वा हाताचें जोकचें बोट हालवन म्हणाली सिसटर. रागान तांबशेल्लें तिचें मुसकार, कुडाच्या मंद दिव्यांत सिलवीक दिसलें ना.

सिसटर. म्हणालें तें मदेंच, तें कितें सांगुंक आशेतालें.

धांप तोंड. बोबाटली सिसटर, तूं मारेकार स्वभावाचें. बांळतेराच्या रातिंच बाळशाच्या मुसकरार उशें दांबून लगाड काडुंक पळेयिल्लेंय तुवें. तुजे तसल्या आंकवार आवयांचें नडतें आमकां नवें न्हय. सिसटर मारगरीन तुजेर चत्रायेची दीश्ट दवर्न आसल्ला न बाळशें वांचलें. आतां आयक, ह्या बाळशाक कितेंय अनाहूत घडत तर संसता च्या कायदा परमाणें आमी तुका पोलिसां ताबेन करतेल्यांव. हांगाचे पोलीस तुजें सत्त्यानास करतले. तूं आंकवार आवय म्हण तुज्या घरचाक कळतलें. सिसटर ऐरिनाच्या उत्रांनी खूब राग आसल्लो.

आंकवार आवय. सिलवी आकांतलें. ब्ला क मेल करताय सिसटर? काळजाचे दडदडे लिपवंक प्रयत्न करित्त विचारलें सिलवीन.

शटअप. म्हणाली सिसटर ऐरीन, तुजे तसल्या फात्रा काळजाच्यांक नितिच्यो वाटो जोक्तो न्हय. ब्ला क मेलच सारकें तुका. बाळशाक तीन म्हयने पळेवंक तूं ओप्पाल्लेंय देकून तुका हांगा आस्रो दिल्लो. बांळतेर जातच बाळशाक लगाड काडला र वेगीं पाटीं वच्येत म्हण चिंताय तूं. बाळशाक जिविशीं मारुंक तुका हांगा दवरल्लें न्हय.

हांव आंकवार आवय न्हय. सिलविच्या उत्रांनी कावजेणी आसल्ली. कोणाक फटयताय तूं. तूं आंकवार आवय म्हण आमी सिसटरां जाणांव. तुका हांगा धाडल्ले सिसटर क्लेमेंटिनान सगळी गजाल आमकां बरयला. तूं काजारी आनी तुजो दादलो काजाराच्या म्हयना भितर अवघडांत अंतरला म्हळ्ळी फट तिणेंच तुका शिकयिल्लियी. आमी जाणांव. विद्विचो वेस आंकवार आवयक मेळचा हिणसोण्या आनी कांटाळाये थावन तुका दया आनी मोगाचो आदार दीत म्हण तिणे सांगल्लें आस्येत. आमी सक्कड आवयांक मोगान पळेतांव. पूण तूं स्वारती. बाळशाक ना केल्यार वेगीं सुटका मेळत म्हण चिंताय. तूं हेरोदिच्या कुळयेचें जायजे. सिसटर ऐरीन दूरसाली.

सिसटर. सिलवी हुसकारलें, हें बाळ हांवें हंकारान जोडल्लें न्हय. म्हजेर अन्याय जाला. जुलूम चल्ला. हांव आंकवार आवय व्हय. खरया मसतेन कुडिच्च्या सुखा खातीर हांवें चूक केल्ली न्हय. सिलवी रडुंक लागलें.

तुवें केल्ली चूक वा सारकें ताची झडती करुंक हांव येवंक ना. तुजो बांळतेर आमी केला. आनी ह्या बाळशाक कितेंच जायनाशें पळेंवचो कायदो आमकां आसा. तूं बाळशाक दूद इनकार करशी वा हेर

ꠛ

कित्याय खरया मसतेन बाळशाक अनाहूत करशी खुन्येच्या अपरादाचेर तुका पोलीस कुडायतले. तूं हांगाच्या जयलांत कुसतलेंय. आतां आयक हें बाळशें तुजे सांगाताच आसतलें. बाळशाक वेळावेळाक सारकें दूद दी. हुशारगाय दाकयशी चत्राय.

सिसटर ऐरीन, सी। मारगरिनाक हिशारो दीवन कुडांतली भायर गेली.

सिलवी हुसकारोंन्च आसल्लें.

रडनाका सिलवी. सुपीरियरान सांगचें आयक. मोवाळायेन म्हणाली सिसटर मारगरीन. बाळशाक दूद दी. तें तुकाय भलायकेक बरें. तीन म्हयनानी तूं पाटीं वच. हट करिनाका.

म्हजेर अन्याय जाला. सिसटर क्लेमेंटिनीन म्हाका. सिलवी उत्रां उचारुंक जायनासतां रडुंक लागलें.

तुजेर अन्याय जाल्लो हांव जाणा बा. तुजी चूक न्हय म्हळळेंय आमी जाणांव. देकून आमी तुका इतला मोगान पळेतांव.

हें बाळशेंय तुजेपरिंच निरापरादी. बाळशान कितें चूक केल्या? बाळशानयी अन्याय करुंक ना. तेंवी तुजेपरिंच नीरदोशी. सिलवी सरशीं खाटीर बसून सिलविची पाट पोशेली सी। मारगरिनान.

बायेक ओपरेशन जाल्ले खातीर हांव पळेवंक गेल्लीं. बाय आस्पत्रेंत आसल्लें. हांव, भावोजी आनी तांचो पांच वरसांचो चेरको मात्र घरा आसल्लाव. रातीं जेवणाच्या पयलें भावोजीन ओत्तायेन बियेर दिली. बियेरिंत ताणे विसकी भरिशल्ली दिसता. हांव पियेलीं. आनी स्थिमीत चूकल्ला म्हजेर ताणे जुलूम केलो. हांवें चूक केल्ली न्हय. सिलवी परत रडुंक लागलें.

तें सक्कड हांव जाणा. तुजी चूक न्हय. जाल्लें जालां. आतां ह्या बाळशाक दूद दी. तीन म्हयने मात्र. आमी ताका बरीं पोसकीं व्हडिलां तलास केल्यांत. कल्कत्ताच्या एका कातोलीक जोड्याक भूरगीं नांत. बरीं ग्रेसतां तीं. तीं बाळशाक बरें कर्न पळेतलीं. ताणीं व्हरता परयांत तुवें पळेल्यार जालें. जायतमू?

जायत सिसटर म्हणालें सिलवी. सिलविचो हात आपला हातांत घेवन आवय सारका मोगान पोशेवन म्हणाली सी। मारगरीन, तूं आंकवार आवय म्हण म्हाका आनी सिसटर सुपीरियराक मात्र कळीत आसा. आमी कोणायकी सांगिनांव. तूं बाळशाक दूद दी. तितलें पुरो.

सिसटर मारगरीन वेताना, पांगूरल्ला वोलिचें पोंत तोंडांत दवर्न सिलवी रडतालें. घात आनी अक्मानाक वळग जाल्ला तिचेर कोवेंताचीं सिसटरां धारूण जाल्यांत म्हण भोगलें तिका.

***

भावोजीन रातीं जेवणाच्या पयलें ओत्तायेन बियेर दिल्ली. सिलवीक तितलो मात्र उगडास. सकाळीं उटताना अवेवसत जाल्ला भितरला न्हेसणावरवीं जांव, न्हाताना जाल्ला ल्हान रगतास्रावावरवीं जांव आपणाचेर अत्याचार जाला म्हण सिलवीन चिंतलें ना. च्यार दीस भयणी सांगाता रावून तें पाटीं आयिल्लें. पयलें थावन मासीक स्राव वेळातेकीत जायनासल्ला सिलवीक पांच म्हयने भरता परयांतयी आपूण गरबेसत आसां म्हळळो दुबाव जालो ना.

सिलविचें हरदें आनी कूड फुलोंक लागल्ली. पांचवा म्हयनात भरून येंवचा पोटाची तपासणी करयताना दात्तेरनीन सिलवीक आकांतून पडाशें केल्लें. सिलवी गरबेसत आसल्लें. बियेरिंत विसकी भरसून भावोजीन घात केल्लो! सत गजाल सांगला र भयणिच्या फुडाराचेर कुराड पडत म्हळळें सिलवी जाणा आसल्लें. पयलेंच असतीर आसल्लो बाये आनी भावरेजी मदलो संबंद पूरतो तुटंवचो चुकंवचे खातीर सिलवीन त्याग केलो! घुटान गरब स्राव करवंक येवजिलें. एका दात्तेरान थोड्यो गुळियो दिल्यो सयत. कितेंय जालें ना.

८

पांचवा म्हयना चो गरब जाल्ला न, गरब स्राव करवंक जवाब्दारेच्या व्हडिलांची वा लागशिल्यांची (छीढ्टीृढ्टीण) कबलात जाय आसल्ली. सिलवीन आपला लागशिल्या इश्टिणेची कुमक मागली. गरब स्राव खून केल्लेपरीं म्हण सिलवीक समजयिल्ला तिणे सिसटर क्लेमेंटिनीक खबर दिली. आंकवार आवयांक आनी अनापेक्षीत गरब काडुंक वेच्या स्त्रीयांक आधार दिताली सिसटर क्लेमेंटीन. गरब स्राव आडावन बाळशांची खून जांवची चुकंवचें तिच्या मिसांवाचो इरादो जावनासल्लो. सिसटर क्लेमिंटिनीन सिलविची पाट धरली. मेंदू धुलो. गरबपात खुनी बा, म्हण सिलवीक समजयलें. परिहार तिचेकडे आसल्लो. कोवेंताच्या इसकोलांत बरया कामाचें नीब दीवन सिलवीक भुवनेश्वर लागशिल्या कोवेंताच्या आस्रा क धाडलें. तरना विधव आवयचो वेस घेवन सिलवी भुवनेश्वराक पावलें.

’ काजाराच्या म्हयना भितर दादला च्या मोरनान विधव जाल्ला ‘सिलवीक कोवेंतांत हेरां प्रास चड दया आनी आदार मेळ्ळो. आंकवार आवयांक, आनापेक्षीत गरभेसत स्त्रीयांक आस्रो दीवन, बांळतेर करवन तांच्या बाळशांक पोसची वा पोसकें घेतेल्यांक कानुनाखाल दिंवची वेवसता आसल्ली, त्या कातोलीक असऱ्यांत. सिलवी तांचे पयकिचें एकलें जालें. बांळतेराचे दीस लागीं जाताना अंतरमुकी जाल्लें सिलवी, बांळतेरा उपरांत देदेस्पोर जालें.

मातें भर केस, मातशें लांब नाक, गोरसी कात – बाळशाचें रुपणें आपणाचेर अत्याचार केल्ला मिवणा सारकें आसा म्हण भोगलें सिलवीक. सिलवी, भावोजीक कांटाळतालें. हगें आनी राग तिचे थंय भरल्लो. घात केल्ला मिवणा चें प्रतिरूप जावनासल्ला चेरका बाळशाक बांळतेराच्या पयिल्ला रातीं लगाड काडुंक प्रेतन केल्लें सिलवीन. वीस वरसां थावन आंकवार अवयां सांगाता वावूर्न आसल्ला सिसटर मारगरिनान सिलविचेर दोळो दवरल्लो. असलें नडतें तिका नवें न्हय. बाळशाक जिवेशीं मार्न सिलवी वेगीं पाटीं वचुंक प्रेतन करता म्हण लेकलें तिणे. सिसटराच्या चत्राये वरवीं बाळशें ऊरलें. सिलवी बाळशाक दूद दीवंक आयकाना जालें. आपणाक दूद ना. दूद दीवंक जायना. म्हण सळ करिलागलें. दूद दिल्यार मात्र दूद जाता म्हण सिसटरांनी समजयला री सिलवी हट सोडिना जालें.

***

सिसटर ऐरिनान बाळशाक पाळणात दवर्न चत्राय दीवन गेल्ला थोड्या वेळा उपरांत सी। मारगरीनयी गेली. चोरियां सिलविचेर नदर दवरुंक विंगड मांडावळ केल्ली. पाळणातला बाळशाक पळेवन सिलवी कळवळोन रडलें. तें सलवाल्लें! तीन म्हयने त्या बाळशाची जतन घेतल्ला शिवाय दुस्री वाट तिका नातल्ली. सिसटरांच्या दबावाक खाल्तिमान घालिजे पडल्ली. सिसटरां गेल्लिंच पाळणातला बाळशाक नाखुशेन हातांत घेतलें सिलवीन. आपला पान्याची चींव बाळशाच्या ओंटाक लायली. बाळोक भुकेल्लो. आशेन चिवोंक लागलो. चडताव बाळशीं पयलें पानो चिवोंक सळ करतात. पूण सिलविचो बाबुलो सवय आसल्लेपरीं पानो घेवंक लागलो.

बाळशान पानो चिंवताना सिलवीक नवो अनबोग जाताशें भोगलें. एक अपूरव भोगप. मतिंत भरून आसल्लीं धेदेस्पोरायेचीं चिंत्नां मायाग जातात तशें जालें तिका. पानो सेंवचो रावयता परयांत नवीच एक धादोसकाय सिलवी थंय चडून आयिल्ली. ते रातीं च्यार पावटीं सिलवीन बाळशाक दूद दिलें. हरयेक पावटीं पानो दिताना सूरवेर भोगल्ली प्रफुल्लता भोग्ताली. आनी त्या खातीर तिणें बाळशाक पाळणा थावन आपला पासळेक घेतलें. बाळशाक लागसार दवर्न ताच्या मोव मात्याच्या रस्मळया केसांनी बोटां भोंवडयताना,

बाळशाच्या पोल्याक, हातां–पांयांक पोशेताना सिलविच्या मतिंत समदानाचीं लारां उदेतालीं. आवयपणाचो अनबोग तो! बाळशाचो सांगात सिलवीक विशिश्ट तृप्ती दीवंक लागलो. दुस्रा दिसा सिलवी बाळशाक पासळेंत घेवन्च आसल्लें. च्यार पांच पावटीं बाळशाक पानो दिताना चोरयां सिलविचो पारो करतेल्या स्त्रीयेन सिसटर मारगरिनाक खबर दिली.

सिलविच्या बदलल्ला नडता विशीं सिसटर मारगरिना थावन आयकाल्ले सिसटर ऐरिनान, 'तें नाटक करता. नटन करचात चलाक आसा. जाग्रूत' म्हण चत्राय दिली. सी। मारगरिनाकयी तें सत दिसलें. एक हप्तो पाशार जालो. बाळशा थंय सूरवेर आसल्लो नेगार सिलवी थंय पूरतो नपंयच जाल्लो. सिलवी बाळशाक लालेवंक लागलें. मिवणा च्या अन्यायान जाल्लो म्हळ्ळेंय तिणे मतिंतलें काडुंक पळेलें. जुलूम केल्ला भोवोजीक आनी ह्या भूरगा क कितेंय ताळ पडाना म्हळ्ळीं चिंत्नां तें आटवंक लागलें.

बाळयाक ओत्तायेन आपलें दूद दितालें. दूद पियेल्ला उपरांत खांद्यार दवर्न देंक काडयतालें. पाळणात वा पासळेंत मुतला र वा म्हेळें केल्यार नितळ करुंक सिलवी घळाय करिनातल्लें. जनेलाच्या पडदा च्या इड्यांतला न तवळ तवळ तीळन पळेवंक नमियारल्ला स्त्रीयेक, सिसटरां भेश्टेंच सिलविचेर दुबावतात म्हण भोगल्लें.

तें बरें कर्न बाळशाक पळेता सिसटर. तुमी भेश्टेंच तिचेर दुबावतात म्हण सयत तिणे सी। मारगरिना कडे सांगल्लें. बाळोक एका म्हयना चो जाताना सिलवी पूरतें क्रियात्मक जालें. सकाळीं बाळशाक तेल पुसून, हात पांय मालीश कर्न न्हाणायतालें. अनाहूत करीत म्हण सी। ऐरिनान चताय दिल्ला न न्हाणयताना आस्रातली म्हाल्गडी आया सिलवीक सांगात दिताली.

सदां सिलवीच न्हाणयतालें. उपांत गाणां गावन बाळशाक पाळणात निदयतालें. मदें उटून रडात तर पाळणें धलयतालें. हेर दुदाची सवय करचे खातीर सिसटरां बाळशाक बोतलेंत पिट्याचें दूद दितालीं तर यी बाळोक सिलविच्या दुदाक ओत्ताय करतालो. बोतलेचेम दूद पियेवंक आयकनातल्लो. सिलवीय बाळशाच्या ओत्तायेक ना म्हणानातलें. बाळशे सिलविच्या उल्याक प्रतिक्रिया दीवंक लागलें. दूद पियेताना एक हात आवयचा पान्याचेर भोंवडावन'आ. ऊ.'करतालो. कुडिंत वाडोन येताना चटुवटिकांनी चडून आयलो. दोन म्हयनाचो जाताना सिलविची वळक धर्न आंबूरको हासुंक शीकल्लो. हात–पांय हालवन सिलविच्या पासळेक येवंक बाळशान दाकंवचो दरवड सिलवीक पूरतो पिश्यार घाल्तालो.

सिलवी बाळशा कडे गोद्दा गोद्दा उत्रांनी उलयतालें. खंच्याय मोगाळ आवयक सोडन दिनाशें खेळयतालें. रडला र भुजयतालें. हेणे–तेणे भोंवडायतालें. आस्रात बाळंत जाल्ला आवय–बाळशां मधें सिंतिमेंताचो बांद आसचोच अपरूप. तशें कितेंय जांवचो आसला र सिसटरां चत्राय घेतालीं.

सिलवी थंय तशें घडत म्हळ्ळा सिसटर मरगरिनाच्या दुबावाक सी। ऐरीन पात्येलिना. तें नटन करता. हांवें भेश्टयल्ला खातीर आपलो घूट उग्तो जायत म्हळ्ळा भिरांतेन आमकां मांकोड करुंक पळेता. ताचेकडे सिंतिमेंतां नांत. म्हळें सी। ऐरिनान. पोयर बाळशाक ताप येताना रात भर जागें रावून बाळशाची चत्राय केल्ली. बाळशाक आंटिबयोटिक्स आपूण हाडयतं म्हण विचारुंक आयिल्लें. सिसटर मारगरिनान आपलो दुबाव उचारलो.

ಐ

अन्येक म्हयनो वचुंदी. कशें खुशेन बाळशाक सोडन वेता पळे. तें हांगा थावन वेच्या दिसाक राकून आसा. पोयर सिसटर क्लेमिंटिनीक बरयिल्ला कागदांत हांव हांगा थावन पाटीं येवंक रात्तां म्हण बरयलां तिणे. तो तिचो नाटक सी। ऐरिनान सिलवीक तशें पारिकल्लें.

बाळशाक अडेज म्हयने जाताना सिलवीन पाटीं वेच्या दिसाची मांडणी जाली. सिलवी गेल्ला म्हयना भितर, पोसकें घेवंक आयतें आसल्ला व्हडिलांच्या ताबेन बाळशाक दिंवचें येवजणयी तयार जाल्लें. कल्कत्ताच्या कातोलिकां

बदलाक ढेल्लिच्या आन्येका मंतनाच्या क्रिसतांव जोड्याक पोसकें दिंवची विलेवारी जाता म्हण सी। मारगरिनान सिलवी कडे सांगलें.

खबर आयकून सिलवीन आपलो संतोस उचारल्लो. बरें जालें सिसटर. कोणाय बरया व्हडिलांच्या ताबेन गेल्यार पुरो म्हण हांव मागोन आसल्लीं. म्हळें तिणे. सिलविची प्रतिक्रिया पळेवन, सी। ऐरिनान सांगून आसल्लें सत म्हण सिसटर मारगरिनाकयी भोगलें. ऊरल्ले दीस वेगान पाशार जाले. सिलवीन भुबनेश्वराक आनी आपला पयला मोगाच्या बाळाक आदेवस मागचो दीस नम्यारल्लो. बाळशा सांगाता दोन राती आनी एक दीस मात्र ऊरल्ले. ते रातीं नीदल्ला सिलवीक सारकी नीद पडलिना.'आपला बाळशाक पोसकें करचीं कसलीं मनशां कोण्णा. बरें कर्न पळेतीत.'सिलवी चिंतुंक लागलें.'पोसकें घेतल्लाक उपरांत भूरगें जाल्यार. खंडीत ह्या बाळशाक नेगार करतेलीं.'

भूरगो व्हड जाताना कितेंय चूक केल्यार हराम्याक जल्माल्लो. रांडेचो भूरगो. पात्काचें फळ म्हणतीत तर. सिलवीक विंचवण नातल्ली. बाळशाक सोडून पाटीं आपला समाजेंत 'आंकवार' जावन उरोंक मात्र तिका वाट आसल्ली. पाटीं वचून, बरी सयरीक पळेवन काजार जावन नव्यान जिवीत बांदून हाडुंक सलीसायेचो आवकास सिलवीक आसल्लो. सिलवी चिंतून आसताना, तिका वोडल्लेपरीं जालें! भूरगो सिलविचें वसतूर आपला नाजूक हातांनी वोडतालो. सिलवीन बाळकाक भूक लागला म्हण चिंतलें.

बाळकाक हातांत घेवन आपलें दूद दिंवचा क पान्याची चींव ताच्या वोंटा सरशीं व्हेली सिलवीन. बाळोक चींव घेंवचे बदलाक 'हा. हू. आवाज करिलागलो. म्हाका अनात कर्न सोडून वेताय? म्हण तो विचारता तशें भोगलें सिलवीक. बाळशाक आपला दोनयी हातांनी घेवन सिलवी उबे रावलें. जनेला थावन चांदना चो उज्वाड बाळशाच्या मुसकरार पडतालो. तो परता न तेंच सवाल विचारता म्हण भोगलें तिका. सिलवीक आपलें काळीज तुटता तशें भोगलें.

म्हाका तूं सोडन वेताय माम्मी बाळशान उचारिनातला रयी एक ताळो सिलविच्या कानांक परत परत मारुंक लागलो. त्या वगता सिलवी थंय जाप नातल्ली. बाळशाक आपला विणगा हरदा क दांबून धर्न तें हुसकारोंक लागलें.

***

सिलविचो नीरदार आयकून सी। ऐरीन उडोन पडली. कितें उलयताय बा सिलवी. असले उमाळे, सिंतिमेंतां तुका म्हारोग पडतेलीं बा. सिसटर क्लेमेंटिनीन आमकां सक्कड बरयलां. तुका बरो फुडार आसा. तूं बरया कुटमांतलें. असली नालिसायेची जीण तुका जियेवंक जांवचें ना.

म्हाका ह्या बाळशाक सोडन जियेवंक साध्यच ना. म्हजो भूरगो अनात जावंक नजो. सिलविच्या उत्रांनी धृडता आसल्ली.

ಐ

तुज्या बाळाक बरीं पोसकीं व्हडिलां आमी तलास केल्यांत. ढेल्लिंतला ग्रेसत क्रिसतांव घरण्यांत तो सुशेग वाडतलो. तुजें बाळ बरया कुटमाक वेता. कसलीच नालिसाय नासतां वाडतलो बा. सिसटर ऐरिनान पुसलावन सांगलें. ना सिसटर. म्हज्या भूरगा क हांव मात्र आवयचो मोग दीवंक सक्तलीं. हांवे सूख जोडचा खातीर म्हज्या ह्या भूरगा न आवय–बापय नातल्लो आनात जांवचो नाका. म्हाका म्हजें बाळ जाय. सिलवी नीरदार सांडुंक तयारच नातल्लें. सिसटरांनी समजंवचें जायित्तें प्रेतन केलें. सिलवीन निचेव बदलिलोना.

*** ——— ***

# आन

‘आन अंतरलो’ म्हण लिगोरीन व्याटसपाचेर दोन्च उत्रांचो धाडल्लोसंदेश म्हाका पावतना, सकाळिंच्या आदेसाच्या मिटिंगाच्या तयारेर आसल्लों.

संदेश वाचून म्हाका झगलाणें मारल्लेपरीं जालें.

साडे स फीट लांबायेच्या घट जिवाचो, सावळ्या कातिचो, सगळेच दोवशेल्ल्या केसांचो, पर्जळ्या दोळ्यांचो आन दोळ्यां सामकार पाशार जालो तशें भोगलें.

’ सकाळीं बाप्पू भलायकेन आसल्लो. हांव आनी लिल्ली भायर सरतना तोटाक गेल्लो. चिक्के वोडोळ बाप्पू ईजी चेराच्येर बसल्लेकडेच मरण पावल्लें पळवन शेजारच्या लिनान म्हाका फोन केल्लो. हांव अंब्युलेन्स घेवन्च गेल्लों. बाप्पूक हार्टएटेक्क जाल्लें म्हणता दाक्तेर’ लिगोरी हुसकारलो, म्हज्या फोनाक जाप दीवन.

म्हाकाय हध्यांत भरून आयिल्लेपरीं जालें. कानाक धरल्लें मोबयल तशेंच धर्न होटेलाटल्या म्हज्या कुडाच्या सोफाचेर पाटीं वोणकालों हांव. आज ह्या हंताक पावुंक म्हज्या नशीबान आनी प्रयत्नान म्हाका आधार दिल्लो आस्येता, पूण आनाच्या प्रामाणीक व्यक्तित्वान आनी एकीनपणान म्हज्येर बरोच प्रभाव घाल्लो. ताचो स्वाभिमान, सादेंपण आपापिंच म्हज्येथंय किरलोन आयिल्लें. तर्नै प्रायेर म्हाका तें समजुंक ना, पूण बापूय जाल्ल्या ह्या वेळार म्हाका ताचो जोप जातालो.

’ हांव लंडनांत बिजनेस मिटिंगा खातीर म्हज्या कंपणेच्या जणां सांगाता आयलां लिगोरी’ मोबयलाचेर सांगलें हांवें.’आनाची कूड मोर्गांत दवर. येंवच्या हप्त्यांत मोर्न दवरयां. म्हाका तापूडतूप गांवांक येवंक जांवचें ना’

’ दाट्टू’ म्हणालो लिगोरी हुसकारुन्च, ’बाप्पून आपणाचें मोर्न कशें आनी खंय करिजे म्हण विगाराक बरोवन दिलां. त्या कागदाची एक कोपी, कवरांत बंध करून मयन्यापयलें म्हाकाय दिल्ली. ती घरा आसा. आपूण मेल्यार मात्र तें उग्तें करिजे म्हण ताणें ताकीद दिल्ली. तें कागद पळवन हांव उपरांत फोन करतां’

आपल्या जिण्येचें हर हंत जोकून मुकार गेल्ल्या आनान, आपणाच्या मोर्नाची विलेवारी कशी जायजे म्हण बरोवन दवरल्लें म्हाका विशेस म्हण भोगलें ना.

’ जायत. येंवच्या आयतारा न्हय तर सोमारा मोर्न दवर. मोर्न गडद जांवदी. विगारांचें फोन नंबर म्हाका वाटसप कर, हांवच ताच्येकडे उलयतां. आनाची कूड खंय आसा. विडियो काडन म्हाका व्याटसप कर’ म्हळें हांवें.

आनाच्या नाकाबुडांक कापूस दवरुंक नातल्लो तर तो आराम निदला म्हण सांग्येतें. मुसकरार सदांची गंभीरताय आसल्ली. आनाची कूड पळवन म्हाका दूक दांपुंक जालें ना. तुवालो दोळ्यांक आड धर्न हांव हुसकारलों.

लिगोरिच्या फोनाचें निरीक्षण आसल्ल्यान बिजनेस मीटिंगार आसतानांय मोबयल कांपणेर दवरल्लें. थोड्या वेळार लिगोरिच्या फोनार गोलिमार फिर्गजेचो विगारच उलयलो.’आपणाची कूड राकोवन मोर्गांत दवरुंक

ꠗ

नजो, एका दिसा भितर अंतीम विधी चलोवन कूड मेडिकल कोलेजीक दीजे’ म्हण विगाराकडे आनान बरपीं विनंती केल्ली आयकून म्हाका विरार जालें.

आनान बरयिल्ल्या कागदाचो फोटो लिगोरीन व्याटसपाक चिडकायिल्लो. आनान किर्तेच उमाळे, सिंतिमेंतां व्यक्त करिनासतां शीदा व्हेवारीक कागदापरीं विगाराक बरयिल्लें.

’ दुबाय आसचो जेरी ताच्या वावरांत व्यसत आसता जाल्ल्यान ताणें येता परयांत म्हजी कूड राकून दवरची नाका. पुरुंक ना देकून चड मोलाची पेट, फुलांचो सुंर्गार वा कोट शीरकांवचो नाका. हप्त्याचें, मयन्याचें आनी वर्साचीं म्हण म्हज्या उगडासाचीं मिसां भेटंवचिंय नाकात. हांवें वील बरोवन, रिजिसत्र कर्न म्हज्या कबटांत तांबड्या बणाच्या फायलांत दवरला. तो प्रोबेट करिजे’ म्हण मात्र बरयिल्लें.

मांयच्या मोरनावेळारयी हांव दुबाय नातल्लों. अशेंच कंपणेच्या बिजनेस मीटिंगा खातीर सिडनी पावल्लों. मांयचें मोर्न एका हप्त्या उपरांत कर म्हण ओत्ताय केल्यारयी आन आयकुंक ना. मांयच्या मोरनाक वेचें कशें म्हज्या नशीबांत नातल्लें, आतां आनाच्या मोरनाक वचुंकयी म्हाका नीरमुंक नातल्लें.

’ आर मारून दोन हप्ते आस्पत्रेंत तूं येताय म्हळ्ळया आशेन आसल्ली; तुका जीव आसताना कशेंय जालें ना, तिच्या मोरनाक येंवचेंय तुज्या हण्यार बरोवंक ना’ म्हळ्ळें आनान हांव मयन्याच्या मिसाक गेल्ल्या वेळार. आनान अशें खोंकून उलोंवचें आयकून सवय आसल्ल्यान हांवें जाप दिल्ली ना.

कंपणेंत म्हज्या हुद्द्याक आसची जवब्दारी आनाक समजनातल्ली म्हण न्हय. गोलिमार सांत आंतोनिच्या इसकोलांत तेत्तीस वर्सां शिकोवन निवृत्त जाल्ल्या ताका संसाराचो अनभोग बरो आसल्लो. उटाउटीं येवंक जायना म्हण आनाक कळीत आसल्यारयी तो हटाक पडल्लो.

आनाक म्हज्येर तात्सार सभार वर्सांचो.

पियुसिंत हांवें सायन्स घेतल्लेथावन आनाक म्हजेर बेजराय उबजल्ली. ताच्येपरिंच हांवें शिकोवप्याची वृत्ती करिजे म्हण आन आशेल्लो. बी. ए. बी. एड शिकून गोलिमार हैसकुलांत मेसत्री जावन घरदार सांबाळिजे म्हळ्ळया आनाच्या इराद्यांक हांव कबूल जालों ना. तवळ हांवें मांयचो आधार मागलो. शिकोवप्याच्या कामांपरास हेर कामांनी चड मुनाफो आसा म्हण हांवें मांयक समजयिल्लें. गोलिमारांतले तर्नाटे गल्पांत घोळून आसल्ले दीस ते. कांय चड शिकप नातल्ल्यांनी सयत पेंटेसालांत व्हड व्हड घरां भांदल्लीं. मेसत्रिच्या सांबळांत सदांचे दीस वेच्येच कश्टांचे म्हण अनबोग आसल्ली मांय म्हज्ये कुमकेक आयली. आनाकडे झगडून म्हळ्ळेपरीं म्हज्या पाटीक रावली.

एम. कोम, एम. बी. ए. शिकून ब्यांकांत काम जोडून, उपरांत गल्पांत ब्रिटिषांच्या बरया कंपणेंत हांवें काम जोडल्यारयी आपणाचें आयकुंक ना म्हळ्ळो आनाचो राग निंवल्लोच ना. म्हज्येकडे चड उलयनातल्लो आनी उलयल्यारयी ताच्या उत्रांनी मयपास ना म्हण म्हाका भोग्तालें.

तवळच आनान लिगोरीक लाग्गीं केल्लो.

आनाच्या दाकट्या भावाचो, जेम्माप्पुचो पूत लिगोरी, प्रायेन म्हज्येपरास धा वर्सांक ल्हान.

जेम्माप्पुचें घर आमच्या तोटाक लागून तेनका कुशीन आसल्लें. तोटाच्या बडगाक आमचें घर. आमचें तोट आनी घर आनान स्वंत मिन्हतेन केल्लें आनी जेम्माप्पू मालघड्यांच्या घरा आसल्लो. लिगोरीन इसकोलाचें मेट चडजे जाल्यार जेम्माप्पू पियेल्लो सोरो चड जावन, रगत वोंकून मेल्लो.

ಬ

हांव भुर्गो आसताना, लिगोरिच्या आवयक, जिल्ली मावशेक आन गुपित्त कुमक करता म्हण मांयन आनाकडे कितलेशेपावटीं उत्रांनी झगडोन हप्त्याचे हफ्ते उलोणें सोडल्लें आतांय म्हाका उगडास आसा. जेम्माप्पू पापारी जाल्यारयी, जिल्लिमावशी मर्जेन आसल्ली. तिका तिच्या कुळारचो आधार आसल्लो म्हण आन बासतालो, पूण मांय आन्च तिका पोसता म्हण पूरपूरताली. उपरांत उलोवन पडतालीं आनी उलोवणेंच बंध करतालीं.

बांयचें उदक वोडतना, पांय निस्रून बांयक पडून जिल्लिमावशी मरण पावतना लिगोरी पांचव्ये क्लाशिंत शिक्तालो. जिल्लिमावशेच्या मर्णान लिगोरीक अनात केलो; तशेंच आन आनी मांय मधें सदां उबजोंचो मनसताप बंध केलो.

लिगोरीक आमच्या घरा दवर्न, पोसुंक मांय कबूल जाली ना. आनान्च लिगोरीक शेरांत रेलिजियोसांच्या होसटेलांत दवर्न शिकप मुकारुंची वेवसता केल्ली मांयक कळीत नातल्ली. रजेर लिगोरी आमच्या घरा येंवच्येपरास चड ताच्या आज्याळा वेतालो.

पूण केदनां दुबाय पावल्ल्या वर्सा भितर मुळांत व्हडांगेल्या, दुबांयत आसच्या निनाकडे हांव काजाराक आयतो जालों, आन आनी मांय दोगांयकी लिगोरी चड लाग्गीं जालो दिसता. मंतनाच्या घरण्याच्या चलियेची सयरीक दोगांयकी पसंद जाली ना.

आनान लिगोरीक बी. ए. आनी बी. एड शिकुंक वेवसता केली. आन्च लिगोरीक दुडू दिता म्हण मांयक कळीत आसल्यारयी मांयन आतां आडकळ केली ना. तांच्या उतर प्रायेर हांव पांवचोना, लाग्गीं आसून कितेंय आधाराक येजेतर लिगोरीन मात्र म्हण आनान मांयक समजयिल्लें दिसता.

लिगोरीक गोलिमार हैसकुलांत शिकोवप्याचें काम मेळल्लेंच तो आमगेर रावलो. अशें आनाक आनी मांयक, हांव पूत पयस आनी पुत्नो लिगोरी लाग्गीं जाल्ल्याक हांवें चड तकली आटयली ना.

आनाचेर म्हाका अभिमान आसल्लो, मोग आसल्लो; पूण आनाच्या तात्सार जिनोसान म्हाका गोलिमार वेची वोडनी उणी जायित्त आयली. रजेर गोलिमार गेल्यारयी चड दीस थंय खर्चिनातल्ल्यांव. खावंक वेल्लीं दुबायचीं खाणां, विदेशी सोरो सोडल्यार हेर कितेंच म्हज्येथावन घेवंक आन तयार नातल्लो. दवर आना म्हण ओत्तायेन दुडू दिल्यारयी तो घेवंक आयकानातल्लो. लिपोवन कांय दुडू दिंवचो आसल्यार तो मांयक मात्र.

आनान्च रावून लिगोरिचें काजार, गोलिमार प्रायमरी इसकोलांत शिकोंवच्या लिल्लिकडे करयलें. काजाराक हांव कुटमा समेत गेल्लों. लिगोरी आनी लिल्ली दोगांय आमगेर रावून कामाक वेतालीं. लिल्ली मोगाळ आनी मयपासी. आन मांयक चड पसंदायेची सून जाली. पुताच्या जाग्यार पुत्न्याक दवर्न आन आनी मांय तृप्तेन आसल्लीं.

म्हज्यान कशेंय जायना, उतर प्रायेर जतन घेवंक लिगोरी–लिल्ली आसात म्हण म्हाकाच समधान करुंक प्रयत्न केल्यारयी, म्हजें अंतसकर्न म्हाका तुकलायता तशें भोग्तालें. त्या प्रास चड आनान म्हज्येकडे उलोवंक, म्हजेविशीं विचार करुंक नाखुशी दाकोंवची आनी लिगोरिकडे मयपसान उलोंवचें म्हाका तोप्तालें. हांवें रजेर मंगळुराक वेचेंच चुकयलें. रजा मेळळयार भुर्ग्यांक घेवन विदेशांच्या जाग्यांक वचुंक धरलें.

मांयचें मोर्न जाल्ल्या उपरांत हांवें घरा फोन करचोय उणो केलो. नतलां फेसता दीस लिगोरीक फोन कर्न आनाकडे दी म्हण विचारल्ल्याक, 'तुजें फोन आयिल्लोच आन तोटाक गेला' म्हणालो लिगोरी. आनाक म्हज्येकडे उलोवंक सयत नाका तितलो राग आसल्लो.

आन देवादीन जाल्ल्या धाव्या दिसा हांव गोलिमार पावल्लों.

सरल्ल्या दूसऱ्याच दिसा आनाच्ये खुशेपरमाणें ताची कूड मिसा उपरांत मेडिकल कोलेजीक दिल्ली.

घरा आनाचो फोटो व्हड कर्न, मांयच्या फोट्या कुशीन वोणदीर दवरल्लो लिगोरीन.

आनाचो वील उग्तो करुंक वाड्याचो गूरकार आनी फिर्गजेचो उपाध्यक्ष दोगांयकी, पयलेंच म्हज्येकडे सांगून, लिगोरीन आपयिल्लें.

बरोवन दवरल्ल्या वीला सांगाता, म्हज्या नांवार बरयिल्लें कवर आसल्लें. कवराचेर वयुक्तीक कागद, जेरालड मिरांदान मात्र उग्तें करुंक म्हण आनान दाट अक्षरांनी बरयिल्लें.

जालाच्या कुशीक येवन कवर घेवन हांवें उग्तें केलें.

' मोगाच्या जेरी,

म्हजें संसारी पयण संपलां जाल्ल्यान हो घूट तुका आतां कळयतां:

लिगोरी तुजोच भाव, म्हजोच पूत. आवय मात्र दुस्री.

तुका आतां समजता देकून सत उचारतां, तुज्या जल्मा उपरांत तुज्ये आवयन म्हाका पयस केलो देकून हांव लिगोरिच्या आवयक, जिल्लीक लाग्गीं जालों. जेम्मा सार्को नातल्लो. म्हाका जिल्लिची गर्ज आसल्ली आनी जिल्लीक म्हजी.

परत आवय जांवच्यार आसल्ल्ये भिरांतेन जिल्लीन आम्सर कर्न जिवघात केलो.

लिगोरी म्हजोच पूत जाल्ल्यान हें घर, तोट आनी ऊरल्लो जागो ताच्या नांवार वील केला. ब्यांकांत एक लाख फिक्सेड आसा, ताका तुजें नोमिनेशन बरयलां.

म्हजी खुशी ज्यारी जांवदी.

वाचून जाल्लेंच कागद पिंजून उडय.

तुजो आन.'

हांवें कागद चुरान चूर केलें.

कागदाचो चूर कुजनाक वर्न, जळच्या रांदणीक घालो.

म्हजो पाटलव कर्न आयिल्लो लिगोरी आनी कुजनांत रांदून आसल्लें लिल्ली थटाक्क जाल्लीं.

*** ——— ***

ϖ

# बारावी म्हाळय

लिफ्टाचें दार उग्तें करुंक आसची स्विच्च कशी कशी दांबल्यारयी दार हालनातल्लें पळवन सेल्लिबाय कालुबुलो जाली. परत परत दांबून तिच्या दाव्या हाताचें बोट दुकोंक लागलें. उज्व्या हातांत आसल्ली दुदाची पेकेट सकला दवर्न, दाव्या हातांत स्विच्च दांबून, उज्व्या हातांत लिफ्टाचें दार उग्तें करुंक प्रयत्न करतना, 'लिफ्ट बंध पडल्या बाये. दार तशें उग्तें जायना' म्हणालो पाटल्यान रावल्लो वाचमेन इनास.

शेरांत त्या बिलडिंगांत रावुंक धर्न, तीन मयने जाल्ले. त्या तीन मयन्यांनी त्या बिलडिंगांत तिका वळक आसल्ली वाचमेन इनासाची मात्र.

' म्हाका वयर वचजे इनासाबा. लिफ्ट बंध केल्याय किर्ते. चालू कर नये' विनवणी केली तिणें.

' हांवें बंध करुंक ना बाये. एक लायन गेल्या. खंय गेल्या म्हाका कळना. प्यानेला भितर तीनयी लायट पेटतात. लिफ्टाक आनी थोड्या प्ल्याटांक मात्र करेंट वचना.'वाचमेन हाळवायेन म्हणालो.

' सायबा सांतांतोनी' उदगारून म्हणाली सेल्लिबाय, 'म्हजो दादलो घरांत एक्सुरोच आसा. ताका हुश्यार ना. म्हाका वेग्गीं घरा वचजे' सेल्लिबायेच्या उत्रांनी आम्सोर आसल्लो.

' अर्जंट आसल्यार चलून वचजे बाये' म्हणालो इनास, 'करेंट केदळा येता सांगुंक कश्ट. आज सन्वार न्हये. लिपटाच्याक फोन केलो, तो सोमारा जालें म्हणालो बाये. सेक्रेटरी गोंया गेला. कोणाकडे सांगचें?'इनासान आपली असहायकता उचारली.

' चलून वचुंक बारावी म्हाळय. कशें वेचें?. किर्ते पूणयी कर न्हये. म्हजो दादलो प्ल्याटांत एकलोच आसा. ताची भलायकी बरी ना. दनपरां सारको जेवंक ना. तो उपाशीं आसा' सेल्लिबायेन मोवाळायेन पोरात्तिलें.

' करेंटाक हांवें किर्ते करचें बाये. ह्या बिलडिंगाची सनी सुटुंक ना. बिलडरान एलेट्रीशियनाचें बाकी दवरलां देकून तो कशें कशें पोरात्तिल्यारयी येना. मेसकोमाच्यांक आपवंक प्रोबलम बिलडिंगा भितरलो. ट्रान्सपोर्मार कांय जाल्लें तर तांकां फोन करतों. दूसऱ्या एलेट्रीशियनांक आपयजे तर सेक्रेटरीन. तो गोंया वेता म्हण गेला. ट्रेयनार आसा दिसता, ताचें फोन लागना' पेंयट गेल्ल्या आपल्या लोंकडाच्या कदेलार गळोन म्हणालो वाचमेन.

तितल्यार ताचें मोबयल वाजुंक लागलें.

' ना लिफ्ट ना. करेंट वचना' म्हणालो इनास मोबयलाचेर उलयिल्ल्याक जाप दीवन.'दूसऱ्या माळियेरथावन देंवुंकयी लिफ्ट जायजे' आपणायितल्याक घुणगुणलो इनास.

बिलडिंगा भितरल्या कोणे फोन केल्लो.

' म्हाका घरा वचजेच इनासामा' आडदोस मागून म्हणाली सेल्लिबाय, 'करेंट ना तर जनरेटर घाल्तय न्हये. जनरेटर घालन पळे. येज्मान्यान म्हज्या दनपरांय किर्तेय खावंक ना. ताका शुगर आसा'

ꣻ

शेरांत प्ल्याटांत रावल्यार करेंटाचे समस्स्येच आसानांत, करेंट गेल्यार जनरेटर आपापिंच चालू जाता म्हण विलफीन सांगल्लें मात्र सत. गोलिमारांतलें घरदार सोडून शेरांतल्या प्ल्याटांत रावुंक ओत्ताय करुंक विलफीन दिल्ल्या जायित्त्या निबांपयकीं करेंटाची गजालयी एक. गोलिमारांत करेंट गेल्यार वरांचीं वरां मात्र न्हय थोडेपावटीं दोनतीन दीस करेंट आसानातल्लो. पावशिल्या थोड्या दिसांनी खंय रुकाच्ये पांटे पडून वयारां तुटल्यार हप्तोपरयांत रिपेरी जायनातल्ले. प्ल्याटांत करेंट केदनां वेता, केदनां येता म्हण मात्र कळनातल्लें. तो एक सुशेग भोगल्लो सेल्लिबायेक.

' बिलडिंगाक करेंट येता बाये. प्यानेलाभितर खंय वयार हुल्पलां म्हण दिसता. जनरेटर घाल्यारयी लिफ्टाक करेंट येना' म्हणालो इनास, 'एलेट्रिशीयनान येवन पळयजे. वरां स उत्रालीं; आतां कोण येता म्हण. वळकिच्या कोणेंय दाक्षेणेन येजे. सेक्रेटरी आसल्यार कितेंय करतो. तो ना. ह्या बिलडिंगांत ऊरल्ल्यांक पडून गेल्लें ना' आपणाचे संकट चडोवंकच इनास अशें उलयता तशें भोगलें सेल्लिबायेक.

' तूं म्हाका एक उपकार कर. हांव म्हज्या प्ल्याटाची चावी दितां. म्हजो दादलो बेडरुमांत निदून आसल्लो; आतां उटला आसतालो. ताच्या लागसर मेजार फ्लासकांत चा आनी प्लेटिंत बिसकुत्यो दवरल्यात. लिफ्ट सारकें नातल्ल्यान हांव सकलां आसा म्हण ताका सांग; च्यार बिसकुत्यो दीवन, प्लासकांतली चा हळू ताच्या तोंडाक कुलेरांत वोत. उपकार तुजो. तुका हे दवर' सेल्लिबांयेन गोमटी आड कर्न, धा रुपियांचो नोट मुकार धर्न आडदोस मागलो इनासाकडे.

तिच्या गोलिमारांत धा रुपियांक मोल आसल्लें; शेरांत धा रुप्यांक पेटो सयत शिमटी हालयना म्हण ती नेणासली.

' अय्यो देवा म्हज्या' म्हणालो इनास, 'म्हजे दोनयी दोंपोर झरल्यात न्हये बाये. पांय दिसानदीस अट्टे जायित्त येतात. माळियेचीं च्यार मेटां चडुंक जायनांत आनी दात्तेरानयी म्हाका मेटां चडून वयर वचनाये म्हळां. मेटां चडुंक जाल्लें तर हांव लोरिड्रैवराचें काम सोडन ह्या सेक्युरिटिच्या कामाक येतोंये बाये. तुंच्च हळतान चलून वच. करेंट केदना येता सांगुंक जायना' इनास खडाखड म्हणालो.

आयतारा मिसाक वचून येतना, भायर आंगडी कितेंय वोरवी हाडुंक गेल्ली येतना इनास मुकार मेळ्ळयार कसो आसाय. म्हण तिणें विचारल्लें सोडल्यार तिका वाचमेनाकडे उलोवन सळगी नातल्ली.

' आजच अशें जायजेगी. कामाची बायल भूरगें बरें ना म्हण वचून तीन दीस जाले. फोन केल्यार पाल्यां येतां पाल्यां येतां म्हणता. फ्रिडजांतलें दूद हून करतना पुटून गेलें देकून अर्जंट एक अर्धें लीटर दूद हाड्यां म्हण सकला आयिल्लीं. सनी लागल्लीं हांव.'कळवळोन म्हणाली सेल्लिबाय.

' ती गौडांची बायल. मंकम्म तुमगेर कामाची? काम सोडलेंगी तिणें?'विचारलें इनासान.

' म्हजो पूत शेरांत जाय तशें कामाक जणां मेळतात म्हणतालो' दूरसाली सेल्लिबाय 'तीन मयन्यांनी तेगां जालीं. एकलिंय समकट्ट नांत. हें म्हज्या धुवेन हाडन दिल्लें. काम सोडुंक ना. तीन दीस थावन येना '

’ मंकम्म आनी तुमगेर येना बाये’ वोंटांभितर हासून म्हणालो इनास, ‘तें काल थावन त्या मुकल्या बिलडिंगांत कामाक वेता. हांव सदांय पळेतां तिका. जब्बोर बायल हां. तिणें सोडन गेल्लें बरेंच जालें., एडवान्स सांबळ घेतलामू?’

इनासान तशें सांग्ताना हुंबले चाबल्लेपरीं जालें सेल्लिबायेक.

’ भूरग्याक हुश्यार ना म्हण दोन मयन्याचो सांबळ वर्न गेलां’ चडपडली सेल्लिबाय.

’ तुका एक गजाल सांग्तां. ह्या शेरांत कामाच्यांक तेंय त्या गौडी बायलांक पात्येंवच्यें न्हय’ म्हणालो इनास कदेलापाटल्या कुंद्याक वोणकून, ’तांकां कितलें दिल्यारयी पावना. व्हयल्यान वोंटियेंत लिपोवन वरतात. आनी हें मंकम्म आसा पळे, अव्वल बायल. हेरांक मंकू करच्यांत अस्सल जातलें म्हण कळीत आसल्ल्यान्च तिका जल्मताना मंकम्म म्हण नांव दवरल्लें दिसता’

लांब उस्वास घेतलो सेल्ली बायेन, तिका कितें करचें म्हण सुसतालें ना. गोलिमारांत सेजारचें नीलू तिका उज्व्या हातापरीं आधार दितालें. कूल, सांबळ म्हण लेक करिनातल्लें. वीस–पंचवीस वरसांथावन आपल्याच घरच्या जणापरीं तिच्ये सांगाता आसल्लें. इतल्या पात्येणेचें सगळ्या घराच्यो चावियो दिल्यारयी कुसकुटाची काडी चुकयनातल्लें. जेरिमयाबाची आपल्याच बापय तसल्या मोगान चाक्री करतालें.

प्ल्याटाक वेचें नाका, गरजेक हांगा नीलू आसा म्हण सांगल्यारयी विलफी आयकुंक ना.’नीलूक नर्सिंग शिकप ना. ताणें बरयान चाक्री केल्लितर ड्याडिच्या पेंकटांत खिणां पडतिनांत. ड्याडीक प्ल्याटांत दवरल्यार हौसनर्सां मेळतात. तीं बरें कर्न देक घेतात. कुडिचेर एक घाय जावंक सोडिनांत’ म्हण बासिलागल्लो विलफी. जेरिमयाबाच्या पाटीर पडल्लीं खिणां चड जावन, ओपरेशन करुंक पडल्लें; तीन हप्ते आस्पत्रेंत आसल्लो.

प्ल्याटाक हाडल्ल्या सूरवातेर हौसनर्स म्हण मलयाळी एकलें आयिल्लें, सगळो दीस आपल्या मोबयलाचेर आसतालें. दिसाक पांयशीं रुपय सांबळ घेवन तिणें आराम आसचें सेल्लिबायेक पळवंक जालें ना. जेरिमयाबाक वेळा वेळाक खावयतालें; दिसाक एकपावटीं वसतूर भिजोवन आंग पुसतालें. चुकून सयत कुजनाक येनातल्लें. त्या नर्साक रांदून व्हाडुंन्च सेल्लिबायेक पुरो पुरो जाल्लें. विलफिकडे फोनार सांगल्ल्याक, ’तुका एडजेसट करुंक कळना मांय. इल्लें एडजसट कर. एजेन्सिचीं हौसनर्सां तशिंच’ म्हण सेल्लिबायेकच दूरसाल्लो. एका मयन्यान त्या नरसाक सोडन सोडल्लें तिणें.

’ एकच हळतान चलून वयर वच, ना तर हांगा बस’ म्हणालो वाचमेन, दोडन दवरल्लें लोंकडाचें आन्येक कदेल सोडोवन, ’वयर थोड्या अंतसतांनी करेंट ना. काळोक पडल्यार तुका वयर चडुंक दिसचें ना.’म्हणालो तो मुकारून.

’ म्हाका हार्टाचे प्रोबलम आसात इनासामा. माळियेचीं तीन मेटां चडू तर दप येता. दात्तेरान मेटां चडुंकच नजो म्हळां. बारा माळियो चडूं तर मधेंच काळीज रावून मरुंक आसां. कसली पन्वती लागली म्हाका’ म्हणाली सेल्लिबाय कपलाक हात मार्न. ती कदेलार बसली ना.

’ तर बाराव्या माळियेर कित्याक फ्ल्याट काणघेल्लें बाये. तुका काळजाच्ये दोशी, येज्मन्याक उट्ंक जायना तर बाराव्या म्हाळियेर कित्याक घर केलें? पयल्या माळियेर. ना तर हांगाच ग्रौंड लेवेलाचेर बरें आसल्लें न्हये’ राजंव उलयलो इनास.

’ म्हज्या पुताक ह्या बिलडिंगाच्या धनियान दुबाय वचून मांकोड केल्लो दिसता. सक्कड फ्ल्याटां गेल्यांत. बारा म्हाळियेर एक मात्र आसा म्हणून हें ताच्या गोमट्याक भांदल्लें. हांगा पळयल्यार पन्नास घरांपयकीं पंद्रांनी सयत जण नांत. म्हज्या माळियेर आमच्यें सोडल्यार ऊरल्ल्या फ्ल्याटांनी कोणयी रावनांत ’ समा सांगलेंय बाये’ म्हणालो इनास, ’दुबायगारांक तें आसा हें आसा म्हणून बिलडरान फ्ल्याटां विकल्यांत. समाकट्ट एकयी ना. आनी तुज्येपरीं आसच्या प्रायेसतांक बाराव्या माळियेर दवरुंक तुज्या पुताक मांड्डो समा नांगी म्हणतां हांव. दोन लिफ्ट घाल्यात, एक आजून चालू जावंक ना. ही लिफ्ट सेकेंडह्यांड दिसता. केदनांय पाड जाता. लिफ्टाचें कंट्रोल टेरेसावयर. खंय थंय फ्यूस गेलागी. वचून पळेवंक लिफ्टाच्यांनी येजे. म्हाका वचुंकयी जायना, गेल्यार कळोंकयी कळचें ना’ इनास सत उलयतालो.

(लिफ्ट त्या सांजेर सारकें जांवची कितेंच खुणां नातल्लीं.

बिलडिंगा भितर आसच्या आनी थोड्यांनी फोन कर्न लिफ्ट नातल्ल्याक इनासाक परत परत दूरसाल्लें. इनास बिलडराच्यें नीब दितालो.

सेल्लिबायेच्ये आटेविटे चडुन्च आयिल्ले.

’ एकलोच पूत, ताच्यें फ्ल्याट. ताच्या ओत्तायेक आयल्यांव. म्हज्या येज्मन्याक आर मारल्या. आर मारल्ले उपरांत पडून कुटाचें हाडयी मोडलां. ताका कोणेंय धरल्ल्या शिवाय बसुंक सयत जायना. उलोवंक जायना. गोलिमारांत रावल्यार समकट्ट दाक्तेर मेळनांत. अर्जंट जाय जाल्यार आंबुलेन्सयी मेळना म्हण म्हज्या पुतान ह्या प्ल्याटाक हाडन घालें. बारावी म्हाळय नाकारे म्हळें. व्हारें बरें येता. व्हारें नितळ आसता. फेसिलिटी बरे आसात म्हण उकुलन म्हळ्ळेपरीं हांगा हाडलें. नाका नाका म्हळ्यारयी आयकुंक ना. व्हयल्यान म्हज्ये एकलेच धुवेक हांगाच नीरमार काजर कर्न दिलां. गर्जे आकांताक तें लाग्गीं आसा म्हण पुसलायलें. तें पळेल्यार गोलिमार आयल्यार एक दोन दीस तरयी रावतालें, हांगा आयल्यार तिका आम्सोरच’ सेल्लिबायेन आपले संकट उग्तायले.

’ धूव हांगाच आसा तर तिका फोन कर न्हये बाये. लिफ्ट चलना म्हण सांग. ती तरयी येत’ वाचमेनान राजंवीक परियार सांगलो.

’ मोबयल घरा सोडन आयल्यां इनासामा. पांच मिनुटां भितर येतां म्हण सकला आयिल्लीं. दुदा आंगडिचो खंय गेल्लो. धा मिनुटां ताका राकून पाटीं येजे तर हें आन्वार’ सेल्लिबाय विरारयेन म्हणाली.

’ तिचें नंबर सांग. म्हज्या मोबयलाचेर फोन करयां’ वाचमेनान आपलें मोबयल भायर काडलें.

’ नंबर म्हाका खंय उडास आसा. पुतान मोबयल दिलां. तांतूं दोन दांबल्यार फोन धुवेक वेता. मोबयल म्हणयी घेवन येतीं’ कळवळोन म्हणाली सेल्लिबाय.

ती तशें उलोवन आसताना, लिफ्टाच्या कुशिंतल्या मेटांनी एक तर्नाटो आनी एक चली सांगाता देंवून आयलीं आनी कारासशीं गेलीं. तांकां पळेल्लेंच कितेंगी उडास जाल्लेपरीं सेल्लिबाय सट्टकर्न त्या तर्नाट्याच्या कारासशीं गेली.

तो तर्नाटो चोवदाव्या माळियेर रावतालो, दोन तीन पावटीं लिफ्टाचेर वेतना सेल्लिबाय ताच्येकडे उलयिल्ली. क्रिसतांव भुर्गो, कांय आपणाच्या कुमकेक येत म्हळ्ळया अत्रेगान ताच्येकडे वचून जेरिमयाब फ्ल्याटांत एक्सुरो आसल्लें आनी आपूण सकला आयिल्ले संकट सांगुंक सुरू केले तिणें.

’ हांव बिझी आसां आंटी. व्हयर थावन चलून येवंकच पुरो जालें. आनी परत वयर वेचें कशें? म्हाका सात वरार आस्पत्रेक पावजे. सोर्री आंटी’ म्हणत्त कार चालू केलें ताणें.

’ तो तुज्या कुमकेक येंवचो न्हय बाये’ म्हणालो इनास, पाटीं आयिल्ल्ये सेल्लिबायेकडे.’बापूय खंय गल्पांत घोळता. हो हांगा दाक्तेर्गिगी कितें मण्णमसण शिक्ता. कितें शिक्ता देवाक गोत्तू. दिसाक एकेका चलियेक आपवन हाडता. अळे हें सकाळीं आयिल्लें. रातीं येतना आनी बोल्तेंच कोण आसता’ इनास व्यंग्य उलयलो.

गोलिमारांत वाड्याचो गूरकार बेन्नासिकेरिच्या पुता रितेशाचो उडास आयलो सेल्ली बायेक. जेरिमयाबाक आर मारल्ल्या सांजेर बेन्नासिकेर गोलिमारांत नातल्लो. सेल्लिबायेन जेरिमयाब पडला म्हण सांगल्लेंच दूसऱ्ये दीस परीक्षा आसल्ल्याचें गण्णें करिनासतां रितेश तिच्या घरा धांवून आयिल्लो. जेरिमयाबाक कितें गडीस समस्सो म्हण कळल्लेंच सायकलार गोलिमार पेंटेक वचून सुंदरण्णा दाक्तेराक आपवन हाडन आयिल्लो. परत वचून, आंबुलेन्स हाडन, सेल्लिबाये सांगाता जेरिमयाबाक घेवन आस्पत्रेक आयिल्लो. तिच्या मात्र न्हय वाड्यांत कोणायच्या गर्जांक पावोंक रितेश आनी ताच्या सांगात्यांचो पंगडच आसल्लो.

गोलिमारांत जर सेल्लिबाय आसल्ली तर, गोलिमारांतले तर्नाटे तिका उकुलन वयर फ्ल्याटा पऱ्यांत वरते म्हण भोगलें तिका.

ह्या शेरांत कोणाक कोण ना. एकाच बिलडिंगांत रावल्यारयी सेजार म्हण एकामेकाक वळकनांत. लिफ्टार मेळ्ळयार वळकिच्ये हासो सयत दिनांत. सगळो दीस कोण ना कोण येवन वचून आसच्या आपल्या गोलिमाराच्या घराचो उडास येतना आपूण खंय सुडकडांत येवन पडलीं म्हण भोग्तालें तिका.

’ काळोक जायित्त येता बाये. लिफ्ट आपापिंच सारकें जांवचें ना. तूं हळतान वयर वच. एकेकच म्हाळय चडून थोडो वेळ रावून वयर वच. ना तर तूं हांगाच ऊरतेलीय. हांव परत परत सेक्रेटरीक फोन करित्त आसां. कनेक्षन्च मेळना. खंय फोन बंध कर्न पयण करतागी’ म्हणालो इनास सेल्लिबायेक समजवन.

’ कितें करचें कळना. वयर म्हणासर पावन म्हळ्ळीच भिरांत म्हाका. कितें म्हणयी कर्न लिफ्ट एक पावटीं चालू कर न्हये. कोणाक तरयी फोन कर.’विनंती केली सेल्लिबायेन परत.’म्हजो दादलो फ्ल्याटांत एक्सुरो नातल्लो तर हांव हांगाच खंय रात पाशार करतीं.’सेल्लिबाय पूरती विरार जाल्ली.

तितल्यार भायर गेल्ल्यो दोगां स्त्रियो गेट उत्रून भितर येंवचें पळवन जीव भरून आयलो सेल्लिबायेक. ह्यापयलें तांकांय ती लिफ्टार भेटल्ली. हाय–बाय म्हण तिच्च उलयिल्ली. दोगांय क्रिसतांव. मागण्याचीं मनश्यां, आपल्या कुमकेक येतीत म्हण आशेली ती.

ಐ

' तीं दोगांय तीसऱ्या माळियेर रावतात.'इनासान सांगल्ल्याक प्रतिक्रिया दाकयनासतां भितर येंवच्या तांच्येसर्शीं गेल्ल्ये सेल्लिबायेन आपले भांदपास कळयले.

' हौ स्याड' म्हणाली एकली, 'वाचम्यान तुका कितेंय करुंक जायनाये. बिलडराक फोन कर. सेक्रेटरीक सांग. लिफ्ट ना तर कशें वयर वेचें' बोबाटली दोगांपयकिंची एकली. ती प्रायेन मात्सी व्हड दिसताली. मटवे केल्ल्या मात्याच्या केसांक बण घाल्ल्यान तिची प्राय अंदाज करुंक सेल्लिबायेक जाल्लें ना.

' फाल्यां आमच्या घरांत वाड्या जमात दवरल्या. लिफ्ट ना तर लोक कसो येतलो?'प्रायेन ल्हान आसची दुस्री हुळवुळ्ळी.

तांकां दोगांयकी सेल्लिबायेचे संकट समजुंक नांत वा तांकां सेल्लिबायेच्या कश्टांक स्पंदन करुंक मन नातल्लें, सेल्लिबायेक कळ्ळें ना.

' म्हजो दादलो घरांत एक्सुरो आसा. पिडेसत, नीदल्लेकडे आसा. ताका पोटाक दिवंक आसा' सेल्लिबाय रडलीच.

' रडनाका आंटी' म्हणालीं दोगांय, 'बाराव्या माळियेर तुमकां प्रायेसत पिडेसतांक दवरुंक तुज्या पुताक कशें मन जालें सांग. बिलडरान बानायलें आसतालें. पुताक सांगून फ्ल्याट बदली. आजून पंचवीसावयर फ्ल्याटां खाली आसात. आमिंय सनी लागल्लेपरीं हांगा आयल्यांव' म्हणाली प्रायेन तर्नी आसल्ली.

' आंटी रडून कितेंय जायना. आनी आज लिफ्ट सारकें जांवच्येपरीं ना. तूं हळू वयर वच. एकेक म्हाळय चडून वच. देवाचेर भरवासो दवर. फाल्यां सांजेर तीसऱ्या माळियेर म्हज्या फ्ल्याटांत वाड्या जमात आसा. ३०२ फ्ल्याट नंबर. तूं ये. ह्या बिलडिंगाच्या प्रोबलमांविशीं उलोवंक आसा.'म्हणाली दुस्री.

' वाचम्यान. तिका इल्ली कुमक कर न्हये. तीय क्रिसतांव. आमचीच भयण' दोगांय माळियेचीं मेटां चडूक वेतना म्हणाली पयली, 'आमी हळतान वेतांव. आंटी फाल्यां वाड्या जमातेक ये'

गोलिमारांत वाड्याजमातेंचो उडास आयलो सेल्लिबायेक. त्या जमातेंनी मागण्यांपरास एकामेकाचें सूकदूक वांटून घेताले. जेरिमयाब आर मारून आस्पत्रेंत आसताना वाड्यांत कोणाक जाता तांणी सरतेपरकार आस्पत्रेंत सेल्लिबायेक सांगात दिल्लो. तो उडास येवन, वयर बाराव्या माळियेंत फ्ल्याटाभितर एक्सुरो आसच्या जेरिमयाबाक चिंतून तिचें दूक उमाळून आयलें.

' बाये' म्हणालो इनासाम, 'तूं हळतान वयर वच. तेर्स म्हणात्त वच. दप येतना राव. सुशेग जाल्ल्या शिवाय वयर वचनाका'

हेर वाटच नातल्ली.

सकलाच रावलीं तर प्ल्याटांत आसच्या जेरिमयाबाची परिगत पाड जावंक आसा.

नाका नाका म्हळ्यारयी दुस्रीं दुस्रीं निबां दीवन ओत्ताय कर्न शेरांतल्या प्ल्याटाक हाडल्ल्या पुताचो शीण आयलो तिका.

जाता तितले वेग्गीं पाटीं गोलिमाराक वेचें म्हण तिका केदनांथावन भोग्तालें, आपूण पाटीं वेतलिंच म्हण निर्धार केलो सेल्लिबायेन.

ꭥ

’ म्हजें नशीब सारकें ना’ आपणाकच दूरसोन, सेल्लिबाय लिफ्टाच्या कुशिच्या मेटांतल्यान वयर हळू वचुंक लागली. पयल्या माळियेचीं अध्र्या तितलीं मेटां चडून, मुकलीं मेटां चडुंक घुंवतां म्हणतना तिका हरद्यांत दांबून दवरल्लेपरीं जालें. गोलिमार. तें घर. जेरिमयाब. तिच्या दोळ्यां मुकार घुंवतात तशें जाताना ती उबी आसल्ली मालवली.

उज्व्या हातांतली दुदाची प्याकेट पयलें सकला पडली.

इनासामान घाबरेवन ’बाये’ म्हण मारल्ली बोब वारयार उबोन वेतना सेल्लिबाय वयरथावन लोळून लोळून सकला लिफ्टासरशीं पडल्ली.

लिफ्टाचें दार दांपुन्च आसल्लें.

*** ——— ***

# भाड्याची आवय

'**च**ड म्हळ्यार आनी दोन दीस शांता. दोन्च दीस' शांताच्या पासळेंत आसच्या पिंपऱ्या बाळश्याक हळू पुसून म्हणाली मेट्रन, 'दोन दिसांनी हाची माम्मी ड्याडी येतलीं. तीं आजच येजे आसल्लीं. व्हडली मनश्यां. बिझनेस टेनशन.'बाळश्याच्या मात्याचे रस्माळ्या केसांनी बोटां भोंवडायले तिणे.

' केदना येतात तें नक्की जावंक ना म्हणताली सकाळीं रौंडसार आयिल्ली मेडम. तीं येता परयांत म्हजो पानो दी म्हणाली. बाळशें बोतलेचें दूद सारक्यान पियेना देकून म्हजें दिल्यार बरें म्हण डोकटर प्रेमानयी सांगलां खंय. तीं फाल्यां येतत तर म्हजो पानो रावयल्यार बरें न्हय सिसटर' म्हणालें शांता. डोकटर प्रेमा भूरग्यांची दात्केर्न.

' खंय ह्या भूरग्याक म्हजो पानोंच दीवंक पडत म्हण कावजेणी म्हाका. बोतलेचें चिंवना तर भागोन येत.'शांताक पानो दीवंक नाका आसल्लो.

' तूं पळेल्यार अशें म्हणताय' म्हणाली मेट्रन मेरिकुट्टी, 'मिनी मोळाची खबर आसाये तुका. काल मिनिमोळाचो गलाटोच गलाटो. तें बाळश्याक तशेंय चिडकोन येत म्हण हांवें चिंतुंक ना. इतले दीस हां हूं म्हणानातल्लें काल बाळश्याक ताच्या पेरेंटसांक दिवंक व्हरतात म्हण कळल्लेंच चेडवान मोरनाच्या घरा केल्ले परीं विळाप सुरू केलो. मेडमान म्हाका ज्योर केलें. हांवे सळगी दिल्या म्हणाली. मिनी तशें करीत म्हण म्हाका कुसकुटातितलो दुभाव नातल्लो' शांतान बसोन आसल्ल्या स्टूलाच्या सरशीं कदेल वोडन बसली मेट्रन मेरिकुट्टी.

शांतान बाळश्याक दाव्या पान्याथावन उज्व्याक बदलिलें.

' हाका बरीच भूक. कितलें दिल्यारयी दूद वोडता. रगत मारवाड्यांचें म्हण पानो चिंवतनांच कळता' शांतान दाव्या हातांत बाळश्याक सांबाळून, उज्व्या हातांत बाळश्याच्या पाटीक हळू थापडित्त सांगलें.

' मिनिच्या गोंदोळावरवीं हांवें चड चत्रायेन आसुंक सांगलां मेडमान' म्हणाली मेरिकुट्टी.'धा दिसां भितर बाळश्यांक आवयांथावन स्ट्रिकट विंगडकरिजे म्हळां तिणें'

' हांव एकलीं सोडन?'विचारलें शांतान.

' आमकां तूं कितें म्हण स्वषट खबर आसा न्हये शांता. उकोलन दिल्यारयी तूं हाका दवर्न घेनांय म्हण हांव जाणां' मेरिकुट्टिच्या उत्रांनी भरवासो आसल्लो.

' आसल्ल्या दोगांक पोसुंकच वोद्दडता हांव. आनी चडीत एक?'बाळश्याक पान्याथावन चुकोवन पाळण्यांत दवरलें शांतान.

' मिनीक बाळश्याचेर तितलें अट्याचमेंट(चिडकोणी) नातल्लें सिसटर' म्हणालें शांता, 'वचोन बाळश्याक पानो दी म्हण हांवें सांग्ताना, –सवय जाता, आज न्हय फाल्यां ताच्या व्हडिलांकडे वेचें. हांवें कित्याक पानो दीवन सुकजे?–म्हणतालें. काल कितें जालें हांव नेणां. आयकोन अज्याप म्हाका' मिनीन

बोबाट मारतना शांता ओपरेशन थियेटर नितळ करुंक गेल्लें. मिनिच्या गलाट्याची खबर उपरांत वारडाच्या नरसान सांगल्ली.

लीव जोय फरिटलिटी सेंटराच्या पिंपऱ्या भूरग्यांची बारकायेन जतन करच्या 'नीव बोर्न युनीट' वारडांत शांता बाळश्याक पानो दीवन आसल्लें. फरिटलिटी सेंटराच्या नेमापरमाणे बाळशें भलायकेभरीत आसल्यार सिझेरियन जाल्ल्या धा दिसां भितर बाळश्याक आवयथावन विंगड कर्न, कृतक दुदाची वेवसता करताले. ह्या खातीर फरिटलिटी सेंटरांत पिंपऱ्या बाळश्यांची जतन करुंकच म्हण 'नीव बोर्न युनीट' आसा केल्लें.

शांताच्या बाळश्याक बोतलेचें दूध वोंबनातल्लें; त्या शिवाय फरिटलिटी सेंटरांत शांता आया जाल्ल्यान, बाळश्याक पानो दिल्ल्यांत समस्से जातीत म्हण दात्तेरांक दुबाव नातल्लो.

इतल्यारच दोगां चेडवां भूरग्याची आवय जावनासल्ल्या शांताक भाड्याच्या ह्या चली बाळश्याचेर होंदोवणी येंवची ना म्हण मेरिकुट्टी खंडीत जाणा आसल्ली.'लीवजोय' फरिटलिटी सेंटरांत कांय वीस वरसां वावर कर्न आतां मेट्रनाच्या हुद्द्याक पावल्ल्या मेरिकुट्टीक भाड्याच्या आवयांच्या मतिचे स्थितेचो बरोच अनभोग आसल्लो. दुडवा खातीर आपलो गरब भाड्याक दीवंक मुकार आयिल्ल्या स्त्रियांक कोणाच्या पिंपऱ्याची आवय जांवच्या पयलेंच जाय तितली तयारय थंय जाताली. हेळल्ले कौन्सिल्लर कौन्सिल्लिंग कर्न, आपणाच्या कुशिंत येवंक आसचें भूरगें आपणाचें न्हय, आपूण फकत भाड्याची म्हळळें मानून घेतल्ल्यांक आनी भाडें कितलें म्हण नक्की जावन ओपवाल्ल्यांक मात्र थंयची मुकेलन दात्तेर्न आनी तिची शिब्बंदी, मेट्रन मेरिकुट्टी मेळोन मुकल्या कामाक विंचतालीं. दुडवा खातीर गरब भाड्याक दितेल्यांक बांळतेर जावन, बाळशें नीज व्हडिलांच्या ताबेन पावता परयांत फरिटलिटी सेंटर म्हणच्या त्या भलायकेसंस्थ्याथावन पाटीं आपल्या घरा वचोंक अवकास नातल्लो. फरिटलिटी सेंटराच्या दीस रात राकवोल आसच्या होसटेलांत रावोंक वेवसता आसल्ली. गरबेसतकाळाच्या लांबायेक बरें खाण, तवळ तवळ वयजकीय तपासणी आनी चत्राय लाबचे सांगाताच, भाड्याच्या आवयांक तवळ तवळ कौन्सिलिंग करोवन, तांची मत स्थिमितार दवरचें कामयी थंय जातालें. खंय गोंदोळांत आसल्ल्यांचेर चडीत निगा दवरुंक कौन्सिल्लिंग करचे सलहा दिताले. तितलें आसोनयी समस्से जाताले.

संयबीक थरान आपल्या भूरग्याक गरबेसत आसतां आवयांक गरबांतल्या बाळश्याचेर आत्मीक बांद उबजता आनी हो उपरांत सांडुंक जायना तितलो घट जाता. कौन्सिलिंग कर्न तयार केल्ल्या, गरब भाड्याक दीवंक ओपवाल्ल्या जायित्त्या आवयांक सयत गरबेसत काळार अशें जातालें. दूसऱ्यान बाळांत जाता परयांत गरबांत आसचें पिंपरे कोणा बोल्ल्याचें म्हण लेकून बेफिकिरायेन आसच्या हेर थोड्या भाड्याच्या आवयांक बांळतेरा उपरांत पिंपऱ्या बाळश्याचेर विपरीत मोग उबजोन बाळश्याक सांडुंक इनकार करचें मेरिकुट्टिच्या अनबोगांत आसल्लें.

आदल्या दिसा मिनिमोळापरीं समस्से करच्यो आवयो अपरूप तरयी आसताल्यो. होंदोवणी आसल्ल्यांचें बाळशें नीज व्हडिलांक दितना रडचें, हाक मारचें असले गोंदोळ आडांवचे खातीर नीज व्हडिलांक दिंवच्या पयलेंच बाळकांक विंगड कर्न सांबाळताले आनी गुपीत नीज व्हडिलां ताबेन बाळकाक दिताले.

थंय येंवच्यो चडताव आवयो, शांतापरीं फकत दुडवा खातीर गरब भाड्याक दिंवच्यो. आर्थीक थरान कटीण संकषटांत आसून, दुडवाची विशेस गरज आसच्यो थोडे स्त्रियो बाळंत जाल्लेंच कितले वेग्गीं जाता तितले वेग्गीं बाळश्याक सोडून आपणाचें भाडें घेवंक आत्रेगान आसताल्यो.

ꠅ

’ आपूण पयशे दितां. बाळशें आपणाक जाय. म्हणतालें खंय मिनी’ पानो चिंवतां चिंवता निदेक निस्राल्ल्या बाळकाक थापुडन उटयित्त म्हणालें शांता.

’ तितले पयशे दिंवचे सोड शांता’ हाळवायेन म्हणाली मेट्रन, ’तितले पयशे मिनीक ताच्या सगळ्या जिण्येंत जोडुंक जांवचे नांत. तुज्या ह्या भूरग्यापरिंच मिनिच्या बाळकाचीं नीज आवय – बापय हैद्राबादचीं व्हड कुळवारां. भूरग्याच्या आवयक आवय जावंक आडकळ आसा देकून मिनिच्या गरबांत भूरगें वाडायलें तितलेंच. भूरगें मंतनाच्या कुळियेचें. ताचें मोल भांदुंक जांवचें ना. हें ताका हांवें कितलेशेपावटीं सांगल्लें. आनी तें ह्या विंचवणेक खुशेन ओपवाल्लें’ मेरिकुट्टिच्या ताळ्यांत बेजाराय आसल्ली.

’ व्हय मेट्रन सिसटर. आमी बाड्याचीं म्हण ओपवाल्ल्या उपरांत उल्टें करचें सारकें न्हय’ शांता परत बाळकाक जागोवन म्हणालें. पोट भरोन आयिल्ल्यान दिसता, बाळशें घडिये घडिये जेमेवन पानो चिंवचें रावयतालें.

’ फाल्यां पोरवां भितर ह्या पिंपऱ्याचीं आवय–बापय येतात. खुशेन बाळशें तांच्या हातांत दीजे. ह्या पुडपुडीत बाळश्याक पळेल्यार तो मानय तुका पन्नास हजार रुपय भक्षीस दीत. ग्रेसतांक खुशी जाल्यार ते कित्याकयी पाटीं सरनांत.’खाटीक लागोन आसच्या पाळणें धलावन म्हणाली मेट्रन मेरी कुट्टी.

’ तीं म्हाका मेळोंक येनांत न्हय मेट्रन.’शांताक थंयची रीत कळीत आसल्ली.

’ भक्षीस दीवन धाडतात. तांणी आवयक दिया म्हण दिल्लें आमची मेडम चुकोन सयत आपणाकडे दवरिना. तुका उण्यार उणे पन्नास हजार रुपय चडीत मेळतलेच’ मेट्रन मेरी कुट्टी भरवास्यान म्हणाली.

शांताक दुडवाची गरज आसा म्हण मेरी कुट्टीक कळीत आसल्लें.

चडुणें देड वरसां आदली गजाल.

गोलिमारांत नव्यान सुरू जाल्ल्या सोसायटिच्या स्व–कुमके पंगडांत जमतेक गेल्ल्याकडे सरकारी आस्पत्रेंत नरसाचें काम कर्न आसल्ल्या सूसम्मची ओळोक जाल्ली शांताक. सूसम्मा किते सरवेकरच्या निबान उपरांत तीन चारपावटीं शांताघर आयिल्लें. बेवड्या घोवाचे दोशी सोसुंक जायनासतां आवयघर येवन रावल्लें शांता, गोलिमारांत नेजिभाताचें, शेताभाटांनी कुलिचें काम करतालें. भाड्याच्या घरांत रावोन, आपल्या आवय आनी दोगां चेडवां भूरग्यांचे दीस सारुंक कश्टोंच्या शांताक, सूसम्मान बेंगळुरांत आस्पत्रेंत एक वरस रावोन भाड्याची आवय जाल्यार जेवन खावन देड लाक रुपय दितात म्हण सांगल्लें बरें म्हण दिसलें. सूसम्मान्च शांताक बेंगळूर आपवन हाडन ’लीवजोय’ फरिटलिटी सेंटरांत मेरिकुट्टिची ओळोक कर्न दिल्ली.

पांयांक वोडल्यार मात्याक पावानातल्ल्या आपल्या संकश्टांक फरिटलिटी सेंटरांत भासायिल्ल्या दुडवाखातीर भाड्याची आवय जांवच्याक शांता खुशेन ओपवालें. त्या शिवाय, साध्य जाता परयांत आस्पत्रेंत आयाचें काम केल्यार चडीत धा हजार मयन्याक, अशें काम सुफळ जाल्यार अडेज लाक रुपय वरसा भितर कमोवंक शांताक साध्य आसल्लें.

पयश्यांची विशेस गरज तिका आसल्ली. अडेज लाक मेळ्ळयार गोलिमारांत हळताचें घर मोलाक घेव्येतें म्हण शांतान अंदाज केल्लो.

शेता भाटांनी कूड पिटो कर्न काम केल्ल्या घट मूट जिवाच्या शांताच्या गरबांत गुज्रातांतल्या नांवाडदीक बिझनेसगाराच्या पिंपऱ्याक वाडोवंक फरिटलिटी सेंटराच्या गायनकोलोजिसटांनी विंचवण केल्ली. ओपरेशन

ळ

थियेटरांत ल्हान सुवी तोपून आमालार आसल्ल्या शांताच्या गरबांत बिजनेसगाराचें पिंपरे रोयतना शांताक कळीत जावंक ना. उपरांतयी दुकोंक ना.

ल्यापरोसकोपा मुकांत्र बिझनेसगाराच्या स्त्रियेचे कृतक थरान काडल्ले कण, तिच्या दादल्याच्या कणां मुकांत्र कृतक थरान फळाधीक कर्न, फळाधीक जाल्लो स्त्रिकण शांताच्या गरबांत वाडोंक सोडल्लो. अशें आपलें पिंपरें हेरांच्या गरबांत वाडोंक दितेल्याक वयजकीय भाशेंत जैवीक व्हडिलां (biological parent) म्हण ओळकल्यार, शांतापरीं पिंपऱ्याक वाडोवन, प्रसूत जांवच्या आवयांक भाड्याची आवय (surrogate mother) म्हणतात. सभार जणांथंय अशें जैवीक व्हडिलांथावन काडन, भाड्याच्या आवयच्या कुशिंत रोयल्लें पिंपरें वाडानातल्लें. थोड्या संद्रपांनी साताट पावटीं प्रेतन केल्यारयी यशस्वी जायनातल्लें. जायित्तेपावटीं रोयल्लें पिंपरें पूरतें वाडोंक आयकनासतां वा हेर कारणान स्राव जातालें. पाटापाट सलवल्ल्या उपरांत बाड्याच्या आवयकच बदलुंक पडचें कृतक गरबसंभवणेची वेवसता आसच्या फरिटलिटी सेंटरांनी अपरूप न्हय. पूण शांताथंय प्रथम प्रयत्न्च फळाधीक जाल्लें. शांताच्या भाड्याच्या गरबान त्या पिंपऱ्याक स्वीकार केल्लें आनी पिंपरें वाडोंक धरल्लें.

शांता फरिटलिटी सेंटरांत आयाचें काम खुशेन करतालें. शेतां–भाटांनी करच्या कूलिच्या कामापरास आयाचें काम तिका बरेंच पसंद जाल्लें. शांताच्या कामांत मेरिकुट्टियी तृप्त आसल्ली. बाळश्याक बिझनेसगारान वेल्ल्या उपरांत गोलिमारांतल्या आवयक आनी भूरग्यांक बेंगळुराक आपवन हाडन फरिटलिटी सेंटरांत आयाचें काम मुकारून व्हरुंक मेरिकुट्टीन दिल्ली सलहा शांताक बरी म्हण दिसताली. फरिटलिटी सेंटराच्या क्वारटरसांत शांताच्या कुटमाक रावोंक वेवसता करची भासावणियी मेरी कुट्टीन दिल्ली. चिंतल्लेपरीं जाल्लें तर, मुकल्याच मयन्यांत शांतान आपल्या कुटमा सांगाता बेंगळुराक येजे आसल्लें.

गरबेसतपणाच्या लांबायेक शांताक बरें खाण, घटायेचीं ओक्तां दिल्ल्यान शांताचो जिनोसच बदलाल्लो. अट्टावीस वरसांचें शांता बावीस वरसांचें तशें दिसतालें. फरिटलिटी सेंटरांत भाड्याच्या आवयांक नैसरगीक बांळतेराक अवकास नातल्लो. स्क्यानिंग कर्न भूरगें वाडल्लें नक्की जाल्लेंच सिजेरियन करचें आसल्लें आनी शांताकयी तशेंच केल्लें. बिझनेसगाराचें चेडूं भूरगें शांताच्या भाड्याच्या गरबाथावन काडन, शांताच्याच पासळेंत वाडोंक सोडल्लें.

हेर आवयांपरीं शांताक भूरग्याचेर होंदोवणी येंवची ना म्हळ्ळो भरवासो मेरिकुट्टिचो. भाड्याच्यो आवयो खंय बाळश्याक घेवन धांवतीत म्हळ्ळी चत्राय हर फरिटलिटी सेंटरांनी घेंवचेपरीं लीवजोय फरिटलिटी सेंटरांतयी आसल्ली. सेक्यूरिटिचे म्हनीस दिसाचीं चोवीस व्हरांयी लिप्त्या केमरां मुकांत्र आवयांचेर दीश्ट दवर्न आसल्ले.

भूरग्याक घेवन फरारी जांवचें असाध्य म्हण शांता जाणा आसल्लें. तें लीवजोय सेंटराक आयिल्ल्या सूरवेर अशें फांत्यार पिंपऱ्याक घेवन धांवोक प्रेतन केल्ल्या आवयक सेक्युरिटिच्यांनी धर्न पाटीं कुडायिल्लें शांता जाणा आसल्लें. भाड्याची आवय जांवच्या पयलें थोडेश्या ठस्या कागदांक दसकत घेतात आनी किर्ते केल्यारयी बाळश्याक आपणा सांगाता दवरुंक साध्य ना म्हणयी शांता समजल्लें. सक्कड कानुनाच्या परिधेबितर जाता म्हण थंयची सेवा घेतेल्यांक भोग्तालें. तशें पोलीस, कोडत म्हण झुजोन बाळश्याक आपणाचें कर्न घेंवचे तितली सकत जांव, माहेत जांव शांता तसल्या भाड्याच्या आवयांक नातल्ली.

शांताच्या नडत्याथंय, उलोवण्याथंय निगा दवर्न आसच्या मेरिकुट्टीक शांताचेर दुबावच नातल्लो.

ಐ

बाळश्याक आवयचें दूद दिल्यार बरें म्हळ्ळया भूरग्यांच्या दात्तेरान सलहा दिल्ल्या उपरांत, मुकेल दात्तेरनीन आनी मेरिकुट्टीन मेळोन शांताक बाळश्या सांगाता सोडल्ल्यांत अनाहूत जांवचें ना म्हण नीरदार केल्लो. तरयी शांताचेर दोळो दवरुंक सेक्यूरिटिच्यांक दात्तेरनीन गुपीत सुचन दिल्लें. चत्राय घेतल्ल्यांत कांय चूक ना न्हय?

भूरगें नातल्ल्यांक संतान लाबोंवच्यांत लीवजोय फरिटलिटी सेंटर भारीच नांव वेल्लें. विवीध आधुनीक सवलात्यो आसच्या फरिटलिटी सेंटरांत वांजपणाक मुळाव्यो तपासण्यो आनी चिकित्सा न्हय आसतां कृतक गरबधारण, कृतक फळादीकपण (टेसट ट्यूब फरिटलैसेशन) धरल्लें भाड्याचे आवय मुकांत्र भूरगीं आशेतेल्यांक तांचेंच भूरगें आसाशें करची वेवसता आसल्ली. हर सवलाताय लाखांनी दुडू खरच करुंक तांक आसल्ल्यांक मात्र मेळताली. शेरांनी जायित्तीं फरिटलिटी सेंटरां आस्यारयी अधिकृत थरान भाड्याच्या आवयांची सवलाताय लीवजोय फरिटलिटी सेंटरांत मात्र आसल्ली. हेर थोडेकडे गुपीत असली सवलाताय आसा म्हण खबर आसल्यारयी त्या सेंटरांच्या प्रामाणिकपणाचेर दुबाव आसल्लो.

त्या एका सांजेर, बाळश्याक पानो दितना नीव बोर्न युनिटांत, वारडाच्या नरसाकडे गाजाली कर्न आसल्ल्या शांतान, 'सिसटर. एकावेळा हांवें पोरात्तिल्यार तो धनी ह्या भूरग्याक म्हाका सोडचो ना?'विचारलें.

' पिश्यापरीं उलयताय तूं' चडपडोन म्हणाली नरस, 'ह्या भूरग्या पासोत ताणे कांय पन्नास लाक रुपय खरिचल्यात. आमच्याच आस्पत्रेचें बिल्ल कांय तीस पांचतीस लाक जातीत.'

' तितले?'हांक्रेलें शांता.

' हां' म्हणाली नरस, 'हांगा हाका प्याकेज म्हणतात. तांतूं तुजो हांगा रावपाचो आनी हेर सक्कड खरच आसा. दुडू मुक्काल वांटो एडवान्स घेतात. शरतां प्रकार ताणे धा दिसां पयलेंच बाळश्याक व्हरची वेवसता करिजे आसल्ली. तो कितें राटावळेंत सांपडाला दिसता. फाल्यांयी येंवचो ना खंय. मुंदरून वेच्या हर दिसा पाटल्यान कांय पांच स हजार रुपय रुसूम भरिजे पडत ताका'

' भूरग्याक व्हरुंकच ताका पूरसत ना तर ह्या भूरग्याक पोसुंक तांकां वेळ मेळत. कितले कश्ट भोगेल्यात कोण्णा ह्या माणकाक.'बाळश्याक आपल्या हरद्याक दांबून दवर्न हुसकारलें शांता.

' तांचें भूरगें, तांका जाय तशें पोसतालीं. तुका म्हाका कित्याक खंत. तीं आयांक दवर्न पोसतात. आनी कितें हाची नीज आवय ह्या पिंपऱ्याक दूद दीत म्हण' म्हणाली नरस.

' हीं ग्रेसतां आसात पळे' म्हणाली नरस, 'वेळार काजार जायनांत आनी काजार जाल्यारयी भूरगीं जायनाशें करतात. उपरांत हे नाका जाल्ले अवतार. हीं भूरग्याक खंय समकट्ट पळेतात म्हण' तेवशीन हेवशीन आयकातालीं कोण नांत म्हण नक्की जाल्लेंच मुकारून म्हणाली नरस, 'स्वंत वावोवन बाळंत जाल्ल्या आवयक मात्र भूरग्याचेर मोग शिवाय. अशें भाड्याक भूरगें करोवन घेतल्ल्यांक म्हणताय तूं' .

' कितेंय करुंदी. आमकां कितें? टिकेट दीवन रयलार चडल्ल्या पयणारयाचेर रयलाक मोग येताये. पयणारी देंवोन वेता परयांत तो त्या रयलाचो पयणारी' नरस कितें वोपारिंनी उलयिल्लें शांताक समजालें ना.

ꕤ

बाळश्याक पार्टी पाळण्यांत निदोंवच्या बदलाक ताबेन घेवन भोंवडावन येतां म्हण भायर गेलें शांता. शांताचेर पात्येणी आसल्ल्यान नरसान आडकळ केली ना पूण मेरिकुट्टीक मोबायलाचेर शांतान उचारल्ल्यो गजाली कळयिल्ल्या नरसान शांताक खंय बाळश्याचेर होंदोवणी आयल्या कोण्णा म्हण दुबाव उचारलो.

पूण मेरिकुट्टीक शांताचेर भरवासो आसल्लो.

जल्मल्ल्या चडुणें धा दिसांथावन दोन हप्त्या भितर बाळश्याक बाड्याच्या आवयथावन विंगड कर्न, जैवीक आवय–बापांयच्या ताबेन दिल्लीं कांय घडितां पाटल्या मयन्यांनी आयाचें काम करतेल्या शांतान पळयिल्लीं. जैवीक व्हडिलांक चुकोन सयत बाड्याच्या आवयक भेटोंक फरिटलिटी सेंटरांत अवकास नातल्लो. जैवीक व्हडिलां हैद्राबादचीं, चेन्नैथावन आयल्यांत, वा मुंबयचीं म्हण सांग्तालीं शिवाय तीं नीज जावन कोण आनी कितें म्हळ्ळें भाड्याच्या आवयक जांव वा आपणाचें पिंपरें वाडोंक गरबकोश भाड्याक दिल्ली स्त्री कोण म्हण भूरग्याच्या जैवीक व्हडिलांक जांव कळीत जायनातल्लें. भाड्याच्या आवयथावन विंगड केल्ल्या बाळश्याक जैवीक व्हडिलांच्या ताबेन दिंवचें सेंटर विंगडच आसल्लें. बाळश्याक नावंक वेल्लेकडेथावन वा इंजेक्षन दीवंक म्हण वेल्लेकडे थावन्च नपंयच करतालीं जाल्ल्यान भाड्याच्या आवयांक कळोन तांणीं दुकां गळयताना बाळशें जैवीक व्हडिलांच्या ताबेन पावतालें. सक्कड मांडावोळ इतल्या वेवस्थीत थरान जाताली, सिंतिमेंतां आनी भोगणां उचारुंक अवकासच मेळनातल्लो.

दोन दीस म्हळळे च्यार जाले. हप्तो उत्रालो. शांताचो बांळतेर जावन तीन हप्ते लागीं लागीं जाल्ले.

शांता आतां आतां बाळश्याक घेवन नीवबोर्न युनिटांतलें हेवशीन तेवशीन वरतालें. सांजेचें थोडो वेळ टेरेसाचेर भोंवतालें. फरिटलिटी सेंटरा मुकल्या वोडतांत वारयाक वेतालें. गेटिलाग्गीं वचोन सेक्युरिटिच्या मनश्यांकडे गजाली करतालें आनी काळोक जातां जातां बाळकाक पार्टी युनिटांत हाडन दवरतालें.

दिसाचें शांता बाळकाक पानो दितालें; रातिचें कृतक दुदाची सवय केल्ली.

बाळश्याचीं नीज(जैवीक) व्हडिलां फाल्यां येतत, पोरवां येतत म्हण हर दिसा मेरिकुट्टी शांताक सांग्ताली. बाळश्याचीं व्हडिलां सद्याक येंवचेपरीं नांत म्हण भोग्तालें तरयी आज ना फाल्यां इतलो दुडू खरच केल्लीं व्हडिलां येनासतां रांवचीं नांत म्हण शांता जाणां आसल्लें. ह्या पयलेंयी थोड्या जैवीक व्हडिलांनी बाळश्याक व्हरुंक बरो दीस, बरो काळ म्हण पार्टी केल्लें शांता जाणा आसल्लें.

व्हडिलां वेग्गीं आयल्यार आपणाक मेळचो आयवज घेवन गोलिमार वचून येतीं आसल्लीं म्हणचें शांता बाळश्याक सोडुंक अत्रेगान आसा म्हण भोगल्यारयी शांताचेर सक्कड नदर दवर्न आसल्लीं.

बांळतेरा उपरांतलो तेविसावो दीस.

सकाळीं वारड नितळ कर्न आसच्या शांताक मेरिकुट्टीन अरध्यारच मेडमाच्या कुडाक आपवन वेल्लें. मेडम मोळाब कोसळोन मात्यार पडलां तसल्या जडायेचेर आसल्ली.

’ शांता’ म्हणाली मेडम, ’तुज्या भूरग्याक व्हरुंक ताचीं नीज व्हडिलां येंवचीं नांत. भूरग्याचो बापूय काळजाघात जावन ऐसियुंत आसल्लो पोरचे रातीं अंतरलो. अटतीस वरसांच्या प्रायेर अशें जायत म्हण कोणे लेकल्लें. घोवाचे ओत्तायेक भाड्याच्या आवयक तलास करुंक ओपवाल्ले भूरग्याचे आवयक भूरग्याक घेंवची ऊरबाच ना. ह्या भूरग्याची जतन तुवेंच केल्यार.’

मेडम आनी कितें सांगोंक आशेताली, शांताक तकली घुंवोंक लागली.

ಐ

# चेडियेची धूव

'थू पडपश्या' पडपडली ओमांय, 'पूरतो भिकणांतलो भायर येवंक नांय, आतांच चेडियेच्या घरा वचुंक सुरू केलेंयरे. इसकोल जाल्लेंच घरा येवंक जायना तुका?'चिंचेचें तरनें आडार म्हज्या कुल्यांचेर भरान वोडलें तिणे. आडार मुकार दिसल्यार चुकारी मारीन म्हण कळीत आसल्ले ओमांयन आडार पाटल्यान पालवा पंदा लिपयिल्लें.

कोणें दान दिल्ल्या परन्या पेंटाथावन शिंवल्लें दाट चल्लण न्हय तर, ओमांयन आडार वोडल्ल्या भराक म्हज्या कुल्यांची कात उसळाती. म्हजे दोनी हात आपल्या दाव्या हातांत घट्ट धर्न, ओमांयन परत आडार उबारताना हांवें तकलेपांयाचेर रावोन चिंचेआडार शीदा चल्लणांचेर पडशें प्रयत्न केल्यारयी, आडाराचे थोडे फांटे म्हज्या पेंकडाचेर पडलेच; उबजल्लो हुलोप सांगचो न्हय.

'दम्मय्या ओमांय' हांवें किंक्राट मारली, 'आनी वचनांगे. आनी वचना. दम्मय्या ओमांय. मारिनाका. तुजे पांय धरतां' हांवें म्हजे हात ओमांयच्या हातांथावन सुटवंक कितल्या बळान जाता तितल्यान कुडपिले.

ओमांयच्या हातांत तण काडताना लागल्ली उदकाची शेळ आसल्ल्यान, तिची मूट म्हज्या हातांचेर घट्ट आरनोंक नातल्ली. हांवें वोडल्ल्या बळाक म्हजो उज्वो हात तिचे मुटिथावन सुटलोच. ओमांयन परत्यान आडार उबारचे भितर, तिच्या हातांतलें चिंचे आडार वोडन भायर आंगणांत पयस उडयलें हांवें.

' आतांच सुरू कर चेडियेच्या घरा वचुंक. चेडियांचें पिशें तुज्या रगतांतच आसा. बापूय उणो जाल्लो जाल्यार तूं उणो जातोय. मोवाल्याक जल्मल्ल्या' चिंचेचें आडार चुकयिल्ल्याक ओमांय चाळवल्ली. तिणे तिच्या उज्व्या हातांत म्हज्या दाव्या कान्सुलाक व्हाजयलेंच.

वरसाच्या बाराय मयने गाद्या–भेटांनी घोळल्ले ओमांयचे हात – बोणगिचे चुडेतेंपरीं दरग आनी करमरापरीं घट. तिणे पूरतें बळ दीवन मारल्लें तर हांव मत चुकून पडतों कोण्णा.

गोलिमारांत बोणक्यांचीं, दिवरांचीं, कुंबारयांचीं, सावळयांचीं म्हण जायतीं हिंद्वां आसल्लीं. तांच्या कोणाय सांगाता गेल्यारयी, कोणाच्या घरा वचून जेवल्यारयी ह्या परयांत हांय–हूंय म्हणनातल्ली ओमांय हांव कम्लक्काच्या घरा गेल्ल्याक कित्याक अशीय रागार जाल्ली म्हण म्हाका सुसतालेंच ना.

ह्या पयलेंय ओमांयन आनी आमच्या सेजारच्यांनी कम्लक्काक चेडी म्हण वोलायिल्लें आयकाल्यारयी, चेडी म्हळयार कितें हांव नेणासलों. कम्लक्काक कित्याक चेडी म्हण आपयतात, चेडियेच्या घरा वेची बूद आमच्या रगतांतच आसा म्हण ओमांयन कित्याक सांगल्लें तें म्हाका झळकल्लेंच ना.

तशें म्हण आमी सक्कड हिंद्वांच्या घरा वचनातल्ल्यांव. कोरगारांच्या, म्हारांच्या आनी पंबदांच्या घरा वचनाये तशें चेडियांच्या घराय वचनाये आस्येत म्हण हांवें म्हजेयितल्याक लेकलें. चेडी म्हळ्ळीय एक जात आस्येता म्हण म्हाकाच समजयलें. पूण ओमांयन म्हाका अशेंय कित्याक मारलें, कम्लक्कागेर गेल्ल्याक ओमांय कित्याक रागार जाल्ली म्हळ्ळें म्हाका नवालच जावन ऊरलें.

ओमांयचो राग आटी मयन्यांतल्या वोतापरीं– वोत पडचेंच अपरूप, पडल्यार उज्यापरीं दाव आनी कितल्या वेगीं पडलें तितलेच वेगीं नपंयच जाता. ओमांयचो रागयी खिणान मायाग जातालो.

ಐ

म्हज्या गालां वयलीं दुकां सुकजे जाल्यार, ओमांय रांदपाकुडाक वचून मोडकेंतल्या पियेंवच्या उदकांत कुडको भिजवन हाडनायिल्ली. वानाच्या बांकार बसून, चोवकेंतल्या आड बांकाचेर बूक दवर्न मनेकेलस करतेल्या म्हजें मातें पोशेवन 'दुकलेंयेरे पेड्डे.'म्हणाली ओमांय.

म्हजें चल्लण सकला निस्रावन, म्हाका पूरतो नागडो कर्न, थोड्या वेळा पयलें मार केल्ल्या म्हज्या कुल्यांचेर थंड वसतूर दांबून धरलें ओमांयन.'अळे तें कम्ला पाड बायल पुता. तिच्या घरा गेल्यार पातक जाता. म्हापातक. मागीर देव येमकोंडांत घाल्ता. आनी गोबोर जाता परयांत सोडिना. दुकिचें विदान म्हण आनी परत्यान चेडियेच्या घरा वचनाका' ओमांयन म्हज्या कान्सुलाकयी थंड वसतूर लायलें. पयलो कुमगार जावन दोन वरसां जाल्यारयी कम्लक्काच्या घरा गेल्यार कशें पातक जाता म्हण ओमांयक पाटीं विचारचे तितली जाण्वाय म्हाका नातल्ली. हूं पातक आनी म्हापातक म्हळ्ळें पयल्या कुमगाराचे दोतोरनेच्या वेळार सिसटरीन शिकयिल्लेंय म्हाका समजोंकच नातल्लें.

इसकोलाक भरती जाता परयांत कुडीर वसत्राचो तीर नासतां गोलिमारच्या गाद्यांनी, गाद्या देगेच्या व्हाळाच्या उदकांत आनी बेणशिचे पाडिंत वोत पावस लेकिनासतां उडकाणां घाल्ल्यान म्हजी कुल्यांची कातयी दाट आसल्ली. ओमांयच्या मारांचो हुलोप केदनागी निंवोन गेल्लो तरी तिणे थंड वसत्रांत आपूरबाय करताना म्हाका धादोस भोग्तालें जाल्ल्यान आनी ओमांयन परत्यान मारिनाये म्हण हांवें कुले दुक्तात तशें नटन केलें.

' सत्री घराच सोडल्लिगे ओमांय. इसकोलाथावन येताना पावस आयलो. रुकामुळांत रावल्लों. आमचे क्लाशिंत कम्लक्काची धूव सुशीला आसाने. तिचे सत्रेंत गेल्लों आनी तिणेच घरा आपवन व्हेलें' ओमांयचो राग निंवल्ल्यान कम्लक्काच्या घरा गेल्याक कारण दिलें हांवें.

' रोजिनाचो पूत म्हणालो. तूं त्या चेडियेच्या धुवेक पोटलून धर्न एकाच सत्रेंत तांगेर गेलोय म्हण. आयकोन म्हाका पिंतेग तकलेक चडलो. चुकोन सयत त्या चेडियेच्या धुवेकडे उलयनाका. तिणे कांय खावंक दिल्यार खायनाका हां. तांकां तोंडाक घाल्ची सवय आसा' सकला निस्रायिल्लें चल्लण पेंकडाक वोडन दिलें ओमांयन. हांवें मुकल्यान नाडो वोडन बांदलो.

हांव तवळ पंजिमार सरकारी शाळेंत चोवतेंत शिकोन आसल्लों. रोजीन मावशेचो पूत लुकास सात्वेंत आसल्लो. गोलिमार इगरिजकडे इगरिजचें बरें इसकोल आसल्यारयी ओमांयन घराक लागीं म्हणोन म्हाका पंजिमार सरकारी इसकोलाकच घाल्लो. पंजिमार इसकोलांत कुडतमजलथावन लुकास आनी ताचेच क्लाशिंत शिकचो जेरी, चोवते क्लाशिंत नाराण्याचारिचो पूत शंक्र आनी हांव आसल्यार, बोणक्यांचे जय, किट्ट आनी दिवरांचो माबल तिस्रेंत, अशें साताट जणां शिकोन आसल्ल्यांव. कुडतमजलथावन पंजिमार परयांत दोन मयलांची वाट सदांय चलोन वेचें–येंवचें आसल्लें.

पंजिमार थावन ब्रामणांच्या घरा परयांत मात्येचो रसतो, तो रसतो बाक्याराक घुंवचेकडे कुडतमजल आनी पंजिमाराच्या चडुणें मदेंच सुशीलाचें घर; त्या जाग्याक ब्रामणांचो बाक्यार म्हण नांव आसल्लें.

'ये फेड्डी. सुशिलाक पोटलून धर्न गम्मत केलेंयेरे. तूं जाल्यार चेडोरे' सुशीला सांगाता गेल्याक ओमांयचे मार केल्ल्या दोन दिसां उपरांत इसकोलाथावन सांजेर पाटीं येताना लुकास आनी जेरीन म्हाका

तुकलायलें. ते म्हजेपरास जिवांत दडंग आसल्ले, शिवाय वयले क्लाशिंत शिक्ताले जाल्ल्यान हांवें पाटीं जाप दिली ना. पोटलून धर्न गम्मत केल्लेंय कितें म्हळ्ळें म्हणयी म्हाका सुसतालें ना.

'बापूय उणो जाल्यार पूत उणो.'जेरीन कुट्टिलें. ओमांयन मारतानांय हेंच सांगल्लें. कांय आनयी म्हजेपरीं पावसाक भीजल्लो कम्लक्कागेर गेल्लो कोण्णा चिंतलें हांवें.

सुशीला सांगाता तिच्या घरा पयलेपावटीं गेल्लो तो उडास म्हजे जिणियेंत विस्नोंक जायनातल्ल्या घडितां पयकी एक. एक पाठ बूक, आड गीट आसचे दोन बरंवचे बूक – एक क्लाशिंत बरंवचो आनी दुस्रो मनेकेलसचो, अरदी फूटल्ली स्लेट आनी मोडल्ल्या कड्डेंचे कुडके जमवन दवरल्ली ओमांयची परनी पोती. इतली साहेत आसचें म्हजें इसकोलाचें चील घेवन सोण्या मयन्याचे सांजेर घरा येताना पावसान घात केल्लो; पाटल्या दोन दिसांनी नातल्लो पावस एकचपावटीं शिरांदारिंनी वोतुंक लागल्लो. मात्ये रसत्यार जातातितलें धांवोन येवन, ब्रामणांच्या बाक्यारार धुंपारुका पंदा रावल्लों. मोळबाक बुराक पडला तशें पावस वोत्तालो. धुंपारुकाच्या मोट्या पानां मदेंथावनयी पावसाचें उदक म्हाका भिजयतालें. इसकोलाचें चील पोटाक दांबून धर्न, पाट बागोवन चील भिजनाशें वोद्दाडच्या म्हजेर तेच वाटेन घरा वेच्या सुशीलाक बीरमत दीसल्ली जायजे.' पेड्डे. बरितया. नन्न कोडेयल्ली बा' म्हण सुशीलान आपयताना, बूक भिजतीत म्हळ्ळे कावजेणे मुकार चलियेचे सत्रे भितर वचनाये म्हळ्ळी लज भोगनासतां हांव एकाच बाक्कारान सुशीला सरशीं पावल्लों. सुशीला सांगाता वचनाये म्हण म्हाका भोगल्लेंच ना. सुशीलान म्हजें चील आनी तिचें चील सांगाता घेवन, म्हज्या भुजां भोंवतीं हात घालन आपले ल्हान सत्रेंत म्हाका सुदारिशल्लें. दोगांयचेर पावस पडनाशें एकामेकाक लागीं वोडन धर्न आमी हळतान चलोन आयिल्ल्यांव. आमचे वेंगेंत ऊब जांव, कामुकपणाचीं भोगणां जांव कीरलोंक सकनासची आंक्री प्राय ती.

ब्रामणांचो बाक्यार उत्रल्यारयी पावस रांवचेपरीं नातल्लो.'पावस रांवचेपरीं ना पेड्डे. तूं आमगेर ये. अम्माकडे विचार्न सत्री तुका दितां. तूं फाल्यां पाटीं हाड' ते ल्हान प्रायेरयी सुशीलाक मनशापण आसल्लें. म्हाका ओपवल्ल्या शिवाय दुस्रो नीरवोगच नातल्लो.

'हो. फुलाबायेचो नातू. पाप आवय नातल्लो' सुशीलान हांव तिचे सांगाता कित्याक आयलों म्हण कम्लक्काक सांगल्लेंच उदगारल्ली ती.'सत्री नायेंरे पुता. सोण्याच्या वोताक आनी माय मयन्याच्या पावसाक पात्येनायेंरे पुता' म्हाका लागीं वोडन आपल्या कापडाच्या पालवांत कम्लक्कान म्हजें भीजल्लें मातें, हात आनी पांय पुसले. म्हाका बरीच आपूरबाय भोगली.

म्हजो बुसकोट काडन, पीळन उदक काडलें आनी म्हजी उग्ती कूडयी तिणे आपल्या कापडांत पुसली.'हाडां वयर पडल्यांतमुरे पुता. आजी वाडिनायेंरे पुता' म्हजे गाल वोडन विचारलें कम्लक्कान. म्हाका कितें जाप दिंवची कळीत जाल्ली ना.

'पावस आत्तां उणो जातलो पुता. एक घडी बस. हांवें सत्री दिल्यार तुजी आजी तुका घरा भितर सोडची ना' म्हणोन भितर गेल्ले कम्लक्कान अल्युमिनियमाचे बोशियेंत पांच पानपळे आनी एका गोबळ्यांत हून कापी हाडल्ली.'खा पुता' म्हणाली कम्लक्का, 'दाक्षेण नाका. कितले जाय तितले खा. मासळेची कडी भितर आसा. पानपळे बुडवन खावंक जाय?'

कम्लक्काचो मयपास म्हज्या काळजाक लागल्लो.

कडी नाका म्हण तकली हालयली. पानपळे खायनासतां कितले दीस जाल्ले कोण्णा. ओमांय पानपळेच करिनातल्ली. हांवें भुकेल्ल्या सुण्यान खांवचेपरीं आम्सोरान तीन पानपळे एकेका घासान खेले आनी सांगाता सांगाता कापी पियेलों. कम्लक्कान आनएक खा म्हण ओत्ताय केली, म्हजें पोट भरल्लें.

‘आमगेर आयिल्लें तुजे आजियेक सांगनाका पुता. तिका बरें जांवचें ना. पावस रावला तूं घरा धांव ’ म्हण कम्लक्कान म्हाका तिच्या आंगणाचे कुशिपरयांत पायलें. सुशीलाक टाटा कर्न हांव घरा धांवलों.

हांव सांजेर इसकोलाथावन येताना ओमांयन सकाळीं केल्ली पेजच हून कर्न दवरची आसल्ली; हांवें कितली जाय तितली उस्पोन, मीट आनी धंय घालन जेंवची आसल्ली. आमगेर ओमांयन सकाळीं पेज करची आनी तिनी पावटीं तीच जेंवची आसल्ली. एकेकपावटीं रातिच्या जेवणाक ओमांय हितलांत जाल्लीं बेंडां, आल्संडे, गोसाळीं कितेंय सुकें करताली.

आमगेर पोळे आनी पानपळे कांय मेल्ल्यांच्या फेसता तवळ केल्यार, व्हडल्या फेसताक, नतालां फेसताक मांडास करताली. मासयी रांदिनातल्ली. फेसता दीस तांतियां भाजून कडी करताली. हेर वेळार पोळी करचीच नातल्ली. हांवें ते प्रायेचेर मास खेल्लें कांय सेजारा काजारांक, गूरवारीक धाडुंक गेल्या वेळार कोण्णा. तेंय दुक्रामास वाडल्यार कुंकड वाडिनातल्ले आनी कुंकडा मासांत बटाटेच चड आसताले.

ते दीस हांव घरा पावताना ओमांय घरचें दार आड कर्न तण हाडुंक गेल्ली. पानपळे खावन पोट घट्ट जाल्लें; पेज जेविनातल्लें तिका कळचेपरीं नातल्ल्यान हांव जेवलों ना. तण हाडन आयिल्ले ओमांयन म्हाका आडाराची पुजा केल्ली.

सुशीला चेडियेची धूव, तिच्या घरा वचुंक नजो. पूण म्हजो आन वेतालो. इतलें त्या दिसा म्हजे मतिंत खंचून ऊरलें.

हें जाल्ल्या एका हप्त्या उपरांत आमची टिचेर रजेर आसल्ल्यान आमचे क्लाशीक मात्र वेगीं घरा सोडल्लें. सुशीला आनी हांव सांगाता क्लाशिथावन भायर येवन घरचे वाटेक लागल्ल्यांव. सदां सांगाता आसचो आचारिचो पूत शंक्र नातल्लें बरें जालें, सुशीलान आपयल्यार परत तांगेर वेचें चिंतलें हांवें. पोर सुशीलागेर गेल्ल्या दीसयी शंक्र इसकोलाक येवंक नातल्लो. लुकास आनी जेरीक आनीकयी एक पिरेड क्लास आसल्ली.

इसकोलाथावन थोडी वाट चलल्लेंच बब्बरयाचें साण मेळता. थंय सुशीला पावताना हांवें धांवोन तिची पाट धरली.

‘तुवें आमगेर येवंक नजो खंय पेड्डे. अम्मा म्हणाली’ सुशीलान सांग्ताना म्हाका बेजार जालें.

‘कित्याक. आयल्यार कितें जाता?म्हजी ओमांययी म्हाका तुमगेर वचनाये म्हणता’ हांवें म्हाका धोसचो गोंदोळ उचारलो.

‘म्हाका गोत्तुना’ रसत्या वयलो फोंडकूल उत्रोंच्याक एक उडकी मार्न म्हणालें सुशीला.

‘तुमगेर केल्ले पानपळे बरे आसल्ले. तुमगेर केदाळाय पानपळे करतात?’थोड्या वेळान विचारलें हांवें.

‘एकेक दीस एकेक. आज अम्मान पोणसाच्यो पातोळयो केल्ल्यो. सकाळीं केल्लेंच सांजेर हून करचें ’ सुशीलान तशें सांग्ताना म्हाका तोंडांत लाळ पाजारली.

‘अम्माकडे सांगोन म्हाका एक पातोळी हाडने. आमगेर पातोळयोच करुंक नांत’ हांवें सत सांगलें.

‘पातोळी हाडतां. म्हाका फाल्यां तुजो मनेकेलसचो बूक दिल्यार मात्र’ सुशीलान शरत घालें. हांव क्लाशिंत सकडांपरास पयलो येतालों. लेक्कांत, विग्यानांत म्हाका शेंबरांत शेंबर अंके मेळ्ळयार हेर पाठांनी नोवोदां वयर मेळताले. तेचखातीर सुशीलान म्हजो बूक विचारल्लो आस्येत. शरत मंजूर केलें आनी सुशीलान कशी पातोळी हाडची म्हण आमी उलवन येवजण घाली.

सुशीलाक मुकार वचुंक सांगोन हांव जायगी– नाका म्हळ्ळेपरीं हळतान तिचे पाटल्यान पयशिल्यान गेलों. सुशीलान घरा वचून पणसाची पातोळी हाडता परयांत ब्रामणांच्या बाक्यारार, वोडारुकाच्या आडोसाक लिपोन रावलों. घरा गेल्ल्या सुशीलान चड घळाय नासतां कागदांत बांदून पातोळी हाडन दिली. सुरात नासतां पणसाचे गरे आनी तरनो नारल भरिशल्ली सगळी पातोळी हांवें वोडारुकाच्या आडोसाक बसल्लेकडेच आशेभर खेली.

दुस्रे दीस दोनपारां जेवणाक सूटल्ल्या वेळार हांवें त्या दिसाचें मनेकेलस कर्न तो बूक सुशीलाक घरा व्हरुंक दिलो.

शंक्र म्हजे सांगाताच घरा येतालो आनी पाटापाट लुकास, जेरी आनी हेरयी आसताले जाल्ल्यान सुशीलान सकाळीं इसकोलाक येतानांच परन्या पेपरां भितर केंळब्याच्या खोल्यांनी रेवडावन आपल्या घरा केल्ले पोळे, पानपळे, इडल्यो, इडियो. अशें थरावळ खाणां तवळ तवळ हाडन क्लाशिंतच लिपवन दिंवचीं आनी हांवें बदलाक हर दिसा इसकोलांतच मनेकेलस कर्न म्हजो बूक सुशीलाक दिंवचो एक रिवाजच तशें केली. सुशीला हप्त्यांत तीन–चार पावटीं खाणां दितालें तर हांव हर दीस मनेकेलसाचो बूक तिका पावीत करतालों.

शंक्र पुलिमार गाद्यासरशीं ताचे घरचे वाटेक गेल्लोच, पुलिमार व्हाळाक देंवोन, फात्राच्या आडोसाक बसून सुशीलान दिल्लीं खाणां खातालों. ओमांयक कळत म्हण परत्यान सदांचेपरीं घरा वचून अरदी दोय पेजयी उस्पोन जेवतालों. हांव कितलें जेवतां तें ओमांय पळेनातली.

पूण हें चड दीस चल्लें ना.

इसकोलाथावन घरा येताना एके सांजेर, कम्लक्काक खाणांत ओकत भरसून दिंवची सवय आसा म्हण शंक्रान म्हाका पात्येशें सांगलें. आग्ग्यो वा पाल जिवेशीं मार्न, कुसवन, तांची चरब काडन खाणांत भरसून दितात आनी तें खेल्ले एकच पालिपरीं भागोन येतात वा आग्ग्यापरीं मोटे जातात. हाका हात–मोस करचो, ओकत घाल्चें वा तोंडाक घाल्चें म्हण सांग्तात आनी कम्लक्काक ती सवय आसा म्हण शंक्रान सांगल्लें; कम्लक्काच्या घरा गेल्लेखातीर म्हाका आडारांत मारतानांय ओमांयन तेंच सांगल्लें.

अशें कित्याक करतात, हेरांक बादक केल्ल्यान तांकां कितें बरेपण जाता अशें राजांवीक सवालां विचार्न समजोंचे तितली प्राय म्हाका जाल्ली ना. कम्लक्काक म्हजी ओमांय चेडी म्हण वोलायता म्हण हांवें शंक्राक सांगलें. कोंकणी भास कळीत नातल्ल्या शंक्राक चेडी म्हळ्यार कितें म्हण समजोंक ना. कम्लक्का खाणांत वीक भरसून दिता त्या कारणान तिका चेडी म्हणतात कोण्णा म्हण आमी दोगांयनी लेकलें. देकूनच चेडियेच्या घरा वचनाये म्हण आमी मानून घेतलें.

दुस्रे दीस सुशीलान नारला रोस आनी गोड घाल्ले आपे हाडन दिल्ले. दीसभर, त्या आप्यांनी वीक भरिशलां कोण्णा म्हण चिंतूनच आसल्लों हांव. सांजेर खांवच्या पयलें कितेंय घाण येतागी म्हण हुंगून हुंगून पळेलें. आपे इतले बरे परमळ दिताले, जाल्लें जाता म्हण एक आपो तोंडा भितर घालन चाबलोच. पूण पालिचें वा आग्ग्याचें वीक आसा म्हळ्ळे कावजेणेन चाबल्लो तोंडांत आसल्लो आपो आनी केंळब्या कोल्यांत आसल्ले सक्कड आपे व्हाळाच्या उदकाक उडयले.

ಐ

‘फाल्यांथावन तूं म्हाका खांवचें हाडन दीनाका. म्हज्या ओमांयक हें गोत्तू जालां. ती म्हाका मारता’ म्हण हांवें सुशीलाक शीदा सांगलें आनी त्या उपरांत सुशीलाक मनेकेलसाचो बूक सदांय दिंवचो बंद केलो. हांवें अशें केल्ल्यान सुशीलाक बेजार जाल्लें दिसता. त्या उपरांत एक–दोन हप्ते तिणे म्हजेकडे उलंवचें बंद केलें.

‘तुका मनेकेलस कश्ट जाल्ले दीस सांग. हांव बूक दितां. बदलाक खांवचें हाडिनाका’ म्हण हांवेंच सांगल्ल्या उपरांत सुशिला पयलेंचेपरीं जालें.

इसकोलाथावन ब्रामणांचो बाक्यार उत्रोन येताना कम्लक्काच्या घरा कितें पोळी केल्या आस्येत तीं आशेचीं भोगणां म्हजेथंय निवलिंच नांत. सुशीलाकडे म्हाका खांवचें हाडन दी म्हण सांग्यां म्हण तवळ तवळ वोडणी येताली, पूण वीक भरसून दिता म्हळ्ळे भिरांतीन हांवें विचारलें ना.

बोंबय आसल्लो म्हजो आन मोरताना हांव सवे क्लाशिंत आसल्लों.’तुजो बापूय मेलोंयरे पेड्डे. बोंबंयतच मात्येक पांयतात खंय’ म्हणाली ओमांय ते एके सांजेर हांव इसकोलाथावन घरा आयिल्ल्या वेळार. आन सरल्ले दुस्रे दिसा कोणें तिका खबर दिल्ली. आनाक पळयिल्लोच उडास म्हाका नातल्लो. आनी तो मेलो म्हळ्ळेंय म्हाका विशेस म्हण भोगलें ना. तरी त्या वेळार आन कम्लक्कागेर वेतालो म्हळ्ळो उडास आयिल्लो म्हाका. ते रातीं तेरसा उपरांत मांयन, आमच्या बापा–नमान मरी म्हणोन आनाक सासणाचो विशेव मागल्लो. पेजे सांगाता नारलाची चेटणी केल्ली. कितेंच जावंक ना म्हळ्ळेपरीं हांव दुस्रे दीस इसकोलाक गेल्लों.

‘तूं कित्याक शाळेक आयलाय? तुजो बापूय मेला न्हये?’म्हण क्लाशिंत सुशीलान विचारल्लें.’तो मेला बोंबय. हांवें कित्याक शाळेक येवंक नजो?’पाटीं जाप दिल्ली हांवें.

आन मेल्ली गजाल एकाच दिसा भितर हांवें विस्रोन सोडली.

सात्वे क्लाशिंत अरद्या वरसाची रजा जावन इसकोल सुरू जाल्लें मात्र. शंक्र सवेंत फेयल जाल्लो. सुशीला सात्वेंत म्हजे क्लाशिंत आसल्लें. ते एके सांजेर हांव आनी शंक्र घरा येताना कम्लक्का वाटेर राकोन रावल्ली. आंबाड्याच्या रुकार चडल्लें सुशीला सकला पडोन तिचें दाव्या पांयाचें हाड मोडल्लें खंय. कम्लक्कान सुशीलाक उडुपी व्हर्न पांयाक प्लासटर घालयिल्लो. दात्तेरांनी दोन मयने सुशीलाक घराच रावोंक सलहा दिल्या म्हणाली कम्लक्का.

क्लाशिंत केल्ल्या पाठांचे सुशिलाक नोटस बरवंक म्हजे बूक विचारले कम्लक्कान. हांवच बरवन दितां म्हळें हांवें पाटीं–मुकार चिंतिनासतां. दुस्रे दीस कम्लक्कान सुशीलाचे थोडे नोट बूक म्हजेकडे दिले. म्हजे नोटस तांतूं नकल काडन दुस्रे सकाळीं दिंवचो आनी सांजेर परत कम्लक्कान ते नोटस दिंवचे अशें एक उलोणें आमचे मदें जालें.

ही गजाल घुटान दवरिनासतां ओमांयकडे सांगचेंच म्हण नीरदार केलो हांवें. कश्टांत आसल्ल्याक कुमोक करच्याक ओमांय नाका म्हणची ना. अशें म्हजें चिंतप आसल्लें. ते दीस आमोरी जाल्लीच हांवें ओमांयकडे गजाल सांगली. ती आयकाल्लीच ओमांयन म्हाका आरावन धरलें.

‘पुता पेड्डी. तुका नाकारे ताची इश्टागत. तूं आज आवय–बापूय नासतां अनात जालाय तर त्या बोडकिच्या चेडियेवरवीं. गोत्तायेरे तुका.’ओमांयच्या दोळ्यांत दुकां भरून आयलीं.

ꢢ

'आसल्ली एक धूव म्हाका भांगार भूरगें म्हजें. तुज्या बापायक घर–जांवंय केलो. तुज्या बापायक बायलांचें पिर्शेरे पुता. घरा बायल आसल्यारयी त्या चेडियेच्या घरा वेतालो. तुजे आवयन कितलें म्हण सोसचें. निमाणें तेल पियेवन मेलें. आनी तुजो बापूय मुसकार दाकवंक जायनासतां बोंबय धांवोन गेलो. बायलांचे पिडेनच मेलो. आनी आतां तूं ते चेडियेचे धुवे पाटल्यान लागलाय?'ओमांय म्हाका पोटलून धर्न हुसकारली.

तरी कम्लक्काक कित्याक चेडी म्हणतात आनी बायलांची पिडा म्हळ्यार कितें तें म्हाका कळीतच जाल्लें ना.

*** ——— ***

# चामादोराचो पूत

तुवें खोंडल्लो फोंड तुज्या बापायन खोंडल्ले परिंच जाल्लो.  फोंड पळेतानांच तुका फोंड खोंडून आनभोग आसा तशें दिसतालें.  मागीर कोणे सांगलें म्हाका, तूं ल्हान आसताना तुज्या बापय सांगाता, ताका कुमोक करुंक येवन आसल्लोय

म्हण पाद्रा ब कित्याक पासोत आपणाची शाभासगी उचारता तें सिरिलाक समजालें ना.

पाद्रा ब बसून आसल्ला कदेला मुकार मेज आसल्लें आनी मेजा उपरांत पादऱ्याबाकडे उलोवंक आयिल्लाक बसुंक कदेलां आसल्लीं. पाद्रा बान सिरिलाक बसुंक सांगुंकनातल्लें, सिरील त्या कदेलां पाटला न उभोच आसल्लो.

तुका हांवें आपवंक धाडल्लें कित्याक म्हळयार.  कालच मोर्न मात्येक पावयिल्ला उपांत उलव्यां म्हण आसल्लो.  कदेलाक पाटीं ओणकोन म्हणालो पाद्रा ब, तुजो बापय ह्या फिर्गजेंत पाटला तीस वरसां थावन चामादोराचें काम कर्न आसल्लो.  आपणाची भलायकी सारकी नातला रयी, पिडा–शिडा पळेयनासतां, फेसत–परब लेकिनासतां सरल्ला फिर्गजगारांक मात्येक पांवचे खातीर तो केदनांय तयार आसल्लो. सकाळीं मोर्न आसा म्हण जाल्यार रातीं मध्यानेर सयत एकलोच सिमेसत्रेंत फोंड खोंडतालो. तितलो एकीन तो.

आतां आपला आनाची शाभासगी उलयतेल्या पाद्रा बान, आनाची जीव नातल्ली कूड आदला सांजेर इगर्जेंत हाडन दवरल्ले वेळार असलीं उत्रां कित्याक सांगुंकनांत म्हळळें सवाल सिरिलाचे मतिभितर उदेल्यारयी ताणे तें उचारलें ना. पाद्रा बाक तवळ बोवशा तें उगडासांत नातल्लें जाव्येत, लेकलें सिरिलान. सिरील कितेंच उलयलो ना.

आतां तुजो बापय देवाधीन जालो आनी आमकां.  पाद्रा ब एक ल्हांब उस्वास घेवन म्हणालो, ह्या फिर्गजगारांक एक बरो चामादोर ना जालो.  हांवें तुका आपवंक धाडल्लें कित्याक

म्हळयार, आमकां एका बरया चामादोराची गरज आसा.  तुजो बापाय तें काम कर्न आसल्लो, आनी हक्कान तें तुका दिव्येता.  त्या पासोत

पाद्रा ब ओणकल्ले थावन मुकार मेजाक बागोन म्हणालो. हांव दुस्रें काम सोधतां फादर.  पियुसिची एक परीक्षा बाकी ऊरला. काल एक परीक्षा चुकली. फाल्यां एक परीक्षा आसा. परीक्षा जातेच बोंबय गेल्यार काम करचे सांगाता हेर कितें शिक्येत.

हांवें तशें चिंतलां सिरील कसलेच उद्वेग नासतां म्हणालो. कितें कामा म्हेळतात म्हण तूं बोंबय वेतलोय. आनी कसली व्याप्त शिक्षी. कोणयी ओळकिचे असात तुका थंय.  ? ना थंय कोणी नांत.

कोणी नातल्ला गांवाक वचून कितें करशी तूं. तुका हांगा तुज्या बापायचें काम करयेत. . आवय आनी भयण आसात तुका.  तांका सांगाता कोणयी नासतां तूं पयस गेल्यार.  पाद्रा ब सिरिलाचेर दीश्ट काडिनासतां म्हणालो.

सिरिलाक कितें जाप दिंवची कळीत जाली ना. आवय भयणिच्या भद्रतेविशीं ताणे कांय चिंतल्लें ना.

तुजो बापय एकीनपणी काम कर्न आसल्लो.  तुजो आजोय ह्या फिर्गजेंत चामादोर जावन आसल्लो खंय. देकून तुका हांवें हें काम विचारचें.  तुका नाका तर कामाक कांय जण मेळचेनांत म्हण न्हय.  सिरिलान काम इनकार केल्लें पाद्रा बाकबरें लागुंक ना जायजे.

ꕤ

'म्हाका चामादोराचें काम नाका फादर,. हांवें काल फोंड खोंडल्लो म्हज्या आनाक मात्येक पावंक त्या वेळार फोंड खोंडतेल्यांक तलास करुंक साध्य ना जाल्ला न, म्हाका चामादोराचें काम न्हाका.'सिरिलान तशें सांगुंक चिंतलें, पूण उचारलें ना.

पाद्रा बाक तशें आड उलयनाये म्हण तो जाणा आसल्लो.

मांय कडे विचार्न पळेतां फादर. सिरील नमातेन म्हणालो. तूं चामादोराचेंच काम म्हण करिनाका. आमकां इगर्जेक

हितलांत काम करुंक, गोट्याच्या कामाक तुजेपरीं आसल्लो एक तरनाटो जण जाय. सांगाता गरज पडताना सिमेसत्रिंत फोंड काडुंक आनी सरल्लाक मात्येक पावंक. तुज्या बापयक हेंच काम आसल्लें आनी इगर्जेच्या लेकार हजार रुपय सांबाळ आसल्लो. पूण तो फोंड काडचें सोडन हेर कामाक हांगा येनातल्लो जाल्ला न सांबाळ ताका पूरतो मेळानातल्लो. देकून फोंड काडल्ला क एका फोंडा पाटला न इगर्जे थावन ताका तीस रुपय दिताले. तूं बरयान काम करशी तर तुजो सांबाळ इल्लो चडय्वेत. शिवाय मात्येक पावयिल्ला उपरांत सरल्ल्ला घरचीं कांय भक्षीस दितात. तुजो आन तें सक्कड सोरयाक घाल्तालो. हांगा मात्र न्हय गरज पडला र आमचा वाराड्यांत हेर फिर्गजेनिंय फोंड काडुंक आपयतात. थंय जोडल्ले तुंवे दवरयेत.

हरदा र दोडन बांदल्ले हात सोडन पाटीं बांदले सिरिलान.'आन सक्कड सोरयाक घालिनातल्लो. थोडेपावटीं तरयी घराक खरचाक दितालो' तशें सांगुंक मन आयला रयी सांगलेंना सिरिलान. हांव त्या विशीं थोडें चिंतून सांग्तां. मांय कडे उलयजे एक पावटीं पाद्रा बा मुकलो वचुंक जाय आसल्लें सिरिलाक. पाद्रा बाक सिरील चुकोन घेवंक पळेता म्हण भोगलें जायजे. बसल्ले कडचो उटोन सिरिला सरशीं आयलो पाद्रा ब, अळे सिरील

सिरिलाक भुलोवन म्हणालो तो, खंयचा य कामांत व्हडपण आनी ल्हानपण आमी लेकल्ले परीं आसा. निमाणे कितें गरज, तूं त्या कामांत कितलें नितीन जोडताय म्हळळें. चिंतून पळे, तुमकां कटीण दुबळिकाय आसा. तुज्या बापय थावन कितेंय आधार लाभल्लो ना जाव्येत. पूण तुवें तशें जायनाये. जोडल्लें बरयान सांबाळन दवर. जायत फादर. हांव त्या विशीं चिंतून सांग्तां. सिरील थोडो वेळ वोगेच रावल्ला उपरांत , वचुंक घुंवलो.

पाद्रा बाच्या घरा थावन आयिल्लो सिरील, शीदा घर्चे कुशीन चल्लो. इगर्जे थावन घराक कांय एक मयला तितली वाट.'चामादोराचो पूत!'सिरील चिंतुंक लागलो.'हक्कान चामादोर जावंक.'विरार जालो तो.

' आन सोरो पियेवन पियेवन रगत वोंकून अनाथापरीं बस्स नाक्यार पडून मेलो. तो रगत वोंक्ताना, रगत वोंकून नित्राण जावन पडून प्राण सोडुंक कश्टाताना ह्या फिर्गजेंतला कोणा एकला न तो एकीनपणी चामादोराचें काम कर्न आसल्लो म्हळळें उगडास कर्न ताका आस्पत्रे परयांत पावोंवची दया केली ना. ताका मरयादेचें मोर्न भोगेवंक नातल्लें' .

ताचो आन मेल्ली खबर पावताना सिरील परीक्षे खातीर भायर सरोन आसल्लो.'तूं बाकी आसल्ले परीक्षा बरवन ये. मोर्न घरा परयांत आमी हाडन पावायतांव' म्हण सांग्तेले कोणी नातल्ले. 'आनाच्या कुटमाच्यांक, दायजाक आन चामादोर म्हळळें हल्क काम करता देकून आमचा कुटमाची सयरीक ना. आनाक

लागशिलेनांत, पूण दायजी आसात. कोण एकलो ताच्या मोरनाक आयिल्लो ना. मांय कशीय आस्रातली. आनाक चामादोर न्हय जाल्लो तर हांगा चेडूं दिते आनी आपणाक मांय कुशिंत कोणीं सयरीं आसतीं. कश्टांच्या वेळार पावतीं' तशें चिंताना ताच्या दोळ्यांत दुकां उदेलीं. क्रिसतावांक मोर्न काजारा परिंच खरचाक वाट. सालून घोळोन पुंजायिल्लें कितेंय नातल्लें. आपला सोरयाचो खरच काडन घरा

बायले भुग्र्यां खातीर ताणे दिल्लेंच उणे. तांतलें कांय उरोंक नातल्लें. सिरिलाच्या मांयक पयलेंचे परीं बिडी बांदुंक बिडियेचे खोले जाय तितले मेळानातल्ले. सगळो दीस कुलिचें काम करुंकयी तिका साध्य जायनातल्लें. हात तोंडाक पांवचे तितली मात्र आसल्ली तांची आरतीक गत. सालुच्या मोरना खातीर तांचे कडे कितेंच नातल्लें. त्याच सांजेर मोर्न मात्येक पावंक वाड्याच्या गूरकारान पाद्रा बाकडे उलोवन जाल्लें. फोंड काडुंक जण नातल्लो. गोलिमारफिर्गजेंत आनी सेजारचा फिर्गजांनी कितलेश्या जणांचो फोंड काडल्ल्ला सालुचो फोंड काडुंक दुस्रो चामादोर नातल्लो!

पाद्रा बान, वाड्याच्या गूरकारान सिरिला कडे फोंड काड म्हण शीदा सांगुंक ना, पूण नीरवोग नातल्लो. चामादोर नातल्ला न सिरिलान्च फोंड काडिजे आसल्लो.

बापायची कूड घरा दवर्न, कर्कट्या वोतांत तीन वोरां ताणे आपला आनाची जीव नातल्ली कूड मात्येक पावोंक फोंड काडलो. आनी त्या वेळार ताचे सांगाती परीक्षे सालांत आसल्ले! चामादोराचो पूत चामादोराच्या कामाची परीक्षा सिमेसत्रिंत दीवन आसल्लो. मोर्न इगर्जेक आनी थंय थावन सिमेसत्रीक वरुंक गरीबां खातीर इगर्जेंत पाळणे आसल्लें. पाळणातली कूड काडन ती मात्र फोंडाक देंवयिल्ली.'कितलेश्या जणांच्यो कुडी मोलाधीक पेटेंनी दवर्न मात्येक पावयिल्ला आनाचे कुडीक मोरनाचे पेटेंत निदचें भाग ना' कुसकोसोन रडल्लो सिरील बापायची कूड तशीच सकला देंवयताना. सिरील चामादोराचो पूत, आतां चामादोर जाल्लो! आनी तो बापाय परीं बरे फोंड काडता म्हण पाद्रा बान शिफारस केल्ली!

बोवशा हेर पूत आपला बापाय परीं यशस्वी जाला म्हळ्ळे होगळिकेक उग्ता न स्वीकार करते. पूण सिरील?

' चामादोराचो पूत जावन जल्मल्ला आनान, आपला सालू नांवा

पयलें 'चामादोर' म्हळ्ळो बिल्लो लागचा पयला दिसाय अशेंच आपला बापाय खातीर फोंड काडल्लो जायजे' चिंतलें सिरिलान.

बापयचो फोंड पुतान काडन चामादोर जांवची रिवाज तांच्या कुटमाक लागला तशें भोगलें ताका!

तें एक मात्र सिरिलान अपेक्सुंक नातल्लें. ताका आपला बापाय

परीं चामादोर जावंक खंडीत नाका आसल्लें. पूण परिगतीन ताका थंय हाडन रावयिल्लें. चामादोर सालुचो पूत म्हण आपणाक हेरांनी आपंवचात सिरिलाक ल्हान आसताना कितेंय लज भोगानातल्ली. ल्हान क्लासिंनी लडाय करतना थोडे पावटीं ताचे सांगाती ताका 'वचरे फोंड काडरे' म्हणताले आनी तो तांका 'तुका पूरतां पळे' म्हण जाप दितालो शिवाय असल्या उत्रांनी ताका उणेपण भोगल्लें ना.

सिरील चोवता क्लासिंत शिकून आसल्ला वेळार ताचो क्लास मेसत्री गोलिमार फिर्गजेंतलो एक काथोलीक जावनासल्लो. शिलाब ताचें

नांव आनी तो सालुचो दायजी. ताच्या क्लासिंत पावल्ला एकाच

८

हफ्तात लिसांव करिनातल्ला एक ल्हान काराणाक, सिरिलाक शिलाबान

सकडां मुकार उभे राववन 'तुका फोंड काडतेल्याक शिकप खंय मात्या भितर रिगत. शिकपाची गरज नारे तुका. चामादोराच्या पुता' म्हण हिणशिल्लें सिरिलाच्या काळजाक भालियेपरीं तोपल्लें. क्लासिंत मेसत्रीन ताच्या बापायचा कामाक हल्क कर्न सकडां मुकार ल्हान केल्लें,

मासूम सिरिलाक कठीण दूकल्लें. ती सूरवात आनी त्या उपरांत तें सगळें वरस सोडिनासतां शिलाबान ताका 'चामादोराचो पूत' 'फोंड काडुंक जाशी' 'मोडें आपडला र सोरो जाय तुज्या बापायक' 'बेब्दा चो पूत'. अशें थरावळ उत्रांनी खेंडल्लें, हल्क केल्लें.

तो अनभोग सिरिलाच्या काळजांत माज्वनातल्ला घायापरीं आसल्लो. तें वरस आकेर जाताना सिरिलाचें व्येक्तित्व पूरतें बदलाल्लें. तो आतां हेर भुर्ग्यां सांगाता चड भरसाना जालो. ताका कास ईश्ट म्हण कोण ना जाले. हेरां कडे चड उलोवंक, वा क्लाशी भायर खेळोंक तो वचानातल्लो. शिकपांत ताका आसक्त उणी जायित्त आयली. पूण तो क्लासिंनी फेयल जालो ना. पयलेंचो दाधोशी जिनोस वचून तो चड अंतरमुकी जालो. आनी त्या उपरांत ताका कोणेंय चामादोराचो पूत म्हण आपयला र तो सगळोच खुबाळतालो. आपला बापायचा कामा थंय ताका खूब कांटाळो उबजाल्लो. त्या पयलें इसकोलाचे रजेर, सालूक फोंड काडुंक आसला र, ताचे सांगाता सिरीलयी सिमेसत्रीक वेतालो आनी आपणाक जाता ती कुमोक करतालो.

चोवता क्लासी उपरांत बापायन आपयला रयी गेलो ना.'आनाक हें काम करिना तर दुस्रीं कामां करुंक जायनांत मांय. फोंड काडचें काम मात्र आन कित्याक करता' म्हण तवळ तवळ ताणे आवय कडे विचारल्लेंय आसा. बापय कडे तूं फोंड काडिनाका म्हण सांगुंक ताका आवकास जांव, धयर जांव नातल्लें. आपलो बापय नाक भोर पियेता तर ताच्या कामा पाटला न ताका भोगची लज विस्नुंक तशें करता म्हण लेकल्लें सिरिलान.'लोक सक्कड ताका चामादोर सालू वा फोंड काडचो सालू म्हणतात देकून आपलो आन सोरो पियेता' समजल्लो सिरील. आदला दिसा बापय खातीर फोंड काडचा पयलें पिक्कास हातांत घेताना ताच्या दोळ्यांनी दुकां भरून आयिल्लीं. गोलिमार फिर्गजेंतला कितलेश्या जणांक मात्येक पावंक सालून आधार दिल्लो. पूण ताका मात्येक पावंक आयिल्ले सांत विशेंत पावल सभेचे च्यार जण, आनी वाड्यांतलीं गूरकार धर्न कांय पांच जणां मात्र.'आन चामादोर देकून चामादोराच्या मोरनाक येंवचेंय लोकाक ससार दिसलें' चिंतल्लें सिरिलान.

पाद्रा बान कित्याक आपयिल्लें? विचारलें सिरिलाचे आवयन तो घरा पावल्लोच. पाद्रा बान बरें मन दाकयिल्ला क देवाक अर्गां म्हणाली सिरिलाची आवय, आनाचें काम तुका मेळल्लें बरें जालें सिरिलान पाद्रा बान कित्याक खातीर आपयिल्लें म्हण सांगल्ले तक्षण.

'नशीब कितलें वायट रावता' चिंतुंक लागलो सिरील.'आन फोंड काडतालो देकून आपणेंय तें काम करिजे जाल्ली परिगत'.

ताणे आवयक जाप दिली ना. दुस्रा सकाळीं सिरील परीक्षे खातीर भायर सरतालो, तेदना फिर्गजेचो मीरनाम आनी उपाध्यक्ष सांगाता आयले.

ᢒ

पाद्रा बान धाडलां म्हणालो मीरना म भायर बसून आसल्ले सिरिलाचे आवय कडे, इगर्जे वाड्याचो जेरोम वास सरला. मोर्न सांजेर तिनांक दवरलां. सिरिलान फोंड काडुंक विगारांनी आपयलां.

सिरिलान काल पाद्रा बाक स्पश्ट जाप दीवंक ना खंय, देकून समजय म्हण म्हाकाय वच म्हळें पाद्रा बान म्हणालो उपाध्यक्ष. तो परीक्षेक भायर सरोन आसामू. नरगाली ती.

पोयर एक परीक्षा बरवंक ना म्हण आयकालां हांवें. कशेंय पाटीं पडला. मागीर सांगाता बरव्येत न्हय. आनी आतां परीक्षा बरवन व्हडलें किर्ते जावंक आसा. मोर्न सांजेर म्हण जालां. सुमार भायले पाद्रा ब येतले. श्हेरा थावन बेंड सांगलां. तांकां पाटीं वचुंक जाय म्हण वेग्गीं दवरलां. म्हणालो उपाध्यक्ष. फोंड काडुंक जेरोम वासाक पूत नांत. भितर थावन जालाक देंवताना म्हणालो सिरील, चामादोराच्या पुतान चामादोर जायजे म्हण कांय नियम आसा.? सिरिलाच्या उत्रांनी बांदून दवरल्ले उब्देस उसाळळे. सकडां अवाक्क जालीं.

हांव परीक्षेक भायर सरलों मांय हेरांक किर्तेंय उलोवंक आवकास दीनासतां, आवयक उद्देसून म्हणालो तो, फोंड काडचो चामादोर मेला म्हण हांका तूं सांग पाटीं पळेयनासतां सिरील चमकालो.

*** ——— ***

ಏ

# चक्रसर

'आकयचें पिशें हे पावटीं चड जालें. ओकत चालू आसल्लें. सुमार एक म्हयना थावन आकय नाका जाल्लें उलयताली. रातीं मद्यानेर उटोन वोव्यो सांग्ताली. एकेके रातीं बूरशें आनी पोजडें उलयताली. आदला सोमारा सकाळीं आमी उटताना आकय घरांत नातल्ली. सदांचे परीं गाद्या सर्शीं गेल्या म्हण लेकलें. मांव बयलाक सोदून गेले. आकय बयलांत नातल्ली. आकय इगर्जेकडे गेल्ली खंय. सकाळिंच्या मिसाचेर मोसतू धोशी दिले म्हण पाद्रा बान सांगून धाडलें. मांव इगर्जे कडे वेताना ही थंययी नातल्ली. बसस्टेंडार आसल्ली म्हण वळक आसल्लानी सांगलें. दोन दीस तिची खबरच नातल्ली. पोलिसांक दूर दिलें. च्यार दिसां उपरांत किर्ते इगरिजचे सिमेसत्रिंत भोंवची पोलिसांक मेळ्ळी. थंय थावन शीदा कंकनाडी व्हर्न दवरलां. येंवचा हप्तात घरा पाटीं आपवन हाडतात खंय.

सिलवीन हरशें कागदांत बरंवचो दोन गजाली हे पावटीं बरवंक नातल्लो. आकय तुका नाका जाल्लें सोवता आनी आकय सांगाता ह्या घरांत आपणाक रावुंक साध्य ना म्हण पाटला चडताव हरयेका कागदार सिलवी बरयतालें.

सिलवीन बरयनातला रयी, आकयक पिशें चाळवाताना तिका कळीत आसल्लीं सक्कड बूरशीं उत्रां वापर्न म्हाका गाळी दिता म्हण हांव जाणा आसल्लों. गांवाक गेल्ला वेळार चुकोन तरयी आकय म्हजेकडे वायट उलयनातल्ली. हांव दिश्टी मुकार नातल्ला वेळार, तिका पिशें चडत तर जिबेर आयिल्ला उत्रांनी म्हाका धुंपयताली म्हण आनान मांयनयी बरयिल्लें. आतां सिलवीय बरयतालें.

आकयक पिशें लागुंक आनी तें ह्या पऱ्यांत उरोंक हांवच काराण जाल्ला न आकय म्हाका दूरसताली. आकयचो चक्रसर तिका पाटीं दिल्लो तर आकय केदनां बरी जाती आसल्ली. आकय म्हाका गाळी दिता तर त्यो म्हाका फावो जाल्लो च म्हळ्ळें चिंतप आसल्ला न म्हाका तिचेर राग येनातल्लो.

म्हाका बूद कळ्ळले थावन आकय आमचे सांगाताच आसल्ली.

बोंटांच्या जाग्यार ल्हान कोलवाच्या घरांत आन, मांय, हांव, म्हजेपाटलें भयण, निमाणो भाव आनी आकय सांगाता रावताल्यांव.

मार्न खांवची दुबळिकाय आमकां दोसताली. स्वंत हुट्टोळ कितेंय नातल्ली. आन, मांय आनी आकय तेगांय धन्याच्या गाद्यांनी दीस कुलिच्या कामाक वेतालीं. तांणी घोळल्लें आमकां जेवंक पावतालें. आनाचो म्हाल्गडो पूत तरयी चीत दीवन शिकुंक म्हाका जालेंना.

शिकुंक जालेंना म्हणचे प्रास शिकुंक साद नातल्लें म्हणचें चड सारकें जायत. सागोळेच्या वेळार आना सांगाता धन्याच्या रेड्यांक कोसुंक व्हरुंक, जोत बांदुंक आनाक कुमक करुंक, आनान गादे कोसताना गाद्याच्यो देगो तासुंक, मदें आनाक जेवणाक सोडुंक, कोसून जाताच रेड्यांक धुवन पाटीं धन्याच्या गोट्यांत बांदुंक म्हण दोनपार उत्रता परयांत गाद्याच्या केदांतच ऊरतालों. बेशांत आनी कण्णात पंद्रावीस दीस इसकोल खळतालों. तवळ म्हाका शिकपाचेर कितेंच मन नातल्लें. म्हजे प्रायेचे सक्कड धावी पास जाताना हांवें कश्टान सात्वी पास केली. शिकप मुकारिलेंना.

आकय, आनाक पंद्रा वरसांक ल्हान खंय. हांव जल्मोंच्या पयलेंच आकयक काजार जावन ती विधव जाल्ली. काजार जाल्ला म्हयना भितरच अकयचो नोवरो रुकार थावन पडून मेल्लो म्हण धनयाचे धुवेन

ಐ

ल्हान आसताना म्हजेकडे सांगल्लें. म्हजीं आन जांव, मांय जांव आकय विशीं त्या वेळार आमचे मुकार उलयनातल्लीं.

आकययी मांय परिंच धनयांच्या घरा कुलिच्या कामाक वेताली आनी घोळल्लें सक्कड घरा हाडन घाल्ताली. म्हजी मांय एकेक पावटीं आकय कडे उतांनी झगडताली तरयी आन सक्कड सुदारसून

व्हरतालो. मांय आनी आकय मधें चडुणें जायनाशें आन चत्राय घेतालो.

आकय विशीं मांयन नीज गजाल म्हजेकडे सांग्ताना हांव बोवश्या बारा–तेरा वरसांचो. त्या दिसा सकाळीं मांय आनी आकय खंच्यागी विशयाचेर उलवन पडल्लीं. दोनपारां व्हाळांत वसत्रां उंबोळताना मांयन आकयची खबर म्हजेकडे सांगली. आकयक बरी सयरीक पळेवन कीरयांत काजार कर्न दिल्लें. काजार जाल्ला एकाच हफ्ता भितर घोवाचे उपाद्र सोसुंक जायनासतां कुळारा धावोन आयिल्ली. तेदाळा आब जीव आसल्लो. आबान समजयलें. आकयच्या नोवरा न येवनयी पोरातिलें. पूण आकय पाटीं वचुंक कबूल जाली ना. पंचेत्की दवरला रयी आकय आयकालिना. तेच खंतीन आकयच्या

नोवरा न रुकाक गळपास घेतल्लो. मांयन सोडवन सांगलें. आकयचो नोवरो कितें उपाद्र दितालो? म्हण हांवें विचारल्लें.

मांयन 'तें तुका आतां कळना' म्हण जाप दिल्ली. नवे होकलेक नोवरा च्यो कितें धोशी तें आतां म्हाका समजताल्यो.

आकय आमकां भूरगाक मोगान पळेताली. एक पावटीं सयत तिणे आमचेर शीण उचारल्लो ना. तशें जाल्ला न आकय वरवीं तिच्या घोवान गळपास घेतल्ली गजाल म्हजे मतिंत रोंबली. हांवें म्हज्या भवाक,

भयणीक मात्र ही खबर सांगलिना. मांयन तशें सांगानाशें चत्राय दिल्ली.

दीस पाशार जाले. हांव प्रायेन वाडलों. आनान आतांय ऊट बस करचें म्हाका सोसल्ना. आनाक आनी म्हाका समा पडना जालें. हांव घर सोडन पयस वचुंक संद्राप सोदून आसल्लों. कांय इल्लें शीकल्लें तर बोंबय तरयी वच्येतें. म्हज्या अरदा कूरया शिकपाववीं म्हाका कावजेण भोग्ताली.

तरयी आवकास मेळ्ळोच. ल्हान क्लासिंनी म्हजो सांगाती आनी म्हजेपरिंच सात्वेंत शिकपाक पाट केल्लो मसीदेकडचो अब्बास दुबाय वचून गांवाक आयिल्लो. ताणे म्हाका दुबाय आपवन व्हरची आशा दाकयली.

पासपोरट, विजा, टिकेट म्हण पंद्रा हजार जाय पडता म्हणालो तो, तितलो दुडू जमवंक म्हजेवरवीं साध्य नातल्लें. आनी मांय कडे बेंकाचें एकांवटच नातल्लें – पुंजयिल्लो दुडू खंयचोय आसल्लो

म्हळयार मांयच्या गळयांतली पिड्डूक आनी हाताचे दोन मूरगो. दुबाय वेचे आशेन मांय कडे हांवें भांगार विचारलें. मांयन गजाल आनाक सांगली.

आनान खुबाळोन म्हाका झडपिलें. म्हाका आनी आनाक उत्रांचें झजच जालें.

घर सोडून वेतलोंच म्हळ्ळो निचेव केल्यारयी म्हजेकडे दमडी नातल्ली. फुडाराचे अस्पश्टायेन हांव विरार जालों. काम करचें बंद कर्न हेणें तेणें भोवोंक लागलों.

आन मांय घरांत नातल्ले एके सकाळीं हांव पेंटाळेर बसून बिडी वोडतालों. रांदपा कुडांत आसल्ली आकय म्हजेसरशीं येता परयांतयी म्हाका तिचें गण्णें नातल्लें. आकयच्या हातांत तिचो भांगाराचो चक्रसर आसल्लो!

ಐ

हो व्हर्न वीक आनी दुबाय वच म्हळें आकयन. हांव कावजेलों. पूण आकयन चिंतून नीरदार केल्लो म्हण म्हाका समजयलें. पाटिंफुडें चिंतिनासतां तो भांगाराचो चकसर हांवे भांगाराच्या कामाराकच विकलो. ताणे पंद्रा हजार मेजून म्हजे हातांत दिले.

हांवें ते अब्बासाक दिले. तेच सांजेर अब्बासान म्हाका पासपोरट करवंक एजेंटासरशीं व्हेलें. मुकला पंद्रा दिसांनी अब्बास दुबाय गेलो. पासपोरट हाताक पावला रयी अब्बासाची खबर ना जाली. हांव देदेस्पर जालों. आकय पूरती गळोन गेली.

म्हयना भितर विजा धाडतां म्हळ्ळा अब्बासाची खबरच नातल्ली. आकयन चकसर म्हाका दिला आनी हांवें दुबाय वेचे आशेन मापळा क दिला म्हळ्ळें आकय थावन आयकून आन मांय संसारच वयर पंदा पडचेपरीं बोबाटलीं. आनाक आकयचेर राग आयिल्लो.

घोवाक विकून खेल्ले रांडे. म्हळें आनान आकयचो शेंडो धर्न कान्सुलाक दोन व्हाजयताना! आनान आकयचेर हात घाल्लो हांवें पळयिल्लें तेंच पयलें आनी निमाणें. ह्या उपरांत आकयचेर खूब बदलाप जालें. आकयचो सदांचो जिनोस बदलाल्लो. आयिल्ले – गेल्ले कडे आकय कितें चिंतून रूक जाताली. बसल्ले कडे दोळे धांपून नियाळ करता तशें ऊरताली. आकयन भायर कामाक वेचें रावायलें. आन मांयन तिका येटचें चड केलें. हांव चुकिदार, कितेंच करुंक जायनासचे गतीर ऊरलों. पूण अब्बासान घात केलोना. तीन म्हयनानी दुबायची विजा, टिकेट धाडली. खबर आयकून आकयन नाचोन ताळयो पेटतानांच आकयची तकली पाड जाल्या म्हण सुसताल्लें म्हाका. तरयी आकयचे भलायकेची चड दासती घेनासतां हांव दुबाय पावलों.

भोराचें काम, पूण सांबाळ विशेस मेळनातल्लो. खरच काडन उरयिल्लातले पयशे घरा आनाक धाडल्लेच आन– मांयचें बेसांव घेवन कागद आयलें. आकयच्या पिडेविशीं तांणी चड खबर दिलिना. दोन वरसां उपरांत रजेर घरा वेतानांच आकयची तकली पूरती पाड जाल्या म्हळ्ळें कळ्ळें म्हाका. हांव निरासलों. आकयक पिशें लागुंक तिचो भांगाराचो चक्रसर हांवें वाटायिल्लोच कारण म्हण ओळकिच्या एकला दोगांनी सांगल्लें म्हाका खूब दुकलें. तिचो चक्रसर पाटीं दिलो तर ती बरी जातली म्हळ्ळा म्हज्या उत्रांक आन मांयन आडकळ केली. आकयक आतां भांगाराची गरजच ना म्हण तीं भासुंक लागलीं. पूण अकयक पिशें लागुंक हांवच कारण म्हळ्ळीं भोगणां म्हजे मतिंत गूंड रोंबलीं.

म्हजे जोडिचेर आनाक खूब भरवसो आसल्लो. धन्याकडची धा सेंटस आमी आसल्ली आडी मोलाक घेंवची, आतांच्या कोलवाच्या घरा बदलाक नळयांचें घर बांदचें, भयणीक बरी सयरीक पळेवन काजार करचें, ताच्या पाटापट वा सांगाताच हांवेंय काजार जांवचें अनान लांब येवजण तयार केल्ली. पूण ह्या सरवांच्या पयलें आकयक चक्रसर करून दीजे म्हळ्ळो म्हजो विचार आनान मतीकच व्हेलोना. आकयचें पिशें बरें जांवचे परीं ना म्हण तो चिंतालो.

आनान घराची आडी मोलाक घेवन नव्यान घर बांदचा कामाक सूरवात केलीच. दोन वरसांचें सरव उरयिल्लें आनी उपरांत घोळल्ले ह्या कामाक हळत जालें. आकयक चक्रसर करवंक दुडूच ऊरलोना.

हांव दुस्रे पावटीं रजेर गेल्ला वेळार म्हजे ओत्तायेक आकयक कंकनाडी आस्पत्रेक व्हर्न च्यार दीस दाकल कर्न हाडलें. खळनासतां ओक्तां दीजे म्हण दाक्तेरांनी फरमायलें, शिवाय पिडा शाश्वत उरत वा ना तें विचारला रयी सांगलेंना. आकयक चक्रसर मेळ्ळा र ती बरी जातेली म्हळ्ळो म्हजो अंदाजयी दाक्तेरांनी मतीक व्हेलोना.

ຕ

आकयक पिशें लागल्लें चक्रसर हांवें वीकल्ला उपरांत आनी अब्बासाची खबर नातल्ला वेळार. अब्बासा थावन विजा आनी टिकेट आयिल्ला दीस आकयन खुशेन उगडकाणां घाल्लीं. पूण ती आतां पूरती पिशीच जाल्ली. चक्रसर खंयचेगी घडये चिंतिनासतां म्हाका दिल्लो आनी बोवश्या हांवें वीकल्ला वरवीं तिका धको बसला.  अशें हांवें लेकल्लें. तिस्रे पावटीं गांवाक देंवताना म्हज्या आनी म्हजे भयणिच्या काजाराची मांडणी केल्ली. भयणिचें काजार जांवदी, म्हजें आतां नाका म्हळ्ळा म्हज्या ओत्तायेक आन आयकालोना. आनान मांयन सिलविची सयरीक आयती केल्ली.

पयले दिश्टिन्च हांव सिलविचेर भुल्लों. काजार पाटीं केल्यार सिलविची सयीक चूकय्त म्हळ्ळा स्वार्थान काजाराक ओपलों. आकयच्या चकसराचे पयशे सिलवीक करियमणी करवंक खरिचले. भयण घोवाच्या घरागेल्ला जाग्यार सिलवी सून जावन आयलें. धाकटो भाव इतला रच बोंबय पावल्लो. आकयविशीं सिलवी आपला कागदार सराग म्हाका बरयतालें. आकय सिलवीक पळेल्लेंच तोंडाक आयिल्ला उत्रांनी म्हाका येटताली. पोजडा गाळिंनी म्हाका शिराप्पाली. आतां आतां तिका चड चाळवातालें. आकयक हांवें चक्रसर करंवचा क सिलवी चडीत आडकळ जाल्लें. कागदार दोन तीन पावटीं सिलवीन तो पसताप काडल्लो. बोवश्या आनान आनी मांयन सिलवी कडे सांगून बरवंक लायिल्लें आस्येत म्हण हांवें अंदाज केलो. आकयक तिचो चक्रसर पाटीं मेळल्ला खरीत तिचें पिशें सुटचेंना म्हळ्ळें हांव जाणा आसल्लों. मुकले रजेर गांवाक वेताना आकयक चक्रसर करंवचे खातीर हांवें जोडल्लें विंगड दवरुंक सुरू केलें.

दुबांयत चकसर तसले नग करवंक जायनातल्ले. गांवचा सोनारां कडे आसल्ली चलाकी हांगाच्या मेशिनांक नातल्ली. परवणगी आसल्ला न भांगाराच्यो दोन बिसकुत्यो व्हर्न गांवांतच चकसर करंवची येवजण म्हजी.

आकयचें पिशें चड जावन तिणें घर सोडून वचुंक धरल्ले विशीं आनानयी बेजारायेन बरयिल्लें.'कंकनाडी वचून आयिल्ला उपरांत ओक्तांच्या दबावान आकय थंड आसला रयी पिशें चड चड जायीत येता. तिचो देवान वेगीं उगडास केल्यार पुरो.'म्हण आनान बरयिल्लें वाचून म्हजें काळीज फुमारोन आयलें.

चक्रसराक आनी आकयक किर्तें तरयी सिंतिमेंताळ बांद आसल्लो जायजे. म्हजी अवसता पळेवंक जायनासतां आकयन तो काडन दिल्यारयी ती कटीण गोंदोळाक वळग जाल्या आनी संकट सोसुंक सकनासतां तिची मत पिसांतूर जाल्या.  हांवें जोडुंक धरल्ले तक्षण चक्रसर पाटीं दिल्लो तर आकय बरी जाती.  हांव चूरचूरलों.

काजारा उपरांत पयिल्ले पावटीं गांवाक येताना आपणाक किर्तेंय हाडुंक नांय म्हण सिलवीन मुसकर वांकडें केल्यारयी हांवे समदान केलें. काजाराच्या रिणाचें नीब दिलें. पूण सिलविच्या मुसकरार जडाय माज्वालिना. सिलवीक समदान करचे प्रास आकयचें पिशें सुटयजे म्हळ्ळा इराद्यान भांगाराच्यो बिसकुत्यो आनी नगदेन पयशे दीवन हांवें चकसर करवंक घालोच. आतां चकसराचें फेशन ना म्हण सोनारान सांगला रयी हांवें ओत्ताय केली. धा दिसांनी चक्रसर तयार जालो.

हांव गांवाक आयिल्ला उपरांत आकयक पिशें चाळवालेंना. चोवकेंत एका कोनशार मोनीच जावन बसताली. तिच्यो गुळयो व्हायेंत भरसून मांय दिताली. चक्रसर हाताक मेळल्ला उपरांत तो आकयक दिंवचो कसो म्हळ्ळो समस्सो जालो म्हाका. घरा मांय, आन ना तर सिलवी चुकानातल्लीं. मुकला आयतारा परयांत राकजे पडलें. आयतारा सकाळीं आन आनी मांय सांगाता मिसाक गेल्लीं. सिलवी रांदचा कुडांत आसल्लें.

ഥ

तोच जोक्तो आवकास म्हण लेकून चक्रसर आसल्लो ल्हान पेटाळो हांवें आकय सामकार धरलो. तुवें म्हाका दिल्लो. हांव पाद्देलों. आकयन तो झोंपय मार्न घेतलो आनी आम्सोरान उटली. सरासर चलत्त रांदपा कुडाक गेली. सगळोच कालुबुलो जावन हांव तिचे पाटला न गेलों. रांदपाकुडांत सिलवी वानार आळेन वाटतालें. चक्रसर काडन सिलविच्या गोमटा क घालो आकयन! सिलवी सगळेंच घाबरेवन वानाच्या बांका वयलें उटलें.

घोवाक नाका म्हणानाका. लागीं येताना पयस करिनाका. रांड जातलेंय. ताळो वोडन म्हळें आकयन. सिलविचें मुसकर भिरांतेन घामेतालें. सिलविच्या दोनयी भुजांक धर्न आळे ताणे लागीं येताना जायना म्हणानाका. नाका म्हणून कुळारा धांवानाका. हो गळयाक दोरी घेतलो. रांड जातलेंय. रांड. रांड. व्हडला न हासोन आकय भायर गेली. सिलवी आकांतान भरल्लें. म्हाका उत्रां सुटलिंनांत.

आकय आंगणांत रावून घोवाक सोडन वचनाकातगो. रांडो जायनाकातगो. म्हण बोबाटून आसल्ली.

| | |
|---|---|
| हुटवोळ | = आसत |
| चक्रसर | = च्यार सर आसचो गोमटा क घाल्चो भांग्राचो नग. |
| केद | = उबीर |
| बेसो | = एणेलाच्यो सागोळेचो म्हयनो (मे– जून) |
| कण्णो | = सुग्गेच्या सागोळेचो म्हयनो (सप्तेंबर – अक्तोबर) |
| मूरगो | = हाताक घाल्चे भांगाराचे नग. |
| दासती करची | = गुमान करचें |
| घराडी | = घर आसचो घरा भोंवतिंची सुवात. |
| चोवकी | = जाला थावन घराक सरताना मेळचें पयिल्लें कूड |
| आंगण | = जाल |
| रांड | = घोव नातल्लें; विधव |

*** ——— ***

# डाडा परत काजार जाता

‘डाडा दूसऱ्यापणाक काजार जावंक भायर सरला आशीत. काल बाजील अंकल डाडाक मेळुंक गेल्लो. डाडान्च सांगलें खंय’ उस्वास बांधून उस्माडलें सूसन. अबुदाबिच्या आपल्या घराथावन न्यूजेर्सिंत आसच्या भावाकडे स्कायपाचेर तें उलोवन आसल्लें. गरजेचें उलोवंक आसा म्हण आदल्या रातिंच ताणे व्याटसपाचेर भावाक संदेश धाडल्लो सूसनान आनी उलोंवचे खातीर फांत्याच्या पांचांक तें ल्यापटोपा मुकार बसल्लें. न्यूजेर्सिंत आदल्या रातिचीं नोव वोरां. आशीत सोफ्टवेर कंपणेच्या आपल्या कामाथावन घरा आयिल्लो मात्र.

’ कमोन’ म्हणालो आशीत, ’डाडा तमाशे करता आसतालो. ताका आतां सेवेंटिसिक्स (७६) जावंक आयलीं. आतां खंय काजार.’हासलो आशीत.

’ नो. ही ईस सीरियस’ भोर घालन म्हणालें सूसन, ’बाजीलअंकलान म्हाका रातिंच फोन केल्लो. डाडान्च बाजील अंकलाक कोडियाळ आयल्यार मेळुंक ये म्हण आपयिल्लें. डाडा ह्यावरसा नतलां फेसतापयलें काजार म्हणालो खंय. ती कोण डाडा आसच्या मालघड्यांच्या घरा भेटेक येताली, सिटिभितरली, रिटायर्ड टीचेर, आतां विधव खंय. तिचेकडे काजार जातां म्हणालो खंय डाडा.’सूसन कळवळोन म्हणालें.

’ ओह. तशी गजाल’ आपले दोनयी वोंट दांतांनी चाबोन धरले आशितान. ताच्या मुसकरार कसलीच बदलाप नातल्लें सूसनाक सोसुंक जालें ना.

’ तुका किंतेंय भोगाना आशीत?’चडपडलें सूसन, ’म्हाका किंतें जाता म्हण सांगुंक कळना. ह्यापरायेर डाडा काजार जाता म्हळयार आमचो लोक हासुंक आसा. डाडाकडे कशें उलोंवचें, ताका कशें समजोंवचें म्हाका सुसतना. आनी हांवें किंतेंय आडकळ उचारल्यार गोलिमारांतली आसत हातांतली चुक्ता म्हळळे खातीर आड्ड्यो करतां म्हण चिंतुंक आसा डाडा.’थिंपी गिळ्ळी सूसनान, ’म्हाका डाडाचें घरयी नाका, आसतयी नाका. पूण डाडान काजार जांवचे नाका’ सूसन कपाल पुशित्त म्हणालें. मालघड्यांच्या घरा रावुंक वेचेपयलें गोलिमारांतलो घर जागो सूसनाच्या नांवार वीलकर्न, ताची एकप्रती धुवेक धाडन दिल्ली सिरील मेसत्रीन.

’ हांवें ताका फोन केल्लो क्रिस्मसा दीस’ आपूण बसून आसल्ल्या बसकेचेर पाटीं वोणकताना आपूण सारको दिसाशें ल्यापटोप पाटीं करित्त म्हणालो आशीत, ’क्रिस्मसाच्या सांजेर हेप्पिक्रिस्मस म्हण सांगल्ल्याक तितली मात्र जाप दीवन डाडा मौन जाल्लो. हांव कसो आसां. जेनिफर कशें आसा म्हण सयत विचारलें ना ताणें. हांवें फोन केल्यार ताका करंदाय जाता म्हण हांव फोन्च करिनातल्लों. ताका म्हजेकडे उलोवंक आसक्त ना. आनी आतां आपूण काजार जातां म्हण तोच कांय फोन करीत तर हांव ताका गूडलक म्हणतां’ आशीत हाळवायेन म्हणालो.

’ आशीत प्लीज. भूरग्यापरीं उलयनाका’ सूसन विरारायेन म्हणालें, ’डाडाक तुवें समजोवंक जाय. आमच्या मरयादेची गजाल म्हण डाडाक तुवें ओत्तायकर्न सांगुंक जाय. डाडाक आतां काजाराची गरज कित्याक?’एक खीण रावोवन मुकारून उलयलें सूसन, ’मालघड्यांच्या घरा वेचें नाका, गोलिमारांत राव,

बरे सरवेंट दवरयां म्हळ्यार आयकोंक ना. उबगोण जाता, सरवेंट समकट्ट मेळानांत म्हण निबां दीवन मालघड्यांच्या घरा गेलो. आनी आतां थंय जेवाण बरें जायना. माद्रिंच्यो रेगऱ्यो चड जातात म्हण दूरसता खंय. त्या खातीर काजार जावन गोलिमार पाटीं येता खंय डाडा' एक लांब स्वास घेवन दूरसालें सूसन.

' हांवें समजंवचेपरास तुवें सांगल्यार डाडा चड आयकत सूसन. डाडाक तूं म्हळ्यार पयलेंथावनयी चड एट्याचमेंट. हांव म्हळ्यार तितल्याक तितलोंच' आशीत हात उदारेकरित्त म्हणालो.

' हांव सांगचें सांग्तां. पूण तुवेंय सांगजे. ताका तुवें सपोरट करचो न्हय. डाडान फोन केल्यार कोंगऱ्याच्यूलेशन्स. गूड लक म्हणनाका. प्लीज' सूसनान ओत्ताय केली.

कितलें परात्तिल्यारयी आशीत आपल्या बापायच्या निर्धाराक आडकळ हाडचो ना म्हण सूसनाक भोग्तालें. इंजिनियरिंग शिकपाक भरती जाल्लेथावन आशीत आनी सिरीलमेसत्रिमधें नासमधान उबजल्लें, आशीत शिकप संपोन अमेरिकाक मासटरस करुंक वेतानांय उणें जाल्ले ना. त्या काळार आवय, मेरिटीचेर आसल्ली; बापय आनी पुतामधें तीच मध्यस्थीण तशें आसून आशिताक आमेरिकाक शिकपाक जाय आसच्या दुडवाची वेवस्था करुंक ती कारण आसल्ली. आवयच्या अकालीक मोरना उपरांत आशितान गोलिमारचो संपरक चडुणें बंध केल्लो. असल्या एका परिगतेंत परत काजार जाता म्हळ्ळेखातीर आशीत बापयक फोन करीत म्हण सूसनाक भरवासो नातल्लो. त्या शिवाय पयलेंथावनयी पाश्चात्य चिंत्पाधारीक चड मालवोन आसचो आशीत आपलो बापूय उतरप्रायेर कसलेंय नीब दीवन काजार जाता तर तांतूं ताका विशेस म्हण दिसचें ना म्हण सूसनाक कळीत नातल्लें म्हण न्हय. आशिताथावन बापयक नाखुशी व्यक्त जाल्यार आपणें उचारचे आडकळेक आधार जायत म्हण सूसनान लेक घाल्लें आनी त्याच खातीर तिणे आशिताचो आधार मागचें प्रयत्न केल्लें.

' गजाल तितलीच न्हय आशीत' पाट नीट कर्न म्हणालें सूसन, 'डाडाकडे कांय करोडांनी दुडू फिक्सेड डेपोझीट आसा. थोडेशे कंपणेंचे शेरस आसात ताचेकडे. तो फकत ब्यांकाच्या वाडीक ईनकमट्याक्स भांदता. म्हाका दिसता त्या सकडाक तुका नोमिनी केल्या डाडान. प्रोपरटी म्हाका आनी डेपोझिटस तशें शेरस तुका म्हण माम्मा अंतरल्ल्या उपरांत ताणेंच म्हजेकडे सांगल्लें. काजार जायत तर सक्कड आपले नव्येबायलेच्या नांवार करतलो डाडा' दुडवाची आशा आशिताक बापायच्या काजाराच्या निर्धाराक आडकळ उचारुंक प्रेरण जायत म्हणयी सूसनान लेकल्लें.

' हांव जावन फोन करिना सूसन' आशीत निरलिप्त जावन्च आसल्लो.'म्हाका गरज आसताना डाडान दुडू दीवंक ना. आनी ताणें पोट मार्न , कंजूसपणान पुंजवनदवरल्ल्या दुडवाची म्हाका आशा ना' पाटीं वोणकाल्लो मुकार आयिल्ल्यान स्कायपाचेर ताचें मुसकर दिसलें ना सूसनाक. सिंतिमेंताळ जाताना दोळ्यांनी दुकां भोरतात आनी तीं लिपोंवच्याक आशीत ल्यापटोपाच्या क्यामाराभायर सरला म्हण सूसन समजलें.

' आदलें आतां कित्याक उडास करताय आशीत. डाडाक तुजेर मोग आसल्लो, तुजी दासती आसल्ली. डाडाची परसानालिटी तूं जाणांय. ,ताणें सांगल्लेपरीं तूं आयकानातल्ल्यान डाडाक तुजेर बेजार आसल्लें शिवाय ताका तुजेर द्वेश नातल्लो. ना तर ताच्या दुडवाक तुका नोमिनी करतो ना तो. आतां तुवें आदले उडास मतिंत दवर्न डाडाक चूक मेट काडुंक सोडचें न्हय. प्लीज' परात्तिलें सूसनान.

थोडो वेळ आशीत उलयलो ना.

ꢂ

’कांय डाडा फोन करीत तर पळेयव्यां. हांव जावन ताका फोन करिना’ सूसनाच्या विनवणेक निमाणें समधानेची जाप दिल्ली आशितान.

सिरील मेसत्री आपल्या उतरप्रायेचेर, विद्दिकडे काजार जावंक आयतो जाला म्हळ्ळी खबर, बाजील मेसत्रीन सन्वार सांज जायजे जाल्यार कांय पांच स जणांकडे सांगल्ली आस्येत. पूण गोलिमारांत तोंडाथावन तोंडाक मात्र न्हय थोड्या व्याटसप पंगडांनिंय ती खबर प्रसार जाल्ली. वाड्यावाड्याक, लीजनाचे, सोडेलिटिचे, ऐसिवायएम, आल्तारसेवकांचे म्हण गोलिमारांत आसल्ल्या वाड्यांपरास चड व्याटसपपंगड आसल्ले, थोड्या पंगडांनी परगांवांतलेय सांदे आसल्ले. तशें जाल्ल्यान सिरीलमेसत्रिच्या दूसऱ्यापणाच्या काजाराची खबर, आयतार उज्वाडाजे जाल्यार गोलिमाराच्या भायरयी पावल्ली. सिरीलमेसत्री म्हातारया प्रायेर काजार जाता म्हळ्यार थोडे विस्मीत पावल्यार हेर थोडे पात्येलेच नांत.

आयलेवार इसकोलाक वचुंक धरल्ल्या भूरग्यांक सोडल्यार गोलिमारांत चडताव सकडांक सिरीलमेसत्रिची ओळोक आसल्ली. गोलिमार हैसकुलांत पांचतीस वरसां ताणें विग्यान आनी लेकां शिकयिल्लीं. सूरवेर फकत मेसत्री जावनासल्लो तो, निवृत्त जांवच्या आटवरसां पयलेंथावन मुकेल मेसत्री जाल्लो. हैसकुलांत मेसत्री मात्र न्हय, गोलिमार फीरगजेच्या हर संघटनांनी सिरील मेसत्रीन हुद्दे सांबाळल्ले. कितलेशीं वरसां परत परत तो फीरगजेचो उपाध्यक्ष जावन विंचून आयिल्लो. प्रामाणीकपणान सत आनी नितिची पाडत घेवन तो वावूरतालो जाल्ल्यान गोलिमार फीरगजेक आयिल्ल्या खंच्याय विगारांक सिरीलमेसत्रिची सलहा मिकवोन कितेंय करुंक जायनातल्लें. लोक ताका बरोच मानतालो. सिरीलमेसत्री अपवंत, देवभिरांतेचो आनी सकडांपरास चड एकीन, प्रामाणीक म्हण्ंच गोलिमारांत कातोलीक मात्र न्हय हे जात–धरमाचेय ताका ओळकताले.

सिरील मेसत्रीन दुडू केल्लोच हैसकुलाच्या मुकेलमेसत्रिच्या हुद्द्याथावन निवृत्त जाल्ल्या उपरांत. गोलिमार पेंटेक लागून, ताच्या घरा पाटल्यान पंद्रा एक्रे उतळ जागो ताच्या आज्याथावन ताका मेळल्लो. तवळ गोलिमारांत कांय जण गल्पांत घोळून आसल्ले. गल्पांत घोळून आसल्ले, पूण गोलिमारांत पेंटेथावन पयस आपलीं मालघडीं घरां आसल्ले पेंटेलागसर घरां बांदुंक जागे सोधून आसल्ले. थोडे भूरग्यांक इसकोलाक धाडुंक, हेर थोडे पेंटेतल्यो बरयो सवलातायो आपणांवचे खातीर पेंटेसालांनी रावुंक पळयताले. त्या आयिन्न वेळा आपलो पंद्रा एक्रो जागो धा धा सेंटशांचें घरअडी जावन वांटे कर्न विकलो सिरील मेसत्रीन. ताच्या जाग्याक भांगाराचें मोल मेळल्लें. दुडवाचो व्हड वांटो कंपणेच्या षेरांनी घालन, बुद्वंतपणीं षेरांचो वेव्हार कर्न दुडू वाडायिल्लो. हळतान पूण व्यवस्थीत रितीन सिरील मेसत्री ग्रेसत जाल्लो. सिरीलमेसत्रीन दुडू न्याय नितीन जोडल्लो जाल्ल्यान देवान ताचेर बेसांव घालां म्हणयी थोडे उलयताले.

’ कितेंय जांवदी मोराकाळार. सिरील मेसत्रिची बूद अशी पाड जावंक नजो आसल्ली’ सोडेलिटिची हेलेनबाय मिसाक येंवचेवाटेर मेळल्ल्या कारमीणटीचेरिकडे सांगून आसल्ली. आतां निवृत्त जाल्ली कारमीण टीचेर, सिरीलमेसत्री हैसकुलाचो हेडमेसत्री जावनासतां प्रायमरी इसकोलांत शिकोवन आसल्ली.

’ आमी सांगचें व्हय. अचानक मेरी टिचेर सरल्लीच सिरील मेसत्री एक्सुरो जाल्लो’ ताळो सदीळ कर्न म्हणाली कारमीण टीचेर, ’आतांचीं भूरगीं कितलीं म्हळ्यारयी तितलिंच. अमेरिकाक गेल्लो आशीत कोण जुदेव चलियेकडे काजार जाल्लो बापायचे खबरेरच ना खंय. आनी धूव गल्पांत आसा. रजेर घोवाच्या

घरा केरळा वचून रावता शिवाय बापायक एक भेट दिल्यार व्हड. ना जाल्यार सिरीलमेसत्री इतलें बरें घर सोडन मालघड्यांच्या घरा वेतोवे'

' सकडांतयी मेसत्री लेक चुकलोना, पूण भूरग्यांच्या जत्नेंत मात्र सिरीलमेसत्री बेनसीब जालो' म्हणाली हेलेन टीचेर आपणे शिकवन आसल्ल्या हिंदिभासेच्या उडासान, 'सिरील मेसत्रीन सांतांतोनिच्या हैसकुलाक, आमच्या फीरगजेक आनी गोलिमार गांवांक दिल्ले तितलें गुमान आपल्या भूरग्यांकयी दिल्लें तर मातारयापरायेर माद्रिंच्या आसऱ्याक वेची गत येती ना. थंय ताचेपरीं आसल्ल्यांक खंय जाता म्हण. .'हेलेन टीचेरीन प्रामाणीकपणीं अभिपराय उचारली.

पूण गोलिमारांत सक्कड तशेंच उलयनातल्ले.

' रूक म्हातारो जाल्यारयी चींच आम्साण होगडायना' म्हणालो सांत लुकावाड्याचो तरनाटो गूरकार, मिंगेलपींत, मीस जावन भायर येताना आपल्या सांगाती जोरिजकुवेलिकडे. हैसकुलांत शिकून आसताना परीक्षेंत नक्कल काडल्ल्याक मिंगेलीक एकावरसाक सिरीलमेसत्रीन डिबार केल्लो राग आजून मिंगेलीक धोसतालो.'तशें उलयनाये' आडकळ उचारली जोरिजकुवेलीन, 'ती कोण्णा विधव, प्राय उत्राल्ली खंय. एक्सूरपणाक मेसत्रीन सांगात सोधला आसतालो'

' सीरलामासट्राक तिची पयलेंच चंग्गाय आसल्ली कंय' हळू म्हणाली सोडेलिटिची प्रिफेकट आलीसबाय, आपले सेजारनी फिलुडे 'आतां तिचो घोव मेल्लोच काजाराक भायर सरला. बायलांचें पिशें पयलेंय आसल्लें. म्हाकाय दोळे कूरकून पळेतालो गोत्ताये' नातल्लें आसा करच्यांत सोडेलिटिची आलीसबाय भोव हुश्यार.

' आसुंक पुरो' म्हणाली फिलुबाय, वोताची धाव लिपोंवच्याक कापडाचो पालंव मातेंभोर वोडित्त, 'ह्या दादल्यांचें सांगुंक जाता म्हणटाय तूं. इंगलेंडांतगी अमेरिकांतगी कोण पांचायशीं (८५) वरसांचो दादलो साट वरसांचेबायलेकडे तीसऱ्यापणाक काजार जाल्लें पोयर टिविचेर दाकायताले. त्या मातारयाक तीन वरसांचो पूत आसांहीं' म्हणाली ती पिचिक्क कर्न हासून.

' थोड्यांची चरब वरसांगेल्यारयी उणी जायना' पोण्णघालें आलीसबायेन.

उतर प्रायेर परत काजार जावंक भायर सरल्ल्या सिरीलमेसत्रिविशीं गोलिमारांत तो सगळो हप्तो लोक आपणाक जाय तशें व्याक्यन दीवंक लागल्लो. कश्ट–वांवट काडन पोसून, शिकप दिल्ल्या भूरग्यांनी उतरप्रायेर आपल्या व्हडिलांचो बेपारवो करचो, तांकां मालघड्यांच्या घरांत दवरचें, मालघड्यांच्या घरांक होंदून जियेवंक भोगचे त्रास, एक्सूरपणाचे भांदपस निवरांवच्याक दूसऱ्यापणाक मेसत्री काजाराक भायर सरला अशें सिरीलमेसत्रिचेर दया उचारचीं चड आसल्यारयी कांय थोडे मातारयापरायेरयी सांगात आशेंवच्या गजालेंक घेवन पोक्री खबरो उलयताले.

आनी त्याच वेळार, आबुदाबिंत आसल्लें सूसन कशें तरयी आपल्या बापायन परत काजार जांवचें आडावंक वाटो सोधून आसल्लें. आपलो बापूय दूसऱ्यापणाक काजार जाल्ल्यान आपल्या मरयादेक तीब येता म्हळ्ळेपरास, गोलिमार पेंटे लागसर आसची आपणें ल्हान–व्हड जाल्लो आपूरबायेची घरजागो खंय हातांतलो चुक्तो म्हळ्ळी कावजेणी सूसनाक चड धोसून आसल्ली. परत काजार जाल्यार घरजागो नव्या

बायलेच्या नांवार वचत म्हण तिका भिरांत भोग्ताली. आवय सरल्ल्या उपरांत डाडान घरजागो आपणाच्या नांवार कर्न दिला म्हण कळीत आसल्यारयी आपणें बापायक चड गण्णें केलें ना म्हण पश्चत्ताप भोगलें सूसनाक. जर आपणें बापयक तवळ तवळ फोन केल्लो तर, बापायच्या बरयावायटाची खबर घेवन आसल्लीं तर, रजेर कोट्टायम वचून जोयच्या घरा रावून शीदा पाटीं येंवचे बदलाक थोडे दीस गोलिमार वचून डाडा सांगाता खरिचल्लीं तर डाडाक दाक्षेण नासतां फोन करयेतो म्हणयी भोगलें सूसनाक.

त्या उपरांतल्या सोमरा सकाळीं सांत स्तेफनाक समर्पिल्ल्या निवृत्त याजकांच्या घरच्या पारलरांत आराम कदेलार पातळोन दिसाळें पत्र वाचून आसताना फादर म्याल्कमाक सूसनान अबुदाबिथावन फोन केल्लो.

’ हांव काल सांजेर तुज्या डाडाक मेळून आयलों. तुवें सांगल्लें सारकें’ एका हातांत मोबयल फोन कानाक धर्न, दूसऱ्या हातांत दिसाळें पत्र घेवन, पयस दीश्ट लावन म्हणालो फादर म्याल्कम, ‘मालघड्यांच्या घरा जेवाण बरें जायना. सिसटरांचे कायदे चड जातात. दिसाचें फ्यान घाल्यार पूरपूरतात. रातिचें करेंट गेल्यार जनरेटर ना. थंय रावल्यार चड दीस काडचेपरीं ना’ म्हणालो तुजो डाडा, थिंपी गीळन मुकारिलें पादऱ्याबान, ’पाटीं गोलिमार वेचें म्हण सिरिलाब चिंतून आसल्लो. त्याच वेळार आग्नेस ताका मेळुंक आयिल्लें. आग्नेस कोरेया.’हातांतलें पत्र टीपोयचेर दवर्न वोणकाल्लेथावन आराम कदेलार मुकार बसलो पादऱ्याब.

’ कोण ती. तिचेकडे डाडा काजाराक भायर सरला. तिचें नांव आग्नेस?’विचारलें सूसनान फादर म्याल्कमाक मुकार उलोवंक सोडिनासतां.

‘व्हय’ म्हणालो पादऱ्याब, ’तुजो डाडा तिचेकडे काजाराक आयतो जाला. आग्नेस कोरेया मुळांत उळ्ळाल फीरगजिची. काजारापयलें दोन वरसां गोलिमार हैसकुलांत शिकयलां तिणें. काजारा उपरांत मेरिहील फीरगजेंत घोवाघर रावता. हांव थंय विगार जावन आसताना थंयच्या हैसकुलांत हेडमेसतीरण जावनासल्ली. हांव तिका बरयान ओळकतां. बरी म्हनीस ती. तुज्या डाडाक सांगल्ली जोड’ पादऱ्याब आराम कदेलाक पाटीं ओणकालो.

थोड्यो घडियो सूसन उलयलें ना. फादर म्याल्कम अशें सांगात म्हण सूसनान निरीक्षण करुंक नातल्लें.

गोलिमारांत फादर म्याल्कम विगार जावनासताना हैसकूल आनी उपरांत पियुसिचें शिकप संपवन सूसन नरिसंग शिकपाक भरती जाल्लें. सूसन हैसकुलांत आसताना, चलियेंच्या आल्तारसेविकांची सोडेलिटी गोलिमार फीरगजेंत सुरुकर्न सूसनाक प्रिफेकट जावन विंचल्लें फादर म्याल्कमान आनी नरिसंग शिकपाक वेता परयांतयी सूसन त्या हुद्द्याचेर आसल्ल्यान फादर म्याल्कमाक तें बरयान ओळकतालें. त्या शिवाय गोलिमाराक येवन गेल्ल्या पादऱ्याबांपयकीं आपल्या बापायक म्याल्कम पादऱ्याबाचेर चड अभिमान आसल्लो सूसन जाणां आसल्लें. आवयच्या मोरना दिसा, कूड पोंडाक देंवयताना, हेर थोडेशे पादऱ्याब आसल्यारयी म्याल्कम पादऱ्याबाच्या भुजांक वोणकोन सिरील मेसत्रीन अकलासान रडल्लें चित्र सूसनाच्या मतिंत खंचोन आसल्लें. आनी त्याच उडासान फादर म्याल्कमाचो नंबर सोधून काडन आबुदाबिथावन फोन केल्लो सूसनान. मातारया प्रायेर काजाराक आयतो जाल्ल्या आपल्या बापायक समजवन, काजाराक मुकार सरनाशें बूद सांगा म्हण सूसनान फादर म्याल्कमाकडे विनंती केल्ली.

’ अळे पुता’ म्हणालो पादऱ्याब, ’हांव तुज्या डाडाकडे काल कांय दोन वोरां बसोन उलोवन आयलां. तुज्या डाडान चिंतून हो निर्धार केला आनी तूं जाणांय, सिरील मेसत्रीन मेट काडल्यार ताका समजोवन पाटीं

येशें करुंक साध्य ना. ताचें डिशिशन म्हाकाय सारकें दिसता. ह्या प्रायेर ताका समजोन सांगात दीवंक कोण तरयी जाय. त्या मालघडूयांच्या घरा तुज्या डाडाच्या चिंत्पाधारीक समापडचे कोणयी नांत. ह्या शेरांत ताका फ्रेंडस नांत. उलोवंक जणां नांत. म्हळ्यार ताका हांगा उबगोण भोग्ता. ताणें पाटीं गोलिमार वेचें ताच्या भलायकेकयी बरेंच जायत. घरा आग्नेस बाय आसल्यार गोलिमारांत ताका ताचे आदले विद्यार्थी आनी हेर म्हण कांय जण उलोवंक मेळतीत.'

सूसानान लांब उस्वास काडल्लो आयकाल्लेंच उलोंवचें रावायलें फादर म्याल्कमान.

' तिका. तिका म्हळ्यार आग्नेस कोरेयाक भूरगीं कोण नांत फादर. तीय एक्सुरीच?'विचारलें सूसनान थोड्या घडियां उपरांत.

' एक धूव आसल्लें. सुनीता म्हण तिचें नांव. तिणेंय तुज्याच संस्थ्यांत नरिसंग केल्लें. तुका ज्यूनियर. हांव मेरिहील गेल्ल्या वरसाच नरिसंगाक भरती जाल्लें. आनी त्याच वरसा आग्नेस टिचेरिचो येज्मान सरल्लो. आतां आग्नेसटीचेरिची धूव खंय आसा म्हाका खबर ना. खंय गल्पांत आसतालें' पादऱ्याबान हाळवायेन सांगलें.

पादऱ्याबाचो उपकार भावुडन मोबयलाचो संपरक चुकयलो सूसनान.

सूसनाची वाट कश्टांची जाली ना. सुनीता कोरेयाचो पत्तो सोधुंक त्रासच जाले नांत.

दोन हप्त्यां उपरांत, त्या एका सांजेर सांत सिसिलिच्या मालघडूयांच्या घरच्या पारलरांत सिरील मेसत्री आनी आग्नेस टीचेर बसून आसल्लीं.

' म्हजें सुनिता अशें सिंतिमेंताळ जायत म्हण हांवें लेकुंकच ना. हांव परत काजार जायन तर आपूण जीवघात कर्न घेतां म्हण भेश्टांवचे तित्तून.'आग्नेस टिचेरिच्या दोळ्यांत दुकां भरून आयलीं.

बसल्लो उटोन पारलराच्या जनेलासरशीं आयिल्लो सिरीलमेसत्री पयस मोळबाक पळेवन म्हणालो.

' हांव आनी तूं समांतर गीट आसल्लेपरीं आग्नेस. केदनांच मेळचेपरीं ना तशें आमकां नीरिमलां' ताळो भोरोन येताना उत्रां हळू जालीं सिरील मेसत्रिचीं, 'तवळ तुजो हात धरुंक म्हजो बापूय आड आयलो. तूं गौडी आनी हांव बामूण तुजेकडे काजार जायन तर आपूण गळपास घेतां म्हण हट कर्न आमकां आडकळ केली म्हज्या बापायन. आनी आतां आमच्या भूरग्यांनी आपल्या मरयादिचें नीब दीवन आमकां लाग्गीं येवंक सोडलें ना'

आग्नेस टीचेर उलयली ना

' त्या दिसांनी तूं तयार आसल्लेंय, म्हज्यान जालें ना. आतां हांव तयार आसां. पूण तुज्यान जायना.'कळवळोन म्हणालो सिरील मेसत्री.

*** ——— ***

ಬ

# मतांतर

**गो**लिमार बसस्ट्यांडाक लागून आसच्या नारायण नायकाच्या आंगडिचो गोपू, क्रिसतांव जाला म्हळ्ळी खबर पयलें प्रगटल्लीच 'गोलिमार वार्ते' सांज्येच्या पत्रार. पाटल्या थोड्या दिसांथावन गोपुच्या गोमट्यांत, आल्युमिनियाच्या बारीक सर्पळेंत खुरीस उमकळचो नारायण नायक धरून कांय जणांनी पळयिल्लो तरयी गोपू क्रिसतांव जावन मतांतर जाला म्हण कोणेंय चिंतल्लें ना. वाटेर पडून आसल्ली कोणायची सर्पळी गोपून गळ्यांत घाल्या आसताली म्हण लेकल्लें, ताची व्हळक आसल्ल्यांनी. गोलिमार वार्ते पत्राच्या भितरल्या पानार गोपुच्या गोमट्यांत खुरीस दिसच्ये तस्वीरे सांगाता प्रगटल्ली खबर वाचल्ल्या चडताव जणांनी, मतांतर करतेल्यांक गोपू सोडन हेर कोणयी मेळोंकनांत गाय म्हण उदगार काडल्लो शिवाय त्या खबरेक महत्व दिल्लो ना.

पूण दुस्रे दिसा, गोलिमारांत गुपित्त कांय जणांक मतांतर केलां आनी हें आडांवचे खातीर वेगिंच व्हड मट्टार प्रतिभटन येवजिलां म्हण मुकल्या पानार दाट अक्षरांनी गोलिमार वार्तेंत प्रगटल्ले खबरेन निदून आसल्ल्या गोलिमाराक मार्न उटयिल्लें.

कांय थोड्या वर्सां आधीं गोलिमार इगर्जेच्या माटवांत आसल्ली सांत आंतोनिची इमाज खाविगारांनी मार्न फुटयिल्ली म्हण दुबावोन, प्रतिभटन जावन क्रिसतांवांनी पेंटेंत पुर्श्यांव काडतना अन्नाड्यांनी फातोर उडोवन गोलिमारांत गलाटो केल्ली गजाल जायित्त्यांच्या उगडासाक आयली. हिंदू चड वांट्यान, उपरांत क्रिसतांव आनी ल्हान वांट्यान मुसलीम आसच्या गोलिमारांत जात आनी धर्माच्या निबान त्यापयलें गलाटो जाल्लोच ना. इमाज फुटयिल्ली बेवड्या चामादोर चारलीन म्हण कळल्लीच पुर्श्यांव काडल्ल्या गोलिमारांतल्या पोरबुंच्या मुसकराक करी पूसल्लेपरीं जाल्लें. थोड्याच दिसांनी गोलिमारांत पयलेंचेंच समधान पाटीं आयिल्लें.

आनी आतां मतांतराच्या निबान क्रिसतांवां विरोद प्रतिभटन आसल्यार आनी किते अनाहूत जायत म्हण समधान आशेंवच्या कांय जणांक भोगलें. मुकल्या वर्साच्या सूरवातेर गोलिमार पंचयतेक चुनाव जांवच्यार आसा. तें मतिंत दवरून मतांतराची गजाल घेवन लोकांक चाळवोन घालुंक थोड्यांच्यो मुन्नायो म्हण जायित्त्यांक भोगलें. वचून वचून गोपूक कित्याक मतांतर केलो म्हळ्ळेंच थोड्यांक मिसतेर जालो.

थंय हांगा पत्तो घाल्लें, बण खंचो म्हण पार्कुंकच जायनातल्लें, कोणें दिल्लें वा परनें म्हण काडन उडयिल्लें बर्मुडा इजार आनी ताच्येव्हयर पिंजकार खोमीस घालन आख्खो दीस नारयणनायकाच्या आंगडिंत वोर्वेच्यो गोणियो वावोवन आसचो नातर गिरायकांनी घेतल्ल्या वसतुंच्यो पोटल्यो म्हात्यार वावोवन बस्साचेर वा रिक्ष्यांचेर घालन येंवचो गोपू सगळ्या गोलिमाराक वळकिचो. नारायण नायकाच्या बापयच्या काळाथावन, गोपू त्या आंगडिंत काम करतालो. तो नारायण नायकाच्या आंगडिचोच कायम वावराडी न्हय दिसता. ब्रेसतार गोलिमारांत सांतेच्या दिसा, सकाळीं सांतेंत विकुंक रांदय, कसर, पोपळां आनी हेर वसतू हाडतेल्यांच्यो गोणियो वा कूरवीं बस्सार थावन देंवोवन मार्केटिपरयांत वावोवन वरतालो गोपू. वोजें वावयिल्ल्याक वीकच्यागारांनी दिंवचे पांच वा धा रुपय उज्व्या हातांत घेवन त्याच हातांत तांकां बरें जांवदी म्हण नमान करतालो. बेसतारा दिसा नारायणनायकाच्या आंगडिंतयी चड गडदी आसताली; सकाळीं मार्केटीक वोर्वी हाडतलीं उणीं जाल्लिंच, गोपू नारायणनायकाच्या आंगडिंत हर्शेंच्यापरास चड सुडसुडीत हेणें तेणें धांवून आसतालो.

ꠢ

नारायण नायकाच्या आंगडिथावन कांय धा मेटां पयस आसल्ल्या वैनसेंटराच्या पाटल्या कुशिच्या दारांतल्यान भितर वचून, आसल्ल्यापयकीं उण्या मोलाच्या सोरयाक उदक भर्सून नीट पियेवन येतालो गोपू. चडुणें सकाळिंच तो पियेवंक धरतालो आनी सांज जातां जातां गोपुच्ये दोळे तांबशेवन पिक्या बिंडांपरीं जाताले. मुसकर आमालाच्या प्रभावान घामेतालें; पूण गोपू मात्र मालवनातल्लो. उलयतना चुकोन उलयनातल्लो. तो पियेतालो तरयी कोणायक अन्याय करिनातल्लो. ताचो जिनोस पळेवन तो पियेला म्हण समजजे शिवाय ताच्या नडत्यांत न्हय. गोपुच्या कुडिंत रगतापरास चड सोरोच आसता म्हण नारायणनायक केदनांय सांगून आसतालो.

गोपू हिंदू म्हण मात्र कळीत शिवाय तो बोणक्यांचो, दिवरांचो, कुंबारांचो वा मडवळांचो. हें कोणायक खबर नातल्ली; कोणेंय तें ह्या पऱ्यांत सोधून काडुंक नातल्लें. पूण केदनां गोपू मतांतर जाला म्हण खबर जाल्ली, तेदनां गोपू खंच्या पंगडाचो म्हण सोधनां सुरू जाल्लीं. गोपुचो बापय दिवरांचो आनी आवय कुंबारांची म्हण कळीत आसल्लें नारायण नायकाक. गोपुचो बापय घाटार कापिये तोटांत काम करतालो. थंयच तोटांत काम करच्या चलियेच्या उदरीं गोपू कीरलल्लोच तोटासावकार इनासामाच्या पांयांक पडून दोगांय गोलिमार आयिल्लीं आनी इनासामान्च ताका आपल्या जाग्यार ल्हान घर बांधून दिल्लें. गोलिमारांत इनासामाच्या घरजाग्याक लागून नारायण नायकाचें घर आसल्लें, जाल्ल्यान नारायण नायकाकयी गोपुची बरीच व्हळक आसल्ली. गोपुच्या आवय–बापांयक काजाराचो संसकार जाल्लोच ना खंय. आपूण खंच्या पंगडाचो म्हण गोपूक ह्यापयलें खबर नातल्ली आनी आतांय ताका त्येविशीं दासती नातल्ली.

गोपुच्या बापायन मात्र आजून मिशियो फुटोन येंवच्या पयलेंच आपल्येच भयणिच्या धुवेकडे, गंगुकडे गोपुचें काजार केल्लें. गोपू–गंगूक जल्मल्लो एक भुर्गो पुट्टण्ण ल्हान प्रायेर तापांत अंतरल्लो; उपरांत भुर्गीं जाल्लीं नांत. गोपुची बायल गंगू, इनासामाच्या घराच आधीं थावन काम करून आसल्ली. इनासामाच्या मर्णा उपरांत ताची मालघडी धूव रिटाबाय घरदार सांबाळन आसल्ली आनी गंगू तिच्ये ताबेन घोळताली. गोपू सांजेर घरा येताना गंगूकच म्हण क्वार्टर सोरो हाडन येतालो. सांजेचें गंगुयी पियेताली. घोवान पियेताना बायलेकयी दिल्यार घरांत समधान आसता म्हण पात्येंवच्या दादल्यांच्या वर्गाचो गोपू.

गोलिमारांत सांत आंतोनिची नवी फिर्गज जांवच्या, कांय देडशें वर्सां पयलेंच कातोलीक आसल्ले. हिंदू आनी मुसलीमयी आसल्ले. सांतांतोनिच्या प्रैमरी इसकोलाक शेंबर वर्सांची चरित्रा आसा. सांतांतोनिचें हैसकूल पाटल्या साट वर्सांथावन आसा. सगळ्या गोलिमाराक मात्र न्हय लागशिल्या गांवच्या कितलेश्या जणांक शिकप लाबल्लेंच हांगा. इगर्जेच्या सुत्तुरांत आसच्या ह्या इसकोलांनी कोणा एकल्याक मतांतर जायशें प्रेरण लाबल्लें ना. पाटल्या वर्सांनी मोगार पडून काजार जाल्ल्या बोटांनी मेज्येत जाल्ल्या चलियांनी मूळ धर्म सोडून मुसलीम जाल्लें सोडल्यार कोणें एकल्या हेर धर्मांत जल्मल्ल्यान गोलिमारांत क्रिसतांव जावन बाप्तिज्म घेतल्लो ना.

’ गोपूक बाप्तिज्म दिल्लो ना. ताका मतांतर करुंक आमकां कितें पिशें लागलां?’म्हणालो बोनामेसत्री, नारायण नायकाच्या दप्तरांत बसल्लोच.’मतांतर जाल्लो गोपू मात्र न्हय, गोपुच्या पयलें गंगू क्रिसतांव जाल्लें ’ प्रतिभटनाची खबर गोलिमार वार्ते पत्रांत प्रगट जाल्ल्या सांजेर गोलिमार फिर्गज्येच्या सलहामंडळेचो उपाध्यक्ष बोना मेसत्रिकडे म्हणालो नारायण नायक.

ꪜ

आंगडिचें दार मुकल्यान बंध कर्न, कोणायकी कळनाशें बोनामेसत्री आनी नारायण नायक मतांतराच्या गजालेविशीं उलोवंक मेळल्ले. नारायण नायक प्रसतूत गोलिमार पंचयतेचो अध्यक्ष. मुकल्या एलिसांवांत नारायणनायकाच्या पाडतीक सलववन अधिकार आपणावंक वोद्दाडच्या मुकल्या पाडतिच्यांनी गोलिमारांत मतांतराची गजाल एक विषय जावन घेतला म्हण नारायण नायक समजल्लो. त्या विशयाच्येर उलोवंक नारायण नायकान बोनामेसत्रीक आपयिल्लें.

गोलिमारांत मुळांतच व्यापारी जावनासच्यांच्ये हेर वोरवेंचे आंगडी आसल्यारयी, राजपुरी सारस्वत जावनासच्या नारायण नायकाक जांवचे तितलो व्यार हेरांक जायनतल्लो. तो मसर एका वाटेन तर, पाटापाट पंचयतेचो गुर्कार जावन आसच्या नारायण नायकाचेर जायित्त्यांक राजकीय पोटाजाळ आसल्ले. हेर वोर्वेगार खाविगारांक पार्टिबो दिताले, पूण गोलिमारचो लोक मात्र आयलेवार पऱ्यांत नारायण नायकाच्या पाडतीक मानतालो.

’ गोलिमार तसल्या समधानेच्या गांवांत मतांतराची गजाल व्हड कर्न, हिंदू लोकाचे वोट आपणाकुशीन वोंद्दोन घेवंक हे मुन्नायो’ म्हणालो नारायण नायक. बोनामेसत्री सांतांतोनी प्रैमरी इसकोलाचो मुकेलमेसत्री, गोलिमारांत जायित्त्यांक लेकां शिकयिल्लो मोगाचो बोनामासटर, जातधर्माचो बेध नासतां हेरेकल्यांनी मानान लेकचो. प्रसतूत तो गोलिमार फिर्गज्येच्या सलहामंडळेचो उपाध्यक्षयी जावनासल्लो.

बोनामेसत्री राजकीयांत नातल्लो तरयी, शेजारी नारायण नायकाक ताच्या राजकीय जिण्येक पार्टिबो जावनासल्लो. गोलिमार पेंटेथावन कुडतमजल वेच्येवाटेर, पयलें नारायण नायकाचें, उपरांत इनासामाचें(आतां रिटाबायेचें) आनी त्या उपरांत बोनामेसत्रिचें घर आसल्लें. घर लाग्गीं आसल्यारयी मतांतराची गजाल हेरां मुकार उलवंक सहजल्ली न्हय जाल्ल्यान ते गुपीत मेळल्ले.

’ गोपूक हांवें एक्सुरो आपवन विचार केलो’ म्हणालो नारायण नायक, ’ताणें आनी गंगून आपल्या घरा आसल्ले हिंदू देव देविंचीं पायनलां सक्कड भायर उडोवन, फकत खुरीस दवरुंक सुरू कर्न मयनो जालो खंय. गोपू आतां पयलेंच्ये तितलें पियेना आनी गंगून पियेंवचेंच सोडलां खंय’ नारायण नायक कदेलाचेर पाटीं वोणकालो, ’तो आयलेवार पिंजकर वसत्रां नेसनातल्लो, खाड–मिशी तासून येतालो. हांवें ती बदलावण पार्किल्लीच ना. गोमट्याक खुरीस घाल्ल्याकयी हांवें चड गुमान दिल्लें ना.’मुंदारून म्हणालो नायक.

’ तांकां भूल घाल्ली रिटाबायेच्ये निमाणे धुवेन मरलिटान.’म्हणालो बोनामेसत्री.’रिटाबायेची धूव गल्पांत आसतानांच आमच्येथावन पयस वचून बोल्ल्याच पंगडाक मेळल्लें. आतां भुर्ग्यांच्या शिकपाच्या निबान गोलिमार रावलां. पयलें आवयक आपल्या पंगडांत मेळोवंक पळयलें. रिटाबाय आयकुंक ना खंय’ म्हणालो बोनामेसत्री.

’ रिटा बाय तशी बदलोंची न्हय’ तकली हालवन म्हणालो नारायण नायक, ’क्रिसतांव जाल्ल्या तुका इगर्जेक वर्न नांव बदलुंक नावे म्हण विचारल्ल्याक आमकां इगर्ज म्हण ना. होलांत मागणें करचें, आमी मूर्तिपुजा करिनांव, नांव बदलिनांव म्हणालो गोपू. म्हाका तो कितें सांग्ता म्हणुन्च कळुंक ना’ हात उदारे केले नारायण नायकान.

ꣳ

' असले कांय पंगड आसात' लांब उस्वास घेतलो बोनामेसत्रीन, 'ते बायबलाचे थोडे विशय मात्र काडन, आमी कातोलीक खरे क्रिसतांव न्हय म्हण समजतात. हिंद्वांक मतांतर करचेपरास चड आमच्याच जणांक, कातोलिकांक आपणाच्या पंगडाक वोडून आसात' म्हणालो बोनामेसत्री निराशेन.

' गोपुचें घर दुरुसत करयलां. फ्रिडज, नवी टिवी हाडून दिल्या. आयताराच्या दिसांनी तांकां रिटाबायेची धूव खंय मागण्याक आपवन वरता खंय. थोड्या मयन्यांनी आपूण सोरो पूरतो सोडतलों म्हणता गोपू. तांकां हिंद्वांचीं जावनासतां एक व्हळक म्हण नातल्ली. क्रिसतांव जाल्ल्यान ताची आर्थीक गतयी बरी जाल्या. गोपुच्या नद्रेन पळेल्यार क्रिसतांव जाल्लें फायद्याचेंच' नारायण नायक राजंव उलयलो.

' आपणांचो संको चडोवंक पंगदाचीं विवीध वाटो वापरितात' म्हळें बोनामेसत्रीन, 'आमच्यांक पाळून आसल्लें धर्म सारकें ना म्हणतात, गोपुपरीं आसच्यांक आर्थीक मजत दितात'

'तुमच्यांनी गोपू–गंगूक मतांतर करुंक ना तर तुमी कित्याक उग्त्यान तें सांगानांत. मतांतर करच्यांक आनी तुमकां लग्तीच ना म्हण पबलिकाक कळया न्हय' नारायण नायक विशयाक आयलो.

' तीच कश्टांची गजाल' कपलाक हात लावन म्हणालो बोनामेसत्री.

–२–

' आमच्या इसकोलांनी लाखांनी विद्यार्थी शिकल्यात; आमच्या आस्पत्रेंनी हजारांनी पिडेसत चिकित्सा घेतात. आमी कोणाक मतांतर केलां?'

' सगळ्या भारतांत स्वातंत्र मेळतना कितलो आसल्लो आमचो सरासर संको तितलोच आसा. आमचे जण चडुंकच नांत. आमी मतांतर केल्लें तर आमचो संको कित्याक वाडोंक ना?'

' आमचेर मतांतर केलां म्हण अपराध मांडचे हे सक्कड आमच्याच संस्थ्यांनी शीकल्ले. हांकां कित्याक मतांतर करुंक ना?'

असले कांय संदेश गोलिमारांतल्या कातोलिकांच्या मोबयलांचेर आशार पाशार जायित्त आसल्ले. आमी मतांतर करतांव म्हळ्ळो अपराध आपणांक लागू जायना म्हण गोलिमारांतले कातोलीक समजल्ले. असलो अपराध स्वीकार करुंक जायनातल्लें मोबयलांच्येर पाशार जांवच्या संदेशांनी कळतालें. हेर धर्माक मानान देकच्या, धर्म आनी जातिपरास मनश्यापणाक चड महत्व दिंवच्या गोलिमारांतल्या क्रिसतांवांचेर मतांतराचो अपराध अवासतवीक आनी अराजंवीक म्हण क्रिसतांव न्हय आसल्लेय जाणां आसल्ले. क्रिसतांवाच्या बरयापणांत, तांच्या मेळिंत वा इश्टागतेंत मतांतराचो कुसकूट इरादो ना म्हण गोलिमारांतले चडताव सर्व हिंदू आनी मुसलीम उग्त्यान सांग्ताले.

पूण गोलिमारांत मतांतर जालां म्हळ्ळयाक गोपू आनी गंगूच साक्स जावनासल्लीं. गोपू आनी गंगू आपूण क्रिसतांव म्हण दाक्षेण नासतां सांगून आसल्लीं.

' आमी मतांतर करिनांव. मतांतर करचेंच पंगडाच्यांनी म्हण उग्त्यान आमकां कित्याक सांगुंक जायना?'त्या रातीं बोनामेसत्रिची येज्मान मेरिटीचेरीनयी बोनामेसत्रिकडे विचारलें. आदल्या सांजेर नारायण नायकान पयिल्लें बोनामेसत्रिकडे विचारल्लें तें सवाल, त्या दीस कांय जणांनी परत परत ताचेतडे विचारल्लें.

ꙍ

क्रिसतांव मतांतर करतात म्हण आतां आयकुंक मेळल्ल्या दुर्सोण्यान बेजार पावल्ले गोलिमारांतले कातोलीक आपणें मतांतर केल्लें न्हय, मतांतर केल्लेंच बोल्त्यांनी म्हण कोणाक जाता तांकां समजवंक पेचाडताले.

' ह्या गजालिंत आमी पर्गट उलोंवचें न्हय' मेसत्रीक सलहा दिल्ली गोलिमार फिर्गज्येच्या विगारान, 'आमच्येथावन विंगड जाल्ल्या पंगडाच्यांनी मतांतर करचें म्हण आमी तांचेर अपराध मांडल्यार आमचेमधेंच बेध आसा म्हण जाता. असल्या संद्रपार आमी एकवटीत आसुंक जाय'

' म्हाका हें सार्कें दिसाना' बोनामेसत्री ओपवालोना, 'कोणें करचीं अन्नाडपणां. आमी कित्याक आमच्या मात्यार घेवंक जाय. सक्कड आमकां दुर्सतात'

' एक सादो लायीक जावन तुवें उचारच्यांत राजंव आसा. प्रसतूत सन्निवेशांत, राजकीय दिश्टेन तें सार्कें आस्येता' एक घडी वोगे रावून मुकारिलें विगारान, 'पूण पवित्र सभेचें धोरण बोल्तेंच आसा. आमी ह्या सकडां पंगडांमधें एकवटाक प्रयत्न करून आसांव. असल्या परिगतेंत आमी तांकां आमचे दुस्मान तशें लेकुंक जायना. शिवाय जेजू क्रिसताची बरी खबर हेरांक वांटची आमी चूक म्हणुंक जायना'

' फादर आतांची परिगत बरी खबर प्रगटुंक जोक्ती ना.'बोनामेसत्री मात्सो गरम जावन म्हणालो, 'आमी हेरांक बरी खबर प्रगटुंक वेच्ये बदलाक बरी खबर लाबल्ल्या आमच्या लोकाक आमच्या गोपांत सांबाळन दवरची आज चड गर्ज आसा. कितलेशे कातोलीक पवित्र सभा सोडून वेतात.'बोना मेसत्री सोडन दिवंक तयार नातल्लो.

' हांवें आनी तुवें ह्या विशयाचेर भासाभास कर्न फायदो ना.'म्हणालो विगार अमृकें हासून, 'आमचेर बेजार पावून वा हेर कारणांनी विंगड वेचीं थोडिंच. हाका जायित्तीं निबां आसात. तसल्यांनी पाटीं पवित्रसभेथंय येशें आमी मागुंक जाय शिवाय तांचे विरोध झूज मांडचें न्हय' मुकारिलें विगारान, 'कोणें मतांतर केलां म्हण आपापिंच हेरांक कळतलें. त्या शिवाय व्हड वांट्यान हिंदुलोक आमकां आनी आमच्या बरया कामांक बरयान वळकता. हें प्रतिभटन राजकीय कारणांक म्हणून तांकांय कळीत आसा. ह्या संद्रपार आमी कितेंच उलयनसतां रांवचेंच बरें'

बोना मेसत्री चडीत उलयलो ना.

त्या सांजेच्या गोलिमार वार्ते पत्रांत, मतांतरा विरोध येवजिल्ल्या प्रतिभटनाचो विवर आसल्लो. प्रतिभटन धा दिसां उपरांत आसल्लें; पुर्शांव गोलिमारांत नांव वेल्ल्या दिवळाथावन सुरू जावन गोलिमार मार्केटी लागशिल्या सार्वजनीक मयदनाक येतलो आनी थंय प्रतिभटन सभा चल्तली. प्रतिभटनाक हजारांनी लोक जमचो भर्वासो आसल्लो. शेराथावन नांव वेल्ले जातीय संघटणानाचे फुडारी पात्र घेतले– अशें संघटकांनी विवर दिल्लो.

प्रतिभटनाचो पुर्श्यांव गोलिमार इगर्जे आनी इसकोलां मुकल्यान वच्येपरीं येवजिल्लो. पूरश्यांवार भायल्या अन्नाड्यांक आपवन हाडन गलाटो जायशें करतीत म्हण खबर आसल्ल्यान गोलिमारांतलो सादो लोक घाबरेवन गेल्लो. कसलें अनाहूत जायत गाय म्हळ्ळी भिरांत जायित्ते उचार्न आसल्ले.

ꕤ

प्रतिभटनाचो विवर गोलिमार वार्ते पत्रार आयिल्ल्या रातीं सुमार मध्यानेर गंगूक मार्न उटयिल्लेपरीं जाग जाली. तांच्या घराच्या पाक्याचेर आसलल्या नळ्यांचेर फातर पडून आसल्ले. घडिये घडियेक फातर पडताले. गोपू गाढ निदेंत घोरेतालो, गंगून ताका दोंकुळन उटयलें.

थोड्या वेळान फातर तांच्या घरच्या दाराक पडुंक सुरू जाले. दोगांय भियान कंग्गाल जाल्लीं. उटोन दिवो पेटोवंक सयत धयर लाभलें ना तांकां. उस्वास काडल्यार आवाज जायत तितल्या चत्रायेन काळोकांत मांद्रेर वोगेच, उटोन बसल्लीं गोपू आनी गंगू. तितल्यार ल्हान भुर्ग्यान रडल्लो आवाज. हुसकरोन हुसकरोन रडणें. परत फातर पडल्लो आवाज आयकुंक लागलो. रडची व्यक्ती घरा भोंवतीं भंवर काडित्त आयली. दारार परत फातर पडले.

रडणें हळतान उणें जायित्त आयलें. फातर मात्र थोडो वेळ पडोन्च आसल्ले.

’ आमच्या पुट्टान प्राण करतना रडल्लो उगडास जालो म्हाका’ म्हणालें गंगू दूसऱ्या सकाळीं, पूरतो उज्वाड जाल्ल्या उपरांत उटोन. गोपूक संपलेल्या रातीं गंगून उटयिल्ल्या उपरांत भिरांतेन नीदच पडुंक नातल्ली; सकाळीं उटतना तकली जड जाल्ली.

घरच्या मेटार थोडे इंगळे, पोडकळाचीं फुलां शिंपडोन आसल्लीं पळेवन गोपू गंगू पूरतीं गळोन गेलीं. कितें तरयी अनाहूत जांवच्यार आसा म्हण भोगलें तांकां. घराचें दार आड करून शीदा नारायण नायकाच्या घरा वचून रातीं जाल्ली गजाल विवरून सांगली ताका.

’इंगळे आनी पोडकळाचीं फुलां पडल्यांत तर कितें खुणां आसतीत’ म्हणालो नारायण नायक.’तुमी जात सोडल्या देकून भुताच्ये उपाद्र आसतीत. रडणें आयकालां तर मेल्लिंय धोसुंक आयल्यांत जाव्येत’ पयलेंच भियेल्ल्या गोपू–गंगूक थर्थरे सुरू जाले.

’ धन्या कितें करचें?’हात उदारे कर्न विचारलें गंगून.

’ पयिल्लें तुमी घरा भितर दवरल्ले पोरबुंच्या देवांचे फोटो काडा. हांव इल्लो कुंकूम आनी गंध दितां. घराच्या चारयी मुल्यांनी आड तितीन बोटांनी गीट वोडा. आयची रात पळव्यां’ म्हणालो नारायण नायक.’कोणाय कडे अशें जालां म्हण सांगुंक वचनाकात. गणपतिचो फोटो दवर्न रातीं ऊदबत्ती पेटया’ चत्राय सांगली ताणें.

गोपून ते दीस गोलिमार पेंटेक वेतना गोमट्यांतलो खुरीस काडल्लो नारायण नायकान पयलें पळयलो.

पाटल्या दिसांनी ’गोपू पोरबू’ म्हण कोणेंय आपयल्यार हासून आपले किडियारे दांत दाकयिल्लो गोपू, ते दीस तशें कोणें आपयल्यार चडपडोंक लागलो. गोपू पूरतो भिंयेवन गेल्लो.

सदांच्येपरीं गंगू त्ये दीसयी रिटाबायेच्या घरा कामाक गेल्लें, गंगुथंय सदांची सुडसुडाय नातल्ली. रिटाबायेन, मरलिटान विचारल्यारयी आपणाक कितें भलायकी बरी ना म्हण सांगलें शिवाय आदल्या रातीं भुतान दिल्ल्या दोशिंविशीं सांगलें ना. नारायण नायकान ती चत्राय दिल्ली.

त्या सांजेर घरा येताना गोपू सदांच्येपरास चड पियेल्लो आनी गंगूक क्वार्टर सोरो हाडन आयिल्लो. सोरो पियेवन निदल्यार भुताच्ये दोशी कळच्यो नांत म्हण ताणें लेकल्लें. आमाल सेवल्यारयी तांकां नीद पडलिना. मध्यान जांवच्या पयलेंच भुर्ग्यान रडचो आवाज आयकुंक लागलो.’पुट्ट असोच रडतालो’ म्हणालो गोपू गंगुच्या काना भितर. थोड्या वेळान फातर पडुंक सुरू जाले. कोणें धांवल्लेपरीं जोप जालो तांकां.

ಬ

सकाळीं घराच्या मेटार अर्धें लासल्लो लांकडाचो कुडको, पडकोळाचीं फुलां, भिंगारेचे थोडे कुडके पडून आसल्ले.

' कुडतमजल तंत्री आसा. तो बोल्में सांग्ता. तुमी थंय वचून विचारा. हांव ताका फोन करतां' म्हणालो नारायण नायक आदल्या रातीं गोपू–गंगुच्या घरा जाल्ल्या दोशिंचो विवर आयकून. तंत्रीय गोलिमार पंचयतेचो सांदो, नारायण नायकाच्याच पाडतिचो.

नारायण नायकान दुबावल्लेंच तंत्रीन सांगलें. क्रिसतांव जाल्ल्याक कुटमाचो भूत आनी मेल्लीं उचांबळ जाल्यांत म्हणालो तो. परियारयी ताणेंच सांगलो.

उपरांत जाल्लें चड विवरुंची गर्ज ना.

गोपू आनी गंगून हिंद्वांच्या नांवाडदीक पून शेताक दूसऱ्याच दिसा वचून, क्रिसतांव जाल्ल्याक चूक वळकून, देवाक दुडवा रुपार दंड भरून माप मागलें. थंयच न्हंयतडीर थावन, तंत्रीन सांगल्लेपरीं आसल्लो पाज्येचो फातोर गोलिमार आपल्या घराक हाडलो. त्या फात्राक कुंकूम ल्हावन हात जोडले. ह्या पऱ्यांत नातल्लो भूत गोपू–गंगुच्या हितला भितर स्थापीत जालो.

आनी त्या रातीं फातर पडले नांत; पुट्टन रडचें आयकालें ना.

मतांतरा विरोध प्रतिभटन जावंक आसच्या चडुणें हप्त्यापयलें गोलिमार वार्तेंत मुकल्या पानार गोपू आनी गंगून भुताच्या फात्राक हात जोडचो फोटो आसल्लो.'मतांतराचो आपराध फट' म्हण दाट अक्षरांनी म्हाताळो आसल्ल्या खबरेंत, आपूण क्रिसतांव जाल्लोंच ना, वाटेर पडून आसल्लो खुरीस गोमट्याक घाल्लो शिवाय आपणें जात सोडुंक ना. आपूण भुताक पात्येनातल्लों, घाटाव्हयलो आपलो कुटमाचो भूत फलाण्या न्हंय तडीर आसल्लो, आतां आपणें हाडून स्थापीत केला म्हण गोपून स्वषटीकरण दिल्लें. आपणाक कोणेंय क्रिसतांव केल्लेंय ना आनी आपूण क्रिसतांव जाल्लोंय ना म्हण गोपून सांगलां म्हळ्ळें वाचून गोलिमारचो लोक थटक्क जाल्लो.

गोपू आनी गंगू कित्याक एकानेक उळटी जालीं तें मरलिटाक सुसतालें ना.

पूण मरलिटाक आधार दिंवचीं कोण नातल्लीं, रिटाबाय सयत.

रातीं गोपुच्या घरा भंवती मेल्ल्यांचे आनी भुताच्ये उपाद्र आसा करुंक, ते भुताच्येच उपाद्र म्हण तंत्रिकडे सांगोवन, गोपू–गंगून भुताक पात्येशें करुंक, गोपू–गंगूक पूनशेताक दाडून न्हंयतडीर थावन भुताचो फातर हाडुंक आनी तीं मतांतर जावंकच नांत म्हण गोलिमार वार्ते पत्राचेर खबर येशें करुंक नारायण नायकाक पंद्रा हजार रुपय खर्चल्ले.

गोलिमारांतलें मतांतरा विरोध प्रतिभटन सद्याक पाटीं घाल्लें.

राजकीयांत असले नाटक जाय पडतात म्हण बोनामेसत्रीक कळीत आसल्लें, गोलिमारांतल्या साद्या लोकाक न्हय.

*** ——— ***

ɷ

# दोन मोरनां

गोलिमारांत त्या दिसाचो सूऱ्यो काळोक घेवन्च उदेल्लो. घटमूट तरनाटे – लिल्ली बायेचो घोव मरियाण आनी तिची सेजार्न कमलाचो नोवरो किट्ट पुलिमार तळ्यांत, रातीं जाळ सोडवन मासळी धरुंक गेल्ले सकाळीं उज्वाडताना मोडें जावन उप्येताले!

पांच सेंटस सरकारी जाग्यार ल्हान कोलवांच्या घरांनी मऱ्यादीन जियेवन, गोलिमारांत कुलिचें काम कर्न आसचे तीस – बात्तीस वरसां प्रायेचे आपूरबायेचे तरनाटे अशें आकस्मीक मोरनाक बली जाल्लें – गोलिमारक हालवन सोडल्लेपरीं जाल्लें. सरवांच्या मुसकरारयी दूक आनी बेजारायेचीं भोगणां देकयेतीं.

मोडीं पयलें पळयिल्ला लुकामान बोब मार्न गांवचाक तळ्या देगेन जमयिल्लें. लिल्लिबाय आपला एका वरसाच्या भूरगा क हांड्येंत धर्न आनी कमल आपला अजून संसार पळेनातल्ला गर्भांतला बाळशाक भायला न पोशेवन हाक दीवन रडुंक लागलीं. तळ्या देगेर जमल्लीं बायलां तांकां समादान करुंक, भुजवाण दीवंक प्रेतन करुंक लागलीं. थोडीं तांचे बराबर हुसकारोंक लागलीं.

दादलापयकी कोणायकी उदकाक देंवोन मेल्लो कुडी तडीक हाडचें धयर नातल्लें. तांचे पयकी दोग पोलिसांक खबर दीवंक गेले.

मरियाण आनी किट्ट जातीन दुस्रे तरयी भाभावांपरी सांगाता आसताले. सांगाताच कुलिच्या कामाक वेताले. सांजेर गडंगांत साट–शेंबोर सोरो पियेताले शिवाय नाकभोर पियेंवचे सवयेचे न्हय. पियेवन उदकांत बुडोन मेले म्हणुंक साध्यच नातल्लें. तळ्यांत ह्या पयलेंय जाळ सोडवन मासळी धरताले. दोगांयकी बरें उपेवंक कळीत आसल्लें. तळ चुकोन बुडले म्हणचेपरी नातल्लें. अशें आसून दोगयी उदकांत बुडोन मेल्ले गोलिमारांतला क नवाल जाल्लें.

पोलीस येवन पावताना गोलिमारांतलो चडुणे सक्कड लोक दादले, बायलां आनी भूरगीं तळ्या तडीर जमल्लीं. थोडीं रुदान करतेल्यांक पळेवन दुकां गळयतालीं. हेर थोडीं मोरणाच्या कारणांचेर भासाभास करतालीं. आनी ऊरल्लीं रूक जावन उप्येंवचो कुडी पळेतालीं.

पोलिसांनी लांब दोन तेंकडो बांदून, तकलेर कोक्कें शीरकावन एकेकच कूड तडीक वोडन हाडली. मोड्यां सांगाता जाळयी तडीक आयलें. जाळांत जयत एक कांडेर रेवडोन मेल्लो. बोवश्या कांडेरान दोगांयकी चाबल्लें जायजे. अशें जमल्लानी मोरनाचें कारण नक्की केलें.

पोलिसांनी महजर कर्न कुडी पोसट मारटम परीक्षे खातीर सरकारी आस्पत्रेक व्हेल्यो. सेजारचे फिर्गजेंत आसचो लिल्ली बायेचो बापूय खबर मेळून धांवोन आयिल्लो. धुवेक ताणे सांबाळन घरा हाडलें. कमलाक तिचें म्हळ्ळें कोणयी नातल्लें. किट्टाच्या जातिच्या बायलांनी तिका समादान करीत घरा आपवन व्हेलें.

मोरनाची विलेवारी करुंक आसल्ली. वाड्याचो गूरकार वल्लियाब मरियणाच्या घरा आयिल्लो. लिल्ली बाय आनी तिचो बापूय दोगांय हाक मार्न रडतालीं. कितेंय उलंवचेपरीं नातल्लें.

एकाच दिसा गांवचे दोन मानाय आवचीत वीक आपडोन मेल्ले,

सगळा गोलिमाराक आरमारल्लेपरीं थंड करुंक कारण जालें. त्या दीस गोलिमारांत कोणेंय सदांचीं कामां केलिंनांत. कोसुंक आसल्लानी जोत गाद्याक देंवयलें ना. नेज काडुंक आयिल्लीं आळां पाटीं गेलीं. तण, सोप काडतेल्यांनी कोयती पाजली ना. मिल्लागार कामतीन हल्लर चालू केलें ना. पुलिमारांत हरताळ चल्लें.

रडणें उणें जातच बापूय–धुवेक दोगांयकी कुशीक व्हर्न

ꠢ

वल्लियाबान मोरनाचे विलेवारिची खबर काडली. इगरिजकडे घांटी मारुंक, पाद्रा बाक हारटाची पिडा देकून ताका घरा आपवन हाडन पाटीं व्हरुंक टेक्सेच्या भाड्याक आनी आंडर टेकर मारसेलाक. आशें तशें म्हण उण्यार उणें पांच हजार रुपय गरज आसल्ले. पयलें वाड्यागार मोर्न खांद्यार ना तर मोरनाचे गाडियेर दवर्न, गाडी वोडन व्हरताले. चामादोर फोंड खोंडतालो. आतां गत बदलाल्या. इगरजीक चामादोर ना. फोंड खोंडचें मारसेलाचे मजते शिवाय साध्य ना. मारसेल ताचेलागची मोरनाची पेट घेतला र मात्र फोंड खोंडयता. उण्या मोलाची मोरनाची पेट दोन हजार रूपयां शिवाय मेळना. मोर्न हाडुंक ताचीच मोटार गाडी आसा. मोर्न मात्येक पावंक आयिल्लाक सिमेसत्रेचे गेटीर च्हा / काफी ना तर थंड पीवन तोच तलास करता. ताचेकडे दोन मोलां नांत. मोरनाच्या वेळार लोक चरचा करिना. विचारल्लें दिता. म्हजेलागीं पन्नास रुपय सयत नांत. आसल्ले शेंबोर रुपय कालच तुजेलागीं पाद्रा बाच्या जुबलेवाक वंतिगी जावन दिल्ले. हांव किते करूं. लिल्ली बाय वल्लियाबा कडे सांगून हुसकारली.

तिच्या बापय कडे धमडी नातल्ली. ताची गत धुवेपास पासट. मरियाण दीस कुलिच्या कामांत किते जोडतालो, तें त्या त्या दिसाच्या खरचाक आनी लिल्लिबायेच्या खेवादिचे पिडेच्या ओक्ताक हळत जातालें. फाल्यां खातीर ताणे जमयिल्लें कितेंय नातल्लें. आवचीत उदकांत बुडोन मोरतां म्हण कळीत आसला र मरियाण थोडें उरयतो आसल्लो! पोसट मारटम जातच थंयच न्हाणवन न्हेसयला र बरें. सर्कारी आस्पत्रेंत मेल्ले कुडी कातर्न परता न शिंवोन, धुवन न्हेसवन दितेल्यांक दोनशीं रुपय तरयी दीजे पडतात. पोलिसांक कांय दीना जाल्यार ते मोर्न सोडन दिंवचे नांत. वल्लियाबान हकीगत सांगली.

लिल्ली बायेक किते करचें सुसतालें ना. लिल्ली बायेक ते घडूये तितला पयशांची विलेवारी करुंक साध्यच ना म्हण कळीत आसला रयी गूरकार वल्लियाबाक मोरनाच्या खरचाची जवाब्दारी घेंवची तितली तांक नातल्ली. इगर्जे कडे, आस्पत्रे कडे, मोर्न हाडुंक–व्हरुंक म्हण तो धावोंक तयार आसल्लो. पूण खर्चुंक पयशे ताच्या हातांतयी नातल्ले.

लिल्लिबाय भितर गेली. पाटीं येताना आपला कानांतले पोवळी, गोमटांतली पिडदूक गुंतून आसल्ली बारीक चेयन तिणे काडन वल्लियाबाक वोड्डायलें. तो नातल्ला उपरांत हें भांगार कित्याक. तें विकून मेळता त्या पयशात विलेवारी कर. म्हजेलागीं आनी कितेंय ना. ती हुसकारली. तिच्या बापायनयी दुकां गळयलीं.

वल्लियाबा सांगाता लिल्ली बायेचो बापूय मोरनाची विलेवारी करुंक भायर सरलो. वल्लियाबान ताका लिल्ली बायेची खबर घेवंक पाटीं रावयलें.

कमलाक कोण्ंच लागशिले नातल्ले. गांव्या दोगां तरनाट्यांनी किट्टाच्या मोरनाचो अंतीम संसकार करची जवाब्दारी घेतली. पोसट मारटम जाल्ली कूड घरा हाडल्ला थोड्याच घडयां भितर कूड लासची विलेवारी करुंक आसल्ली. कूड लासुंक सरकारी जाग्यार पणगील सुवात आसल्ली. ती पांच सेंटसांत रावतेल्यांनी वापरची असल्ली.

तरनाट्यांनी लांकडांची विलेवारी केली. दूज शेट्टीन आपले पाडिंतलो आंब्याचो रूक कात्रुंक सांगलो. लोकू मूल्यन दोन भोरे आनी जेरमी सोजान दोन भोरे धुंपाचे सुके सोंटे कातर्न आपला घरांनी जळवक म्हण दासतान केल्ले, दिले. मेरिबायेन जाय तितलें नारलाचें सोण्ण व्हरुंक सोडलें. कामतीन परमळाच्यो काडयो, कुंकूम पयशे घेनासतां दिल्यो. आपला हातांतले पयशे घालन तरनाट्यांनी धवें खोरा वसतूर हाडुंक नीरदार केलो.

ꣻ

वल्लियाब आपला परना सायकालाचेर पयलें आस्पत्रे कडे गेलो.

सरकारी दात्तेरान तितला रच मोरना उपरांतलें तपासणेचें काम सुरू केल्लें. मोर्न सांजेच्या पांच वोरांचेर इगर्जेक हाडन मात्येक पावंक विगार ओपलो. घांटी मारचे पयशे मोर्न मात्येक पायला उपरांत दितां म्हळ्ळें पाद्रा बाक बरें लागलें ना. वल्लियाबान लिल्ली बायेन भांगार काडन दिलां म्हळ्या उपरांत पाद्रा बान जायत म्हळें. फीरगजेचे सिमेसत्रिंत फोंड खोंडुंक, मोरनाची पेट आनी पेटे सांगाता येंवचें उर्शे, लुवां, तुवालो हें सरव तयार करुंक, मोर्न सरकारी आस्पत्रे थावन घरा व्हरुंक आनी परत घरा थावन इगर्जे कडे पुर्शांवार हाडुंक मोरनाचे गाड्येक, मोरनाक आयिल्लाक सिमेसत्रिच्या दारवट्यार पाटीं वेताना च्हा/काफियेची विलेवारी करुंक. अशें मुळाव्यो गरजो आयब नासतां करुंक अंडर टेकर – मारसेलान साडे तीन हजार रुपय विचारले. मारसेल मयपासी, संकषटांच्या वेळार पांवचो. ताचेलागीं एकच दर. चरचे नातल्ले. आसल्ला पयकीं उण्या मोलाची पेट मोरनाक विंचला रयी साडे तीन हजार रुपय जाय पडताले. वल्लियाबान कितलें परात्तिल्यारयी मारसेलान ताचेपरास उण्या मोलाक साध्यच ना म्हळें.

पाद्रा बाक मरियणाच्या घरा आपवन व्हरुंक आनी पाटीं पूरशांवार हाडुंक टेक्षेगारान आडेयशीं तुपय विचारले. मोरना सांगाता पाद्रा बान येताना टेक्षी मनशान चल्चा वेगान हाडिजे जाल्ला न अडेयशीं रूपयांत एक रुपय सयत सोडुंक टेक्सी ड्रायवर बाल्ताब आयकालो ना.

मरियाणाचे नीरजीव कुडीक न्हेसुंक एक धवें खोमीस आनी पुडवें, पेटेक घालुंक दोन चेंडू मोग्रीं फुलां म्हणताना तिनशी रुपय, पोलिसांक आनी आस्पत्रेंत मोर्न नितळ केल्लाक दोनशीं रुपय.

वल्लियाबान अंदाज खरचाची पट्टी केली.

लिल्लिबायेन दिल्लें भांगार आडोव दवरला र देड हजार रुपय सयत मेळचेपरीं नातल्ला न वल्लियाबाक भांगार विकचेंच पडलें.

सोनारान जोकून तुकून च्यार हजार शेंबोर रुपय दिले. गरज पडतीत म्हण लेकून आपणाची एक मुदी वल्लियाबान आडोव दवर्न पांयशीं रुपय घेतले. संकषटाच्या वेळार पयशे उणे पडला र कितेंय करचे परीं नातल्लें. पयशे आसला र मोर्न मात्येक पांवची रिवाज अडचण नासतां जातेली.

वल्लियाबान येवजिल्ले परिंच पोसट मारटम तपासणी जाल्ली. मरियाणाची कूड न्हेसवन पेटेंत दवर्न्च घरा हाडली. वीक चाबोंन्च मेल्ले आस्येत म्हण दात्तेरान अंदाज केल्लो म्हण पोलिसांनी सांगल्लें. विसेरा तपासणेक धाडल्लें. फलितांश आयला उपरांत सारकी वर्दी मेळतली. किट्टाची कूड धव्या वसतुरांत रेवडावन पोलिसांनी पयलें हाडल्ला सरकारी आस्पत्रेच्या आंब्युलेन्सार पाटीं व्हेली. मरियाणाचें मोर्न घरा पाटीं पावताना वाड्याचो लोक जमल्लो. पादऱ्याब सांगल्ला वेळार सारको आयिल्लो. मरियाणाची कूड मात्येक पांवची रिवाज मागणा मुकांत्र सुरू केली. मरियणाची पेट उकल्ताना लिल्ली बाय दूक तडवोंक तांक नासतां मतिहीन जाली. रिवाजे पर्माणे मोरना सांगाता ती गेली ना. किट्टाची कूड केंळबा च्या पाळेत्यार दवर्न मात्या कुशीन परमळाच्यो काडयो पेटवन दवरल्लो. कुटमाचीं कोणयी नातल्ला न सेजारचानी तुळशिचीं पानां भरिशल्लें उदक ताच्या ताळयाक सोडन अंतीम संसकाराची रीत सुरू केली. पंदा चिमणे तेल शिंपडायिल्लीं नारलाचीं सोण्णां, दसतुरे प्रकार आंब्याचें जिवें लांकूड, उपरांत सुके सोंटे धाळन सारी आयती केल्ली. लासचे कडे कमलाय गेली ना.

मरियाणाची कूड इगर्जे कडे पांवचे पयलेंच किट्टाचे सारयेक जाती भितरला एकला न उजो लायलो.

ꣳ

सूऱ्यो असतमचे भितर गोलिमारांतला दोगां तरनाट्यांच्यो नीरजीव कुडी प्रकृतेंत एक जाल्लो – मरियणाची मात्येंत, किट्टाची उज्यांत. वल्लियाबाक सात्वा दिसाच्या मिसाचे पन्नास रुपय मात्र आपणा कडचे दिंवचे पडले. लिल्लिबाये कडे आसल्ला भांगाराच्या निमाण्या नगांनी मरियणाक आपुरबायेन मात्येक पायलो.

कमलान ते रातीं निदचा पयलें आपला कानांतले पोवळे आनी काळयो मणियो घुंतल्ली आपली पिड्डूक काडन कापडाच्या कुडकात बांदून जोगासाणेन पेटेभितर दवरलो. गोलिमारांत तो दीस संपलो.

*** ——— ***

# एक मूट माती

वोणदिचेर आसचें गडियाळ च्यार वोरां दाकोवंक लागलें. पादऱ्याबान मोर्न बेंजार करुंक सुरू केलें आसतालें. च्यार वोरांचेर घराथावन मोर्न काडुंक आनी साडेच्यारांक इगरजेंत मीस म्हण वेबसायटिचेर घाल्लें, सकाळीं थावन कांय धा–वीस पावटीं इंटरनेट उग्तें कर्न पळेल्लें हांवें.

पाटल्या कांय पंद्रा मिनुटांथावन गडियाळ उमकाळायिल्ल्या वोणदी मुकल्या सोफाचेर बसून गडियाळाकच हांव पळेवन आसल्लीं.

बसल्ले कडेच दोळे दांपले हांवें. आतांच रिक्षा धर्न गेल्यारयी मोर्न पांवचे भितर म्हाका इगरजेक पाव्येतें.

मोरनाक वेचें वा नाका म्हळ्ळ्या घुस्पोडेंतच तो दीस सारल्लो. निमाणें मन घट्ट कर्न, मोरनाक वेचेंच म्हण निर्धार कर्न नेसल्लीं सयत. पूण, मोरनाक गेल्लेकडे म्हजी ओळोक धरतीत म्हळ्ळे कावजेणेन, उघडल्लें दार पाटीं दांपून शीदा येवन सोफाचेर बसल्लीं हांव.

हांवें मोरनाक वेचेपरीं नातल्लें!

भोवश्या आतां आरोनाच्या मोरनाची पेट उकल्तात.

नाका नाका म्हळ्यारयी आरोनाचें मोर्न उकल्चें चित्र म्हज्या मती पडद्याचेर उदेलें. सक्कड सारकें आसल्लें तर, देक्तेल्यांच्या देकीक तरयी हांव मोरनाच्या पेटेर पडोन हाक मार्न विळाप करतीं कोण्णां. दुरादृषटाचो आरोन! ताचें मोर्न उकल्ताना आज कोण विळाप करचीं नांत. विळाप करुंक जाय आसल्ल्या कोणायकी ताणें जीव आसताना आपणा सरशीं दवर्न घेतल्लें तर?

चडुणें हप्त्या पयलें आरोन गडीस जावन आस्पत्रेक दाकल जाला म्हण विनयान मेयल धाडल्लें.'कोण आरोन?'म्हण ताका पाटीं (जाप) धाडुंक मेयल टायप केल्लें, उपरांत डिलीट केल्लें. विनयाक जाप दिल्ली ना.

काल आरोन अंतरलो म्हण विनयान मेयल धाडल्लें. तें वाचून एक खीण हांव स्थब्द जाल्लीं.

दोळ्यांत दुकां नातल्यारयी काळीज आपले दढदडे चडोवन रडल्लें!

मेयल वाचताना, शरल ताच्या कुडांत बसून शिक्तालें, कांय लाग्गीं येवन मेयल वाचीत म्हळ्ळ्या कावजेणेन हांवें मेयल डिलीट केलें आनी ण्ड्डिची्ड्ड थावनयी काडलें. चुकोन सयत शरलाक आरोनाची खबर कळुंक नजो.

हांवें अस्थीर जावंक नजो! शरलाथावन लिपवन दवरल्लो घूट आनी सांगल्ल्यो फटी उग्त्यो जावंक नजो आसल्ल्यो.

विनयाक संताप उचार्न जाप दिंवचें बरें मनयी म्हाका नातल्लें. संताप हांवें विनयाक उचारिजे आसल्लो वा ताणें म्हाका?

म्हज्या वांट्याक एकवीस वरसां पयलें मेल्लो आरोन आज ह्या संसराक सासणाक अंतरल्लो. तो आनी ह्या संसरांत ना म्हळ्ळीं चिंत्नां म्हाका असकत करित्त आसल्लीं.

कितेंय जांव आरोनाचो हांवें एका वेळार प्रामाणिकपणीं मोग केल्लो. काजाराच्या साक्रामेंतांत म्हाकाच ताका पूरतें समरपून दिल्लें. म्हज्या प्रामाणिकपणाचें, म्हज्या समरपणाचें आरोनान गणेंच केलें ना. काजारा

पयलेंची तीन वरसांची सळावोळ, त्यो भोंवड्यो, सांगाता पळेल्लीं पिकचरां आनी पाशार केल्ले अमोलीक घडियो काजाराच्या स मयन्यांनीच उतळ जाल्ल्यो.

चूक ताची वा म्हजी? कोणे तरयी सोडदोड करयेत आसल्ली. आमचेमधें न्याय–पंचेत्केचें सवालच उदेल्लें ना. पोटांत कीरलोन येंवच्या शरलाच्या पुढाराचो हुसको सयत आमकां सांगाता दवरुंक सकलो ना. आरोन आनी हांव सांगाता जियेवंक साध्य ना म्हळळया निर्धाराक आयिल्ल्यांव.

तो निर्धार हांवें आम्सोरान घेतलो म्हण म्हज्या अंतसकरनाच्या कोनश्यांत तवळ तवळ उदेवन येंवच्या पश्चत्तापाच्या भोगणांक हांवें व्यक्त जावंक सोडल्लेंच ना. हांवेंच कित्याक सोडदोड करुंक जाय आसल्ली? आरोनानयी करयेता न्हय? काजारांत सर्व साक्रिफीस बायलेचेच जाय म्हण आसा?

’ तुमी एकामेकाचो विशेस मोग करतात जाल्ल्यान तुमचे मधलो ल्हान मनसताप व्हड दिसता. आम्सोर करिनाकात’ म्हण दियेसेजिच्या काजाराच्या कोडतिंतल्या मुन्सुब्दार पादऱ्याबान उचारल्लें तवळ म्हाका सुको सयलाप तशें भोगल्लें. भोवश्या आरोनाकयी तशेंच जाल्लें आस्येत. खंय तें सत आसल्लें म्हण म्हाका आतांयी भोगुंक लागलें. ना तर आरोनाच्या मोरनान हांव कित्याक असकत जाल्यां?

शरल न्हय तर हांव आरोनाचेर निमाणी दीश्ट घालुंक वेतीं आसल्लीं? आरोनाच्या घरच्यांक, बोवश्या विनयाक सोडन हेरांक म्हजी ओळोक जाती ना. एकवीस वरसांच्या आवदेंत आरोना तितलीं जिनोसांत हांव बदलुंक नातल्यारयी म्हजेथंय प्रायेचो तफावत जाल्लो. शरलाक व्हड करच्या एकोड्या जवाब्दारेन म्हाका बरेंच पिकायिल्लें. मुसकरार आदली गोरसाण जांव, हातां–पांयांनी तरनाटपणाची पुडपुडाय जांव नातल्ली.

हांव मोरनाक गेल्लीं खंय शरलाक कळत आनी आरोनाक आनी आपणाक कितें लग्ती म्हण तिका दुबाव येत म्हळळी कावजेणी न्हय तर, आरोनाक एक मूट माती घालन येतीं आसल्लीं.

शरलान घरा पावताना चडताव सात उत्रातालीं. कोलेज जाल्लीच कोलेजिच्या लैबरेरिंत शिकुंक वेची सवय केल्ली शरलान.

घडियाळाचेर चाडे च्यार जालीं. आरोनाची कूड इगरजेक पावल्या आसतेली. हांवें बसजे आसल्ल्या सुवातेर मुकल्या बांकार कोण बसलां आस्येत? आरोनाचो भाव, भयणी आनी सयरीं?

एकावेळा मोरनाक गेल्लीं तर, सरव बांधपास कुशीन दवर्न हांव मुकार वचून बसतीं?

सायबा भोगोस! हांव अशें कित्याक चिंत्तां?

काजार नुल्ल करुंक दियेसेजीक दिल्ली अरजी इत्यर्थ जाल्या वा ना त्या घोवजेकच हांव गेल्लीं ना. सरकारी कोडतिंत कितेंच दोशी नासतां स मयन्यांनी आमचें काजार रद्द जालें. आमी स्व खुशेन, शरतां नासतां काजार रद्द करुंक दिल्ली मनवी नितिदारान मानून घेतली.

कोडतिंत वेगळाचार मेळल्ल्या वरसा भितर आरोन परत काजाराक आयतो जाल्लो! आरोन परत काजार जाता आनी तुमचें काजार इगरजेंत नुल्ल जावंक ना तर तें तुवें आडायवेता म्हण म्हज्या सांगाता काम करच्या सुनितान दिल्ली सलहा हांवें घेतली ना.’म्हाका तो नाका, ताका हांव नाका. कितेंय करुंदी’ म्हण सुनिताक सांगल्यारयी आरोन परत काजार जाता म्हळळें म्हाका पसंदायेचें जाल्लें ना. हांवें परत काजार जांवचें चिंतल्लेंच ना.

आरोन फारिकपणाक लागल्लो!

ಐ

जाय जाय म्हण आमच्या काजाराच्या दूसऱ्या एनिवरसरिचो दीसच दुस्रेपणाच्या काजाराक आरोनान विंचल्लो. म्हाका हुलोप उबजयजे म्हळळे खातीरच आरोन आमच्या काजाराच्या एनिवरसरी दीस काजार जाता म्हळळें म्हाका सोसुंक जालें ना. तो फारिकपण घेता आनी म्हज्या सलवणेंत आपूण संतोस भोग्ता म्हळळें, म्हजे तसली बायल कशें स्विकार करीत?

ते दीस आजून म्हाका उडासांत आसात. दिसाचें म्हाका काम करुंक जायनातल्लें; जेंवच्या वेळार भूक लागानातल्ली आनी रातीं नीद पडानातल्ली. विराराय सोसुंक जायनासतां मेळल्ल्या मेळल्ल्यांचेर खुबाळुंक लागल्लीं. कुवेयट रावल्यार पिशीं जायन म्हण भिरांत सुरू जाली. शरल तवळ स मयन्यांचें. आरोनाच्या दुस्रेपणाच्या काजाराक हप्तो आसताना कामाक राजिनाम दीवन हांव मुंबय आयिल्लीं. स मयने मुंबय रावून, दुबाय नव्या कामाक गेल्लीं.

आरोनाचो रुबाब, आपणें सांगल्लेंच जायजे आनी तें मात्र सारकें म्हणचें हट, कसल्यांतच सोडदोड नासचो मनोभाव– आरोनाचें दुस्रें काजारयी तुटोंक लागल्लें. दूसऱ्यापणाच्या बायलेक सयत वरसापरास चड सांगाता दवरुंक आरोन सकोंक ना. त्या खबरेन म्हाका दिल्ली दाधोसकाय इतली आनी तितली न्हय.

तें चिंतून आसताना, आरोनाच्या मोरनाक वेची पिशी आलोचेन केल्ल्या म्हाका म्हजेरच राग आयलो. भितर वचून नेसल्लें वसतूर बदलून, घरा नेसची नायटी शीरकायली. इंटरनेट उग्तें कर्न, आरोनाच्या मोरनाची खबर परत वाचली हांवें. आरोनाचो आयलेवारचो कोण्णा फोटो घाल्लो. कितें हंकार आसल्लो? कितें भरम आसल्लो? फोट्यांत आरोन सलवोन गेल्ल्या पापारयापरीं दिसतालो. मुसकर सगळेंच चिवळोन गेल्लेपरीं जाल्लें. गाल भितर वचून, मात्याव्हयले केस झडोन गेल्ले.

हेरांच्या मोरनाच्या खबरेक वेबसायटिचेर उण्यार धा –पंद्रा तरयी संताप संदेश येतात. कोणें एकल्यान, भोवश्या विनयाचो सांगाती आस्येत, सासणाचो विशेव मागोन विनयाक एक मात्र संदेश धाडल्लो. आरोनाच्या मोरनान म्हाका भोगचे तितलें दूक सयत उचारचीं कोण नातल्लीं!

कंप्यूटर बंध केलो. होलाचो पडदो वोडलो आनी टिवी घाली.

आपणाक मंगळुरांतच इंजिनियरिंग करिजे म्हण शरलान हट करिनातल्लें तर हांव मंगळुराक येतिंच ना. मुंबंयत बरयो कोलेजी आसात, आमचें फ्ल्याट आसा, मंगळूर नाका म्हळयारयी शरल आयकालेंच ना. मंगळूर ल्हान गांव. कोण म्हजी ओळोक धरतीत आनी आरोनाक ही खबर मेळत म्हळळी कावजेणी म्हाका धोसुंन्च आसल्ली.

जल्मोंवचे पयलेंच ताचो ड्याडी कार अवघडांत कुवेयटांत अंतरल्लो म्हण शरलाक, ताच्या इसकोलाच्या टीचेरांक आनी दुबांयत म्हज्या सेजारयांक पात्येशें सांगल्लें आनी हांव सयत तशें जालां म्हळळें परत परत म्हाकाच सांगून एक फट सत करुंक पेचाडून आसल्लीं.

’ ड्याडिचो फोटो कित्याक ना? ताच्या मोरनाचो विडियो कित्याक ना’ म्हण शरलान ल्हान आसताना विचारच्या सवलांक पात्येशें जाप दीवंक सकल्लीं. अवघडाच्या वेळार ओळोक जायनातल्ले परीं ताचे मुसकर भेसां जाल्लें आनी तवळ मोरनाची विडियो काडची रिवाज नातल्ली अशें कांय फटी शरल ल्हान आसताना सत म्हण पात्येल्लें.’ड्याडिच्या मोरनाचो उडास विस्रजे आनी फकत तुजे खातीर जियेजे म्हळळ्या शेवटान आदल्यो सरव यादी हांवें नास केल्यात’ म्हण बुदिपरकासाक पावल्ल्या शरलाक सांगल्ले उपरांत तिणें आपल्या बापायच्यो गजाली म्हजेकडे विचारचेंच सोडल्लें.

ꣳ

म्हज्या आनी शरलाच्या जिवितांत आरोन परत येवंक नजो म्हण हांव हट धरून आसल्लीं. काजार वेगळाचार जाल्लीं म्हळ्ळें शरलाक कळुंक नजो म्हण हांवें पयलें पयलें घडल्ल्यो फटी, उपरांत सत करुंक कांय फटी रचुंक पडल्ल्यो.

दुबांयत आपणाचीं क्लासमेटस मंगळुरांत शिकुंक वेतालीं जाल्ल्यान आपणाकयी थंयच वचजे म्हळ्ळ्या शरलाच्या ओत्तायेक हांवें बाग्वोंचेंच पडलें. प्रतिषटीत इंजिनियरिंग कोलेजिंत शरलाक प्रवेश मोलाक घेतलो.

म्हज्या जिविताचो एक मात्र इरादो शरल जाल्ल्यान तिका होसटेलांत दवरुंकयी म्हाका नाका आसल्लें. इतल्यारच दरबसत जोडल्लें; जाय तर उपरांत पाटीं येव्येता. दुबांयत कामाक राजिनामो दिलो. कोडियाळ शेरा भितर बरें फ्ल्याट भाड्याक घेतलें.

शरलाक कोलेजीक भरती केल्ल्या दिसाच म्हाका अघात राकून आसल्लो. तिच्या कोलेजिंतल्या ब्यांकाच्या शाख्यांत शरलाच्या आनी म्हज्या नांवार रीव्हीण एकौंट उग्तें करुंक गेल्ल्याकडे विनय म्यानेजर म्हण हांव नेणांच आसलीं. म्हजें नांव आनी शरलाच्या बापायचें नांव वाचल्ल्या ताणें म्हजी ओळोक धरल्ली.

ताच्या चेंबराक आपवन शरला मुकार विनयान आपली ओळोक व्यक्त करतना हांवें कळीतच ना तशें नाटक करिजेच पडलो. आमच्या काजाराच्या वेळार बारा वरसांचो विनय, आतां आपूरबायेचो तरनाटो जावन वाडोन आयिल्लो. आरोनाच्या मुसकराची छाया विनयाकयी आसल्ली.

’सोर्री सर. थीक्क्र्‌चीळ्ळ ६ळ्णचीञ्ळ्ळी ६ळ्ळ म्हजो नोवरो आरोन मोंतेरो कुवेयटांत अवघडांत अंतरला’ हांवें भासून सांगलें.

’सोर्री मेडम. ्६ळ्ळ्ण ६ळ्ळ तिडीळ्ळीठ’म्हजे आटेविटे समजल्ल्या विनयान, परिगत सांबाळून वेली. शरल एकपावटीं घुस्पोडलें आनी उपरांत म्हजो नेणारपणाचो नाटक सत म्हण ओपवोन भायर आयलें.’ह्या शेरांत आरोन मोंतेरो म्हळ्ळे कांय जण आसतीत. म्यानेजराक कनफ्यूस जालां’ हांवें शरलाक समजयलें. शरलान ह्या गजालेचें गणनें करुंक नातल्लें.

त्याच सांजेर विनयाक फोन केलो आनी शरला खातीर हो घूट राकून दवरुंक परात्तून मागलें. विनय बरया समजणेचो. तो ओपलो मात्र न्हय मुकल्याच हप्त्यांत आपणाक कुंदापूर ट्रान्सफर आसल्ल्यान शरलाक भेटचो संद्रापच आसचो ना म्हण भास सयत दिली.

पाटल्या तीन वरसांनी हांवें कावजेल्ले तसलें कितेंच घडलें ना. आरोन आजून खंय गल्पांत आसा म्हण हांव समजल्लीं. शरलान चुकोन सयत आरोनाची गजाल काडुंक नातल्ली. आपल्या शिकपांत पूरतें मेतेर जाल्लें.

ब्यांकाच्या कंप्यूटरार आसचो म्हजो इमेयल एड्रेस सोदून काडन, आरोना ची भलायकी बरी ना आनी तो आस्पत्रेक दाकल जाला; वांच्चो भरवासो ना म्हण आदल्या हप्त्यांत विनयान मेयल धाडता परयांत आरोनाची खबर म्हाका नातल्ली.

विनयाक जाप दीवन तो खंय दाकल जाला म्हण विचार सयत हांवें केलो ना. आतां मेल्ल्या उपरांत ताच्या मोरनाक वचजे म्हळ्ळे तितली वोड, तो जीव आसताना आस्पत्रेक वचून ताची भेट करुंक म्हाका नातल्ली. तो तितलेवेग्गीं मोरत म्हण म्हाका भोगुंकयी ना. आरोनान म्हज्या आनी शरलाच्या जिवितांत परत प्रवेश जांवचें म्हाका नाकाच आसल्लें.

ꙍ

वोरां स जालीं.

आरोनाची कूड मात्येक पांवच्याक सिमेसत्रेक वेल्या आसतेली.

टी वी बंध केली.

कुडांत मसक काळोक आसलो.

मोरनाच्या पेटेचें दांपणें धांपचो वेळ. निमाण्या घडिये मोगाच्या म्हनश्याच्या कुडीक आक्रेक देखची घडी. विळाप आनी अकलास लिपवंक जायनासचो वेळ.

बसल्लेकडेच हांवें दोळे दांपले. मोरनाच्या पेटेंत नीदल्लो आरोन. एक दीषट घाल्येती.

वोंट चाबून बसलीं. दोळ्यांत दुकां भरून आयलीं.

मोरनाक वच्येतें कोण्णां.

शरल आतां वाडलां. संसार कितें म्हण तें जाणां. तिचेकडे हकीकत सांगून, नीज गजाल लिपयिल्लें कारण तिका समजवन आमी दोगांयनी मोरनाक वच्येतें. आपणाच्या बापायक एक मूट माती घालुंक मेळ्ळी म्हळ्ळी एक तृप्ती तरयी शरलाक जीण भोर आसती. निमाणें तितल्याक तरयी म्हजे बांदपास उणे जाते.

कितलो वेळ ह्याच चिंत्नांनी मघ्न जावन बसलीं हांवच नेणां.

दाराची कांपीण जायनातल्ली तर उटतिंच ना.

शरल कोलेजिथावन वेग्गीं आयिल्लें.'लैबरेरीक वचुंक नांय?'विचारलें दार उग्तें करतनांच. भलायकी बरी नातल्यार वा रेकोरड बरवंक आसल्यार तें लैबरेरीक वचानातल्लें वा गेल्यारयी वेग्गीं घरा येतालें.

' ना माम्मी' म्हणालें शरल, भितर रिग्ताना, 'म्हजें फ्रेंड विनिता. मेडिकल करता. तिच्या अंकलाच्या मोरनाक गेल्लीं माम्मी. म्हजें मूड पाड जालें. थंय थावन शीदा घरा आयलीं.'

म्हाका झगलाणें मारल्लेपरीं जालें.

' ताचें नांव म्हज्याच ड्याडिचें आनी प्राययी ड्याडिचीच माम्मी. पाप, दोन काजारां जाल्लो खंय. दोनयी डैवोरस. एक्सूरपणाच्या खंतीन सोरो पियेवन्च मेलो खंय माम्मी. ७़ ९ रीह्ना जीर्व्डिणथी टीष्टीव्ह'आपल्या कुडा भितर सरताना म्हणालें शरल.

*** ——— ***

# यूतनेसिया (दयामरण)

प्लासटिकाच्या थयलेंतलीं दूतऱ्याचीं फळां आळेन वाटच्या व्हानांत घाल्तानां, त्या फळां भितरलें वीक दान्येलामाचे संकषट सासणाक ना करतेले म्हण मात्र सेल्लिटिचेर चिंतून आसल्ली. दान्येलामाचे वळवळे निवारुंक तिका दुसरी वाटच नातल्ली!

पाटल्या एका हप्त्याचे आवदेंत तिसरे पावटीं तिणें तीं फळां खुंटून हाडचीं. ह्या पयलें दोनपावटीं फळां खुंटून घरा पांवचे भितर 'आपणे तशें करचें नाका' म्हण तिका भोगल्लें; दान्येलामाक मोरोंक आधार दीजे म्हळ्ळो तिचो नीरधार तवळ बदलाल्लो आनी फळां आसल्लीं प्लासटिकाचें पोतें तिणें घरा भितरच हाडुंक नातल्लें. पूण आज, दान्येलामाच्या जिवितांत आन्येक दीस उदेंवचो नाका म्हण सेल्लिटीचेरीन नीरदार केल्लो आनी तिचो नीरदार घट आसल्लो.

वानांत घाल्लीं विकाळ फळां लागीं कर्न, हळद धाडावंक वापरून आसल्ल्या ल्हान फात्रांत तिणें हळतान धाडावंक सुरू केलें. दूतऱ्याच्या फळां भितरल्या बिंयांनी प्राण काडुंक सकचें वीक आसा म्हण ती ल्हान थावन जाणा आसल्ली. मनजातिंक वत्तां दीवन आसल्लो तिचो आजो, त्या फळांच्यो थोड्योच बियो मनजातिंक दिंवच्या वत्तांक भरिशतालो; 'मितीन दिल्यार आमाल जाता आनी चड सेवल्यार प्राणच वेता' म्हण तिच्या आज्यान सांगल्लें सेल्लिटिचेरिच्या उडासांत खंचोन आसल्लें. दूतऱ्याच्या फळाविशीं उपरांतयी तिणें वाचल्लें.

फळां भायल्लीं मोव सरलां फुटोन, भितरल्यो बियो फात्राच्या मारांक चेंचोन वेताना पाटल्या दिसांनी आपणाक मोरोंक सोड म्हण दान्येलाम हट कर्न आसल्लें तिच्या दोळ्यां मुकार आयलें.

चडुणें एका मयन्या थावन दान्येलामाची पिडा चड जाल्ली. ताचें मेळें सगळें घर घाणांवचे तितलें वास येतालें. तो घड्ये घड्येक म्हेळें करतालो. म्हेळें काडचे खातीर, दान्येलामाची कूस परतुंक ती लाग्गीं गेल्ले तक्षण दान्येलाम रडोंक धरतालो. ताका कटीण दुक्तालें.'नाका. नाका.'म्हणचेपरीं तकली हालायतालो. दूक आसल्यारयी उज्वो हात आड धर्न आपणाक आपुडनाका म्हणचेपरीं आडावंक प्रेतन करतालो.

दान्येलामाक हेरांनी उलयिल्लें आयकातालें, समजतालें पूण जाप दीवंक मात्र ताका उत्रां सुटानातल्लीं. ताची जीब हालानातल्ली. तो फकत ताळ्यांत किर्तें आवाज करतालो. तकली हालायतालो. एकेक पावटीं उज्वो हात हालावन किर्तें हात–भाशेंत कळोवंक प्रेतन करतालो.

त्या सकाळीं दान्येलामाचें हट विशेस जाल्लें. हालानातल्ली दावी आनी दुकिची उज्वी कूस सगळी घट कर्न, सेल्लिटीचेरीन कूस परतुंचेच नाका तशें केल्लें. तकली उकलून उकलून उश्याक धाडायिल्ली. अस्वश्ट आवाज करित्त रडोन रडोन ताणे करची विनंती सेल्लिटीचेरीक समजताली. हेरांक समजनातल्लो दान्येलामाचो आवाज ती मात्र अरत करुंक सक्ताली.

'हांव किर्तें करूं. हांव तुजो प्राण कशें काडूं.'तिणें विचारल्लें. दान्येलामाच्या दोळ्यांनी दुकां भरोन आसल्लीं. दान्येलामाक उलोवंक जाल्लें तर किर्तें तरयी जाप दितो कोण्णा. तो परत परत आवाज कर्न आपणाक मोरोंक सोड म्हण ओत्ताय करतालो. सेल्लिटीचेरीक तडवोंक जाल्लें ना. तीय रडल्ली

ताचे आटेविटे सेल्लिटीचेरिचें काळीज कडयताले.'अय्यो देवा. कितलें व्हळवळयताय. हाचेर दया दाकय. ताका सोसुंक जायना तुका दिसतामू?'दान्येलाम निदोन आसल्ल्या खाटी वयर वोणदीर आसल्ल्या खूरसायिल्ल्या क्रिसताचे इमाजेक पळेवन पोरात्तिल्लें सेल्ली टीचेरीन.

'ना. तुका बोवश्या शीदा मोरोंक भोगेवंक ना. वीक पियोन्च मोरचें तुज्या हण्याचेर बरयलां तर हांव कशें आडांव?'तिणें रडोन सांगल्लें. आनी तेच वेळार तिणें दान्येलामाक संसारीं कषटांथावन सुटका दिंवचो नीरदार केल्लो.

चडुणे तीन वरसांपयलें, धाव्या कुशिचे हात–पांय पूरते बेकार करची आर मारचे आधीं, दान्येलाम फीरगजेंत कारबारी म्हनीस. लगबग तीस वरसां पेंटेंतल्या कोपोरेटीव बेंकांत काम कर्न निवृत्त जाल्लो. लोक ताका 'सोसायटिच्या बेंकाचो दान्येलाम' म्हण ओळकातालो.

तो निवृत्त जाल्ल्या पांच वरसांनी सेल्लिटीचेरियी इगरजेच्या प्रायमरी इसकोलाथावन रिटायरड जाल्ली. आपल्या भूरग्यांक तांणीं बरें शिकप दिल्लें. काजार जाल्ले तेग पूत आनी दोगां धुवो आपल्या कुटमां सांगाता गल्पांत बरया कामार आसल्लीं. निवृत्त जाल्ल्या उपरांतयी दान्येलाम आनी सेल्लिटीचेर फीरगजेच्या संग–संस्थ्यांनी सेवा कर्न आरामायेर आसल्लीं. पेनशन मेळतालें, गल्पांतलीं भूरिगंय चुकानासतां पयशें दाडून आसल्लीं.

आदले कश्टांचे दीस सरोन, बसोन खांवचे दीस लाग्गीं पावले म्हणत्ताना दान्येलामाक आर मारल्ली. दाव्या कुशिचे हात–पांय बेकार जाल्ले आनी उलोवणेंय बंद जालें. दोन मयने आस्पत्रेंत दवर्न ओक्तां केलीं, फिशियोथेरपी जाली; घरा हाडन आयुर्वेदीक तेलां मालीश केलीं. दान्येलामाच्या भलायकेंत अपेक्षिल्लें बरेंपण जालें ना. उज्व्या हातांत दांडो धर्न चल्चे तितली भलायकी सुध्राली, तोंडांत आवाज मात्र सुटतालो, पूण तो कितें उलयता तें समजना जालें.

'कितलेशे जण आर मारल्ल्या वेळारच मोर्न पावतात खंय. हाकायी तशेंच जाल्लें तर कितलें बरें आसल्लें' भोगलें सेल्लिटीचेरीक वानांत चेंचोन गेल्ल्या दूतऱ्याच्या फळांक आनीकयी धाडायताना.'थोडे दीस दूक भोग्तें, पूण अशें वळवळोन वळवळोन, निमाणे आपलेच बायलेच्या हातांनी वीक पियेवन मोरचें नीरबागपण तरयी चुर्के' ती कळवळ्ळी. आपणेंच वीक वाटून दिंवचें चिंतून ती आपणायितल्याक रडली.

दान्येलाम पयलें थावन कटीण स्वाबिमानाचो, हट चिंत्पाचो म्हनीस. हेरांचेर केदनांय होंदोन जियेवंक ओपवोंचे तसलो न्हय. आपूण कसो, तशें हेरांनीय आपणाचेर होंदोन आसोंक नजो म्हळ्ळ्या चिंत्पाचो. तशें जाल्ल्यान्च जाव्येत आर मारल्ले थावन दान्येलाम भिगडोन गेल्लो. आपूण हेरांक भोर जालों म्हळ्ळें ताका कटीण धोसतालें जायजे. आस्पत्रे थावन घरा हाडल्ल्या तीसऱ्या मयन्यांत, गल्पाथावन आयिल्लीं भूरगीं सरव पाटीं गेल्ल्या उपरांतलें तें घडीत सेल्लिटीचेरीक परत उडसाक आयलें.

ते दीस चरोवाक भांदल्ल्या गोरवांक सावळेक भांदुंक म्हण सेल्लिटीचेर लच्चिलाक गेल्ली. घर कामाचें जिल्ली बांयच्या काट्यार वसतुरां उंबोळतालें. सेल्लिटीचेर घराभितर सरतना दान्येलामाच्या कुडांत पडल्लो आवाज जाल्लो. सेल्लिटीचेर थंय पावोंक थोडीं मिनुटां तडव जाल्लो तर, जनेलाक भांदल्ल्या लुंगेक दान्येलामान गळपास घेवन जातो! असकत आसल्ले दावे कुशिंत बेत धर्न, उज्व्या हातांत लुंगेची एक कूस वयर जनेलाच्या सरळाक भांधून आन्येका कुशिंत गळपास भांदल्लो दान्येलामान. पूण वयर भांदल्ली लुंगेची

ꣳ

गांट निस्रोन दान्येलाम गळयांत आसल्ल्या गळपासा समेत सकला पडल्लो. तितल्यार सेल्लिटीचेर भितर पावल्ली.

तवळ तशें करताना मेल्लो तरयी बरें आसल्लें म्हण सेल्लिटीचेरीक दान्येलामाचे आतांचे संकश्ट पळेवन भोग्तालें. पूण दान्येलामाच्या हण्यार बायलेच्या हातांत वीक पियेवन मोरोंक भोगयलां तर चुकोवंक जाता?

गळपास घेंवचें आडायिल्ल्या बायलेचेर खूब चीडल्लो दान्येलाम. ताळो पिंजून ताणे मारल्ले बोबेक सेजारचीं धांवोन आयिल्लीं. तो कितें सांग्ता तें समजनातल्यारयी आपूण बरो जायना, आपणाक मोरोंक सोडा म्हण तो विचारता तशें समजोन घेतलें आयिल्ल्यांनी. त्या उपरांत दान्येलामाक एकल्याकच सोडचें नातल्लें. दीस–रात ताचेर एकच सेल्लिबाय न्हय तर जिल्ली दोळे दवरूंच आसल्लीं. दान्येलामाक परत जीवगात करूंक अवकासच मेळ्ळो ना.

पिडा आनी पिडेवरवीं भोगच्या असहायकपणावरवीं दान्येलाम पूरतो देदेस्पोर जाल्लो. आपणाचोच एक दोळो तशें आपणाची चाक्री करच्या बायल सेल्लिटीचेरिचेर आनी बापाय तितल्या मोगान पळेंवच्या सरवेंट जिल्लिचेर तो चिडोंक लागलो. खावंक दिल्लें जाय जाय म्हण शिंपयतालो, तोंडांत घाल्लें खाण–पिवन थुकून उडयतालो, उटोन कमोडार बसोंवच्या पयलेंच बेड्डाचेरच मेळें करतालो, कितेंय बरयान सांगल्यारयी रागान आवाज करतालो. थोडेपावटीं कितली ओत्ताय केल्यारयी खावंक आयकानातल्लो. आपणाक जिवेशीं मार ना तर मोरोंक सोड म्हण आवाज कर्न ओत्ताय करतालो. आपणाक तांक्ता तितल्या सोसणिकायेन सेल्लिटीचेर दान्येलामाची चाक्री करताली. दान्येलाम कितें सांग्ता तें ताच्या आवाजांन्च समजोंक सकल्ली सेल्लिटीचेर. दान्येलामान तशें हट करताना ल्हान भूरग्याक इसकोलांत शिकंवचेपरीं मोगान ताका समजयताली, कितले दोशी जाल्यारयी पूरपूरनातल्ली. पूण दान्येलाम कितेंच सुध्रालो ना.

आर मार्न पूरतीं तीन वरसां जायजे तर आन्येक अन्वार आयलेंच. दान्येलाम न्हावंक वेल्लेकडे नाण्येंत निस्रोन पडलो आनी तशें पडल्ल्या ताच्या उज्व्या कुशिचें कुटाचें हाड आनी उज्व्या बावळयाची गांट चेंचोन गेल्यो.

शेरांतल्या नांवाड्डीक आस्पत्रेक वेलें.'हेरांक तर ओपरेशन करयेतें.'म्हळें थंयच्या व्हड स्पेशलिसट दात्तेरान, ओपरेशन करूंक दान्येलामाची जेराल परिगत बरी ना; ओपरेशन केल्यार तो वेग्गीं मोरतालो, ताका ओपरेशनाचो भोर सोसुंक जांवचें ना. मात्र न्हय ओपरेशन कितलें फळाधीक जायत म्हणोंकयी जायना, हाड तशें चेंचोन गेलां; कोंपलिकेशन जाल्यार दूक आतांचेपरास चड जातेली. तुमी ओपरेशन करा म्हळ्यार करयेता दात्तेरान कितेंच भरवासो दिलो ना.

'जाल्लें जाता. एकावेळा ओपरेशनाच्या वेळारच देव ताचो उडास करीत तर बरें, हे संकट निवारतात. ताणें कितलें म्हण सोसचें.'म्हण चिंतलें सेल्ली टीचेरीन, पूण आपली खुशी कळवंक सेल्लिटीचेरीक अवकासच लाभलो ना. गल्पाथावन तेगयी पूत आयिल्ले. तांणीं 'आनान ओपरेशना वेळार मोरचें नाका. असोच आसता तितले दीस आसोंदी' म्हण नीरदार केलो; थोडे दीस आस्पत्रेंत दवर्न दान्येलामाक घरा हाडलो.

आयिल्ले पूत पाटीं गेले. सेल्लिटीचेरिची पुल्गात्र चडोन गेली.

त्या उपरांत दान्येलाम पूरतो बेड्डाचेर पडलो. उटोवन बसवंक गेल्यार ताच्या कुटाच्या आनी बावळयाच्या हाडांत दुक्तालें जाल्ल्यान आराबायो दितालो. तवळ तवळ कूस परितनांत तर पाटिचेर खिणां पडतीत म्हण

ꣳ

दात्तेरांनी चत्राय दिल्ली. पाटिचेर खिणां पडल्यार 'खिणां पडोन मेलो' म्हण लोक उलोवंक आसा म्हळळे कावजेणेन, दिसाचें कशेंय जालें रातिंय तवळ तवळ उटोन दान्येलामाची कूस परतून, ताणे भिजायिल्लीं आनी मेळें केल्लीं वसत्रां काडताली सेल्लिटीचेर. तिच्या दीस आनी रातिंत चड फरक ऊरलो ना.

एकाच मयन्या भितर, दान्येलामाचो जड जीव उकुलन उकुलन सेल्लिटीचेरीक पेंकटांत दूक सुरू जाली.'बागोन जडायेचें उकलुंक वचनाका' तिच्या दात्तेरान सलहा दिल्ली. दान्येलामाची कूस परतुंचेंच व्हड समस्सो जाल्लो. दान्येलामाक कुसकूट दया नातल्ली. तो पयलेंचेपरास चड दोशी दीवंक लागलो. दोनयी हात आनी दोनयी पांय पूरते बेकार जाल्ले. दावी कूस हालानातल्ली, उज्व्या कुशिंत दुक्तालें. ताचें हट, राग, किंक्राट्यो दिसानदीस चडोन येताना 'देवा हाका कित्याक कश्टिताय. वेगीं मरण धाड' म्हण मागोंक सुरू केलें सेल्लिटीचेरीन. देव तिचें मागणें आयकाना जालो; पावानातल्ल्याक हे परयांत घरकामाक आधार जावनासल्लें जिल्लीय कितें नीब दीवन काम सोडन गेलें!

जिल्लिच्या जाग्यार एका पाटल्यान एक चोवगां जणां येवन गेलीं. एकलिंय दान्येलामाच्यो दोशी सोसुंक सकलीं नांत.'तूं सांबाळ दीवंक पाटीं करिनाका. कितलें जाल्यारयी व्हड ना' पूत फोनाचेर सांगताले. पूण सांबाळाचें उतर काडिनासतां कामाक आधार दीवंक आयिल्ल्यो चलियो एक दोन हप्त्यां प्रास चड दीस रावल्योनांत.

'कश्ट जातात तर आनाक खंय मातारयांच्या घरांत न्हय तर नरिसंग होमांनी दवरयां.'पुतांनी सलहा दिल्ली.

बायल–भूरगीं आसताना मातारयांच्या घरांत वा आसऱ्यांत दवरल्यार लोक कितें उलोवंक आसा. ते शिवाय अशें बेकार जाल्ल्यांक खंच्याय आसऱ्यांत घेनांत म्हण सेल्लिटीचेर जाणा आसल्ली. आनी नरिसंग होमांत दवरल्यारयी सांगाता रावोंक आपणेंच वचजे. घर आनी आस्पत्र म्हण धांवोन धांवोन जांवच्या पुरासणेचो तिका बरो अनबोग आसल्लो.

दान्येलामाची दीस रात खबर घेवन आसल्यारयी परिगत सेल्लिटीचेरिच्या विरोदच आसल्ली. दान्येलामाच्या पाटीर आनी पेंकटार व्हड जयत खिणां पडलिंच. सेल्लिटीचेर निरासली. खिणां दिसानदीस व्हड जायित्त येतालीं.

आयुर्वेद तेल लायल्यार ते घाय सुक्तात म्हण कोणे सांगलें. बोतले वयर बोतल्यो तेल हाडन लायल्यारयी दान्येलामाच्या खिणांनी कितेंच बरेंफण जालें ना. पांयाच्या आनी बावळयाच्या हाडांच्या दुकी सांगाता पाटीर पडल्ल्या खिणांच्या दुकीन दान्येलामाचे संकश्ट चडोन गेल्ले. कूस परतुंक गेल्ल्या हर पावटीं ताचे वळवळे पळेवन सेल्लिटीचेरीकयी पुरो जाल्लें. तो आतां हर वेळार आपणाक मोरोंक कुमोक कर म्हण ओत्ताय करतालो.

' ताणे कितलें व्हळवळचें. वेगीं मोरोंक कितेंय ओक्तां आसल्यार दी' दान्येलामाच्या प्रेशराच्यो गुळींऽ हाडुंक गेल्लेवेळार दात्तेराकडे तशें विनंती करताना सेल्लिटीचेर रडल्ली.'तो बरो जायना. असोच आनी थोडो तेंप मात्र वांचत.'दात्तेरान तिका समजवंक पळेल्लें.

' पूण कितलो तेंप?'सेल्लिटीचेर पूरती हरवोन गेल्ली.

' तें कशें सांगचें. मनश्याचें आवक देवाकच कळीत.'जाप दिल्ली दात्तेरान.

ꝏ

’ तो कसोय बरो जायना. बरो जावन ताणें चल्चेपरिंय ना. अशें कश्टोन दूक सोसून मयन्याच्या मयने ऊरचेपरास ताणें वेग्गीं मेल्लें बरें न्हय डोकटर. ताका मोरोंक आधार जांवचें कितेंय केल्यार खंडीत देवा मुकार आमी गुन्यांवकार जांवचेनांव. ताणें वळवळचें म्हज्यान सोसुंक जायना. ताणें वेग्गीं मोरजे डोकटर. दयामरण जाय म्हणचे चूक मागानांत. व्हळवळे सोसुंक जायनासतां मोर्न मागचें सारकें.’सेल्लिटीचेरीन विवश जावन सांगल्लें.

कटीण पिडेंत वळवळोन आसच्या पिडेसतांनी, आनी थोडेपावटीं त्या पिडेसतांच्या लागशिल्यांनी निरासोन मोरोंक मागचें दात्तेराक नवें न्हय. पूण सेल्लिटीचेरीन आपल्या घोवाक दयामरण दिंवचेविशीं खंडीत नीरदार केला म्हण दात्तेराक कितें कळीत?

वानांतलीं फळां पूरतीं चेंचोन जाताच, रोस काडन ग्लासांत भरलो सेल्लिटीचेरीन. पिटो जायनासतां ऊरल्लें फळांचें चिंवट काडन, उदक घालन बरें कर्न वान धुलें. चिंवट वर्न घरापाटल्या जीरयेंत उडयलें. दान्येलामाच्या मोरनाक आयिल्ल्या कोणायकयी दुबाव जायनाशें साध्य ती चत्राय घेतल्ली सेल्लिटीचेरीन. दूत्र्याच्या फळांच्या रोसा बदलाक फुलां झडांक घाल्चें क्रिमिनाशक दिल्यार प्राण वेग्गीं तुटता म्हण तिका कळीत आसल्लें. पूण क्रिमिनाशकाच्या घाणीन खंडीत वीक दीवन लगाड काडलां म्हण आयिल्ल्यांक कळीत जातें. तें सरव चिंतून सेल्लिटीचेरीन रान्वट वीक तयार केल्लें.

दूत्र्याच्या बियांच्या विकांत प्राण कसो तुटता, प्राण वेताना कितें जाता, मेल्ल्या कुडीक पळेल्यार वीक दीवन लगाड काडलां म्हण हेरांक कळीत जायत वा ना. सेल्लिटीचेरीक असल्या गजालिंचो अंदाज नातल्लो. दुभाव जाल्ल्या कोणेंय तक्रार केल्यार खुन्येच्या अपराधाचेर आपणाक जयल जायत म्हण सयत तिणें चिंतुंक नातल्लें. मरोंक लाग्गीं जाल्ल्या दान्येलामाक वीक दीवन लगाड काडल्लें हेरांक कळीत जाल्यार आपल्या भूरग्यांच्या गुमनाक गेल्यार कितें सरव अक्मान आनी लज भोगुंक आसत म्हण कुसकुटा तितलो जोप असल्लो तर ती वीक तयार करती ना.

ग्लासांत आसल्लो रोस घेवन उटतना सेल्लिटीचेरीक ’आपणे अशें करिनाये’ म्हण परत भोगलें.’मनश्याक जीव दिल्ल्या रचनराक मात्र तो जीव काडुंक हक्क. देवाच्या नीरमोण्या विरोद मनश्यान करिनाये’ तिचें अंतसकर्न तिका कांतावंक लागलें.

पूण दान्येलामाचे ते वळवळे, ताची दूक, ताणे भोगचे ते संकश्ट. तें सरव पळेताना ताका वेग्गीं मोरोंक कुमक करचें ताचो प्राण काडचो न्हय, ताका संकश्टां थावन सुटका मेळाशें करचें. सेल्लिटीचेर आपल्या नीरदारांत असकत नातल्ली.

’ इतलीं वरसां ताची चाक्री केलीय. आनी थोडे मयने. वांचोंदी. ताची तुवें कित्याक खून करची’ तिचें अंतसकर्न परत बोबाटुंक लागलें.

’ ही खून न्हय. हें दयामरण’ तिणें आपणाक समधान केलें.

दान्येलामाच्या कुडाक वेताना तिचे हात कांप्पाले. काळजाची उडणी एकानेक चडोन गेल्ली.’जेजू मरी जुजे म्हाका पावा.’म्हणाली सेल्लिटीचेर आल्तारेक पळेवन, ’हें तुजेंच नीरमोणें. हांव तुज्या हातांत एक हातेर मात्र’ म्हणाली सेल्लिटीचेर जेजुच्या पवित्र काळजाचे इमाजेक पळेवन. चडीत घळाय केल्यार आपणे

कश्टान केल्ल्या नीरदारांत धंडोळोन, ग्लासांतलें वीक भायर उडयन म्हण आपणाचेरच अपधयर भोग्तालें सेल्लिटीचेरीक.

दूतऱ्याचिंफळां हाडुंक वेचेपयलें, दान्येलामाची कूस परतून, वोणदीक मुसकर कर्न आड निदायिल्लें सेल्ली टीचेरीन, त्या वेळारयी दान्येलाम रडल्लो. पाटिचीं खिणां नितळ करताना दुकीन ताचे आटाविटे म्हनीस जाल्लो पळेंवचेपरीं नातल्ले. घाणीन भरल्लें पाताळ मेळें त्या घायांक लागल्ल्यान ते चड दुक्ताले जायजे. दान्येलामाच्या ह्या कश्टांक एक अंत्य सेल्लिटीचेरीन तयार केल्लें.

खावंक–पियेवंक दिताना दान्येलामाक उदारें निदोवन ताच्या मात्या पंदा चडीत एक उशें दवरचें आसल्लें.

हातांतलो ग्लास लागशिल्या मेजाचेर दवर्न, कुशीन दवरल्लें उशें काडन दान्येलामाक निमाणेपावटीं उदारें निदोवंक वेताना सेल्लिटीचेर कसकसोन रडोंक लागली.

’ वीक दीनाका.’तिचें अंतसकर्न तिका सोडिना जालें.

आड नीदल्ल्या दान्येलामाच्या भुजांक धर्न हळू ताका उदारें करुंक गेली सेल्लिटीचेर.

दान्येलामान सदांचेपरीं दुकीन आवाज केलो ना. सेल्लिटीचेर पयलें विज्मीत जाली, तक्षण घाबरेली. दान्येलामाची कूड थंडगार जाल्ली.

दान्येलामान नीदल्लेकडेच प्राण सोडला म्हण सेल्लिटीचेरीक कळोंक वेळ गेलो ना.

*** ——— ***

# घूट

कुजनाक पावल्ले एलीजबायेक विजेची स्वीच दांबिजे तर पोटांतलें आडवाळून आयलें. वोंकचे आडावंक जायना म्हण सुसताल्लेंच ती कुजनांतल्या वाशिंग बेसिनाक सास्पोंक लागली. तें खंय आसा म्हण त्या काळोकांक कळचे भितर तिणें कुजनाच्या नेलाचेर वोंकून जाल्लें. खंय वोंक्तां म्हण सयत तिका जोप नातल्लो.

दोनपार थावन पोट मुर्डून आसल्लें. ते खातीर रात परयांत कितेंच खावंक नातल्ले तिणें मूटभोर शिताक नीस भर्सून रातिच्या जेवणाचें शासतीर केल्लें.

पोटांतलें सक्कड वोंकून वचून, थंयीच बसुंक आनी एलीजबायेची सून सिंती कुजनाक धांवून येवंक सार्कें जालें. वोंक्ताना जाल्ला आवाजाक उटून, बेडरुमाचो लायट घालन सिंती कुजनाक आयिल्ली; तो उज्वाड कुजनापऱ्यांत पडतालो.

’ हें कितें मांय कुजनांत वोंकून घालेंय’ पुर्पुरली सिंती, ’वोंकूक जाल्लें तर टोयलेटाक वचुंक जातें नाये. शेक्क कहली घाण’ आंग हिंवळायलें तिणें.

एलीजबायेन वोंकल्लें थोडें ग्रांयडराचेर सयत पडल्लें. वोंकिची आंबोट हिम्साण सगळ्या कुजनांत भरल्ली.

’ अय्यो म्हजे सावूद माये.’पिंर्गाली एलीजबाय, ’आडवळतालें देकून उदक पियेतां म्हण आयलिंगो पुता. हांगा लायट घालिजे जाल्यार तडवुंक जालें ना.’

’ आतां उटा.’सिंतीन एलीजबायेक हाताक धर्न उटयलें आनी भायर होलाचेर आसच्या सोफाचेर बसयलें, ’रातीं निदताना एक बोतल उदक लागीं दवरा म्हळ्यार आयकनांत तुमी. काळोकांत सास्पून येतना पांय चुकून पडून हाडां मोडल्यार फाल्यां गू–मूत भरुंक हांव आसा न्हये. आडवळतालें तर म्हाका उटोवंक कितें मांड्डेमार. सांगल्लें तर ओंवो भाजून कसाय कर्तेनांय ललिता. ओट्टारे हांव आसां दीसरात घसटो काडुंक’ फिल्टरांतलें उदक स्टीलाच्या लोट्यांत भर्तना म्हणाली सिंती. एलीजबायेक उदक पियेवंक दीवन, कुजन नितळ कर्च्याक ललिताक उट्वंक सर्वेंटाच्या कुडाक गेली सिंती.

ललिता वेग्गीं उटलें ना. ललिताक घेवन होलाक येताना एलीजबाय सोफाचेर आडच पडल्ली.

आड पडल्ले थावन व्हयर वयर उस्वास सोडतेली. सिंती कावजेली.’मांय. मांय’ म्हणात्त एलीजबायेच्या दोनयी हातांचे ताळवे आपल्या हातांनी घसटिले सिंतीन. एलीजबायेचे हात–पांय थंड जाल्ले. एलीजबायेन उस्वास चडीत बळान वोडुंक धरलो. सिंती पुर्तें भियेली. ल्हान आसताना आपले व्हडलिमांयन प्राण सोडतना अशेंच केल्लें सिंतिच्या मतिपडद्यार उदेलें.

आम्सोरान मोबायलाचेर सेजाच्या राघण्णक संपर्क केलो सिंतीन. घरापाटलो बाक्यार आनी बाक्यारा पाटली ल्हान गुज्जी उत्राल्यार राघण्णाचें घर. गर्जे–आकांताक एलीजबायेगेल्यांक राघण्णांच आधार.

’ म्हजी मांययी वोंक्ता म्हणटां’ म्हणालो राघण्ण, सिंतीन गजाल सांगल्लीच, ’. काळोक पडल्लेथावन पांच स पावटीं जालें. बायम्माय वोंक्ता म्हळ्यार. हांवें अम्माक व्हरुंक सुंदरण्णाचें कार सांगलां. कार आत्तां येंवचें जालें. अम्माक बसवन तुमगेर येतां. तुमी रेडी जाया. आस्पत्रेक व्हरयां.’

ಬ

दाकटुल्या अनिशाक ललिताचे ताबेन मात्र सोडुंक साध्य नातल्ल्यान, राघण्णाची भयण जलज सिंती घर रावुंक म्हण राघण्ण सांगाता कारार बसून आयिल्ली. राघण्णाची आवय कमलक्का पांच स पावटीं वोंकल्यारयी एलीजबाये तितली लाचार जावंक नातल्ली. एके कुशीन एलीजबायेक आनी दूसऱ्या कुशीक कमलक्काक बसोवन दोगांयक सांबाळण पाटल्या सिटीर मधें राघण्ण बसलो. सिंती मुकल्यान बसली. कार पेंटेंत दाक्तेर सुंदरण्णा क्लिनिकाक पावताना व्होरां रातिचीं देड उत्राल्लीं.

बोसक्यांबाच्या पेंटेंत दाक्तेरसुंदरण्णा पाटल्या कांय वीस वर्सां थावन क्लिनीक चलोवन आसल्लो. गडीस आसच्यांक क्लिनिकांत निदोवन ग्लुकोस चडोवन, तूर्त चिकित्सा दिंवच्यांत दाक्तेरान बरें नांव जोडल्लें. त्या पासात क्लिनिकांत च्यार बेड्डांची वेवस्था केल्ली. एक फोन केल्यार पुरो, दीस जांव रात जांव सुंदरण्णाचें कार मुडला गोलिमार थावन पडला कुद्रेपाडी पऱ्यांत खंच्याय सुवातेक पावतालें. पिडेसतांक चलुंक जायना तर डिक्केर दवरल्ल्या स्ट्रेच्चाराचेर निदोवन सुंदरण्णाच्या काराचो ड्रैवर, घराथावन कारा पऱ्यांत उकलून, कारार निदोवन क्लिनिकाक हाडतालो. पिडा सोधून काडन जोक्तें ट्रीटमेंट दिंवच्यांत हुश्यार जाल्ल्यान सुंदरण्णा दाक्तेरान त्या सुत्तुरांत बरें नांव केल्लें.

कमलक्का आनी एलीजबायेक एकामेकाक लागुन्च म्हळ्ळेपरीं आसच्या खाटिंचेर निदोवन, एकाच स्टांडाच्या दोन कुशिंक दोन बोतल्यो ग्लुकोस उमकळायलो दाक्तेरान. स्टांडार आसच्या ग्लुकोसा शिवाय व्हडल्या एका सिरिंजांत आनी कितें वोकत एलीजबायेच्या शिरांक शीदा तोपलें.

’ खाणांत कितें चडुणें जालां. फूडपोयजन म्हणतात तें. दोगांयनी काल सांगाता कितेंय खेल्लेंये. आसूं. सकाळीं भितर हुश्यार जातेलीं.’दाक्तेरान भर्वासो दिलो.

‘काल सांगाता खांवचें सादच ना. काल खंययी सांगाता वचुंक नांत. एकाच वेळार कशें पोयजन पडचें ’ म्हळें सिंतीन राघण्णाकडे, दाक्तेराक आयकानाशें.

’ ब्रेसतारा मात्र सांगाता बोसक्यांबा सांतेक येतात. आज आनीकयी बुध्वार. सांगाता खंय जेवणाकयी वचुंक नांत. काल अम्मा तुमगेर पूणयी आयिल्लिये’ दाक्तेरान दोगांयकी फूड पोयजन म्हळ्ळें राघण्णाकयी दुबाव जाल्लो.

’ हांवें पळेवंक ना. तांचेकडेच विचारिजे’ म्हणाली सिंती करंदायेन.

दोगांयक सांगाताच फूडपोयजन कशें जालें म्हळ्ळें मिसतेर तसो आसल्यारयी सुंदरण्णा दाक्तेराच्या ओक्तांनी तुर्तान काम केल्लें. इंजेक्षन तोपल्ल्या थोड्याच वेळान एलीजबायेन हळतान दोळे सोडले.

’ आनी तोंद्रे नांत. एलीजबायेन डयाबेटिसाचें ओकत मात्र खेल्लें, सारकें जेवंक ना दिसता आनी वोंक आसल्ली न्हयवे. रगतांत शुगर उणी जावन लाच्यार जाल्ली. ग्लुकोस दितेच हुश्यार जाली. दोन डोझ आंटिबयोटीक पडल्यार अनकीट नितळ जाता. आतां पोटाक कितेंय दीनाकात. ग्लुकोस पुरो’ म्हळें दाक्तेरान एलीजबायेची नाड पळेवन.

हातांक चडयिल्लो ग्लुकोस आनी दाक्तेर सुंदरण्णाक पळेवन आपूण आस्पत्रेक पावल्यां म्हण एलीजबायेक कळीत जाताना कमलक्का निदेंत घोरेताली.

ಐ

’ तुमी कालें खेल्लें मांय. तुमी आनी कमलक्कान सांगाता कांय खेल्लेंये. दाक्तेर म्हणटा तुमकां फूडपोयजन खंय.’सार्कें सनीन जाल्ल्या एलीजबायेचोविचार केलो सिंतीन.

तेवशिल्या खाटीर नीदल्ली कमलक्का म्हण सिंतीन सांगतानांच आपणें दोगांयनी कितें खेल्ल्यान अशें जालां म्हण कळोंक एलीजबायेक वेळ गेलो ना. पूण तिका सिंतिच्या पुर्पूरयांची इतली कावजेणी दोसतेली, सत गजाल सांगचे बदलाक ’नांगो पुता. आमी खंय सांगाता खांवचें. काल कुमेरीक खोली आरावंक गेल्लेकडे कमल उलोवंक आयिल्लें सोडल्यार आमी मेळोंकच नांव. आमी खांय खावंक ना हाबा. म्हाका सकाळीं थावन पोटांत घुंवडायिल्लेपरीं.’

’ खोली आरायिल्ल्यान न्हय’ मधेंच पडपाडलें सिंती,’. दोगांयनी कितें एकाच नमुन्याचें खेल्लें आनी तें पोयजन जालां म्हणटा दाक्तेर. दोगांयकी सांगाता मध्यान रातीक वोंक सुरुजावंक आनी कितें कुमेरिंतल्या कल्लूरटी भुतान पेट घाल्लोये’ हाताचेर भांदल्लें घडियाळ पळेवन पडपडली सिंती. व्हरां अडेज जाल्लीं.

एलीजबाये गेलो जागो आदीं कोणा दिवरांच्या ताबेन आस्‌६ल्लो आनी ते कुमेरिंत फातोर दवर्न कल्लूरटी भुताक पात्येताले. एलीजबायेची परिगत सुध्रोन आयिल्ल्यान,तिका राघण्णाच्या ताबेन सोडून, सिंती पाटीं घरा भायर सरली. त्या फांत्यार बोसकांब्यार रिक्षा आजून नातल्ल्यान सुंदरण्णाच्या काराच्या ड्रैवराकडे विनंती कर्न गेल्ला काराच ती पाटीं आयली. आयिल्लीच दुबाय आसच्या घोवाक फोन केलो आनी सगळी गजाल सांगली.

’ दाक्तेर सुंदरण्णा आदलो. मांयक हार्ट एटेक्क जावंक नामू. हार्टएटेक्क जाल्यारयी अशेंच वोंक्तात. केर करिना तर उरनांत. मांयक कूडले कोडियाळ आस्पत्रेक व्हर. बोसकांब्यार दवरी नाका’ म्हळें जोनान दुबाय थावन.

’ फूड पोयजन म्हणता दाक्तेर. दोगांयनी सांगाता कितेंय खेल्लें आसतालें म्हण दाक्तेराचो दुबाव. मांयक चेसटपेयन ना. बिपी सारको आसा. घाम कांय ना. मांय आतां बरी आसा.’सिंतीक ते रातीं सासूक घेवन कोडियाळ धांवुंक नाका आसल्लें.

’ . तशें कांय खेल्लें जाल्यार मांय सांगिनाये. मांय तशें अच्चार पाच्चार खायना. तिका डयाबेटीस आसाने. डयाबेटीस आसल्ल्यांक हार्टएटेक्क जाल्यार दूकच कळना बा. हांवें पेपराचेर वाचलां’ म्हळें जोनान.

’ तुका नाका जाल्लो दुबाव. नातल्ली पिडा मागानाका’ म्हणाली सिंती. ते रातीं घोवाक फोन करुंक नजो आसल्लें म्हण भोगलें तिका.

’ मांयक हार्टएटेक म्हण्च म्हाका डौट’ मधेंच उलयलो जोना, ’तुका कषट जातात म्हण म्हाका कळता डियर. प्लीज. मांयक आमी केर करिनासताना कांय चडउणें जाल्यार फाल्यां म्हज्यान सोसुंक जांवचें ना. जीणभोर मागीर तीच दासती उर्तेली. प्लीज मांय आतां कशी आसा विचार. हांवें दाक्तेराक फोन करिजे तर कर्तां. ताचें नंबर म्हजेकडे आसा,,बरी आसल्यार सकाळीं म्हणासर वेयट कर. फाल्यां मेंगलोर व्हर. ना तर प्लीज लेट करिनाका एमर्जेन्सी तर आतांच व्हर.’जोनान सिंतीक उलोवंक सोडिनासतां ओत्ताय केली.

ꠓ

सिंतीक तक्षण कितें जाप दिंवची कळीत जाली ना.'घरांत ल्हान भुर्गें आसा. ताका सोडन मातारेक घेवन कोडियाळाक धांवल्यार. आनी तिका कितें मोर्चीं प्राय जावंक नाये. हाका हाच्या आवयची मात्र खंत.'म्हण मतिंतच पुर्पुरून घोवाकडे, 'जायत' म्हण जडायेन सांगलें. जोनान फोन केल्यारयी एलीजबाय हुश्यार आसल्ल्यान सुंदरण्णा दाक्तेर तिका कोडियाळ वर्चें नाका म्हणतालो म्हण लेकलें सिंतीन.

कुजनांत एलीजबायेन वोंकल्लें पूरतें काडन नितळ केल्यारयी, आंबोट हिम्साण वचुंक नातल्ली. बातरुमांतलें डेट्टोल हाडन धरनीर शिंपडावन वसत्रांत पुसतना फोन लांब वाजलें.

' हांव दाक्तेराकडे उलयलों.'दुबाय थावन जोना फोनाचेर आसल्लो, 'मांय परत्यान वोंकली खंय. कोडियाळ वर्तात तर बरें म्हण दाक्तेर सुंदरण्णाय सांग्ता. प्लीज मां. तूं आतांच वच. पयशे आसात्मू. ना तर केनराचें आनी कोर्पोरेशनाचें दोनायचें कार्ड व्हर. प्लीज, मांयक हार्टएटेक जालां आसतालें. तूं शीदा हार्टाच्याच (फलाण्या) स्पेशल आस्पत्रेक व्हर.'जोना देदेस्पोर जाल्लो.

सिंतीक दुस्री वाटच नातल्ली. सुंदरण्णाचें कार हाडोवन परत बोसक्यांबाक पावताना सिंतीक नीद नासतां वारयार धलल्लेपरीं जातालें. एलीज बायेन क्लिनिकाक पावल्ले उपरांत तिस्रे पावटीं वोंकून जाल्लें.

तिच्या वोंकिच्या आवाजाक लागसार नीदल्ल्या कमलक्काक जाग जाल्ली. एलीज बायेन तसतांत वोंकल्लें टोयलेटाक उडोवंक राघण्णा गेल्ले वेळार, लागसर हेर कोण नातल्लें खात्री कर्न एलीज बायेन कमलक्का कडे विनंती केली, 'कुमेरिंत खेल्लेंच चडउणें जालां आसतेलें. तूं कोणायक कितेंच सांगिनाका. राघुकडेय सांगिनाका. कळ्ळयार म्हजी सून मात्याक चिमणेल वोतून उजो दीवंक आसा'

' आसुंक पुरो. ते पोरचेने. हून करुंकयी नातल्ले तुका हाडन दिंवचें म्हाका नाका आसल्लें. हांव सांगिना. कळ्ळयार जलजाय म्हाका सोडचें ना' कमलाक्कान उतर दिताना राघण्णा पाटीं आयिल्लो.

तुर्तान कोडियाळ व्हर्चीं विलेवारी जायित्त आसतां आसतानांच एलीज बायेक जायित्तो सुशेग भोग्तालो. नीद नातल्ल्यान तकली जड जाल्लेपरीं जातालें सोडल्यार पोटांत मूरडोन येंवचें, आडवाळचें पूरतें उणें जाल्लें.

' आतां कोडियाळ वेचें नाका. हांव बरीं आसां. पिंत चाळवाल्लें दिसता' म्हळें तिणें सिंतिकडे.

' दुबाय थावन फोन आयलां. तुमच्या काळजाक घडगडो मारला म्हण तुमच्या मोगाच्या पुताक दुबाव. सांगल्यार समजना. फाल्यां आनी कितेंय चडउणें जावन तुमची चिमणी पुक्क जायत तर पोंड काडन तुमचे सांगाता म्हाकाय जिवेंच पुरुंक आसा तुमचो पूत. कांय खेल्लेंयवे तुमी. कांय खावंक ना तर फूड पोयजन कशें.? ओट्टारे म्हजे ग्राच्चार सार्के आसल्यार न्हयवे. भुर्गो घरा आसा' सिंती देदेस्पोर जाल्लें.

खेल्लें कितें म्हण आतां सांगल्यार कोडियाळ वेचे रगळे निवार्तीत म्हण एलीजबायेक भोगल्यारयी सुनेकडे सांगुंक तिका कावजेणी सुटलीच ना. वचून येतां म्हण कमलक्काकडे सांगून ती सुंदरण्णाच्या क्लिनिकाथावन कोडियाळ भायर सरली.

आपल्या आवयकयी एलीजबाये सांगाता कोडियाळ व्हरिजे म्हण राघण्णाक भोगलेंच ना. सुंदरण्णा दाक्तेराच्या क्लिनिकाक येंवचेपयलेंच धाराळ वोंकून गेल्ल्यान जाव्येत, कमलक्का क्लिनिकाक पावल्ले उपरांत

परत वोंकुंक नातल्ली. दात्तेर सुंदरण्णाचेर पात्येणी आसल्ली मात्र न्हय, आवयक कोडियाळ व्हड प्रायवेट आस्पत्रेंक व्हरचे तितली तांकयी राघण्णाक नातल्ली.

एलीजबायेक आनी कमलक्काक गोलिमारांत सुबरमण्याचे जोडी म्हण आडनांव आसल्लें. चडउणें पन्नास वर्सां आधीं, एकाच मयन्यांत म्हळ्ळेपरीं काजार जावन तीं गोलिमाराक आयिल्लीं. तांच्या तांच्या मांवाच्या काळार थावन एलीजबाय आनी कमलक्काचीं दोनयी घराणीं लागसिलीं. जातिंत विंगड तरयी वावरांत एकच– मठाचे गादे सागोळी कर्न गेण दितालीं. आतां गेण दीवंक नासतां भुंय–बेट स्वंतनांवार जाल्यारयी दोनांय घरण्यांमदली इश्टागात उणी जावंक नातल्ली. एकामेकाक लागून गादे आनी बेट आसल्ल्यान दोनांय घरच्यांनी सांगाता जोतां भांदून गादे कोसचें, सासुंपरिंच एलीजबायेन कमलक्काच्या गाद्यांनी, कमलक्कान एलीजबायेच्या गाद्यांनी घोळचें आसल्लें. चडताव वावर वज्याय जातालो, आनी किर्तेंय चडीत जाल्यार दिसाची कूल लेक कर्न भात वा तांदूळ मेजून दितालीं, थोडेपावटीं कमलक्का एलीजबायेक आनी एलीजबाय कमलक्काक.

ह्न्येका ब्रेसतारा खबरो उलयित्त दोगांयनी बोसक्यांबा सांतेक वचून येंवचें, फेसतां–परबेंक घरा केल्ली पोळी हेवशीन तेवशीन करची तांकां रिवाजच जाल्ली. मोंती फेसताक, नतलां आनी पासकां फेसताक कमलक्कागेलीं एलीजबायेघर आयल्यार, चोवत, अषटमी, दिवाळे तसल्या फेसतांक एलीजबायेगेलीं कमलक्काच्या घरा वेतालीं. गोलिमरांत मारिपुजा आसल्यार एलीजबाय रांदिनातल्ली. मारिपुजा दीस हिंद्वांच्या घरांनी मार आंबुडन जाता परयांत जेवंक वचुंक नजो म्हळ्ळी एक रिवाज गोलिमारांत आसल्ली, ती एलीजबाययी पाळतेली. मार पोल्तोडी आंबुडन जाताच कमलक्का मारी दीस भांदल्ल्या कोंब्याचें रांदल्लें मास आनी पोतेंबोर बाकऱ्यो एलीज बायेक धाडन दिल्यार, गोलिमार फिर्गजफेसता दीस सांजेर कमलक्काचें सगळें घराणें एलीज बायेन रांदल्लें दुक्राचें मास, काळीजअनकीट अनी सन्नां खावन वेतालें. घुटान सयऱ्यांक हाडल्लो सोरोय कमलक्काक चाकुंक दिताली एलीजबाय.

तीन वर्सां पयलें धर्मार्थ मेडिकल चेकअाप कर्तना दोगांयकी इल्लेशें डयाबेटीस आनी बिपी आसा म्हण दात्तेरान सांगल्लें. ते उपरांत बोसक्यांबा सांतेक गेल्लीं चुकयनासतां मयन्याक एक पावटीं सुंदरण्णा दात्तेराकडे दाकोवन सदांय सकाळीं खावंक एक शुगराची गुळी आनी रातीं घेवंक एक बिपिची गुळी हाडतेलीं. दोगांयच्यो गुळियो सयत एक थर आसल्ल्यो. दात्तेरान फर्मायिल्ले उपरांत एलीजबायेघर सिंती आनी कमलक्काक जलजा गोडशें आनी मिटाचें किर्तेंय खावंक सोडिनातल्लीं. तेवरवीं जाव्येत दोगांयची जेराल भलायकी बरी आसल्ली.

आयलेवार परिगत बदलाल्ली. पूत जोना दुबाय पावल्लोच एलीजबायेच्या सुनेन सागोळी बंद केल्ली. पऱ्या घराड्येरच टेरेसाचें नवें घर उभें केल्लें. एलीजबायेच्या घरा सून सिंतिचें कारबार तर कमलक्काच्या घरा तिच्या धुवे जलजाचें. कमलक्काचो पूत राघण्णा मात्र आपले आनी थोडेपावटीं एलीजबायेचे गादे (पणगील सोडिनाये म्हण बायम्मा ओत्ताय कर्तेली जाल्ल्यान)घोळून आसल्लो. ताची बायल चडताव कुळाराच उर्तेली. दुडवान अंतसत चड केल्यारयी एलीजबायेची आनी कमलक्काची कांय पन्नास वर्सांची इषटागत उणी जाल्ली ना. आतांय तीं ब्रेसताराचें बोसक्यांबा वेतालीं. एकामेकाचे कश्ट दूक वांटून घेतालीं. घरा रांदल्लें रुचिचें आसल्यार लिपोवन वोंटियेंत दवर्न खंय कुमेरिंत, खंय गाद्या मेरेर आश्यार पाश्यार कर्तेलीं.

एलीजबाय कोडियाळ हारटाचाच स्पेशल आस्पत्रेक पावताना भायर हळतान उज्वाडल्लें. कारार थावन देंवल्लीच पाटीं मुकार विचारिनासतां म्हळ्ळेपरीं एलीजबायेक इंटेन्सीव कोरनरी केर म्हण बोर्ड लायिल्ल्या

वार्डा भितर वेलें. पयिल्लें तिचें नेसल्लें वसतूर निकळायलें, लांब जुब्बा नेसयलो आनी हाताक ओळकिचें स्टऱ्याप रेवडावन तिका एक नंबर दिलें. हाताच्या शिरांक सुवियो तोपल्यो, हर्द्यार, हाताक आनी पांयांक वायर शीरकायले. नाका–तोंडाचेर आक्सिजन मासक दवरलें.

’ आपणाक काळजाचे उपाद्र नांत. सकाळीं कमलक्का सांगाता कुमेरिंत खोली आरयताना खेल्लें चडउणें जालां’ म्हण थंयच्या नर्सांकडे सांगिया म्हळयार, तीं एलीजबायेक आयकोंचेपरीं नातल्लीं.

सार्की कन्नडच समजुंक कषटोंच्या एलीज बायेकडे नर्सान मलयाळिंत किते सांगून एक सुवी तोपली.

खिणान एलीजबायेक मार्नउडयिल्लेपरीं नीद आयली.

***

कमलक्काक ते सांजेरच दात्तेर सुंदरण्णान चडीत दोन दिसांचें ओकत दीवन आपल्या क्लिनिकाथावन डिसच्यार्ज कर्न घरा धाडलें.

’ एलीज बायम्माचें हार्ट सार्के ना खंय’ रिक्ष्यार घरा येतना राघण्णान आवय कडे सांगलें.’तीनच्यार कडे ब्लोक आसात. आज कोण्णां हार्टाभितर किते लायट घालन पळेलो खंय. तिका फाल्यांच ओपरेशन दवरलां. जोना दुबाय थावन भायर सरला म्हण सिंतिचें फोन आयिल्लें’

आयकून आपलेंच काळीज शिंदल्लेपरीं जालें कमलक्काक.

आतां तरयी पुताकडे आपणें आनी एलीजबायेन कुमेरिंत खेल्लें किते म्हण सांगियां म्हण कमलक्काक भोगल्यारयी, राघून सिंतिकडे सांगून सिंती कांय एलीजबायेक वयर–पंदा करीत म्हळ्ळे कावजेणेन गजाल पुताकडे सयत सांगली ना तिणें.

’ हांवें कितलें सांगल्यारयी आयकानातल्ली. मिटांत घाल्ले गरे, पाल्पोणोस सुके रांदल्ले खांवचे म्हळयार खंय नातल्ली आशा तिका.’कमलक्का म्हणाली.

’ तुकाय खोंयगाली उणी ना. सांगल्यार आयकनांय’ दुर्सालो राघण्णा, ’पोयर रांदल्ले मिटांतले गरे कुंडलें पुसून खेल्लेय खंय तुवें. जलज कडे येंवच्या वर्सा थावन मिटांत गरे, आंबे कितेंच घालुंकच नजो म्हळ्यात हांवें.’

राघण्णान तशें सांग्ताना कमलक्काचें मुसकर चिंवळोन गेल्लें राघण्णाक कळ्ळें ना.

आपणें आतां तरयी घूट पोडचो बरो म्हण भोगल्यारयी एलीजबायेन आस्पत्रेंत विनंती केल्लो उडास तिका आडकळ जालो.

त्या उपरांतल्या दूसऱ्या ब्रेसतारा बोसक्यांबा सांतेक आनी थंय थावन दात्तेर सुंदरण्णाकडे दाकोवंक म्हण कमलक्का एकलीच गेली. तशें वेतनांय तिचें अंतसकर्न खांतायतेलें. आपणागर रांदल्ले मिटांतले गरे जलजाक कळीत जायनाशें लिपोवन, कट्टेंत वर्न एलीजबायेन कुमेरिंत खोली आरायतना दिल्ले, तिणें आशेन खाताना आपणेंय दोन कुडके खेल्लें दोगांयक वोंक सुरू जावंक कारण म्हण कमलक्काक स्वश्ट जाल्लें. वेळार ही गजाल सांगल्ली तर एलीजबायेचेर असलें अनाहूत जातें ना म्हण मात्र कमलक्काक भोग्तेलें.

पूण त्याववीं आपणाक कितेंय जायनासतां एलीजबायेच्या काळजांत मात्र कशे ब्लोक जाले म्हण तिका समजल्लेंच ना.

*** ——— ***

ಐ

# इमाज

गोलिमार फिर्गजेचो पात्रोन, सांत आंतोनिची इगर्जेच्या माटवांत दवरल्ली साधार्ण म्हनश्या तितल्या उभारायेची मात्येची इमाज फुटोन घाल्ली!

त्या आयतारा सकाळीं साडे स व्हरांचेर (सात व्हरांच्या) पयल्या मिसाची घांट म्हारुंक आयिल्ल्या मिरोण गिरून, घांट मार्न इगर्जे कुशीन वेताना, इगर्जेच्या माटवांत फुटोन पडल्ली इमाज पळेल्ली. इमाजेचो पेंकटाव्हयलो भाग इगर्जेच्या माटव्याच्या भायर उडयिल्लो. मिर्न्याम घडबडोन गेलो.

तीन फूट उबारायेच्या सिमेटिच्या काट्याचेर(फ्ल्याटफोर्माचेर), उग्त्यान दवरल्ल्या इमाजे मुकल्यान वाती पेटोवंक जाय तितल्या रुंदायेचें तगड धांपल्लें लोंकडाचें मेज आसल्लें. तें मेज दोन आळ तितलें पयस आड पडल्लें.

इमाज आधार चुकोन पडोन फूटल्ली तर पडल्लेकडेच आसती. वाती पेटोंवचें मेजयी तितले पयस पडतेंना. कोणें अन्नाड्यांनी सांतांतोनिचेर हल्लो केल्लो म्हण समजोंक मिर्नीक वेळ गेलो ना.

ही खबर पादऱ्याबाक सांगचे खातीर धांवाधांवी पादऱ्याबाच्या घराक वचून तितीन पावटीं बेल्ल केल्यारयी पादऱ्याबान दार काडलें ना. सहायक विगार आदल्या सांजेर मीस भेटवन, आस्पत्रेक दाकल जाल्ल्या आपल्या बापायक पळेवंक कोडियाळ गेला म्हण मिर्न्याम जाणां आसल्लो. त्या आयताराचा सकाळिंचीं दोनयी मिसां विगाराक आसल्लीं.

पादऱ्याब बोवश्या उटोंकच ना वा न्हाण्येक न्हावंक गेला आसतालो म्हण लेकल्ल्या मिर्नीन आपल्या मोबायल फोनाचेर खबर फिर्गजेचो उपाध्यक्ष फेलिसाबाक कळयली.

'काल घाल्लें फिर्वलांये तुका. समा पळेलेंय? सार्के दोळे घसटून पळे' म्हण मिर्नीकच ज्योर केलें फेलिसाबान.

शेराथावन कांय वीस मयलां पयस आसच्या गोलिमार फिर्गजेंत सांतांतोनिची इमाज अन्नाडी फुटोवन घाल्तीत म्हण, पादऱ्याबाचें फोन येता म्हणासर फिर्गजेचो उपाध्यक्ष फेलिक्स सिकेर पात्येल्लोच ना.

मानाधीक दोमिनीक लुद्रीग, गोलिमार फिर्गजेचो विगारबाप असल्या एका परिगतेक कशें फूड करचें कळीत नासतां पूरतो घाबरेवन गेल्लो. थोड्या वर्सां पयलेंतर अशें इमाज फुटोवन घाल्ली व्हड गजाल जाती ना. आयच्या दिसांनी ही संगत गलाट्याक कारण जायत म्हण चिंतून पादऱ्याब कालुबुलो जाल्लो.

पन्नास आनी पांच वर्सांची प्राय, आदल्याच वर्सा आपल्या याजकपणाचीं पंचवीस वर्सां संपयिल्लो मानाधीक दोमिनीक चड कारबारी म्हनीस न्हय तरयी शिसतेचो. पादऱ्याबांक आसचेपरीं डयाबेटीस, प्रेशर चडचे भलायकेच्या समस्स्यां सांगाता ताका चडतीक डिपरेशनाचो समस्सोय आसल्लो. ह्या सक्कड पिडेंक वक्तां खावन आसल्लो मानाधीक दोमिनीक लुद्रीग बाप, सदांयी बिजुडोच दिसतालो.

ल्हान ल्हान फिर्गजांनी विगार जावन लोकांच्या आत्मीक गर्जांक पावोन, पवित्र सभेच्या रेगऱ्यांखाल भावाडत सांबाळुंक आधार दिल्लें सोडल्यार, इगर्जो मोडून नव्यो उबार्चें जांव, होलां भांदचें जांव तसल्या खंच्याय कामांक हात घालुंक नातल्लो सादो पादऱ्याब.

ಐ

’ गलाटो जायनाशें पळयजे फेलीस. तूं पोलिसांक फोन कर. हांव भिस्पाच्या घरा कळयतां’ म्हण उपाध्याक्ष फेलिक्स सिकेरीक मिर्निच्या मोबयलाचेरच सांगून, मा. दोमिनीक बाप, इगर्जेच्या माटवाथावन आम्सोरान पाटीं आपल्या घरा गेलो.

मिर्न्यामान आदलो उपाध्यक्ष मानेसत बेज्मिपिंताक फोन कर्न गजाल सांगली. बेज्मियाब गोलिमार फिर्गजेंत व्हडलें कुळवार. असल्या संग्तेंनी कांय मुकार पडजे तर बेज्मियाबान, फेलिसाबान न्हय म्हण मिर्न्याम जाणां आसल्लो.

कक्केपद्वाचेर पात्रांची क्व्यारी आसून, पाजे फातोर बेतुंन्च बेज्मिपिंतान लाखांनी कमायिल्ले. गोलिमाराच्या तेनकाक व्हाळोन वेच्या न्हंय थावन रेंव काडन सागसुंचे तीन व्हड टिप्पर लोरियो आसल्ल्यो ताका. गोलिमार बस्सस्ट्यांडाक लागोन ट्र्यावल एजेन्सी चलयतालो. बस्साचे, विमानाचे आनी आतां मंगळूरथावन सुटच्या रयलांचे टिकेट्योय थंय मेळताले. बेज्मी पींत राजकीयांतयी नांव वेल्लो, जिल्ला पंचायतेचो गोलिमारथावन विंचून आयिल्लो सांदो. स्थळीय एमएलएचो उज्वो हात. अशें जाल्ल्यान गोलिमार पेंटेंत तशें इगर्जेकडे बेज्मिपिंताचो प्रभाव विशेस. दोदोन वर्सां फिर्गजेचो उपाध्यक्ष जाल्ले उपरांत मधें एका आवदेक ताणेंच खुशेन आपलो हुद्दो आपलोच कुंपाद्र फेलीस सिकेरीक सोडन दिंवचो आनी कुंपाद्रिची आवदी मुगदाल्लीच ताणें परत दोन आवदेंक उपाध्यक्ष जांवचें अशें एक रीत गोलिमारांत चलून आयिल्ली. प्रसतूत फेलीस सिकेर उपाध्यक्ष आनी मुकल्या आवदेक बेज्मी पींत परत उपाध्यक्ष म्हण नखखी जाल्लें.

’ हीं अन्नाडी खावियेगारांचीं कामां कुंपाद्रे. गलाटो करच्याक करयला ताणीं. आनी स मयन्यांनी गोलिमारांत पंचेतेक इलेक्षन आसाने. त्या खातीर’ म्हण मिर्नीन खबर दिल्ले तक्षण उपाध्यक्षाक फोन केल्लो बेज्मियाबान.

’ फादर तुमी लांब घांट मारया. आमच्या लोकान ओट्टू जायजे. ही चिल्लर गजाल न्हय. हीं अन्नाडी खावियेगारांचीं कामां. मिलारांत जेजुचे हात पांय मोडल्ल्यांचे बापूय आमच्या गांवांत आसात. तांचें पेंकाट मोडिजे’ बेज्मियाबान पादऱ्याबाच्या घरा फोन कर्न, पादऱ्याबाक ओत्ताय केली.

फादर दोमिनीक लुद्रिगाकडे नातल्ल्या जायित्त्या आधुनीक वसतूं पयकीं मोबयल फोनयी एक.

’ समधानेन पळेयां बेज्मियाबा’ म्हणालो दोमिनीक लुद्रीग बाप फोनाचेर.’व्हडलो गलाटो करचो नाका.’

’ गलाटो कोणाक जाय फादर. आमी वोगेच बसल्यार आमकां पुक्केला म्हणतीत. तुमी आमच्या लोकाक कळयजे. मिर्निकडे घांट मारुंक सांगा. ही गजाल चिल्लर म्हण सोडुंक जायना.’बेज्मियाब तापल्लो.

’ गलाटो नाका बेज्मियाबा’ पोरात्तिलें पादऱ्याबान, ’पोलिसांक खबर दिया. पोलीस येंवदी.’पादऱ्याबाचो ताळो कांप्पालो.

’ फादर हांवें सांगचें आयका’ बेज्मियाब उत्रांचेर भोर घालन म्हणालो ’तुमी कितेंय भियेनाकात. आमी आसांव. ही फिर्गज आमची. तुमी आमचे. हांव आत्तां आयलों. फेलीसयी येतलो. तुमी घांट मार्न लोकाक ओट्टू करया. ना तुमी पोलिसांक पयलें आपयल्यार फाल्यां तुमकां चुकिदार म्हणतीत. पयलेंच आमचो लोक तुमचेर बेजारायेन आसात. गलाटो नाका म्हण वोगेच बसल्यार फाल्यां खावियेगार तुमची गोमटी लुंवोंक आसात. आज मात्येची इमाज फुटयिल्ले फाल्यां इगर्जेक उजो दितीत. आमचे गोलिमारचे पोलीस सक्कड

खावियेगारांच्या पक्षेन आसात. पोलीस मागीर येतले. पयलें आमचो लोक जमो जांवदी' बेज्मियाबान कडक्क सांगलें.

जाल्ली गजाल कितें म्हण स्वषट जांवचे पयलें, लोकांक सांगाता हाडुंक पादऱ्याबाक मन नातल्लें. लोक, तेंयी तर्नाटे उचांबळ जातीत तर तांकां मितिचेर दवरुंक पोलिसांक मात्र साध्य जायत म्हण लेकल्लो लुद्रीग पादऱ्याब पोलीस पयलें येंव म्हण अपेक्षितालो. बेज्मी पींत बोल्तेंच उलयतालो.

असली एक परिगत तांणीं तांच्या याजकपणाच्या सगळ्या आवदेंत फूड केल्ली ना. असल्या संधिगद परिगतेंत कशें मुकारिजे म्हण विगार जेरालाथावन सलहा मेळत म्हण आशेवन भिस्पाच्या घरा परत परत फोन कर्न आसल्लो मा. दोमिनीक लुद्रीग. भिस्पाच्या घरचें फोन आवाज करतालें, पूण कोण उकलनातल्ले. भिस्प सायब रोमाक गेल्लो. बोवश्या विगार जेराल, मोबयल फोन बंध दवर्न सकाळिंचें पयलें मीस भेटयतालो. मा. दोमिनीक लुद्रीग कंगाल जालो.

फेलीस सिकेर उपाध्यक्ष तरयी, फिर्गजेंत चल्चें सक्कड बेज्मिपिंतान अपेक्षिल्लेपरीं. फेलीस सिकेर तरयी बेज्मिपिंताकडे विचारिनासतां कितेंय करिनातलो जाल्ल्यान तो पोलिसांक खबर दिंवचो ना म्हण विगार बापांक स्वश्ट जाल्लें. लोकान येंवचेपयलें पोलीस येतीत तर लोक पादऱ्याबाचेर उपराटतीत म्हण बेज्मियाबाची दमकी. पादऱ्याबाक कितें करचें म्हण सुसतानासतां विगार जेराला चो संपर्क जोडुंक इगर्जेच्या फोनाथावन प्रयत्न करित्त आसलो.

आनी तितल्यार मिर्नी गिरून आंगार सयतान आयला म्हळ्ळेपरीं घांट मारुंक सुरू केली. सुटनासतां घांटिचो आवाज आयकाल्लो इगर्जे हितलांतलो आनी लागशिल्या वाड्यांतलो लोक उडोन पडलो. तांचेपयकीं जायित्त्या जणांनी फिर्गजेचो विगारच मोर्न पावला म्हण लेकल्लें! फादर दोमिनिकाच्या पयलें आसल्लो पादऱ्याब रातीं निदेंत काळीज रावोन मेल्लो सकाळीं कळल्ल्या तवळच्या बोटलेरानयी अशेंच घांट मारल्ली. तवळ परयांत लांब घांट कित्याक मारतात म्हण गोलिमारांतल्या लोकांक कळीत नातल्लें.

आयताराच्या सात व्हरांच्या मिसाक भायर सरल्ले आनी हेर थोडे घांट आयकोन उटाउटीं इगर्जेकडे पावले. सांतांतोनिचेर हल्लो जाल्लो पळेवन आकांतले. मुकल्या अर्ध्या वोरा भितर फूटल्ल्या इमाजेच्या भोंवती लोकाची खेटच जाली.

बेज्मी पींत आनी फेलीस सिकेर सांगाताच बेज्मियाबाच्या जिपाचेर आयिल्ले. माटवाच्या भायर उडयिल्लो इमाजेचो भाग फेलीससिकेरीन,बेज्मियाबान आनी हेर थोड्यांनी सांगाता उकलन हाडन माटवांत मोडोन पडल्ल्या इमाजे सशीं दवरलो.

इमाज खावियेगारानिंच फुटयल्या म्हण सक्कड लोक उलयतालो. इगर्जांक उजो दिंवचो, इमाजेंचेर हल्लो करचीं तांचीं कामां म्हण समजल्ल्यांत चूक ना. पूण गोलिमार तसल्या समधानी गांवांत असलें एक अन्नाडपण कित्याक जालें म्हण लोक विस्मीत जाल्लो.

सांतांतोनिचें मुसकर अर्धें पिटो जाल्लें आनी ताच्या हातांत आसच्या जेजू बाळकाचो गोमटो मोडोन उमकाळतालो. तें पळेल्ल्या असकत काळजाच्या थोड्या स्त्रियांनी रडुंक सुरू केलें! हेरांनी तांकां 'वोगे रावा. ती इमाज न्हये. तो कितें नीज जेजुये?'म्हण समधान केलें.

सांतांतोनीक फुटोन घाला म्हणली खबर मोबायल आसल्ल्यांनी उटाउटीं हेरांक कळयली. सात वोरां भितर चडुणें सगळ्या फिर्गजेक पात्रोन सांताची इमाज भेसां केल्ली खबर पावली. मोटार बायकाचेर, रिक्ष्यांचेर

जायित्ते तर्नाटे इगर्जेकडे पावले. थोडे मसीदेकडचे, हेर थोडे पेंटेंतले, क्रिसतांव न्हय आसल्लेय थंय जमो जाल्ले.

पादऱ्याब 'पोलिसांक खबर दिया' म्हण फेलीस सिकेरिकडे परत परत सांगून आसलो.

' पोलिसांक कालें खबर दिंवची. सांतांतोनीक काणघेवन पेंटेंत पुर्शांव काड्यां' म्हण थोड्या तर्नाट्यांनी बोबाटुंक सुरू केलें.

' समधान सांबाळा. पुर्शांव काडुंक पोलिसांचें पर्मिशन जाय' जाणत्या थोड्यांनी समजवंक पळेलें.

' तें सारकें. हांव डी. वैस्पीक फोन कर्तां. तुमी तयार करा' म्हणालो बेज्मी पिंत.'आमी प्रतिभटन करिजेच्च' आपलें मोबायल घेवन तो कुशीक गेलो.

थोड्यो स्त्रियो, सकाळिंचें सात वोरांच्या मिसाक म्हण आयिल्ल्यो 'मीस. मीस नांगी फादर ?'म्हण पादऱ्याबाक विचारुंक लागल्यो.

' सांतांतोनीक मार्न घाला. कालें मीस. मीस नाका' म्हण थोडे दादले म्हणाले.

' मटव्यान मीस भेटवन. सांत आंतोनिचेर हल्लो केल्ल्यां पासत मागियां' म्हळें फादर लुद्रिगान.

' पाद्रीक तकली समा ना' पादऱ्याबाक आयकानाशें नासमधान उचारलें थोड्या तर्नाट्यांनी, 'इमाज पिटो केल्ल्यां पासत माग्ता खंय. आमचे पासत मागोंक पयशे दीजे'

' तुमी बोबाट मारिनाकात. पुर्श्यांवाक रेडी करा. हांवें सौंड सिसटम सांगला. जीप म्हजेंच आसा. पादऱ्याब मीस करुंदी. कोणाक मिसाक वचुंक आसा तीं वचुंदी. मीस जाल्लेंच पुर्श्यांव काड्यां' बेज्मी पिंतान सकडांक आयकाशें ताळो पिंजून सांगलें.

मीस सुरू केल्लेंच चडताव जण इगर्जे भितर रिगले. गलाटो थोडो उणो जालो.

मीस जायजेतर पोलिसांचीं एक जीप आयलेंच. बेज्मियाबान डिवैएस्पीक कळयिल्लें, डिवैएस्पीन गोलिमारच्या पोलिसांक खबर दिल्ली जायजे. गोलिमार पोलीसस्टेशनाचो सबइन्सपेकटर प्रकाश रेड्डी आनी च्यार पोलीस एका जिपाचेर बसून आयिल्ले.

' हे हांगा कित्याक आयल्यात. हो आमचो मागण्याचो जागो' म्हळें बेज्मिपिंतान पोलिसांक पळेल्लेंच. डिवैएस्पिन्च पोलिसांक धाडलां म्हण ताका कळीत नातल्लें.

गोलिमारच्या पोलीस सबइन्सपेकटराकडे बेज्मिपिंताक ना समधान आसल्लें. न्हंयची रेंव सागसुंक पर्वणगी ना म्हण थोड्या मयन्यांपयलें बेज्मिपिंताच्यो रेंव भरल्लीं टिप्परां ताणें जप्त केल्लीं. बेज्मी पिंताक डिवैएस्पी आनी शेरांतल्या व्हड अधिकारिंकडे बरी वशीलाय आसल्ल्यान तीं उपरांत सोडल्लीं.

फेलिसाबान घडल्ली गजाल मटव्यान सबइन्सपेकटराक सांगली.'पळेल्ले तक्षण आमकां खबर दीजे आसल्ली' नासमधान उचारलें सबइन्सपेकटरान, 'तुमी इमाज आपुडन जाल्या. ना तर अपराध्यांक धरुंक सलीस जातें'

' हो खावियेगारांचो एजेंट' फेलिसाबाकडे हळू ताळ्यान म्हणालो बेज्मी पींत, 'धरुंक मन आसल्यार कशेंय धरयेता. हो कितेंय करिना. त्याच पासत हांव डिवैस्पीक कळयलां. आतां तो येतलो'

ळ

’ जण जायित्तो आसा. लोक शांत आसा. कंट्रोलाचेर आसा’ सबइन्सपेक्टर शेरांतल्या आपल्या व्हयल्या अधिकारिंक मोबयलाचेर खबर दीत्त आसल्लो.

पेंटेंत पुर्श्यांव काडुंक सबइन्सपेक्टर प्रकाश रेड्डीन पयलें इनकार केलें. पुर्श्यांव काडुंक आमकां हक्क आसा, आनीकयी सेक्षन घालुंक ना जाल्ल्यान पुर्श्यांव काडुंक आडकळ करिनाये म्हण बेज्मिपिंतान ओत्ताय केली. पोलीस सबइन्सपेक्टर हटार पडल्ल्यान डिवैएस्पिकडे परत उलोवन कितेंच गलाटो जायनाशें पळयतांव, आमचो लोक उचांबळ आसा. पुर्श्यांव काडन समधान जातलो म्हण बेज्मिपिंतान भास दिल्ल्यान मौनपणीं पुर्श्यांव काडुंक डिवैएस्पीन, प्रकाश रेड्डिकडे उलोवन पर्वणगी दिली. जिपाचेर मैक शीरकावंक सोडलो ना. फूटल्ली सांत आंतोनिची इमाज पुर्श्यांवाचेर व्हरुंक बेज्मिपिंताक म्हन आसल्लें. अपराध्यांक धरचे खातीर तिचें महजर करुंक आसा इमाज आनी कोणेंच आपुडनाये म्हण पोलीस सबइन्सपेकटरान आडकळ केली. निमाणें, आल्तारेकुशीन आसल्लें सांतांतोनिचें व्हड एक फायनल पुर्श्यांवाचेर व्हरुंक निर्धार जालो.

पादऱ्याबान मटव्यान मीस केल्लें. मीस जाल्लेंच पुर्श्यांव भायर सरलो. मोर्नाक आनी ओपीस मिसां वेळार सिमेसत्रीक व्हरचो खुरीस घेवन मिर्न्याम पुर्श्यांवार सकडांच्या मुकार आसल्लो. ताच्या पाटल्यान थोड्यो स्त्रियो, उपरांत दोन वाड्यांचे गूरकार सांतांतोनिचें फायनल उकुलन धर्न आसले, अशें पुर्श्यांव भायर सरलो. बस्सस्टेंडा म्हणासर पुर्श्यांव व्हरचो, थंय प्रतिभटन जावन थोडीं भाषणां आनी उपरांत गेल्लेपरिंच इगर्जेक पाटीं येंवचें अशें सबइन्सपेकटराकडे उलोवन मांडावोळ केल्ली. पादऱ्याबान पुर्श्यांवाचें मुकेल्पण घेजे म्हण थोड्या तर्नाट्यांनी ओत्ताय केली; बेज्मी पींत आनी हेर मालघड्यांनी पादऱ्याबान प्रतिभटनाक येंवचें नाका म्हण सांगलें. फादर लुद्रिगाकयी प्रतिभटनांत भाग घेवंक मन नातल्लें.

पुर्श्यांव इगर्जेच्या कंपौंडाथावन भायर पडजे तर दोन बस्सांचेर पोलिसांक घेवन डिवैएस्पी येवन पावल्लो. पुर्श्यांव शांतपणीं करिजे म्हण डिवैएस्पीन बेज्मिपिंताक परत परत सांगलें.

गोलिमारांत आयतार सांतेचो दीस. बस्सस्टेंडाक लागोन आसच्या मार्केटिंत सांत जमता. सांतेच्या दिसा पेंटेंत सकाळिंच लोकाची खेट आसता. गोलिमार ग्राम पंचायत तरयी व्हड पेंटच. भोंवतिच्या च्यार पांच हळ्ळेंक वेचे रसते गोलिमारांत सांगाता मेळताले. च्यार व्हड ब्यांकां, पांच सोरयाचीं बारां, एक सर्कारी आस्पत्र, दोन ल्हान नर्सिंगहोमां, आनी पोलीसस्टेशन अशें गोलिमार नांव वेल्लो जागो. गोलिमारची सांत म्हळ्यार लागशिल्या गांवच्या व्यार करतेल्यांक, रांदाय विक्तेल्यांक, कृशेक लग्ती वसतू व्हरतेल्यांक भेट दीजेच जाल्लो दीस. सांतेचो दीस जाल्ल्यान जिन्साचे आंगडी, हेर दुखनां, सोरयाचीं बारां सयत सकाळीं सात वोरां भितर उग्तीं जातेलीं. मासळी घेवन मोग्रां आनी मापळी सकाळिंच गोलिमार सांतेक पावतालीं.

इगर्जेकडे देवाची इमाज पिटो केल्या आनी त्या खातीर पोरबुंगेले पुर्श्यांव काडतात म्हणली गजाल गोलिमार पेंटेंतल्या हेरांनी जडायेन घेतली ना. पाटल्या वर्सांनी ईद फेसता दीस मसिदेथावन पुर्श्यांव येताना वा चोवतेच्या तिस्रे दिसा गणेशाची इमाज न्हंयत बुडोवंक वेचो पुर्श्यांव भायर सरतना गोलिमार पेंटेंत चडताव आंगडिचीं दारां बंध जातालीं, पूण बेस्पाच्या रातीं जांव वा ग्रोट्टयाच्या फेसता दीस जांव क्रिसतांवाचो पुर्श्यांव गोलिमार पेंटेंतल्यान वेताना चडताव सर्व आंगडिगार आपलीं दारां उग्तीं दवर्न मुकार डजन भोर वाती पेटयताले शिवाय आंगडिचीं दारां दांपिनातल्ले. पोरबुंचे खंच्याय गलाट्यांक वचानासचे सादे तसलें चिंतप गोलिमारांत घोळतालें.

८

पूण आयचो पुर्श्यांव तसो उरलो ना. पुर्श्यांव मौनपणीं म्हळ्ळें तर्नाटे आयकालेच नांत. इगर्जेचें कंपौंड उत्रोन पुर्श्यांव रसत्याक पावल्लोच तर्नाटे 'आमकां नीत जाय' म्हण बोबाटुंक लागले. आनी थोडे राजकीय पाडतिचें नांव काडन खावियेगारांक मुर्दाबाद म्हण बोबाटुंक लागले. बेज्मिपिंतान, सिरील सिकेरीन आनी वाड्याच्या थोड्या गुर्करांनी तर्नाट्यांक सैराण सांबाळुंक केल्ली विनंतियी उपकाराक पडली ना.

पोलिसांची पोवज पळेल्लीच तर्नाट्यांची बोबाट विशेस जाल्ली.

पुर्श्यांव बसस्ट्यांडाक पावोंक कांय धा फीट आसल्लें, तितल्यार उकोलन धरल्ल्या सांत आंतोनिच्या फायनालाचेर आडोसाथावन पाटापाट फातोर पडोंक सुरू जाले. फातोर थोडे लोकाचेरयी पडले. फायनालाचो आर्सो फुटोन पडलो. मात्याचेर फातोर पडल्ल्यांक घाय जावन रगत व्हाळोंक लागलें. पुर्श्यांवार आसल्ल्या तर्नाट्यांनी रसत्या देगेचे जल्लिफातोर विंचून फातोर आयिल्ल्या कुशीक पाटीं मारले. थोड्यांनी कुशिंच्या आंगडिच्या ग्लासांक फातोर उडयले.

लोक फासळालो. मिर्न्याम खुरीस घेवन बेज्मिपिंताच्या ट्रावेल एजेन्सीक धांवलो. दादले मेळल्ल्या मेळल्ल्या वाटेर पेंट सोडन धांवोन गेले. स्त्रियो मात्याचेर हात दवर्न लागशिल्या आंगडिंक वा होटेलांक रिगल्यो. बेज्मी पींत, फेलीस सिकेर खंय मायग जाले कोणाक कळ्ळें ना. सांतेंत आसचे व्यारागार जाता तितलें पासळेंत घेवन लिपोंक गेले. मोग्रां आनी मापळी वीकऱ्याक हाडल्ली मासळी वेगीं वेगीं कांटियेंनी आनी गोण्येंनी भोर्न लागशिल्या मापळयाच्या होटला भितर धांवलीं. थोडे जण मेळल्लें मेळल्लें आपल्या पोत्यांनी भोर्न लुटुंक लागले. पेंटेंत कोण किते म्हण कळीत नासतां लोकांचो गलाटो जायित्त आसल्लो. मार्केटी कुशीन रावायिल्ल्या कोणा कोणाच्या कारांचे ग्लास फुटोवन घाले. बस्सस्टेंडांत रावल्ल्या दोन बस्सांचे ग्लास पिटो पिटो केले. पोलिसांनी लाती भिजावन मेळल्ल्या मेळल्ल्यांक म्हारुंक सुरू केलें.

पोलिसांचो संको उणो आसल्लो. सगळ्या पेंटेंत उबजाल्लो गलाटो मिती भितर हाडुंक पोलिसांक त्रास जाले. पोलीस मुकार गेल्लेच आडोसा थावन रसत्याचेर फातोर, सोडाच्यो बोतल्यो पडोंक लागले. ग्यारेजी कडे आसच्या थोड्या पर्न्या टयरांक उजो दीवन रसत्याचेर उडयलीं.

आंगडिंची, सोरयाच्या बारांचीं दारां दांपलीं. क्रिसतांव तर्नाट्यांपरास चड मसिदेकडचे आनी हेर गलाट्यांत मेळल्ले परीं दिसतालें. पोलिसांनी तक्षण पेंटेंत सेक्षन घालें. सर्व दुकनां बंध करयलीं. रिक्ष्या बस्सां बंध जालीं. आंगडी भितर लिपोन रावल्ल्यो स्त्रियो हळू भायर येवन मेळल्ल्या वाटेंतल्यान आपापल्या घरा धांवल्यो. तर्नाट्यांक पळेल्लेंच पोलीस धांवडावन धांवडावन मारताले. थोड्यांक धर्न पोलिसांनी आपल्या बस्सां भितर चेपलें. मुकल्या एका वोरा भितर गोलिमार शांत जालें. सांत बंध जाली. रसत्याचेर पोलीस सोडन हेर कोण उरले नांत.

- 2 -

टेलेविशन खबरेगार गोलिमार पावताना गलाटो थंड जाल्लो. गोलिमारांत जाल्ल्या गलाट्यावर्वीं सांतांतोनीक पिटो केल्ली गजाल प्रमूक टेलेविशन च्यानेलांचेर प्रसार जावंक धरली. गलाटो केल्ल्या चाळीस जणांक कुडयलां, बारा जण घायेल्यात म्हण खबर वाचतेल्यांनी कळयलें. डिवैएस्पी गोलिमारांत आसून, परिगत सांबाळून आसा, पोलीस अपराध्यांच्या सोधनेर आसोन इमाज पिटो केल्ल्यांक वेग्गिंच कयद करचो भर्वासो शेरांतल्या पोलीस मुकेल्यांनी उचारल्लो. खावियेगार सोडन हेर राजकीय पाडतिच्यांनी सांतांतोनिच्या इमाजेक हल्लो केल्लें आनी मौनपणीं पुर्श्यांव काडच्या अमायक लोकांचेर दबाव केल्लें खंडन केलें.

गोलिमारच्या पोलीस सबइन्सपेकटराक तुरंत वर्ग करिजे म्हण बेज्मी पिंतान आनी ताच्या पाडतिच्या स्थळीय मुकेल्यांनी ओत्ताय केली. अपराध्यांक वेग्गीं कयद करिजे आनी लोकान समधान सांबाळिजे म्हण विगार मानाधीक दोमिनीक लुद्रीग बापान विनंती केली. ह्यो सर्व गजाल्यो टेलेविशनाचेर प्रसार जायित्त आसल्यो.

ह्या राज्यांत अल्पसंख्यात लोकांक जियेवंक सोडिनांत, हाका खावियेगारच कारण म्हण टेलेविशनाचेर जाल्ल्या चरच्यांनी अभिपराय व्यक्त जाताली. क्रिसतांव मतांतर करतात आनी मतांतर रावयिल्ल्या शिवाय असलें ना समधान रांवचें ना म्हण खावियेगार पाडतिंच्यांनी अभिपराय दिल्ली. गोलिमारांत एकाच एकल्याक मतांतर केल्लें दाकयल्यार आपूण राजकीय निवृत्त जातां म्हण पोरच्या एलिसांवांत सलवल्ल्या स्थळीय माजी एमएल्येन पंथाहवन दिलें.

तनखे खातीर जिल्ल्याच्या एस्पीन आपल्या मुकेल्पणाचेर पोलिसगारांचो एक पंगड तयार केल्लो. तांचेपयकीं इन्सपेकटर विवियन कुतिन्हो प्रमूक. गोलिमारांतल्या इमाज पिटो केल्ल्या प्रकरणाचें व्होजें ताच्या खांद्यार दिल्लें. गोलिमारचो सबइन्सपेकटर प्रकाश रेड्डी, इन्सपेकटर कुतिन्होक सहायक अशें एस्पीन सुचायिल्लें.

जायित्त्या क्रिमिनल प्रकरणांनी अपराध्यांक सोधून काडल्ल्या जिल्ल्याच्या पोलिसगारांपयकीं इन्सपेकटर कुतिन्होचें नांव एक. इन्सपेकटर कुतिन्हो आसल्यार अपराधी सांपाडताच असली एक गजाल अपरादांच्या खबरेंनी घोळून आसल्ली. पोलिसांच्या पोवजेंत आपलें जिवीत सुरू केल्ल्या सूरवातीर, सुमार वर्सांपयलें, गोलिमार स्टेशनांत सबइन्सपेकटर जावन आसल्ल्यान गोलिमार आनी भोंवतिच्या जाग्यांची ताका बरी ओळोक आसल्ली. इमाज पिटो केल्ल्या अपराध्यांक तो खंडीत कुडयतलो अशें अभिपराय व्यक्त जाल्ली गोलिमारांत.

आयतारा सांजेरच गोलिमार पावल्ल्या इन्सपेकटर विवियन कुतिन्होन सबइन्सपेकटराकडे आनी गोलिमारांतल्या हेर थोड्या प्रमूक जणांकडे उलोवन सगळ्या प्रकरणाची वयल्याबार गजाल समजोन घेतली.

इन्सपेकटर कुतिन्हो गोलिमार इगर्जेकडे पावताना काळोक जाल्लो. इगरजेच्या कंपौडांत पोलिसांची पोवज आसल्ली. तनखी जाता परयांत इगर्जे भोंवतीं पोलिसांचो पारोत घाल्लो. इन्सपेकटर कुतिन्होन फुटायिल्ल्या इमाजेकडे तज्वीज कर्न पळयलें. सबइन्सपेकटराकडे थोडे गजाली विचार्न समजोन घेतले.

खावियेगारांच्या पाडतिंतल्या, दुबाव करयेत जाल्ल्या थोड्या तर्नाट्यांक सोमारा स्टेशनाक आपवन हाडन तनखी सुरू केली इन्सपेकटर कुतिन्होन. राजकीय पाडतिच्या हेर थोड्या मानेसतांनी ताची भेट केली.

पुर्श्यांवाचेर फातोर उडयिल्ल्या खातीर कयद केल्ल्या कोणेंय कोणाच्या हिक्मत्यांनी आपणें अशें केल्लें म्हण सांगलें ना. तांचेपयकीं हिंदू, मुसलीम तशें क्रिसतांव तर्नाटे आसल्ले. पोलिसांनी मेळल्ल्या मेळल्ल्यांक स्टेशनांत पिचार केल्लें. आपणें फातोर उडयिल्लेच नांत, पुर्श्यांव पळेवंक आयिल्ल्या आपणांक पोलिसांनी कयद केलां म्हण चडताव सकडांनी सांगलें. ह्या पयलें पोलीस केज आसल्ल्या थोड्यांक उपरांत बंध केल्लें. सांजेर तांकां सर्वांक दोन बस्सांनी शेरांत नितिदारा सामकार हाजीर करुंक वेलें. नितिदारान दोन दिसांच्या मट्टाक पोलिसांच्या कसटडीक दिलें जाल्ल्यान, सर्वांक शेरांतल्या जयलाक वेलें.

सोमारा सांजेर, काळोक पडोंक लाग्गीं जाताना इन्सपेकटर कुतिन्हो इगर्जेक गेलो.'तुमचेकडे थोडे गजाली उलोवंक आसल्ले फादर' म्हळें पादऱ्याबाच्या घरच्या पारलरांत पादऱ्याबाक भेटून आपली ओळोक

सांगल्ल्या इन्सपेकटर कुतिन्होन, 'तुमकां स्टेशनाक आपोवंक बरें जायना. आतां तुमकां साध्य जायना तर फाल्यां सकाळिंय जायत'

' चड वेळ ना तर आतांय उलोयवेता' फादर दोमिनीक लुद्रीग नार्गोन म्हणालो 'इमाज फुटयिल्ल्या विशयांचेर तर उपाध्यक्षाक आपयल्यार बरें आसल्लें' .

' ताका फाल्यां सकाळीं स्टेशनाक आपयलां फादर. तुमचेकडे उलयताना दुस्रे नाकात' इन्सपेकटर कुतिन्हो मोवाळायेन म्हणालो.'हांव एक्सुरोंच आयलां'

पादऱ्याब नाखुशेन ओपवालो.

' हिंदू मूळभूतवादिंनी इमाज फुटायिल्ली एक कूस आसुंदी' म्हळें इन्सपेकटर कुतिन्होन मिलार आनी हेर कडे जाल्ल्या गलाट्यांच्या पाटथळाचेर फादर दोमिनीक लुद्रिगाकडे उलोवन आसताना, 'जातिचो गलाटो करच्याक ताणिंच इमाज फुटयिल्ली आस्येता. आज सगळो दीस आमी त्या दिश्यार तनखी चलयल्या. आतां आमी दुस्री कूसयी पळव्यां. तुमकां तुमच्याच फिर्गजगार कोणायचेर दुबाव आसाये फादर?'फादर दोमिनीक लुद्रिगाच्या दप्तरांत बसताच विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन.

' कालें म्हणताय इन्सपेकटर?'हांक्रेलो फादर लुद्रीग 'आमचे जण. छे. साध्यच ना'

' दुबाव करुंक पडता फादर' वोंटां भितर हासोन म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, 'तुमी बेजार करिनाये. आमी सक्कड कुशिंनी पळवंक पडता. दुबाव करतांव म्हणल्यार अपराध थाप्तांव म्हण न्हय. गोलिमारांत जातिचो गलाटो केल्ल्यान आमच्याच क्रिसतांव कोणायकी लाब आसा तेंयी आमी वोरावंक आसा. सन्वारा रातीं तुमच्या घरांत तुमी एक्सुरे आसल्ल्यात. तुमचो एसिसटेंट सन्वारा सांजेचें मीस जावन कोडियाळ गेल्लो. ही गजाल फिर्गजेंत कितल्या जणांक कळीत आसली?'

' सांजेच्या मिसाचेर काजितोराच्या बापायची भलायकी बरी ना. तो आस्पत्रेक दाकल जाला. ताचे पासत मागा म्हण सांगल्लें जाल्ल्यान मिसा उपरांत कांय जण दाकट्या पादऱ्याबाक मेळुंक आयिल्लीं आनी तांचेपयकीं जायित्त्यांक तो सांजेच्या बस्सार शेराक वेता म्हण कळीत आसल्लें' फादर लुद्रिगान विवर दिलो.

' तांचेपयकीं बेज्मिपिंताची येज्मानयी आसल्ली. तुमी जाणांत फादर?'

' हांवे ताचो जोप करुंक ना. ती चडताव सन्वारा मिसाक येता. आनी पोयर सन्वारायी आयिल्ली आस्येता' म्हळें फादर दोमिनीक लुद्रिगान, 'पूण हाका आनी इमाज फुटयिल्ल्याक कितें लग्ती?'

' अशेंच विचारलें फादर. तुमची भलायकी तितली बरी ना. तुमी मतिच्या भलायके पासत ओक्तां सेवतात. तुमी रातीं घराथावन भायरच येनांत. सीककोल आयलें तरयी तुमी वचानांत. ह्यो गजाली फिर्गजेंत जायित्त्यांक कळीत आसात फादर. काजितोर ना तर इमाज पिटो करुंक सलीस म्हण अपराध्यांनी लेकल्लें ' इन्सपेकटर कुतिन्होन हाळवायेन सांगलें.

' हांव नेणां. म्हजी भलायकी बरी ना ती व्हय. त्याविशीं तुका कशें कळ्ळें?'फादर लुद्रिगाक बेजार जाल्लें, ताच्या ताळयांत कळतालें.

ꝺ

’ सोरीं फादर. तनखेखातीर सभार विशय आमी आरावंक पडतात आनी ते सत वा न्हय तें वोरावंकयी पडता. इमाज पिटो केल्ल्या वेळार तुमकां जाग जांवची ना. हांगा त्या वेळार तुमचो असिसटेंट आसाना म्हण अपराद्यांक कळीत आसल्लें आनी हें हेरांक कळच्यांत आमच्याच कोणाचो तरयी हात आसतालोच. तें जालें. आयतारा सकाळीं इमाज फुटयिल्ली पयिल्लें तुमी केदाळा पळयिल्ली?’कदेलाचेर पाटीं वोणकोन विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन.

मिर्न्यामि गिरून ही गजाल आपणाक कळयिल्ली आनी आपणें वचून माटवांत इमाज फुटयिल्ली पळयिल्लें पादऱ्याबान सोडोवन सांगलें.

’ तुमी तुरंत पोलिसांक कित्याक खबर दिली ना फादर?’इन्सपेकटर कुतिन्होन आपली खाडकी पुशित्त विचारलें.’कोणें अन्नाड्यांनी हीं कामां केल्यांत म्हण जाणां आसून, ही एक पोलीस केज म्हण कळीत आसूनयी तुमी पोलिसांक तुरंत खबर कित्याक दिली ना?’ताणें मुकारून विचारलें.

’ इमाज फुटोन पडल्ली पळयिल्लीच हांवें उपाध्यक्ष फेलिक्स सिकवेराक मिर्न्यामाच्या मोबायलाथावन खबर दिल्ली आनी पोलिसांक खबर दी म्हण ताचेकडेच सांगल्लें. हांव भिस्पाच्या घरा खबर दीवंक आयिल्लों’ पादऱ्याबान नार्गोन जाप दिली.

’ तें जालें. तांणीं पोलिसांक खबर दिली ना. मिर्न्यामाक घांट म्हारुंक कोणें सांगल्लें तुमकां कळीत आसा फादर?. ताका तुमी पर्वणगी दिल्ली?’फादर लुद्रिगाच्या मुसकरार जांवचें बदलाप इन्सपेकटर कुतिन्हो चीत दीवन पळेवन आसल्लो.

’ तो घांट मारीत म्हण हांवें चिंतुंक ना. ताणें विचारल्यार हांव नाका म्हणतों ना कोण्णां. ताणें म्हजेकडे घांट मारूं म्हण विचारलें ना’ म्हळें फादर दोमिनीक लुद्रिगान बेजारायेन.

’ ही इगर्जेची घांट फादर. तुमी हांगाचे पादऱ्याब. तुमची पर्वणगी नासतां तुमच्याच मिर्न्यामान कशें घांट मारची? कोणाचे पर्वणगेन घांट मारलीय म्हण तुमी मिर्न्यामाकडे विचारलें ना?. घांट मारुंक कोणें सांगल्लें?’इन्सपेकटर कुतिन्होन पादऱ्याबाक जोकून पळेत्त विचारलें.

’ हांवे विचारुंक ना. हांवें विचारिजे आसल्लें’ फादर दोमिनीक कपाल पुशित्त म्हणालो.

’ बेज्मिपिंतान तुमचेकडे परत परत ओत्तायेन घांट म्हारोवंक सांगल्लें आनी तुमी ओपवोंक नातल्ल्या उपरांत ताणें मिर्न्यामाक घांट म्हारुंक ओत्ताय केल्ली’ म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो हाळवायेन. , ’आनी ताणेंच मिर्न्यामाक घांट म्हारुंक सांगल्ली म्हण तुमी जाणां आसल्ल्यात’ बेज्मिपिंताच्या मोबयलाचेर जाल्ल्या सगळ्या संभाशाणाचें प्रिंट इन्सपेकटर कुतिन्होकडे आसा म्हण पादऱ्याबाक कळीत नातल्लें.

’ व्हय. ताणेंच मिर्नीक घांट म्हारुंक ओत्ताय केल्ली म्हण म्हजो अंदाज’ सत उचारलें फादर लुद्रिगान. हो इन्सपेकटर कुतिन्हो साधारणाचो न्हय म्हण ताका भोग्तालें.

’ जालें.’म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, ’फुटयिल्ली इमाज लोकांनी आपडिनाये. आपुडल्यार ताचेर आसचे बोटांचे गूरत वेतात म्हण तुमी जाणां आसूनयी लोकांक इमाज आपडुंक कित्याक तुमी सोडलें. आनी

इमाजेचो एक भाग माटवा भायर आसल्लो. तो बेज्मी पिंटोन आनी फेलिक्स सिकवेरान भितर हाडलो. ह्या ववीं प्रमूक रुज्वाती नास जाल्यो. तुमी तेंय आडायलें ना’ तो दुर्सोच्या ताळ्यान म्हणालो.

’ लोक उचांबळ आसल्लो. आनी तांकां सांबाळचें म्हज्यान जालें ना’ फादर लुद्रिगान आपलें असहायकपण उचारलें.’आनी हांगा थोडे लायीक विशेस प्रभावीत आसात. ते हांवें सांगल्लें आयकोंचेपरीं नांत. तुका हेविशीं बरी माहेत आसा. आधीं थावन हांगा हें चलोन आयलां. म्हज्यान तें बदलुंक जायना ’

’ बेज्मी पिंटो आनी फेलिक्स सिकवेरा दोग मात्र तशे आसात फादर. आनी त्या पयकिंय हांगा सक्कड चल्चें बेज्मी पिंटोचें. बेज्मिपिंटोन सगळ्या फिर्गजेक आपल्या मात्यार वावोंवचें थोडे जण आयलेवार विरोद करित्त आसात. फिर्गजेक लग्ती गजालेंनी ताका विरोद करचो एक पंगड राजकीय थरान ताचे विरोद आसात. तुमी जाणांत आमचेच थोडे जण खावियेगारांच्या पाडतिंत आसात आनी ते बेज्मी पिंटोचो विरोद करतात. फिर्गजेंत तांचें बळ चडत्त येता. आपणा विरोद आसच्यांचें बळ मोडुंक बेज्मी पिंटोन्च हो खेळ खेळल्लो कित्याक आसुंक नजो?’विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन. तो फादर दोमिनीक लुद्रिगाथावन कसलिगी जाप अपेक्सून आसल्लो.

’म्हळयार’ पादऱ्याबान विरारायेन विचारलें.

’ बेज्मी पिंटो आनी फेलिक्स सिकवेरा दोगयी जवाब्दारी आसल्ले आनी असल्या गजालेंनी रुज्वात्यो कशे सांबाळयेत वा विभाड्येत म्हण समजणी आसल्ले फादर’ म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, ’निर्दिषट शेवट आसून ताणीं रुज्वाती नास केल्यो तशें आमकां भोग्ता. लोकांक जमायिल्लें, पुश्यांवाक ओत्ताय केल्लें हें सक्कड तांचेर बोट जोकुंक कारण जाता’

’ लोक जमल्लो, उचांबळ जाल्लो. आनी त्या गलाट्यांत तांणीं इमाजेचो भाग भितर हाडलो म्हण हांव समजल्लों. तूं कितें सांग्ताय तो दुबाव म्हाका ना’ फादर लुद्रीग स्वश्ट म्हणालो.

’ ओ. के. आतां आन्येक गजाल’ म्हणालो इन्सपेकटर, ’इगर्जेकडे रातीं तुमी एक वाचम्यान दवरल्लो. ताका एका मयन्यापयलें कित्याक कामांतलो काडलो?’

’ मिलार गलाटो जाल्ले उपरांत रातीं इगर्जेक राकवली जाय म्हण आमकां भोगल्लें. आमचोच चामादोर आसल्लो. चारली म्हण. गरीब आनी मसतू कषटान आसल्लो. ताचे बायलेक केन्सराची पिडा आसून ती वर्सा पयलें अंतरल्ली. देकून भिर्मत पावोन ताकाच हांगा राकवली म्हण दवरल्लो. पूण तो विशेस पियेवन येतालो. रातीं राकच्या बदलाक पियेवन इगर्जेच्या बोल्कवांत निदोन पडतालो’

’ तो सुर्वेर थावन सोरो पियेवन येतालो’ म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, ’पूण ताका तुमी कामांतलो काडलो ना. मयन्यापयलें सिमेसत्रिंत मोर्न मात्येक पावयताना बेज्मी पिंटोक उल्टें उलयलो म्हण नीब दीवन, बेज्मी पिंटोच्या ओत्तायेक ताका कामांतलो काडलो’ म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो.

’ ताका कामांतलो काडिजे म्हण सलहा मंडळेच्या मिटिंगाचेर सुचन दिल्लें आनी तो निर्धार थंय जाल्लो ’ पादऱ्याब आनी कितें सांगुंक आसल्लो.

ϖ

’ सुचन दिल्लें आनी तें ओपवोंक ओत्ताय केल्लीच बेज्मी पिंटोन. व्हय फादर?’विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन पादऱ्याबाक अर्ध्यार रावोवन.

’ सुचन कोणें दिल्लें म्हाका उडास ना. तो वाचम्यानाचें काम करिना, अनावश्य ताका सांबाळ दिंवचो नाका म्हण सलहा मंडळेंत निर्धार जाल्लो. पूण तुका बेज्मी पिंटोचेर दुबाव तशें दिसता इन्सपेकटर. ताका आनी हांगाच्या पोलिसांक सारकें ना देकून तांणीं तुमकां चूक माहेत दिल्या. तूं बेज्मी पिंटोचेर म्हाका दुबाव उबजाशें उलयताय. म्हाका ताचेर कितेंच दुबाव ना. तुमकां कोणें चूक माहेत दिल्या.’फादर लुद्रीग जडायेन म्हणालो.

’ माहेत आमी जायित्त्या कडेथावन घेतांव फादर. कोणाचेर दुबाव आसा ताचेविशीं चड समजुंक पडता.’म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, ’आमचो दुबाव तुमचोय जायजे म्हण ना. तुमकां तशें भोग्ता वा ना तें हांव समजोंक पळेतां’

’ दुबावोंक कारण जायजे न्हय इन्सपेकटर. तुमी आमचेच आसून, आमच्याच म्हनश्यांचेर अपराध थापुंक पळेतात तशें दिसता’ पादऱ्याबाक इन्सपेकटर कुतिन्होच्या इराद्यांचो जोप जाल्लो.

’ कानुनाक तशें अन्याय करतेल्यांक आमचे आनी तुमचे म्हण नांत फादर. बेंजमीन पिंटोक राजकीय आशा मितिपरास चड आसा. पूण इगर्जेकडे तशें भायर ताचें नांव बरें ना. फिर्गजेंतच ताचे विरोद मुकेली तयार जायित्त आसात. तांचेपयकीं थोडे राजकीय थरान विरोद पाडतिचे. हें कळीत आसून, आपलें थळ घट करुंक ताणें इमाज फुटोवन घालयल्या तशें दुबाव. राजकीय म्हनीस आपल्या विरोद म्हनश्यांक असकत करुंक कितेंय करतात. आपलें स्थान सांबाळचे खातीर हो नाटक ताणेंच कित्याक करुंक नजो?. पुर्श्यांवाचेर फातोर पडल्ले आकस्मीक न्हय. सक्कड पयलेंच तयार केल्लेपरीं आसा. एक दोन दिसां भितर अपराध्यांक कुडयतना सत स्वषट जातेलें.’इन्सपेकटर कुतिन्होन शीदा सांगलें.

’ बेज्मी पिंताक राजकीय अत्रेग आसुंक पुरो. पूण आमच्या पात्रोनाची इमाज फुटोंवचे तितलो अन्नाडी तो न्हय’ म्हणालो पादऱ्याब, ’हांव ताका बरयान ओळकतां’

’ हांवयी’ म्हणालो इन्सपेकटर विवियन कुतिन्हो, ’तुमचेपरास चड म्हाका ताचेविशीं कळीत आसा. आनी’ तितल्यार काजितोर आपलें मोबयल घेवन फादर लुद्रिगासशीं आयलो.

’ विगारजेरालाचें फोन. तुमचेकडे उलयजे म्हणता’ आपलें मोबयल पादऱ्याबाच्या हातीं दीवन.

’ इन्सपेकटर आसा. उपरांत हांव कोल करतां’ तितलेंच सांगून काजितोराचें मोबयल ताकाच पाटीं दिलें.

’ पेटो भांदल्लेथावन सोडिजे म्हण हट करता फादर’ म्हणालो काजितोर, ’सोडल्यार त्या पोलिसांक रावुंक सोडचो ना. रात भोर घोंकित्त आसता कोण्णां. आमकां नीद पडची ना’ .

’ हो इन्सपेकटर कुटिन्हो. हो आमचो असिसटंट’ फादर लुद्रिगान एकामेकाक ओळोक कर्न दिली. दोगांयनी हात मेळायले.

ಬ

’ पेटो ओळोक नातल्ल्यांक भितर रावुंक सोडिना. पोलिसांक उपाद्र करुंक आसा. ताका सोडचो नाका ’ काजितोराक सांगून, ’फाल्यां पोलिसांक हांगाथावन काडतेल्यात?’इन्सपेकटर कुतिन्होकडे विचारलें फादर लुद्रिगान.

’ अपराधी सांपाडता परयांत पोलीस हांगा आसतेले फादर. फाल्यां शेराथावन फोरेन्सीक एक्सपर्ट येतात. आनी आतां पोलिटिशीयनांची भेट सुरू जातेली. एक दोन दीस. उपरांत पळव्यां’ इन्सपेकटर कुतिन्हो वचुंक उटलो.

’ आमी उलयिल्ल्यो गजाली तुमी घुटान दवरचे फादर. अपराध्यांक धरुंक आमकां दोशी जावंक नजो आनी तशें घूट सांबाळचें तुमकांय बरें. गर्ज आसल्यार हांव परत भेटतां’ इन्सपेकटर कुतिन्हो भायर सरलो.

ह्यो खंच्योय दोशी आपणाक नाकात म्हण निर्धार केल्ल्या फादर दोमिनीक लुद्रिगान, रातीं विगार जेरालाकडे उलयतानांयी इन्सपेकटर कुतिन्होन उचारल्ले दुबाव वांटून घेतले नांत.

सोमार वचून मंगळार आयलो.

त्या सकाळीं साडे नोव वोराशें, गोलिमार पोलीस स्टेशनाचे दोग कोन्सटेबल ’गोलिमार बार आंड रेसटोरेंट’ च्या भितर सरतना चामादोर चारली, पयलो पेग्ग मार्न, चाकल्यो चाबून आसल्लो. आन्येक पेग्ग घालन ताका इगरजेकडे वचुंक आसलें. सांजेर एक मोर्न आसल्लें.

’ हेय चारली. तुका स्टेशनाक आपयलां. ऊरल्लो पेग्ग उपरांत मार’ म्हणालो कोन्सटेबल रोकी, ताका चारलिची बरी ओळक आसली.

’ हांव. हांव काल्याक?’चारली कावजेलो.

’ थंय एक पेटो मेला. ताका पुरुंक. ये. पियेल्लें पुरो’ म्हणालो पोलीस हासून.

’ तितलेंचगी. हांव कांय त्या इमाजेच्या सांतांतोनिच्या इमाजेच्या.’चारली पाद्देलो.

’ तूं स्टेशनाक ये. सांतांतोनिगी या तुज्या तकलेर चडल्लो हो वायट स्पिरीत तें थंय पळव्यां’ पोलिसां सांगाता बाराथावन भायर येताना म्हळें पोलिसगार रोकीन.

मात्ये रंगाक बदलाल्लें पर्नें खोमीस आनी तितलीच मेळी जाल्ली लुंगी नेसल्लो चारली, पूरतो आमाली म्हणलें ताची चाल पळेतानांच कळतालें. ताचे बिसळोन सुक्या कर्डांपरीं जाल्ले केस, काळबाणाची खात, तांबशेल्ले दोळे ताच्या आमाल पियोण्याक साक्स तशे आसल्ले.

इन्सपेकटर कुतिन्होन चारलीक भितर आपवन वेलें. सबइन्सपेकटर प्रकाश रेड्डी थंय आसलो. चारलीक बसोंक एक स्टूल दिलें.

चारलिकडे तो गोलिमार फिर्गजेंत चामादोर जावनासल्लें, ताका रातिचो राकवोली जावन काम दिल्लें हें सर्व समजून घेतलें इन्सपेकटर कुतिन्होन.

’ तूं कित्याक भिंयेल्लेपरीं करताय?’हाळवायेन म्हणालो इन्सपेकटर कुतिन्हो, ’तुका कित्याक कामांतलो काडलो?’

’ पादऱ्याब पिट्टाशी. म्हाका सांबाळ दीजे पडटा म्हण ताणेंच मीटिंगार म्हाका कामांतलो काडलो’ चारली सूरवातीर थावन फादर दोमिनीक लुद्रिगाक दुर्सोन आसलो. ताका बेज्मी पिंटो जांव, फेलीस सिकेरिचेर जांव कितेंय बेजाराय ना तशें भोगलें इन्सपेकटर कुतिन्होक.

’पादऱ्याबाच्या घरा एक पेटो आसा. त्या पेट्याक हरयेक रातीं भायर सोडतातमू?’विचारलें इन्सपेकटरान.

’ व्हय. हांव आसताना तो म्हजे सांगाताच आसतालो’ चारलीन थिंपी गिळ्ळी.

’ तो पेटो कोणायकी भितर सोडिना म्हणतात. तुका आनी पादऱ्याबाक सोडन हेर कोणांक पेटो घोंकिना?’विचारलें प्रकाश रेड्डीन.

’ घोंकचें मात्र न्हय. तो ओळोक नातल्ल्यांक इगर्जेच्या सुत्तुराक येवंक सोडिना म्हण सांग्तात. इमाज पिटो करताना पेटो वोगे रावला म्हळ्यार ती व्यक्ती पेट्याक बरी ओळकिची. कितें म्हणताय तूं?’विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन.

चारली कालुबुलो जालो.

’ फिर्गज पादऱ्याबांक, मिरोण गिरूक आनी तुका सोडल्यार हेर कोणायकी पेटो ओळकता.?’चारलिच्या सामकार उबो रावून विचारलें इन्सपेकटर कुतिन्होन.

चारली हळतान कांपोंक लागलो.

’ पियेल्लें उणें जालां वा चड जालां. तूं कित्याक असोय कंगाल जालाय?. सांताची इमाज फुटोन घाल्ली कोणें म्हळ्ळें आमकां कळीत आसा. थोड्यो साक्षी मात्र बाकी. तुजेथावन’ इन्सपेकटराक आनी कितें सांगुंक आसल्लें जायजे, चारलीन मधेंच रडुंक सुरू केलें.

’ इमाज कोणें फुटयिल्ली हांव सांग्तां. म्हाका कांय करुंक नजो’ चारली हुसकारित्त म्हणालो ’हांव पाटल्या तेवीस वर्सांथावन चामादोराचें काम करतां आनी म्हज्या पयलें चाळीस वर्सां म्हज्या बापायन ह्या इगर्जेंत चामादोर आनी बोटलेर जावन घाम काडला. आमकां कश्ट आनी दुबळिकाय सोडल्यार दुस्रें कितेंच मेळ्ळें ना. कश्टां वयर कश्ट मात्र आमकां. काल म्हजी बायल मरोन वर्स जालें. तिका केन्सर जाल्लें. आमचो सांतांतोनी कोणाकोणाची पिडा गूण करता. पयशे चड घाल्यार, ताच्या मानाक मीस दिल्यार तो केन्सरयी गूण करता. हांव दुबळो. मयन्या मयन्याक फेसत मीस दीवंक म्हाका तांक ना. हांवे हाक मार्न म्हजी बायल सेलिनाचें केन्सर गूण कर म्हण मागलें. ह्या सांतांतोनीक आयकुंक ना. तो दुबळ्यांचें आयकाना. म्हज्या बायलेक केन्सरांत मरोंक सोडलें’ चारली ज्योरान हुसकारुंक लागलो.

’ जालें. उपरांत’ इन्सपेकटर कुतिन्होन चारलिच्या भुजांचेर हात दवर्न सांगलें, ’उपरांत कितें जालें सांग.’

’ . म्हाका कामांतलें काडिनाशें राक म्हण मागलें. सांत आंतोनी तेंत आयकालोना. ताका म्हजेर दयाच ना. काल म्हज्या बायलेचें वर्साचें मीस दवरिजे आसल्लें.’दुकां हातांनी पुसून मुकारून म्हणालो चामादोर चारली, ’पादऱ्याबाकडे मीस सांगुंक विचारलें. तो मिसां बुक्क जाल्यांत. मीस सांगुंक जायना म्हणालो. सक्कड दुडवापाटल्यान. हो सांतयी दुडवापाटल्यान. पादऱ्याबाकयी पयशे मात्र जायजे. हांव काल मसतू

ꠘ

बेजारायेन आसलों. म्हज्या बायलेक ओफीस मीस दीवंक जालें ना म्हण निराशी जाल्लों. बेजाराय वचुंदी म्हण इल्लें चड पियेल्लों. आमालाचेर घरा वेताना म्हाका राग चडल्लो. सोपणांत केल्लेपरीं उडास म्हाका. पादऱ्याबाक च्यार सोवून या म्हण इगर्जे भितर गेलों. पेटो म्हाका घोंकिना. हांव भितर गेलों. पादऱ्याबाक आपयलें. ताणें दार काडलें ना. तो रातीं उटना. पियेवन घट्ट निदता. माटवांत सांतांतोनिची इमाज आसल्ली. पाद्री मेळ्ळो ना. सांतांतोनीक च्यार गाळ सांगून हांवें वाती पेटोंवच्या मेजार चडलों. मेज मालवालें. इमाज धरली. ती मालवोन म्हजेर पडली, हांव आनी इमाज सांगाता पडल्यांव. मध्याने उपरांत जाग जाताना हांव मोडोन पडल्ल्या इमाजेकडेच आसलों. सोपणांत केलां तशें जाल्लें घडोन जाल्लें. हांव भिंयेलो. फूटल्ल्या इमाजेचो भाग माटवाभायर वोडन घालो. हांवेच सांतांतोनीक फुटोवन घाल्लो. सांतांतोनी सकला पडतना म्हज्या कुसळाक लागोन घाय जाला.’चामादोर चारली आपलें खोमीस उकुलन, कुसाळांतलो घाय दाकोवन कसकसोन म्हणालो.

*** ——— ***

ꙮ

# मांय रेतिरेक गेल्ली

**मां**य रेतिरेक गेल्या म्हण आयकून म्हाका तकलेर मारल्ले परीं जालें. मांय रेतिरेक वचून दोन

हप्ते सयत जावंक नांत, आतां परता न आवचीत गेल्ली. दोनपारां लिल्ली आंटी आयिल्ली. लिल्ली आंटी वेता देकून मांययी गेली म्हणालें जेन्नी; जेन्नीक दोनपारां उपरांत परीक्षा नातल्ली जाल्ला न तें घरा आयिल्लें. मांय हरशें रेतिरेक वेताना सांगून, एक दोन दिसांक गरज आसचें रांदून दवरताली. उपरांत म्हाका कळल्ले परीं रांदून, पेज चेटनी कर्न मांय पाटीं येता परयांत आमी दीस

सारतेल्यांव.

रांदचा कुडांत दोनपारां जेवल्लीं आयदानां सयत धुवंक नातल्लीं. निसता च्या कुंडलात, पंदा

लागल्ली कडी सोडला र हेर कितेंच नातल्लें. परीक्षेचो वेळ न्हय तर व्हड नातल्लें. कन्नड आनी इंगलीश दोन परीक्षा मात्र जाल्लो. फाल्यां विग्यान, पोरवां लेकां. आनीकयी च्यार परीक्षा बाकी आसल्लो ! मांयन रेतिरेक वचुंक धरल्ला उपरांत हांव शिकपांत पाटीं पडल्लीं. आदले पावटीं मारक चीट दिताना 'रायाचो घोडो दीस वेतां वेतांना गाडांव जाल्लो खंय' म्हण सिसटरीन चत्राय दिल्ली. मांय परीक्षे वेळारच रेतिरेक गेल्ला न ह्या पावटीं हांव आनीकयी पाटीं पडतेलीं. म्हाका विराराय जाली. पाप्पा नीदल्ले कडेच आसल्लो.

पांय कटीण दुक्तागो पुता. तापयी आयिल्ले परीं जाता. दाक्तेरा सरशीं वचून येताये. म्हणालो पाप्पा, हांव इसकोलाचें वसतूर बदलून सदांचें न्हेसून येताना. पाप्पाक डयाबेटीस पिडा आसल्ली. दोन वरसां आदीं रेतिरेक गेल्ले वेळार ताची पिडा गूण जाली म्हण पाद्रा बान सांगल्ला उपरांत पाप्पा डयाबेटिसाच्यो गुळयो घेना. पंद्रा दिसां आदीं रातीं येताना रिक्षा परतोन पाप्पाच्या पायाक व्हडलो घाय जाल्लो. दाक्तेराकडे गेल्ले वेळार डयाबेटीस चडलां म्हणालो खंय दाक्तेर.

पूण पाप्पा डयाबेटीस ना म्हणता. पायाचो घाय व्हड जाला. आनी आतां ताप येता.

रांदल्लें कितेंय ना पाप्पा. रातीं पेजेक उदक दवर्न, तांदूळ घालन दाक्तेरा कडे वेतां. म्हळें हांवें. कितें करयां व्हजी परीक्षा म्हणून पाप्पाची भलायकी नेगार करुंक जाता? पयलें इसकोला थावन घरा येताना मांय खांवचे खातीर कितें तरयी तयार दवरताली. कणगेचे वा पोणसाचे हापोळ तरयी भाजून दवरताली. कितेंय ना तर वेग्गीं रांदून रातिच्या शिताक दूद घालन साकार भरसून

वोरनापरीं करताली. आतां मांयक आमचे विशीं चिंतुंक पूरसतच ना. रेतिरेक वचुंक धरल्ला उपरांत आमी हर एकांत साक्रिफीस करताल्यांव.

उदकाचे मोडकेंतलें एक ग्लास उदक काडन पियेलीं हांव. दोनयी कोळशानी उदक नातल्लें. शिदी घेवन बांयचें उदक हाडुंक गेलीं. जेन्नीकयी फाल्यां परीक्षा. तें ताचो कन्नड बूक घेवन मेटार

बसून 'पद्य' तोंड पाट करतालें.

हांव जेन्निपरीं दुस्रा क्लासिंत आसताना, मांय काजू बिंयाच्या कारकान्यांत काम करताली. म्हाका परीक्षा आसल्ला दिसांनी सांजेर वेग्गीं येवन म्हजें लिसांव शिकयताली. तेदनां हांव क्लासिंत पयलें

/ दुसें स्थान जोडतालीं. जेन्निच्या नशिबांत मांयन शिकंवचें बरवंकच नातल्लें दिसता.

एकेका कोळशात दोदोन शीदयो उदक भर्न, रातीं पेजेचें आदान दवरचा क चडीत एक शिदी उदक हाडताना म्हाका सोसुंक जायनातल्ली पुरासण भोगली. दोनपारां भुत्येंतलें जेवल्लें खंय गेल्लें कोण्णां. गोडाचो कुडको तोंडांत घालन उदक पियेलीं, आनी वानाच्या बांकार वोगेच बसलीं.

बाये म्हाका पद्य येतागी पळेताय? जेन्नी ताचो बूक घेवन आयलें.

पद्य येनातला र गुड्याक वच. फाल्यां म्हाकाय परीक्षा आसा.

म्हाका शिकुंक नांगी. हांगा रांदल्लें ना. रातीं जेंवचें नाकाये.

रागान पूरपूरलीं हांव. सांगाताच म्हजो ताळोय भरून आयलो. जेन्नी भायर गेलें. पेजेक उदक दवर्न, कोनशांत आसल्लीं दोन सुकीं लांकडां रांदनिंत दवर्न उजो पेटयलो. गोण्येंतलो तांदूळ काडन तो धुवन दवरलो. गोण्येंत तांदूळ चड नातल्लो.

दात्तेरालागीं वेचे खातीर, सदांचें वसतूर काडन दुस्रें न्हेसलीं. मेजाच्या कबटांत पयशे नातल्ले!

पाप्पा. दात्तेरा कडे वचुंक पयशे. विचारलें हांवें.

पयशेनांतगी पुता. आसल्ले तुजी मांय व्हर्न गेल्या दिसता. दात्तेराकडे पोरवां दितां म्हण सांगून दोन दिसांचें ओकत हाड म्हणालो पाप्पा नीदल्ले थावन्च.

दात्तेराकडे कशें रीण विचारचें? म्हाका कितेंच समजालेंना. कुजनाक पाटीं वचून रांदनिंत जळचा उज्याक पळेवन रावलीं हांव. रेतिरेक वचुंक धरल्ला उपरांत मांयन कारकान्याचें काम होगडायिल्लें. पाप्पा रिक्षा धांवडायतलो व्हय. पूण ताणे एकला न घोळल्लें आमकां पावानातल्लें. पाप्पान रिक्षाचेर काडल्ला बेकांतला रिणाचे कंत पावीत करचें सयत रावयलां म्हण पाप्पा– मांय उलवन पडतना आयकाल्लें हांवें. पंद्रा दिसां थावन पाप्पा घराच आसा. धाडाल्ली रिक्षा, रसता देगेर दुजे अंकलाच्या घरा आसा. अशेंच जायत तर आमी उपाशीं पडतेल्यांव. गोणयेंतलो तांदूळ मांय पाटीं येता परयांत पावला र पुरो.

जेन्नी परता न बूक घेवन म्हजेसरशीं आयलें. ताच्या दोळयांत दुकां पळेवन म्हाकाय दुकां उमाळोन आयलीं. ताका आरावन धर्न रडलीं हांव.

पाप्पाक ओकात हाडन येतां. उपरांत तुका 'पद्य' येतागी पळेतां बा जेन्नी. हांवें ताचें मातें पोशेवन सांगलें.

आज म्हाका 'उक्तलेकनांत' तीन अंक मात्र मेळ्ळे. मांय कडे शिकवंक सांग म्हळां सिसटरीन जेन्नी हुसकार्न म्हणालें. हांव मागीर शिकयतां. जेन्नीक समादान कर्न धाडलें हांवें.

उदक खत्कत्तच तांदूळ घालन, उजो थोडो सारको कर्न हांव दात्तेरा सरशीं धांवलीं, पंद्रा वीस मिनुटांनी पाटीं येव्येत म्हळ्ळा अंदाजार. दात्तेराच्या शोपाक पांच मिनुटांची वाट. हांव वेताना दात्तेराक राकून चोवगां / पांच जणां आसल्लीं. म्हजी सरती येताना हांव गेलीं.

पयशे हाडुंक नांत डोकटर हांवें पयलेंच सांगलें. मांय घरा ना. पोरवां दितां.

दात्तेरान जायत म्हळें. हांवें पाप्पाक ताप येता म्हण सांगलें. ताका डयाबेटीस चड जालां. तो घाय आसोच गूण जायना. रग्तांत साकर चड जावन आनी कितेंय जायत. ताका कंक्नाडी आस्पत्रेक ना तर वेनलोकाक पूणयी व्हरिजे. दात्तेरान समजवन सांगलें. तो रेतिरेक गेल्ला उपरांत डयाबेटीस ना म्हणता डोकटर. घाय दुक्ता खंय. ताप येता. पाप्पाक डयाबेटीस ना म्हण हांव पात्येतालीं.

ഥ

तें कितेंय आसुंदी. डयाबेटीस ना तर बरें. तुमी ताका कंक्नाडी व्हर्न दवरा. डयाबेटीस नासतां रग्तांत तितली साकार चडना. तुमी आशेंच बेपारवो करशा त तर जिवाक रिसक येत. पांयच कातरजे पडत. दात्तेरान कडक्क सांगलें.

हांवें ओत्ताय केल्ले खातीर दोन दिसांच्यो गुळयो दिल्यो. दात्तेरान म्हाका परत चत्राय सांगून धाडलें. हांव घरा पावताना, जेन्नीन लांकडां सारल्ला न उजो बरो जळतालो. पेज खत्कत्ताली.

दात्तेरान सांगल्लें पाप्पा ओपोंक तयार नातल्लो. आपणाक डयाबेटीस ना म्हण पाप्पाक खूब पात्येणी आसल्ली. हांवें दात्तेरान सांगल्लें पाप्पाक कळयलें. जेन्नीक ताची 'पद्य' शीकल्लें बरवंक सांगलें हांवें. पेन्सिलाचो एक इंच लांबायेचो कुडको घेवन तें बरवंक कश्टातालें.

दुस्री पेन्सील ना बाये. मांयन हाडुंक ना म्हणालें तें हांवें विचारल्ला क.

हांव तरयी हाडतीं आसल्लीं.

पाप्पाक ओकत हाडुंकच पयशे नांत म्हळेंय न्हय बाये. देकून हांवें विचारलें ना. जेन्निची जाप आयकून म्हाका कळवळे भोगले. आमची गत पाड जाल्ली.

म्हाका प्रश्नोत्तर शिकयताये बाये. आडदोस मागलो जेन्नीन. रातीं जेवणाक लोणचें मात्र जायत तर हांव पश्नोत्तर शिकयतां.

आनी चेटणी करिजे तर म्हज्यान जायना. जेन्नी ओपलें.

जेन्नीक प्रश्नोत्तर शिकयतां, हांवें न्हाणेयेच्या भाणाक बांयचें उदक भरलें आनी आरावन दवरल्ली खोली काडन न्हाणेये भाणाक उजो पेटयलो. जेन्नीक न्हाणवन, हांवयी न्हालीं. मांय रेतिरेक गेल्ला वेळार तिचे खातीर आमी पांच खण तेरस करचो आसल्लो. आजयी तशेंच केलें.

पाप्पा न्हावंक, तेरसाक उटलो ना. बोशियेंत पेज व्हर्न पाप्पाक जेवंक विचारलें. म्हाका भूकच

लागाना पुता. पाप्पा म्हणालो. जेवला शिवाय गुळयो दीवंक जायनांत पाप्पा. तूं इल्लेशें तरयी जेव हांवें ओत्ताय केली. पाप्पा कश्टांनी उटोन बसलो.

पाप्पा कसो आसल्लो!. आतां पुर्तो भागोन गेल्लो. पाटला थोड्या म्हयनां थावन मांय आनी पाप्पा पयलेंचेपरीं नांत. सारकें उलयनांत. पाप्पा सोरो पियेता आनी धोसता म्हण मांयन लिल्ली आंटी कडे सांगचें हांवें आयकाल्लें. पूण पाप्पान पियेल्यारयी गलाटो केल्लो ना. कितें धोसता तें म्हाका समजुंक ना. मांय ताचे कडे उलयना देकून पाप्पा सोरो पियेता म्हण म्हाका भोग्तालें.

पाप्पा सोरो पियेता देकून मांय भितरला न खीळ घालन कुजनांत निदताली.

एक रातीं पाप्पान कुजनाचें दार बडयताना म्हाकाय जाग जाल्ली. पाप्पान 'दार पोडन घाल्तां' म्हण दाराक खोट मारल्ला उपरांत मांयन दार काडल्लें.

लागीं येशी तर म्हाकाच कोयतेंत कातर्न घेतां. अनिसकळ जांवचे प्रास मोरचें बरें. म्हण मांयन किंक्राट मारल्ली, पाप्पा तशेंच पाटीं निदचा कुडाक गेल्लो. म्हाका उगडास आसा. पाप्पा आनी मांय त्या उपरांत उलंवचेंच उणें केल्लें. पाप्पान पोयर सोरो पियेवन रिक्षा सोडल्ला न रिक्षा परताल्ली म्हण मांय पूरपूरताली.

पाप्पा दोन घास कश्टांनी जेवलो. हांवें पाप्पाक गुळयो दात्तेरान फरमायिल्ले परीं दिल्यो.

मांद्री सोडोवन जेन्नीक निदावन जातच हांव म्हजो विग्यान बूक घेवन बसलीं.

ꭥ

शिकुंक जायित्तें आसल्लें. पयलें त्या त्या दिसाचें त्याच दिसा शिकुंक पूरसत मेळताली. मांय सदां सकाळीं मागणा जमातेक आनी सांजेर साक्रामेंताच्या आराधानक वेताली जाल्ला न घरचें काम म्हजेर पडतालें, आनी शिकुंक वेळ मेळनातल्लो. मांयक 'मागची पिडा' लागला म्हण पाप्पा म्हजेकडे सांग्तालो शिवाय, मांयचे मुकार उलयनातल्लो. एकेक पावटीं तोवी मागणा जमातेक वेतालो दिसता.

पयलें शीकल्लें चडताव विस्रोन गेल्ला न, दोन अद्याय शिक्तानांच म्हाका जेम येवंक लागली. हांव तशेंच जेमेवन आसताना पाप्पान बोब मार्न आपयलें.

पांयाची दूक सोसुंक जायना पुता. हरदांतयी दुक्ता. पाप्पा दुकीन कळवळोन म्हणालो.

म्हाका कितें करचें समजलेंना. भायर दाट काळोक आसल्लो. लागसार पिंटो अंकलाचें घर आसला रयी, मांयन तांचे कडेय झगडोन तांकां पयस दवरल्लें. तीं आमचे कडे उलयनातल्लीं. हांवें पाप्पाच्या हरदा र हात दवर्न पुसलें. पाप्पाक बरो ताप येतालो. दात्तेरान बोवश्या पयशे नातल्ला क सारकें ओकत दीवंक ना दिसता. पाप्पाक आतांच कंक्नाडी आस्पत्रेक व्हरिजे तशें भोगलें म्हाका. हांवें कशें व्हरचें?

पाप्पा. कितें करूं. पियेवंक कांय हांवें विचारलें. नाका पुता. तूं निदे. हे रातीक तूं एकलें कितें करतलेंय. पाप्पान दूक सोसुंक तांकानासतां तोंडाचे वोंट चाबोन म्हळें. म्हाका ताची दया दिसली. हांव आल्तारिकडे आयलीं. दुकां गळवन पाप्पाची दूक उणिकर म्हण मागलें हांवें.

' हांव रेतिरेक गेल्ला वेळार तुज्या पाप्पाक सयतान धोसता. म्हाका पवित्र आत्मा चें देणें आसल्ला न सयतान तुज्या पाप्पाच्या रुपार म्हाका कश्टिता.'म्हण मांय केदनांय म्हणताली. पाप्पाक सयतानाच्यो धोशी तर दयाकर्न निवार म्हण हांवें दिंब्येर पडून मागलें.

दूक इल्लिशी उणी जाली म्हळें पाप्पान, हांव परता न ताचे सरशीं गेल्ला वेळार. म्हाका थोडें समादान जालें.

विग्यानाचो बूक धांपून हांव निदलीं. रातीं उटोन पाप्पाक पळयजे म्हण निदताना येवजिल्यारयी, म्हाका रातीं जागच जाली ना. सकाळीं ऊटल्लिंच हांव पाप्पा सरशीं धांवलीं. पाप्पा निदला म्हण हांवें पयलें लेकलें. हांवें दोंकोळन पळेल्यारयी पाप्पाची नीद सुटली ना. पाप्पा मरण पावल्लो. ताची कूड बरपापरीं थंड जाल्ली. रेतिरेक गेल्ली मांय येवंक आनीकयी स दीस आसल्ले.

*** ——— ***

ಐ

# मोरनाची तयाराय

‘हांवें सिंडिकेट ब्यांकांतले सक्कड डेपोजीट तीन वरसांक रिनिवल केले. वाड चड ना, पूण वरसा वरसाक धुंवडावन दवरुंक तुका उडास जायजे न्हये. हांव आसताना जालें’ सकाळीं आयिल्ल्या दिसाळ्या पत्राचें म्यागजीन वाचून आसचे सेल्लिबायेन दान्येलामान सांगच्याक गुमान दिलें ना.’वाड बुकाक येंवची नाका. भेश्टेंच इंट्रेसट उणी जाता देकून तीन वरसांच्यो सरिटफिकेट केल्यो. हरएका एपरिलांत पयल्या हप्त्यांत वचोन वाडिचेर ईनकम ट्याक्स काडचें नाका म्हण एका फोरमाक दसकत घालुंक विस्नानाका. ना तर वाडिचेर ईनकम ट्याक्स काडतात. उडास दवर’ म्हणालो दान्येलाम. सेल्लिबायेन ‘हां हूं’ म्हळें ना.

’ चिक्के हेवशीन मत दी’ म्हणालो दान्येलाम ताळो मात्सो व्हड कर्न, ’फाल्यां हांव मेलों जाल्यार हें सक्कड तुवें पळयजे. सांगानासतां मेलो म्हण म्हाका दूरसाल्यार हांव कितेंय गोलिमार सिमिसत्रेंतलो उटोन येंवचों ना. आतां सांगचें चीत दीवन आयक’ दान्येलाम जडायेन म्हणालो.

’ रिटायरड जावन धा वरसां जाल्यारयी भूरग्यांक शिकंवचेपरीं म्हाका शिकंवचें मात्र रावोवंक नांय तुवें. इसकोलांत शिकयताना भूरग्यांक शिकवन आसल्ली सवय म्हण जालें. रिटायरड जाल्या उपरांत हांव एकलीं ऊरल्यां तुजे क्लाशिंत’ दूरसाली सेल्लिबाय.

’ शिकंवचें न्हय सेल्ले. तुका समजोंवचें. दुडवाचें, आसतिचें लेक–पाक तुकायी कळीत आसोंक जाय. तुका सारक्यान ब्यांकाचें चलन भरुंक येना. फाल्यां म्हजी चिमणी पुक्क जायत जाल्यार गत तुजी’ वोकला वयल्यान सेल्लिबायेक पळेवन सांगलें दान्येलामान.

’ तुका कित्याक असोय मोरनाचो जोप लागला म्हाका समजाना’ बेजारायेन उलयली सेल्लिबाय, ’उटता बसताना तूं एक मोरनाचेंच कालें उलयताय? मोर्न आमी मागानाये. एकेकपावटीं आमी माग्ताना देव ‘असतू’ म्हणता खंय’ म्यागजिनाचें पान परतीत म्हणाली ती.

’ देवान बोगेल्ल्या शिवाय मोर्न येना सेल्ले’ लांब उस्वास घेवन म्हणालो दान्येलाम, ’म्हाका मोरनाची आशाय ना भिरांतयी ना. पूण फाल्यां हांव मोरान तर तुका धोशी जायनाये. आजून तुका ब्यांकाच्यो, श्हेरांच्यो गजाली कळीत नांत. हांवें कितलें सांगल्यारयी तूं मांड्ड्या भितर व्हरिनांय. हांव मेल्लोंच, तुका मांकोड कर्न आसल्लें सक्कड कोण फारतीत म्हण खंत म्हाका. तुवें ह्या विशयांक इल्ली तकली दीजे’ ब्यांकाच्यो रशीद्यो दवरचें ल्हान ब्याग धांपून म्हणालो दान्येलाम.

’ मोर्न आमच्या हातांत आसाये. तुमकां सद्द्याक कितेंय जायना.’म्यागजीन पाटीं दोडन, आराम कदेलाथावन उटत म्हणाली सेल्ली बाय.

’ कितेंय जायना म्हण पोट्टू धयरार रावल्यार जायना’ नाका वयर आसल्लें वोकल कपलाथावन मुकल्या मात्याक पाटीं लोटीत म्हणालो दान्येलाम, ’पोयर दात्तेरच म्हणतालो, म्हजें प्रेशर चडलां खंय. आनी चडीत ओक्तां चलनांत खंय. डयाबिटीस कितें उणें खेल्यारयी देंवोंक आयकाना. कोलेसट्रोलाक गुळियो गीळल्ल्योच आयल्यो. म्हाका भोग्ता सां मिंगेलीन म्हजी विजा तयार केल्या. आनी धाडुंक मात्र बाकी’ .

ω

’ तुमी एक नाका जाल्लें अपशकून उलयनाकात पळेया. आयकोन आयकोन पुरो जालें म्हाका. मोरनाची खबर उलयनातल्लो एक पूणयी दीस आसाये.’आळसायेन जांबाय काडीत, भूज पिंटावन उटली सेल्लिबाय.

ब्यांकाक गेल्लेकडे रोजीन मेळ्ळें. दाविदान एका एकांवटाक मरियाणाचें नोमिनेशन केल्लें, बदलुंकच ना खंय. मरियाण मोरोन वरसां चार जालिनांतये. आनी आतां एकांवट रोजिनाच्या नांवाचेर करिजे तर कालें अफिदावीत, करमां भोजो म्हण वकीलाकडे धांवोंक रोजिनाक खंय कळता. फाल्यां हांव मेल्यार तुका तशें जावंक नजो.’दान्येलाम ब्यांकाच्या रशीदेंचें ब्याग आल्मारेंत दवरुंक भितर गेलो. दावीद दान्येलामाचो मावळ्याभाव आनी मरियाण ताचो मालघडो पूत अवगडांत अंतरल्लो.

गोलिमार सांत आंतोनिच्या हायर प्रायमरी इसकोलाथावन दान्येल मेसत्री निवृत्त जावंक आनी अरुणाचें इंजिनियरिंग तशें माल्गड्या सुनिताचें बी. एड. जावंक सारकें जाल्लें. सुनिताक काम सोदतानांच मसकतांत काम करच्या जेरिची सयरीक आयिल्ली आनी उटाउटीं काजारयी जाल्लें. अरुणाक क्यांपस इंटरव्यूवांत बेंगळुरांत विलायती कंपणेच्या शाक्यांत काम मेळल्लें. त्याच कंपेनिंत काम करच्या मलयाळी चलियेच्या मोगार पडोन काजार जावन तीं दोगांय प्रसतूत अमेरिकांत बरया कामार आसल्लीं. मेसत्रीक हातभर पेनशन मेळतालें. घरचो पूरतो खरच काडन ऊरचे तितले नारल घरा मुकल्या तोटांत जातालें.

भूरगीं बरया फुडाराक पावल्लीं, दुडवाची खंतच नातल्ली. उतर प्रायेर कसल्याचीच खंत–हुसको नासतां सुशेगायेन जियेवन आसच्या गोलिमारांतल्या बोटांनी मेज्येत तितल्या मालघड्यां पयकीं दान्येलाम–सेल्लिबायेचें जोडें एक.

पूण भलायकेन मात्र दान्येलामाक सांगात दीवंक नातल्लो. लगबग वीस वरसांथावन डयाबिटीस, पाटल्या थोड्या वरसांथावन प्रेशर आनी कोलेसट्रोल दान्येलामाक धोशी दीवन आसल्लें. सूरवातेर गोलिमारांत संजीवण्णा दात्तेराचेंच ओकत सुरू केल्लें आनी सगळें कंट्रोलाचेर आसल्लें. सुंदरण्णाचें ओकत पावानातल्लेंच, ताणेंच चीट दीवन दान्येलामाक कोड्याळ स्पेशलिसटाकडे धाडल्लो.

’ कालेंय सांग तूं. हांवें ती आंजियोपलासटी करयनाये आसल्ली. अरुणान ओत्ताय केली म्हण हारट तपासणेक वचोन फस्वोन पडलों हांव. आंजियोपलासटी केल्ल्या उपरांत ह्यो पूरा धोशी’ दोनपारां जेवताना दान्येलामान परत सुरू केलें.

’ तुमी दात्तेरगी तो दात्तेर. हारटाच्यो नळियो ब्लोक आसात म्हण न्हये ओपरेशन केल्लें. ओपरेशन केल्ल्यान आतां सुडसुडायेन आसात. ना जाल्यार आनी कालें जावन वेतें’ सेल्लिबाय राजांव उलयली.

’ तुका समजना तें’ नासमदानान म्हणालो दान्येलाम, ’हारटांत ब्लोक आसल्ल्या कितलेश्या जणांनी ओपरेशन करयनातल्यारयी बरयान आसात. आज गोलिमारांत कितेंगी घेवंक विस्नालो देकून पंजिमार पांडू कामतिच्या आंगडीक गेल्लो. कामतीकयी हारटांत ब्लोक आसात, तूरतान ओपरेशन करिजे म्हळ्ळें खंय. कामती कितलो म्हळ्यारयी कामती न्हये. ओपवोंक ना. चार वरसां जालीं. दिसाक दोनपावटीं तितीन गुळियो गिळता आनी सुशेग आसा.’वाळल्लें शीत उदारें करतच घेतल्ल्यान आजून हून आसल्लें. रांदणिचेरच आसल्ली मासळेची कडी कोपांतली काडन त्या शिताक भरिशताना हाताक ऊब लाग्ताली जाल्ल्यान, तोंडांत शिताक फुंकीत म्हणालो दान्येलाम.

ಐ

’ सकडांचें हारट एक सारकें आसताये. सालुभोट पळेया. डयाबिटिसाक पुत्तूरच्या पंडिताचें ओकत घेतालो खंय. नीदल्लेकडेच काळीज रावोन कोट्टाय जावंकनाये. कोणाचें कालें म्हण सांगोंक जाताये’ कडियेंतल्या हून धडियारयाचो ल्हान किस्पोर काडन तोंडाक दवरलो सेल्लिबायेन.

’ हांवें उलयल्यार तुका बेजार जाता म्हण म्हाका गोत्तासा’ म्हणालो दान्येलाम, ’पूण वासतविकता म्हणतात म्हळ्यार परिगत कशी येता तशी स्वीकार करुंक जाय. फाल्यां हांव मोरान जाल्यार तूं एक्सुरें जातलेंय. अरूण आनी ताची बायल अमेरिकाथावन येंवचिंनांत आनी आयल्यारयी तुका त्या मलयाळी सुने सांगाता जांवचें ना. अमेरिकाक वेशी जाल्यार जयलांत घाल्लेपरीं जावन पिशें लागात. तुका जाता जाल्यार सुनिता सांगाता रावोंक पळे. जेरी बरया समजणेचो भूरगो. आमच्या अरुणापरास तोच जायत’ .

’ तुमी तेंच कित्याक उलयतात. दुस्रे विशयच नांतगी. ना जाल्यार हांव टी. वी. घाल्तां. आतां सुमंगल सीरियल आसा. तुमचे चोरे आयकोंच्याकयी तें सीरियल जायत.’जेवणाच्या मेजावयली बोशी हातांत घेवन, उटोन सोफासरशीं वचोंक आयती जाली सेल्लिबाय.

’ बस. सांगचें आयक’ म्हणालो दान्येलाम, ’पाटल्या थोड्या दिसांथावन म्हाका फकत काजाराचीं सपणां पडतात. कोणा कोणाच्या काजाराक गेल्लीं. पूरा सांगान जाल्यार म्हजी तकली पाड जाल्या म्हणतीत. काल आमच्या विगाराक काजार म्हण सपण पडल्लें. काजाराचीं सपणां पडल्यार मोर्न लागीं आसा म्हण म्हजी मांय म्हणताली.’

’ सपणांक कितेंय अरत ना म्हण तुमिंच भासताल्यात. हांवें सपणां पडल्यांत म्हण सांगल्यार खेल्लें चड जाल्यार सपणां पडतात म्हणताल्यात. तुमकां पडच्या सपणांक मात्र अरतवे.’सेल्लिबायेन दान्येलामाक अरद्यारच राववन म्हळें.

’ तशें न्हय सेल्ले. ह्या दिसांनी म्हाका कित्याकगी मोरनाचो उडास चड चड येता. थोडेपावटीं मुकार घडोंक आसचें लागीं जाताना अशें जाता खंय. हांव मोरनासतां वांचलोंच म्हण्यां. तें बरेंच. एकावेळा मेलों जाल्यार तुवें तुज्या फुडाराचें चिंतून, चत्रायेन मेट घेजे. कितलें अनापत आयल्यारयी सक्कड पयशे आनी श्हेर भूरग्यांच्या नांवार करिनाका. तुज्या गरजेचे थोडे दवर्न घे. हातांत चार कास आसल्यार मात्र भूरगीं बाळां पळेतात. न्हय आमचो अरूण आनी सुनिता तितलीं पाड म्हणचें न्हय. पूण थोडेपावटीं परिगत मनशाक अनुपकारी करता.’

’ अय्यो देवा. इल्लें वोगेच रावा पळेया.’सेल्लिबाय उटोन, जेवणाची बोशी घेवन सोफाचेर बसलीच.

’ ताका मोरनाची गिरांत लागल्याशें दिसता मांय. तें बरें न्हय. मनीस मोरनाविशीं चड उलयत तर जिवघात करुंक पाटीं करिनांत खंय. तूं पप्पाचेर दोळो दवरीत राव’ म्हण ते सांजेर अमेरिकाथावन अरुणान फोनाचेर सांग्ताना सेल्लिबायेचे कुडिंत शेळेर धांवल्लो. दान्येलाम सेजारा वाड्या जमातेक गेल्लो. शेळ जाल्या म्हळळें नीब दीवन सेल्लिबाय घराच रावल्ली.

ꙍ

’ तो सारको आसा पुता’ कावजेणी भोगल्यारयी परदेशांतल्या पुताक दासती जायनाये देकून तिणें समदान कर्न सांगल्लें, ’तुका ताची सवय गोत्तुनाये. खंचेंय धरल्यार कूरलेपरीं ताका सोडुंक कळना. दीस रात तेंच धर्न झरयता. ती ताची सवय.’

’ काल पेंटेथावन फोन केल्लें मांय. दात्तेराकडे गेल्लो. चड दीस काडचो ना. पोयरच येवन गेल्लोय न्हये. मेल्यार भेश्टेंच अमेरिकाथावन येनाका. मीस मात्र. आपणाक मात्येक पावंक ना. कूड मणिपाल आस्पत्रेक दिंवची वेवसता केल्या म्हणालो. पप्पा कित्याक तशें उलयता. तो कितें सांग्ता म्हणंच म्हाका समजलें ना’ अरुणाच्या ताळयांत आकांत आसल्लो.

’ तशें सारको आसा पुता. ताचें सोड. तूं तुज्या कामाचेर चीत दवर’ सेल्लिबायेन पुताक धयर दिलें.

’ ताका एकपावटीं कंक्नाडी आपवन व्हर्न दात्तेर के. एस. शेट्टिकडे दाकय मांय. मांड्डो पाड जालागी म्हण तपासून पळेंवदी. पप्पा आयकाना तर गुसतू मामाकडे सांग. मोरनाविशीं उलंवचे जिवाक कांय कर्न घेंवचें चड म्हण वाचल्लो उडास.’अरुणान तशें सांग्ताना सेल्लिबायेक पयलेंपावटीं दान्येलामाच्या नडत्याचेर दुबाव उबजलो.

अरुणान सांग्ताना दुबाव जाल्यारयी दान्येलामाक मतिची पिडा आसा म्हण सेल्लिबायेक भोगलें ना. खंचोय विशय धरल्यार त्या विशिंच दीस रात चिंतच्या दान्येलामाचे सवयेचो तिका बरो जोप आसल्लो. आदलेपावटीं माडांचे बोंडुले कुब्यारच कुसोंक धरल्ल्यावेळार आपलें घरदारच बुडोन वेता म्हळ्ळेपरीं सेजारच्यांनी दान्येलामाक सुत्तू सडीळ जाला म्हणता तितलें आयिल्ल्या गेल्ल्याकडे तीच खबर उलवन उलवन मेळल्ल्या मेळल्ल्यांचो भेजो खेल्लो ताणे. खडपाहितलांत क्व्यारी सुरू करतात म्हळ्ळी खबर सत वा फटी म्हण नक्की करिनासतां वाड्याच्या सक्कड घरा वचोन प्रतिभटन करिजे म्हण सांगोन, त्या पासत हातपत्रांयी तयार कर्न रातीं मद्यानेर उटोन मंत्रिक, एमएलएक अरजी म्हण कितें बरयिल्लें सेल्लिबाय विस्रोंक ना.

तरयी अरुणान चत्राय दिल्लेपरीं दान्येलामाक एकल्याक घरा सोडन ती माडामुळांक सयत गेली ना. खीळ घालन कांय अनाहूत करीत म्हळ्ळ्या दुबावान दान्येलाम तोटाक गेल्ल्यावेळार बेडरुमाच्या दाराची खीळ पडानाशें, सुत्त्यांत धाडावन वांकडी केली. उंद्रांक म्हण हाडन दवरल्लें इलिपाशन काडन व्हाळाक उडयलें.

राग दाकयिल्ल्यान कोण्णा, दान्येलामान सेल्लिबायेकडे मोरनाची खबर उलंवची रावयली.

पप्पा नातल्ल्या वेळार मीसकोल दी म्हण सुनिताचें एसएमएस पळेतानांच दान्येलामान धुवेकडे कितें तरयी सांगलां म्हळ्ळो दुबाव जाल्लो सेल्लिबायेक. तीन दीस दान्येलाम खंय गेलो ना. घरा भोंवतीं जाग–माग आसाजे म्हळ्ळयाखातीर हर वेळार सेल्लिबायेन सन्वारा सांजेर आनी दान्येलामान आयतारा सकाळीं मिसाक वेचें आसल्लें. दान्येलामाक एकल्याक सोडन गेल्यार कितेंय अनाहूत कर्न घेत म्हळ्ळया भिरांतेन आपणाक भलायकी बरी ना म्हळ्ळें नीब दीवन सेल्लिबाय त्या हप्त्यांत मिसाक गेली ना आनी दान्येलाम आयतारा सकाळीं गोलिमार इगरजेकडे गेल्लोच धुवेक मीसकोल दिलें.

फोनाचेर सुनिता रडलेंच.’पप्पाक कितें तरयी पिडा आसा म्हण दिसता मांय. आपूण वेग्गीं मोरच्यार आसां म्हण ताका नक्की आसा. ना तर तो असो उलंवचो न्हय. ताका कोडियाळ आपवन व्हर्न चेकआप करय. कांय चडुणे आसल्यार ट्रीटमेंट करयेत. पप्पाक समजय.’

ɷ

धुवेचे हुसकार आयकोन सेल्लिबायेकयी तडवोंक जालें ना.

’ तशें कांय ना पुता. तो भलायकेंत सदांचेपरिंच आसा. मोरनाची गिरांत लागल्या दिसता’ धुवेक समदान केलें सेल्लिबायेन.

’ हांव आसतां म्हणासर तुका सोडन घालिना मांय. हांवें पप्पाक भास दिल्या. भूरग्यांच्यो क्लाशी न्हय जाल्यार आतांच उटोन गांवांक येतीं. पप्पाक समजय. तो कितें पुरा उलयता. मेल्यार ताचे दोळे दान दीजे खंय. कूड मेडिकल कोलेजीक दीजे खंय.’सुनिता परत हुसकारोंक लागलें. सेल्लिबायेन धुवेक समदान केलें.

तो एक हप्तो कितेंय विशेस नासतां पाशार जालो.

सेल्लिबाय कावजेवन कावजेवन सन्वारा मिसाक गेली. मीस जाल्लेंच मारकेटीक वचोन मासळी घेवन घरा येता परयांतयी तिचे उब्देस सांगचे नाकात. ती घरा पावताना दान्येलाम बाक्यारांत तेंडलीं लावंक गुरी खोंडतालो.

’ मोरनाची वाट पळंवचो तेंडलीं लावंक तयाराय करताये. हाचो सुत्तू सडीळ म्हण म्हाका टेनशन’ आपणायितल्याक घुणगुणोन सेल्लिबाय घरा भितर सरली.

त्या रातीं मागणें कर्न जेवताना दान्येलामान परत मोरनाचो प्रसताप काडलो.’कुडतमजलांत शेसिच्या पुताच्या बायकाक लोरी हांडोन मेंद्वाक कटीण मार जाला खंय. एकावेळा म्हाका कितेंय तशें जाल्यार आनी दात्तेर हांव वांचना म्हण निघंट सांग्तीत तर म्हज्यो किडन्यो, लिवर आनी हारट सक्कड दान दीजे. ब्रेयन डेत म्हणतात. तवळ हे भाग काडन दूसऱ्यांक बसव्येत.’

’ तुमी खंय बायक सोडतात म्हण. सायकल घुड्डांवचें रावोवन कांय वरसां जालीं’ दान्येलामाक हगूर कर्न म्हणाली सेल्लिबाय.

’ गजाल ती न्हय. ब्रेयन डेत कोणायकी जाव्येता. कशेंयी जाव्येता. एकावेळा म्हज्या मेंद्वांत रगत व्हाळोन म्हजो मेंदुयी बंध जाव्येता. त्या वेळार म्हळें.’दान्येलाम सेल्लिबायेक समजवंक पळेतालो.

’ अळे तुका आनी भूरग्यांक कितेंच टेनशन नाका म्हण म्हजे कुडिची कितें विलेवारी करिजे, कशी करिजे तें सक्कड हांवें संजीवण्णा दात्तेराकडे बरवन दिलां. दात्तेर संजीवण्णाचो पूत विजय मणिपाल आस्पत्रेंत दात्तेर. म्हजो स्टूडेंट तो. म्हाका कितेंय जाल्यार संजीवण्णा दात्तेराक खबर दिल्यार जालें. ऊरल्लें डोकटर विजय पळेतलो. तितलें तूं उडास दवर.’दान्येलामान तशें सांग्ताना सुनितान उचारल्ले तसलो दुबाव सेल्लिबायेकयी जालो. दान्येलामाक वेगिंच मोरचे तसली कितेंय पिडा नामू?

हें घडोन आजीक पंद्रा दीस जाले.

आपणाच्या पिडेंचें, आपणाच्या मोरनाची खंत करतेल्या दान्येलामान सेल्लिच्या भलायकेचें कित्याक गुमान केलें ना म्हळळें दान्येलामाकच मिसतेर जाल्लो. सेल्लिबायेक डयाबिटीस नातल्लें, प्रेशशर चडोंक नातल्लो, कोलेसट्रोल मितिचेर आसल्लो–म्हणतच तिका मोर्न येंवचेंच ना म्हण आपणे लेकल्लें? दान्येलाम गुपीत रडतालो.

सेल्लिबायेच्या गरबांत लिपोन आसल्लें केन्सर एकानेक मेंद्वांत वयर पडोन कितेंच करचे भितर ती दान्येलामाक एक्सुरो सोडून वचत म्हण कोणे चिंतल्लें.

ꙍ

तिचे दोळे जांव, किडन्यो, लिवर वा हारट मात्र न्हय नीरजीव कूड सयत दान दिवंक जायनासचेपरीं सेल्लिबाय अंतरल्ली.

आपूण मेल्यार सेल्लिबायेच्या फुडाराची येवजण केल्ल्या दान्येल मेसत्रीक, सेल्लिबाय सरल्ल्या उपरांत आपलो फुडार कितें म्हळळें आजून सवालच जावन ऊरल्लें.?

*** ——— ***

# जुबलेव

सक्कड पाड जालें. वरसाथावन तयारी कर्न आयिल्ल्यांव. आतां तीन दीस मात्र ऊरल्यात. आनी तुजो दाट्टू तेच्च दिसाक मोरोंक राक्ता. ग्रेस पूरपुरोन भितर सरताना आराम कदेलार बसोन दिसाळें पत्र वाचून आसल्लो सैमन सुवारीस उडोन पडलो!

किते जालें. कोण दाट्टू. पीटर दाट्टुघडबडोन विचारलें ताणें.

हां तोच. ताका मोरोंक होच वेळ जाय आसल्लो. घरचें मुकलें दार दांपित्त म्हणाली ग्रेस, पादऱ्याबान मिसाचेर ताचें नांव काडन माग्ताना हो ह्या आधिंय असोच वयर म्हणासर येमकोंडाचें दार थापुडन पाटीं आयिल्लो, आतां परत एकपावटीं म्हण लेकलें हांवें, मिसा उपरांत ताच्या वाड्याची गूरकार्न मिल्ली टीचेर मेळ्ळी. वेनलोकांत एडमीट कर्न धा दीस जाल्यात. दोनयी किडन्यो पूरते बेकार जाल्यात. मूत बंध जालां. दोन दीस काडीत तर व्हड म्हण दाक्तेरान सांगलां म्हणाली. म्हाका म्हळाबच मात्यार पडल्लेपरीं जालें. हो आतां घूड घालीत तर.

तितलो सिरीयस आसा? सैमनाचो ताळो कांप्तालो.

मिल्ली टीचेर पळेवन आयल्या खंय. तिणें सांगचें अयकताना हो आमचें कारयें पाड करुंकच इतलो काळ वांचल्लो तशें भोगलें म्हाका. मोरोंक आमच्या जुबलेवाचो दीसच जाय आसल्लो हाका. किडन्यो काम करिनांत म्हण आयकोन थोडेशे मयने जाल्ले. मोरोंक आसल्लो एक दोन मयन्या पयलेंच तरयी मोरतो. आतां मोरत तर कारयें कशें करचें. सक्कड एरेंजमेंट जालांमू. म्हाका किते करचें कळना. ग्रेस कळवळोन बसली.

तो दीस सोडल्यार जुबलेवाक तीन्च दीस ऊरल्ले. बुद्वारा सांजेर साडेस वरांचेर मीस, आनी मिसा उपरांत होलांत सत्कार कारयें. सगळें कारयक्रम भोव बरें जायशें तयारय केल्ली. ग्रेसबायेचो भाव नोरतइंडियांत भिस्प मंगळरा दीस सकाळिंच्या फ्लायटार पांवच्यार आसल्लो, दियेसेजिचो भिस्प, रेलिजियोस आनी दियेसेजिचे म्हण उण्यार वीस–पंचवीस याजक जुबलेवाच्या मिसार सहभेटवणी करुंक आसल्ले. नांवाडदीक, ग्रेसत आनी ओळकिच्यांक ओत्तायेन आपवणें दिल्लें. ग्रेसबायेचे तेग भाव आपल्या सगळ्या फेमिली सांगाता गल्पाथावन जुबलेवाखातीरच म्हण आयिल्ले. ग्रेसबायेच्या फेमिलिपरीं सैमनाच्या कुटमांत नांव वेल्लेजांव, गल्पांतले जांव तितल्या लागशिले कोण नातल्ले. ग्रेस–सैमन जोड्याचे दोग पूत जे बेंगळुरांत मेडिकल शिक्ताले ते जुबलेवा दीस आपल्या दा–बारां सांगाती–सांगातिणें बराबर पांवच्यार आसल्ले. हो सिजन जाल्ल्यान वरसापयलेंच होल बुक्क केल्लें. शेरांतल्या नांवाडदीक केटररांक मारगायेच्या जेवणाचें ओरडर दिल्लें. इंगलीश–कोंकणी भर्सून उलोंवच्या नांवाडदीक एम. सी ची मांडावोळ जाल्ली. कोणायच्या कारयाक होलाक वचानातल्लो फीरगज विगार भलायकी मागोंक ओपवाल्लो. जुबलेवाचो संभ्रम हे परयांत कोणेंच करुंकना तितल्या गद्दळायेन जांवच्याक सरव तयारय जाल्ली.

पूण कारयाक व्हड विघ्न जावन सैमन सुवारिसाचो मालघडो भाव पीटर मोरोंक आयतो जाल्लो? मिसाक गेल्ले ग्रेसबायेन तशें खबर हाडल्ली.

जुबलेवाच्या कारयाक सैमनान आपल्या व्हड भावा पीटराक ताच्या घरा वचोन आपंवचें सोड, आपवणे–पत्र तप्पालाचेर सयत धाडुंक नातल्लें. सैमन सुवारीस तसल्या व्हडांच्या कारयांत वांटो घेवंक पीटराक फावो

नातल्लें. तरयी तो मेलो जाल्यार. आजच मोरोन फाल्यां मोर्न केल्लें तर व्हड ना. एकावेळा जुबलेवाच्या दिसाच मेल्यार? स्वंत भावाची निर्जीव कूड मात्येक पायिल्ले बगार जुबलेवा तसलें कारयें करुंक जायत?

तो आज फाल्यां मेलो जाल्यारयी पोरवां कारयें करचें कशें. हो लोक तोंडाक आयिल्लें उलोवंक आसा. हांवें तुका केदनां सांगल्लें. आमी ही फीरगजच सोडन रुजाय वा बेंदूर वचोन राव्यां म्हण. तूं आयकलोनांय. तुज्या माल्गड्यांक हांगाच पूरलां देकून हांगाच जाय म्हणालोय. हरयेक नापास गजालीक हेरांक जवाब्दार करची ग्रेस बायेची सवय न्हन्हय.

तें आसोंदी डियर. सैमन सुवारीस समधानेन म्हणालो, गजाल किनें ती पळेव्यां. पीटरदाट्टू जीव आसामू. आमचें कारयें जाता म्हणासर ताणें वांचल्यार जालेंमू. मेडिकल सैन्स इतलें व्हाडलां. मेल्ल्यांक सयत आरिटफीशियल सप्पोरटाचेर दवरतात. तूं तकली हून करिनाका. तो आजच मेलो तरयी बुध्वरा परयंत जीव दवरयेता. तूं तकली हून करिनाका. समस्स्यांच्या वेळार परियार तूरतान झळकोंचें विशिसट देणें सैमन सुवारिसाक आसल्लें.

वेनलोकांत ते फेसिलिटी आसात म्हण?ग्रेस आतां शांत जाल्ली.

वेनलोकांत न्हय तर भायर आसताल्यो. आमचो जुबलेव जाता परयांत तरयी आमकां पीटर दाट्टून वांचल्यार जालें. सैमन दृढ आसल्लो.

तशें जुबलेव जाल्ल्या तक्षण ताका मोरोंक सोडुंक जाता?विचारलें ग्रेस बायेन.

हे पावटीं पीटर दाट्टू वांचतलो. वा निमाणे आमचो जुबलेव जाता परयांत तरयी. सैमन सुवारीस आपल्या मोबायलाचेर ओळकिच्या दाक्तेराचें नंबर सोधून आसतां म्हणालो.

***

ओक्तां हाडुंक म्हण भायर मेडिकल शोपाक गेल्लें पाटीं येतना, सैमन सुवारीस आनी ग्रेस बायेक आपल्या पतिच्या खाटी बगलेन उभें आसल्लें पळेवन कावजेली रीता. पीटर सारको मतीर नातल्लो, ताका कोण आयलीं–गेलीं तें कळचेपरीं नातल्लें.

केदळा आयिल्ल्यात?रितान नमृतायेन विचारलें.

इतलो सीरियस आसताना म्हाका एक खबर दिंवची न्हय वोनिये. चे. चे दाट्टू जाला पळे. इतलो असकत जाला. अशेंच मरोंक सोडताय ताका?सैमनान तशें सांगताना रिताबायेक विज्मीत जालें. तिका किनें जाप दिंवची सुसताली ना.

ताणें तिचेकडे उलोंवचें कांय वीस वरसा उपरांत. पूत आपल्या खुशेविरोध काजार जालो म्हण रागार जाल्ल्या बापायन सैमानाक घराथावन मेकळो केल्लो. नव्या होकलेक घेवन घरा आयिल्ल्याक बापायन भितरच घेवंक नातल्लें. त्या वेळार भावा पीटरान उतर सयत काडल्लें ना. सैमन बापायच्या घराक तशें पाट कर्न आयिल्लो हे परयांत गेल्लो ना.

घर सोडून गेल्ल्या सुमार पांच–स वरसां उपरांत आवचीत इगरजेंत सैमन आनी ग्रेसाक पळवन, रितान्च वचोन उलोवंक प्रेतन केल्लें. सैमनान उलोंवची खुशी दाकावंक ना.

पाटल्या वरसांनी दोदोन वरसांक एक पावटीं गांवाक येतालीं. मिसाक आयिल्लें रिताबायेन पळयिल्लें. पूण आपणाचीं म्हण ती लाग्गीं गेल्ली ना.

ताच्यो दोनयी किडन्यो पाड जाल्यात. दाक्तेर ताका नवी किडनी बसयल्यार मात्र तो वांचत म्हणता. तें ञेकडे साद्य जायत?. ओक्तांक सयत गत ना. रिताबायेच्या दोळयांत दुकां फुटलीं.

ꣷ

आतां जाल्लें जालां. ताका हांगाथावन तूरतान डिसच्यारज करिजे. सरकारी आस्पत्रेंत असल्या पिडेंक खंय ट्रीटमेंट मेळता? पादऱ्याबान मिसाचेर मागोंक सांग्तानांच आमकां कळ्ळें. ताका आलफा आस्पत्रेक वरियां. हांव थंयच्या दात्तेराकडे उलयलां. म्हज्या ओळकिचो दात्तेर आसा थंय. सैमन सुवारीस मोवाळायेन म्हणालो.

तो कितें केल्यारयी वांच्चो ना म्हळां दात्तेरान. दूक नासतां कश्ट भोगिनासतां मोरोंदी म्हण हांवें हांगा हाडन दाकल केलें. रिताबायेक दूक सोसुंक जालें ना. ती रडलीच.

प्रेतन करयां वोनिये. देव आसा. आमी आसताना अशें गत आधार नातल्लेपरीं मोरोंक सोडल्यार लोक कितें म्हणात? देवा मुकार आमी गुन्यांवकार जातेल्यांव. ग्रेसबायेनयी समजयलें रिताक.

वेनलोक आस्पत्रे थावन डिसच्यारज करुंक चड वेळ गेलो ना.

घोळल्लें सक्कड सोरयापाटल्यान घालेंम्हणाली रिताबाय आल्पा आस्पत्रेच्या इंटेन्सीव केर वारडाच्या भायर आपणा सांगाता बसोन आसल्ल्या देर सैमनाकडे. ग्रेस वाटेरच देंवोन आपल्या घरा पाटीं गेल्ली.

मिती भायर पियेता आनी रसत्यारच पडोन आसता म्हण हांवेंय आयकाल्लें. डयाबेटीस आसल्लेंमू. पूण इतलो सिरीयस आसा म्हण म्हाका कळीत नातल्लें. एक खबर दिल्लीय तर खंय बरया दात्तेरांक दाकावन ओकत करयेतें!म्हळें ताणें.

हाच्या पिडेन आनी सोरयान आमचें सत्त्यानास जालें. ताका विंगडच थराचें ईनसुलीन जाय पडता. हप्त्याक चारशीं रुपय ओक्ताकच जाय. पाटल्या मयन्यांनी सारकीं ओक्तांय घेवंक नांत. धुवेच्या काजाराक म्हण बेंकाक घर–जागो आडव घालन रीण काडल्लें. बेंकाथावन घरजागो एलमाक नोटीस आयलां. गादे बेसाययी सारक्यान करुंक ना. गाद्यांत पीकल्लें जेवन कितेंय इल्लें ऊरलें तर हाच्या सोरयाक जालें. सोरो मात्र सोडिना. तशें सांगोन हुसकारच्या बावजेच्या गळयांत फकत वोप गेल्ली सांतेंतली सरपळी दिसली सैमनाक. वोनी फट सांगनातल्ली.

तितल्यार दात्तेरान सैमनाक भितर आपयलो.

ताचें कंडीशन एकदम पाड आसा. मिसटर सुवारीस. लिवर पाड जालां. काळकाय मीत चुकोन गेल्या. हारट असकत आसा. किडनेंनी काम बहुतेक रावयलां. यूरिया तिसां भितर आसाजे चारश्यांक मिकवोन चडलां. क्रियाटिनीन एकामिलिग्रामा भितर आसजे बारांक पावलां. ह्या सांगाता ताच्या पोप्सांत ईनफेक्षन आसा. कितेंच आशा दवरुंक नजो. ताणें एक दीस वयर काडचोच कषट्दात्तेरान हात उदारे केले.

डोकटर प्लीज. पोरवां बुद्वार परयांत तरयी. तो मेल्यारयी ताका जीव दवरुंक जाय डोकटर. आरिटफीशियल रेस्पिरेशनाचेर तरयी. आमच्या फेमिलिंत एक गरजेचें फंक्षन आसा. बुद्वारा. तें जाता परयांत तरयिसैमनान पोरात्तिलें.

तें म्हाका तुमच्या डोकटर शेणैन सांगल्लें. पूण तशें आरिटफिशियल सप्पोरटाचेर ग्यारंटी सांगोंक जायना. आमी प्रेतन करतांव. आतांच डयालिसीस वेवस्था केल्या. पूण तुमी सरव रिसक घेवंक तयार आसोंक जाय. तो खंयच्या घडियेरयी मोरोंक आसा. डयालिसीस करतना सयत. ताचो उस्वास बंध जायत तर आरटीफीशियल मेशिनाचेर दवरयेता. ,पूण हारटच बंध पडत तर आरिटफीशीयल सप्पोरट चलना. आमी तें करिनांव. पीटरन वांच्चो दात्तेराक कितेंच भरवासो नातल्लो.

नो. नो. प्लीज. ताणें वांचजे डोकटर. कितें जाय तें कर. कितलें मारगायेचें ओकत तरयी व्हड ना. सैमनान ओत्ताय केली.

ꙍ

वीस हजार रुपय एडवान्स भांधून, रितावोनियेक थोडें धयर दीवन सैमन सुवारिसान घरा पावताना दोनपार उत्राल्लो.

इंटेन्सीव वारडा भितर सोडिनांत जाल्ल्यान सैमनान पीटराच्या परिगतेविशीं ते दीस फोनारच विचार केलो. डयालिसीस केल्ल्या उपरांत ताच्या जेराल भलायकेंत थोडें सुध्राप जालां पूण रिसक तशीच आसा म्हण दात्तेरान कळयलें.

ते रातीं सैमन सुवारिसाक सदांचेपरीं नीद पडली ना.

आपलो भाव पीटर आनी ताच्या कुटमाची भीरमतेची परिगत ताच्या मतिंत घुंवोन्च आसल्ली.'एकाच आव्हयच्या उदरीं जल्माल्ल्या आपणा आनी पीटर दाट्टू मधें कितलो फरक. आपूण दुडवाच्या राशीर आसां तो रिणांत बुडोन गेला. बापायन हल्क केलें. ग्रेस आनी आपणाक घरांत रीग दिली ना म्हळ्ळें इतली वरसां आफूण कित्याक विस्रोंक सकलों ना. त्या वेळार पीटरदाट्टूक आनाची पाडत घेतल्ल्या शिवाय दुस्री विंचवण नातल्ली. मांयच्या मोरना उपरांत आव्हय आनी बापूय आपुण्च जावन आमकां पोसल्ल्या आनाकडे उतर विचारिनासतां सैरीक पळेल्ली, आनान इनकार केल्लें कळीत आसोनयी बोंबय काजार जाल्लें आनाच्या जाग्यार आपूण आसतों तरयी आपणाक बरें जातें ना. आन शिकप नातल्लो पूण कठीण स्वाभिमानाचो. ल्हान जावंक केदनांय कसल्याय परिगतेंत आयकानातल्लो. तेच खातीर मोरच्या पयलें म्हाका मोरनांत दाकल कर्न आसतबदीक सक्कड पीटराच्या नांवार कर्न मेल्लो. आनाच्या मोरनाक हांवें येव्येत आसल्लें. आनाचो स्वाभिमान म्हाकाय आडकळ जाल्लो?'सैमन चिंतुंक लागलो.

' कितलेश्या ओळोक नातल्ल्या लोकाक आपणें कुमोक केल्या. पिडेंत आसल्ल्यांक चिकित्सा करुंक, गत आधार ना म्हण पत्रांनी विनंती केल्ल्यांक. घर नातल्ल्यांक घर बांधुंक. कला आनी संसकृतेच्या वाडावळेक, नाटक करुंक, पत्रांचे विशेस अंके काडुंक. पूण चुकोन तरयी दाट्टुविशीं हांवें कित्याक चिंतलें ना?'आपणाकच विचारलें सैमनान.

ग्रेसान कितलें इनकार केल्यारयी पेंटेंत व्हड घर भांदून तें फकत रजेर गांवाक आयिल्लेवेळार वापरुंच्यांक आना थावन आयिल्लो तोच स्वाभिमान कारण? शेराक गेल्यार ह्या फीरगजेंत मेळचे तितलो मान आनी नांव मेळना म्हळ्ळे खातीर जल्माल्ल्या ह्याच फीरगजेंत ऊरल्लों? फीरगजेंत आपणातितले नांवाडदीक आनी दुडवाचे आसोंक नजो म्हळ्ळो अत्रेग आपणा थंय कित्याक आसा? जुबलेवाचो संभ्रम तितलो गडद करुंकयी आपणा भितर आसचो होच अहंभाव कारण?. पीटराविशीं किर्तेच खबर काडिनासतां रावोंकयी हेंच प्रेरण? ताका विशेस डयाबेटीस आसा. मीत चुकोन पियेता. कटीण दुबळिकाय आसा म्हण कळीत आसल्यारयी इतलीं वरसां ताचे खबरेक कित्याक गेलों ना, आनान दिल्लें कितलें पावता पळेयां म्हळ्ळो आनावयलो राग हांव दाट्टुचेर दवर्न आयलां? आनी आतां ताचें मोर्न फकत आपणाचो जुबलेव जाता परयांत आडावंक पेचाडच्यांत हांव कितलो ल्हान जालां.'सैमनाथंय हिंच चिंत्नां घुंवतेलीं.

सोमारा सांजेर परयांत पीटराच्या भलायकेंत विशेस बदलाप जावंक नातल्लें. सैमन वचोन दात्तेराक भेटोन आयलो. तूरत परिगतेथावन सुटोन वयर पडत तर किडनी कशी केल्यार पीटर आनी थोडीं वरसां वांचत म्हळ्ळें दात्तेरान. पूण तें किर्तेय चिंतुंक त्या वेळार पीटराची भलायकी विशेस पाड आसल्ली.

ꢨ

मंगळळारा सकाळीं वारदाक फोन केल्ल्या सैमनाक थोडो सुशेग मेळळो. पीटराच्या रगतांत चडोन गेल्ले नापास घटक उणें जायित्त आयिल्ले. यूरिया देंवल्लें. काळकायरी उणी जाल्ली. रगतांत साकरयी कंट्रोलार येताली.

एक पावटीं वयर पडल्यार किडनी ट्रान्सप्लांट करयेता. बेंगळुरांत बरीं सेंटरस आसात्नश्टो करत्ताना ग्रेसाकडे सांगलें सैमनान.

रिलेटिवस आसल्यार मात्र किडनी ट्रान्सप्लांट जाता. तुज्या भावाक कोण आसात? तुंच दिताय किर्ते?ग्रेस नंजी उलयली.

म्याचिंग जाल्यार दिंवची. आतां कसोय बरो जायित्त आसा. सैमनान निचेव केल्लो?

तो वेळ येतनामू?ग्रेसाक त्या वेळार वाद करुंक नाका आसल्लें. बरया दिसाक लागीं जाताना घोवाकडे झगडोंक तिणे पाटीं केलें.

मंगळारा सांजेर ग्रेसाचो भाव, उत्तर भारताच्या एका दियेसेजिचो भिस्प, (जो जुबलेवा खातीर आयिल्लो) सैमन आनी ग्रेस पीटराक पळेवंक गेल्लीं. पीटराचे भलायकेंत मसतू सुध्राप जाल्लें. ताणें सैमनाक पळेलें, किर्ते उलोवंक प्रेतन केलें. पूण उलोवंक जालें ना.

जुबलेवाक हरकत करचें पीटराच्या मोरनाचें अनाहूत चुकोन गेलां तशें भोगलें तांकां. सांज जाताना घरांत हेर सयरिंय आयिल्लीं. जुबलेवाची पूरती जवाब्दारी आनी मांडावोळ केटरिंग संस्थ्यान घेतल्ल्यान घरच्यांक तकलेफडाफड नातल्ली. सयरीं–धयरीं मेळोन उलोवन रातीं निदोंक वेताना तडव जाल्लो.

सैमनाक ते रातीं नीदल्ले तक्षण नीद पडल्ली, पूण वेग्गीं जाग जाल्ली. उस्वास काडुंक त्रास तशें जातालें. उटोन उदक पियेता म्हणताना सैमनाक हरद्यांत दांबून धरल्लेपरीं जालें. विशेस दूक सुरू जाली. खिणान दूक बावळयाक आनी गोमटेक पाजारली.

सगळोच घामेलो तो. घळाय करुंक अवकास नातल्लो. सैमनाक आस्पत्रेक वेलो.

काळजाच्या तीवर जत्नेच्या वारडांत सैमनाक दाकल केल्ल्या दात्तेरान, 'ताका एटेक्क जालां. रिसक आसा. आतां किर्तेच सांगोंक जायना. दोन दीस आमी मोनिटर करतांव. हांगा थावन उण्यार हफ्तो परयांत हालोंक जांवचें ना' म्हण सांगलें.

*** ——— ***

ळ

# किडनी दान

‘अशेंच चड तेंप जांवचें ना’ आपल्या कदेलाचेर बसत्त म्हणालो नेफ्रोलोजिसट, तो पाटल्या दोन वर्सांथावन सेल्लिबायेच्या भिगडल्ल्या किडनेच्या भलायकेची जतन घेवन आसल्लो.’तिची जेराल भलायकी आनीकयी पाड जायत तर उपरांत किडनी ट्रान्सप्लांट तितल्या सलीसायेन जांवचें ना. तिची इम्म्यूनिटी उणी जायित्त आयल्या’ त्या हप्त्यांत दुस्रेपावटीं सेल्लिबायेक दोन पावटीं डयालिसीस करुंक पडल्लें. आदल्या हप्त्यांत हळतान सुरू जाल्ली शेळ, न्यूमोनिया परयांत चडून, सेल्लिबायेची परिगत नाजूक जाल्ली. चड प्रभावीक वक्तां दिल्ल्यान ती बरी जायित्त आयिल्ली. आनीकयी थोडे दीस आस्पत्रेंत दवरुंक दाक्तेरान सलहा दिल्ली.

’ आमी डोनराक बूक केलां डोकटर. स मयन्यांथावन प्रयत्न करित्त आसांव. माम्मीक जोक्तो दानिंच मेळाना.’रोशन निराशेन म्हणालो.

‘तुमी अशें डोनराक राकून बसुंक जांवचें ना’ म्हणालो दाक्तेर, ’तशें अवघडांत मेंदू मेल्ले डोनर तितल्या सलीसायेन मेळनांत आनी मेळ्ळयारयी तुज्या माम्मीन तांची किडनी घेवंक जांवचे तशें तांचो रगतापंगड आसता म्हणुंक जायना. तुवें वा तुज्या भावान कित्याक मन करुंक नजो?. तुज्या माम्मीक प्राय चड जावंक ना. हेर पिडाय नांत. जोक्ती किडनी बसयल्यार उण्यार वीस वर्सां वांचुंक आसा. मन करा’ म्हणालो नेफ्रोलोजिसट दाक्तेर, सेल्लिबायेक घेवंक आसच्या वक्तांची चीट बरोवन रोशनाक दिताना. वक्तां मेडिकल स्टोराथावन हाडुंक आसल्लीं.

किडनी दान दीवंक दाक्तेरान ओत्ताय करचें हेंच पयलेपावटीं न्हय. पाटल्या स मयन्यांथावन सेल्लिबायेक किडनी कशी करुंक जाय म्हण दाक्तेर परोक्ष सांगून आसल्लो. डयाबेटीस आसल्यार, प्रेश्शर चडून गेल्यार, दूक उणी करच्यो गुळियो घेतल्यार किडन्यो पाड जातात म्हणतात, पूण असलें कितेंच कारण नासतां पन्नास आनी पांच वर्सांचे प्रायेरच सेल्लिबायेच्यो किडन्यो बेकार जाल्ल्यो. किडन्यो पाड जावंक कितेंय कारण वा प्रेरण दाक्तेरांक मेळुंक नातल्लें.

सेल्लिबायेच्या जिण्येंत आयिल्लें पयिल्लें अन्वार, कुवेयटांत वावूर्न आसल्लो तिचो दादलो धा वर्सां आधीं काळजाघातान कुवेयटांतच देवाधीन जाताना. मालघडो जीवन आनी उपरांतलो रोशन आजून शिकून आसल्ले. गल्पांत दादल्यान जोडल्ल्यांतलें चडताव घर जागो घेवंक आनी घर भांदुंक म्हण खर्च जाल्ले. तितल्या ल्हान प्रायेर तशें जायत म्हण कोणें चिंतल्लें? दादल्याच्या अकालीक मोरना उपरांत, आसल्लो थोडो दुडू ब्यांकांत दवरून, घरा भोंवतीं मोग्रीं लावन दीस सारून आसल्ली सेल्लिबाय.

रोशना पयलेंचो जीवन, मेरिटाचेर प्रवेश जोडून, इंजिनियरिंग शिकून आतां बेंगळुरांत काम करून आसल्लो. दोन वर्सांपयलें ताचें काजार जाल्लें. एम. एससी शीकल्लो रोशन गोलिमार सांत आंतोनिच्या ज्यूनियर कोलेजिंत केमिसट्री लेकचरर जावनासल्लो. चेर्के कामाक लागून आर्थीक परिगत बरी जाली म्हणतना सेल्लिबायेच्यो किडन्यो एकानेक पाड जाल्ल्यो.

जीवन आपली किडनी सेल्लिबायेक दीवंक तयार आसल्लो, पूण ताचो आनी सेल्लिबायेचो रगतापंगड विंगड आसल्लो. जीवनाची किडनी सेल्लिबायेक कशी केल्यार, ती तिच्या कुडीन नेगारुंक साध्य आसल्लें

ಐ

मात्र न्हय जिणिपरयांत सेल्लिबायेन किडनी नेगारिनाशें वक्तां घेवंक पडतलीं. त्या वक्तांनी अनापेक्षीत प्रबाव जांवची साध्यताय आसल्ल्यान जीवनापरास रोशन जोक्तो दानी म्हण दाक्तेरान सांगल्लें. रोशनाचो आनी सेल्लिबायेचो रग्तापंगड एकच. त्याच पासत दाक्तेर रोशनाक आपली एक किडनी आवयक दान दिवंक वत्ताय करित्त आसल्लो.

आस्पत्रेथावन आयिल्लो रोशन, घरा वेच्ये वाटेर कोलेजिंत शालेटाक भेटुंक गेल्लो. स्टाफ रुमांत हेर लेकचरर नातल्ल्यान तीं थंयच बसलीं.

’ दाक्तेर सांग्ता आस्येता. पूण तूं तुजी किडनी डोनेट करिनाका’ शालेट स्वषट म्हणालें. शालेटयी रोशनापरिंच सांत आंतोनिच्या ज्यूनियर कोलेजिंत इंगलीश लेकचरर जावनासल्लें. दोन वर्सांथावन तीं मोगार आसल्लीं आनी सेल्लिबायेची नाजूक भलायकी न्हय तर, गेलोत्या नतलांफेसता उपरांत तांणीं काजार जावन वेतें. सेल्लिबायेक हप्त्याक एकपावटीं कर्न आसचें डयालिसीस आतां हप्त्याक दोन पावटीं करुंक पडतालें. पाटल्या स मयन्यांथावन तवळ तवळ तिका पातळ उदकाडे, पोप्सांत कफो भरचो, ताप असले समस्से सुरू जाल्ले. पिडा आडांवची तिची सकत(इम्म्यूनिटी) उणी जायित्त आसा म्हणतालो दाक्तेर. तशें समस्से सुरू जाल्यार हप्त्यांत तीन पावटीं डयालिसीस करुंक पडल्लेंय आसा.

’ माम्मिची भलायकी बरी जायत तर, म्हज्ये समस्सेच परियार जाल्लेपरीं. माम्मीक दुस्रो डोनर मेळचेपरीं ना. माम्मी बरी जाल्लीच आमी काजार जाव्येता’ रोशनाक आपली एक किडनी आवयक दान दिंवच्याक मन आसल्लें.

’ तुज्या माम्मीन बरें जावंक नजो म्हणचें न्हय’ म्हणालें शालेट स्टाफ रुमाच्या जनेलाथावन पयस पळयित्त, ’तुवें तुज्या पुढाराविशिंय चिंतुंक जाय. माम्मी बरी जायत, पूण तुजी भलायकी पाड जायत. फाल्यां कशें ऊरता म्हणुंक जायना’ ताळो मोवाळ कर्न म्हणालें शालेट.’तुज्या ड्याडीक प्रेशर आसल्लो, शुगर आसल्ली. तुकाय सुरू जाव्येता आनी तशें जाल्यार तुज्या किडनेंचेर भोर पडतलो. एक किडनी आसल्यार समस्से चड खंय. तूं कित्याक तुज्या फाल्याविशीं चिंतून पळयनांय?’शालेटान अशें रोशनाक समजंवचें तेंच पयिल्लें न्हय.

एक किडनी मात्र आसल्यार असले समस्से चड नांत म्हण रोशनान गूगलांत सोधून, तें लिंक धाडून समजवंक प्रयत्न केल्यारयी शालेट ओपवोंक तयार नातल्लें. प्रेशर मिती भायर गेल्यार, डयाबेटीस चडून आसल्यार मात्र किडनेंचेर भोर पडता, न्हय तर किडनी एक आसा वा दोन आसात म्हळ्ळयाचेर आनी ते पाड जांवच्याक कितेंय लग्ती ना म्हण अंतरजाळाचेर वाचल्यारयी शालेट पात्येवंक कबूल नातल्लें.

’ किडनी दान दितेल्यांनी पाटीं करिनाये म्हळ्ळ्या खातीर सत लिपयतात. एकावेळा एकच किडनी पुरो तर रचनारान दोन दिल्ल्यो कित्याक’ वाद शालेटाचो. रोशनाच्या पाप्पाक ल्हान प्रायेर प्रेशर आनी शुगराच्ये समस्से आसल्ले. तो त्याचवर्वीं कुवेयटांत रातीं नीदल्लेकडेच काळीज रावून अंतरल्लो. ते समस्से रोशनाकयी येव्येता आनी तवळ एक मात्र किडनी आसल्यार समस्से मिती भायर वेतीत म्हण वाद करतालें शालेट.

प्रेशर चडचो आनी डयाबेटीस समस्सो थोड्या कुटमांनी चड आसता; व्हडिलांथावन भूरग्यांक हे समस्से येंवचे संद्राप अपरूप तरयी ना म्हणुंक जायना. वक्तां घेवन प्रेशर आनी डयाबेटीस मितिचेर दवरल्यारयी किडनेंक बाधक जायना म्हण निघंट नातल्लें. डयाबेटीस आनी प्रेशर आसल्ल्या कोणाच्यो किडन्यो पाड

जातात तें अंदाज करुंक साध्य नातल्लें. लांब काळ हे समस्से किडनेंक बाधक हाडची साध्यताय आसल्ली. दोन किडन्यो आसल्यार भोर वांटून वेता; अनाहूत आडायवेता. एक किडनी आसल्यार विशेस चत्राय गर्ज म्हण शालेटान वाद करच्यांत राजंव आसा म्हण रोशनाक भोग्तालें. शालेट रोशनाच्या फाल्यांच्या काळजेन अशें सांग्ता म्हण रोशन समजल्लो.

शालेटाक सेल्लिबायेचेर बरें मन नातल्लें रोशन नेणासलो. तांची व्हळक जावन, तीं मोगार पडच्या सूरवातेर शालेट आपणांपरीं बामूण न्हय, शालेटाचें मूळ गावडी म्हण सेल्लिबायेन शालेटाच्या मावशेकडे अड्डी काडल्ली खबर शालेटाक पावल्ली. सेल्लिबायेन तशें सांगल्लें वा शालेटाचे कान फुंकल्ला शालेटाच्या मावश्येनच ती खबर घडल्ली ताचें विशलेशण शालेटान करुंक नातल्लें. रोशनान ह्येविशीं कितेंच उचारल्लें ना. उपरांत कुळाच्या मुळाचें नीब आडकळ जावंक नातल्यारयी, मतिच्या गुंडायेंत सेल्लिबायेचेर मन मोडल्लें शालेटाक. आनी हें रोशनान आपली किडनी आवयक दान दिंवच्याक आडकळ करुंक शालेटाक प्रेरण जाल्लें? शालेटान तशें सांगुंक नातल्लें.

आपलो दावो हात खाडकेक दवर्न चिंतुंक लागलो रोशन. हर दिसांनी कोलेज जाल्लीच तीं होटेलांत चा पियेवंक वेतालीं, आज स्टाफ रुमांतच बसून आसल्लीं.

’ थोडे दीस वचुंदी. देव खंडीत वाट दाकयतलो. कोण तरयी मेळतलो’ रोशनाक समधान करच्याक म्हणालें शालेट.

’ कोणयी मेळचेपरीं ना. एक्सिडेंटांत ब्रेयनडेत्त जाल्ल्या कितलेश्या जणांच्यो किडन्यो दान करुंक जातात. पूण आमच्या लोकाक ती माहेतच ना’ रोशन निराशेन म्हणालो.’वांचून उरना म्हण दात्तेरांनी सांगल्यारयी आपल्या मोगाच्यांच्या कुडिचे विश्वे हेरांक दान दिवंक मुकार येंवचे अपरूप.’

’ हांवें एक निर्धार केला रोशन’ शालेट रोशनाक पळवन म्हणालें, ’जर तूं तुजी किडनी दान दिताय तर, आमी काजार जांवचें नाका. काजार जावन पांच धा वर्सां भितर म्हाका विद्वेचो मान घेवंक नाका. किडनी दान घेतल्ली तुजी माम्मी वांचतेली, दान दिल्लो तूं ऊरचो नांय. ह्या विषयाचेर आमी आनीक वाद करचो नाका. तुका तुज्या माम्मीक किडनी दीवंक जाय तर मुकार वच. म्हाका विस्रून सोड’ शालेटाच्या दोळ्यांनी दुकां भरोन आयिल्लीं.

रोशन उलयलो ना.

शालेट आपल्या स्कूटिचेर बसल्ल्या उपरांत आपलें बायक स्टार्ट केलें रोशनान. सेल्लिबायेक ह्या मयन्यांत दूसऱ्येपावटीं आस्पत्रेक दाकल केल्लें. डयालिसीस केल्ल्या उपरांत दोन दीस ती सुडसुडीत आसताली. मुसकराची कात मात्सी सुकोन गेल्ली सोडल्यार तिका किडनेच्ये समस्से आसात म्हण भायल्यान पळयतना सांगुंक साध्य नातल्लें. घरा कामाक घाटावयली एक स्त्री आसल्यारयी आपलीं कामां सेल्लिबायच करताली. कुजनांत रांदून आसताली. तिस्रो दीस येतना तिका पुरासण चडून येताली. परत डयालिसीस करुंक पडतालें.

’आतां दुडू दीवन किडन्यो घेवंक अवकासच ना. हांगा खंच्याय आस्पत्रेंत रग्ता संबंधी न्हय आसल्ल्याथावन किडनी काडन कशी करुंक आस्पतऱ्यो जांव दात्तेर जांव ओपवनांत, कानून एकदम स्ट्रिक्ट आसा.’त्या रातीं जीवनान रोशनाक फोन केल्लो. किडनी कशी करच्यांच फामाद आसल्ल्या बेंगळूरच्या चार आस्पत्रेंनी सेल्लिबायेचें नांव दाकल करून तो दानीक राकून आसल्लो.

൫

’ हांगाचो एक दात्तेर कोलंबोक वचून किडनी कशी करता. थंय हांगा आसच्येपरीं रग्ता संबंधीच जायजे म्हण ना.  दान करुंक कोण मुकार आयल्यार तसल्यांक थंय आपवन वेल्यार जालें. वीजा सलीसायेन मेळता. वळकिच्ये दानी आसल्यार माम्मीक थंय वरयेता’  जीवनाक दात्तेरान्च ती सलहा दिल्ली.

’ बेंगळुरांत दानी मेळतात?’रोशनान विचारलें.

’ दानिंक सोधचें कशें.  पयलें तर पेपरांनी जायरत दिव्येतें. आतां तशें दानिंक सोधतात म्हळ्यार पोलीस पाटीक लाग्तीत. तूं थंय प्रयत्न कर’

’ हांगा मेळतात म्हणताय तूं. किडने दान दिंवचेविशीं आमच्या जणांक माहेतच ना. एक्सिडेंट जावन ब्रेयन डेत्त जाल्यारयी किडन्यो दान दिवंक सक्कड तयार आसानांत. जीव आसताना दान दिवंक कशें समजंवचें?’वासतवीकता उचारली रोशनान.

’ प्रयत्न कर. हांव हांगा पळयतां’  म्हळें जीवनान फोनाचो संपर्क चुकोंवच्या पयलें.

’ हांगा रगत दान दिया. कितेंच जायना म्हळ्ळयारच मुकार येनांत. आनी तूं किडनी जाय, दिया म्हळ्यार कोण येतीत. कांय दुडवाची गर्ज आसचे मेळतीत तर तुजें नशीब.’म्हणालो रोशना सांगाता बयोलोजी शिकोंवचो लेकचरर सुभ्राय भोट.

’ थोड्या वर्सां पयलें प्रायवेट ब्लडबेंकां आसल्लीं. थंय थोडे वचून दुडवा खातीर आपलें रगत मयन्या मयन्याक दान दिताले’  मुकारून म्हणालो सुभ्राय भोट, ’तवळ किडनी दान दिंवचेय मेळताले. खंय पयश्यां खातीर थोडे आस्पतऱ्यो आनी दात्तेर किडन्यो काडचो अव्यवहार करचें उग्तडाक आयलें, कानुनाखाल परिपूर्ण बंधड पडल्या. आतां लागशिलो संबंधी खुशेन दान दिता म्हण अपिदावीत केल्ल्या शिवाय किडनी, लिवर वा हेर भाग कशी करुंक काडिनांत. रगत मात्र कोणेंय दिव्येता. पूण विकुंक जायना’

’ समस्सो तो. हांवच दितों म्हळ्यार म्हज्या पाप्पापरीं म्हाकाय प्रेश्शर डयाबेटीस सुरू जाल्यार एका किडनेथावन अनाहूत जायत म्हण थोडीं भेषटयतात. हेर दान दिंवचीं कोण नांत. दुडवा खातीर दान दिंवचे मेळ्ळयार कोलंबोक वर्न ट्रान्सप्लांट करयेता. पूण तसल्यांक खंय तलास करचें?’रोशनान आपलें असहायकपण व्यक्त केलें.

दुडवाच्या गर्जेन किडनी विकचे गोलिमारांत कोण मेळतीत म्हण चिंतून आसल्ल्या रोशनाच्या मतीक झळकलो माबल. माबल रोशनाचो सेजारी. ताच्याच प्रायेचो. सात्व्या क्लाशिंत शिकप रावोवन सागोळेच्या कामार आसल्लो. हुटवोळ चड नातल्ल्यान, सागोळी नातल्ल्या दिसांनी गोलिमार पेंटेंत कुलिचें काम करतालो. दीस भोर घोळोन काम करतालो जाल्ल्यान घट्ट जिवाचो. घरा काजाराक आयती जाल्ली भयण आसल्ल्यान आजून आंकवार ऊरल्लो.

आदल्या वर्सा रग्तादानाच्या शिबिराक आयिल्ल्या ताचो रग्तापंगड तपासल्लो आनी तो रोशनाच्या रग्तापंगडाक ताळ आसल्लो, रोशनाक उगडास आसल्लो. रोशनापरिंच माबलानयी त्या शिबिरांत रगत दान दिल्लें.

आजून दुबळिकायेंत आसचो माबल दुडवा खातीर आपली किडनी विकुंक तयार आसत म्हण भोगलें रोशनाक. रगत दान दिल्लें आस्येता, किडनी दान दीवंक ओपवना जायत तर?

ഥ

त्या दनपरां कोलेजीक अर्ध्या दिसाची रजा कर्न सेल्लिबाय आसच्या आस्पत्रेक गेल्लो रोशन. सेल्लिबायेक दोन दिसां उपरांत आस्पत्रेथावन डिसच्यार्ज करुंक दाक्तेर तयार आसल्लो. आपलो सेजारी किडनी दान दिवंक तयार आसा, किर्ते करयेता म्हण, नेफ्रोलोजिसट दाक्तेराक ताच्या दफ्तरांत मेळुंक गेल्ल्या रोशनान विचारलें. माबल किडनी दितलो म्हण ताका भर्वासो आसल्लो दिसता.

प्रसतूत कानुनांत ताका अवकासच नातल्लो. ट्रान्सप्लांट साध्य आसल्ले दोन संद्राप मात्र: पयलें, रगता संबंध आसच्यांनी–भूरग्यांनी, भाव–भयणिंनी, कझन भाव भयणिंनी मात्र किडनी दान दिव्येता आनी दुस्रें अवघडांत मेंद्वाक कटीण जकम जावन, वांचुंक साध्य ना म्हण दाक्तेराच्या पंगडान तीर्प दिल्ल्या उपरांत घायेल्ल्याच्या वारेसदारांनी कबलात दिल्यार मात्र. हेर खंच्याय थरान किडनी ट्रान्सप्लांट साध्य नातल्लें. माबला ओपवत तर ताका जीवनान सुचायिल्लेपरीं कोलंबोक आपवन वर्न ताची किडनी काडन सेल्लिबायेक बसयवेत. ती मात्र एक वाट ऊरल्ली. पूण खर्च विशेस पडुंक आसल्लो.

आस्पत्रेथावन सुटतनांच काळोक जाल्लो. रोशन गोलिमार आपल्या घराक भायर सरल्लो. ताची मत खंय वारयार आसल्ली. माबलाक कशें तरयी कर्न समजवंक जाय. तो ओपवना जायत तर.

पंजिमार नाक्यार आपल्या घरा वेच्याक रोशनाक उज्व्याक घुंवोंक आसल्लें. बायकाचें इंडिकेटर ताणें घाल्लो. तरयी मुकल्यान येंवचो टेंपो वारयावेगान तशें आयलो.

घुंवोंक आयतो आसच्या रोशनाच्या बायकाक भोरान टेंपो आपटालो.

एका हप्त्या उपरांत दिसाळ्या पत्रार लांब खबर आसल्ली.

खबरेचो सारांश असो:

’ आदल्या हप्त्यांत पंजिमारांत अवघडांत घायेल्ल्या, गोलिमार सांत आंतोनिच्या ज्यूनियर कोलेजिचो प्राध्यपक, रोशन सुवारिसाच्या मेंद्वाक कटीण जकम जाल्लें. ताच्या पांयांक आनी कुटाकयी मार जाल्लो. तांणें वांच्चे अवकास नांत म्हण स्वषट जाल्ल्या उपरांत ताची किडनी काडन, ताच्याच आवयक, श्रीमती सेलेसटीन सुवारेस हिका बसयल्या. ताची आन्येक किडनी, दोळे, लिवर, प्यानक्रियास, पोट्राचीं हाडां गर्जेवंतांक कशी करच्याक तुरंत बेंगळूर वेल्यांत. देवादीन रोशन सुवारेस आपली किडनी आवयक दिवंक तयारय करून आसल्लो. विधिच्या क्रूर दावलेक सांपडोन आपलो जीव होगडायल्यारयी आपली आवय धर्न चोवगांचो जीव तो वांचोवंक सकलो. दीश्ट नातल्ल्या दोगांक संसार पळवंक आनी दोगां हाडांच्या केन्सर पिडेसतांक चलोंक तांणें आपली कूड दान दिली.’

त्या लांब खबरेचो माताळो असो आसल्लो: आवयक किडनी दीवन अमर जाल्लो पूत.

*** ——— ***

# सोरयागुसतुचे आवयचें मोर्न

**सो**रयागुसतुची आवय, आलीस बाय वरसभर मांद्रेर पडून, वोळवळोन वोळवोळोन, मोरचा वेळार पाटीर, पेंकटार रुवां जावन मेली. ती मेल्ला सकाळीं, वाड्याचो गूरकार तशें सेजारी बेन्नाब आनी आलीस बायेचो पूत गुसतू, फीरगज पाद्रा बाक मेळुंक गेले. पाद्रा बाचे पूरसते परमाणे मोरनाचो वेळ (मोर्न मात्येक पांवचो वेळ) पाद्रा बाकडे विचार्न, मुकली तयारी करुंक.

आवय मेल्यारयी सोरो पियेंवचो सोडचोनांय तूं. तिका मात्येक पायता परयांत तरयी पियेतोनांय. तुमचो जल्मगी म्हणता हांव.

बेजारायेन म्हळें पाद्रा बान गुसतुचे तांबशेल्ले दोळे पळेवन. आवयन उस्वास सेंवचो रावयिल्लो कळल्ले तक्षण, एका बरया पुतापरीं गुसतूय रडला आनी तशें रडल्ले वरिवंच ताचे दोळे तांबडे दिसतात, शिवाय सदांचे परीं तो त्या सकाळीं पियेवंक ना म्हण पाद्रा बाक कळीत नातल्लें.

गुसतू उलयलो ना. कितला वोरार सरली. दाक्तेराक वेल्लेंयवे. विचारलें पाद्रा बान.

ती सीक आसल्ली न्हय फादर. काल थावन वयर दाप येतालो. रातीं केदाळागी तिणे प्राण सोडला. हांणी सकाळीं उटताना तिचे हात–पांय थंय जाल्यात. बेन्नाबान सांगलें. बेन्नाबाचें घर गुसतुच्या घरा थावन एक फातोर उडव्येत तितले पयस आसल्लें.

ओ. हो. म्हणालो पाद्रा ब. हाका भोवश्या साचिजेर मातें भर सोरो वोतल्ला न आवयन प्राण केल्लोय कळीत जावंक ना. हाची बायलयी पियेता म्हण आयकलां हांवें.

बेन्नाब आनी गुसतू दोगयी उलयलेनांत.

ती तितली गडीस आसला र निमाणो साक्रामेंत तरयी दिव्येतो न्हयवे. म्हाका एक खबर दिल्ली तर. जीव आसताना कशेंय तुमकां इगर्जेची, मिसाक येंवची, कुमगार–कुम्सार जांवची खबर आसाना. किसतांव जाल्ला करमाक मोरताना तरयी. पाद्रा ब कळवळोन उलयलो. गुसतू नरगालो. ताचें काळीज शीदा पांयांक देंवता तशें जालें. आवयक मोरनाचे तणीर आसताना कुमगार दिवयिल्लो तर बरें आसल्लें.

आपणे आपणाचो कायदो पाळ्ळो ना तशें दुकलें ताका. दोळयांच्या कोनशांनी दुकां फुटोन आयलीं, तीं गालार देंवचा पयलेंच ताणे पुसलीं.

वाड्यांत कोणयी विशेस पिडेंत आसला र वा मोरुंक लागीं जाल्याअर पाद्रा बाक खबर दीवन तांकां पिडेसताच्या घरा आपवन व्हरची जवाब्दारी वाड्याच्या गूरकाराची. गूरकार जावन आपलें काम करुंक ना म्हण पाद्रा ब बोट जोक्ताशें भोगलें बेन्नाबाक. तीन म्हयना पयलें अडेयशीं रुपय काराक आनी पन्नास रुपय पाद्रा बाक (खुशेन) दीवन, पाद्रा बान आलीस बायेक निमाणे साक्रामेंत दिंवचे पासोत व्हेल्लें बेन्नाबान्च. पाद्रा बाक बोवश्या तो उगडास ना. ह्या वेळार तो उगडास बेन्नाबान केलोय ना.

मोर्न फाल्यां सकाळीं धा वोरार दवरयां. फोंड खोंडुंक तुमिंच वेवसता करयेत. ना तर सोजामाची पेट सांग्तात तर, ताचे कडेय जण आसात. साडे नोवांक म्हाका कार धाडा. अबुटाचें कार आसला र बरें. वाड्यांत खबर दिया. भायलीं कोणयी येंवचिंनांत न्हयवे. गुसतूक भाव भयणी कोणयी नांत?

विचारलें पाद्रा बान.

ꙮ

आसुंक हाका एक ल्हान भाव आसा. तुमी आदले पावटीं मसकत गेल्ले वेळार ताणे इगरजेच्या थळाक मोसायक घालुंक पंचवीस हजार दिल्ले. फीरगज पत्रार तुमी ताचो फोटो घाल्लो. ताचें नांव पीटर जोन म्हण. फोट्यार पी. जे. सिलवा म्हण बेन्नाबाक आनीकयी सांगुंक आसल्लें.

पी. जे. सिलवा हाचो भाव. ताणें सांगुंकच ना. भारी बरो मनीस तो. म्हाका बरें सुदारिसल्लें ताणे. थंयचा क्लब्बाचो प्रेसिडेंट तो. ताणे ह्या फिर्गजेचो म्हण सांगल्ले परीं ना. पाद्रा ब विस्मीत जावन म्हणालो.

ताणे घर सोडन वचून कांय पंचवीस वरसां जालीं. ताका हांची खबर ना, हांकां ताची खबर ना, ताचो फोटो पळेवन वळक धरल्ली आमी. पीटराक आवय बापूय कडेय सारकें नातल्लें. ताचो एड्रेस हाचेकडे ना.

वो हो. ताका खबर दिंवचें काम तुमचें. तुमी नाका.

हांवच पळेतां. म्हजेकडे फायलांत ताचो एड्रेस आसतलो. हांव ताका कळयतां. भारी बरो जंटलमेन तो. बरें बिजनेस आसा.

फिर्गज घराच्या दुरुसतेकयी ताका एपील धाडलां हांवें. तो हाचो भाव ने. हो पळेल्यार! एकाच कुटमांत आमास पुनव सांगाता आसल्लेपरीं. पाद्रा बान सांगचें गुसतूक बरें जालें ना.

ताका फोन केल्यारयी तो मोरनाक येंवचो ना फादर. बापायचा मोरना वेळार बोंबय आसल्लो. हांवेंच ताका टेलिग्राम दिल्लें. तें घेनासताना पाटीं धाडल्लें. ताणे कुटमाक पूरतें सोडलां म्हळें बेन्नाबान. पीटराची गजाल त्या वेळार वयर पडत म्हण जोप पयलें तरयी आसल्लो.'खबर काडिनाका' म्हण बेन्नाबाचे पांय तरयी धरतों, तशें भोग्तालें गुसतूक. बेन्नाबान विवरून सांग्ताना गुसतू अपराद्यापरीं हात हरदा र घट बांदून रावल्लो. सकाळीं फुडें पियेनातल्ला न दिसता, ताचे हात पांय कांपोंक लागल्ले. तशें कित्याक. तेदें व्हड प्रोबलम जाल्लें कितें? आतुरायेन

विचारलें पाद्रा बान. गुसतू आनी दोन मेटां पाटीं सरलो.

हांचे फेमिली प्रोबलम फादर. हाचो बापूय दुज्यामयी दीस रात पियेतालो. आलीस बायेकयी सांजेर पियेंवची सवय जाल्ली. आनी घराच सोरो काडन विक्तात म्हण पोलिसांनी तितीन पावटीं हाका वोडन व्हेल्लो. पीटर ल्हान थावंन्च विंगड जिन्साचो.

हांचेर बेजारायेन सांगानासतां बोंबय गेल्लो. खबर नासतानांच ऊरलो. बेन्नाबान मटवा न सांगलें.

पाद्रा बान दोळे वाटर्न गुसतूक पळेलें. केन्नांगी दोवें आसल्लें आतां दोव्यापरास चड मात्येबणाक बदलाल्लें शरट आनी चोवकांची परनी एक लुंगी तो न्हेसल्लो. गिमाळ्या दिसांनी गुड्यार सूकल्ला करडापरीं आसल्ले मात्याचे केस, सोरो चड पियेल्ला न तांबडा बणाक बदलाल्ली मुसकराची कात, असकत हात–पांय. गुसतू विद्रूप दिसतालो!

हो हाच्या नांवाक तेकीद आसा. सोरो गुसतू. म्हणालो पाद्रा ब. मोरनाच्या मिसाचे आनी हेर तास फाल्यां. मोरना उपरांत हांव दितां. म्हळें बेन्नाबान.

तिनशीं रुपय परयांत जातीत म्हणालो पाद्यराब ते वचुंक धुंवताना पाद्रा ब परत उलयलो. आळे आवयक एक मूट माती घालुंक येताना तरयी पियेनासतां ये. एक दीस. कळ्ळेंये. गुसतून जायत म्हण तकली हालयली.

पियेना तर गुसतूक हातांत माती धरुंक जांवचिना म्हण पाद्यराबाक कशें कळीत? सोरो पियेनातला र ताचे हात कांपाले.

ꠢ

फीरगजेंत गुसतुपरास चड पियेंवचे नातल्ले म्हण न्हय. पोलिसांनी तीन पावटीं सोरया भाणा सांगाताच वेल्लो जाल्ला न गुसतू आसल्लो, सोरया गुसतू जाल्लो! आतां त्या नांवा भायर ताका ओळकोंक कश्ट. गुसतूक सोरो पियेंवची पिडा आसला रयी, शेताच्या कामांत ताका बरी हुशारकाय आसल्ली. बेन्नाबाच्या शेतां भाटांनी कितलेश्या वरसां थावन तो दीस कुलिचें काम करतलो. कामांत बेन्नाबाचें आनी आपलें म्हळ्ळो भेद भाव नातल्लो ताका. कामांत कितेंच चोरपणां नातल्लीं. गादे कोसुंक आसला र, फांत्यार कोंब्यान साद घाल्चा पयलेंच येवन रेड्यांक ताळणे तापवन पियेवंक दवर्न, सेजारचा रयतांनी उटचे पयलें बेन्नाबाचें जोत गाद्यांत आसाशें पळेतालो.

भात बडवंक, भाताक सांजेर ऊब दीवंक, सकाळीं उकडुंक. हर एकांतयी गुसतुचेंच मुकेल्पण. दीस कुलिचें काम म्हण वोरां मेजिनातल्लो. नेज काडुंक, ती लावंक, भात लुंवोंक. तसल्या बायलांनी करचा कामांतयी तो पाटीं सरनातल्लो. वरसाचे बाराय मयने ताका बेन्नाबागेर काम आसल्लें. सकाळिंच दोन तोटे पियेनातला र ताचे हात–पांय कांप्पाले. सांजेचें मात्र बरें पियेतालो. पियेल्यारयी ताका शिंतीद चुकनातल्लें. चल्तना

मालवोन, कितलेशे पावटीं आदार चुकोन पडला रयी उलयताना जांव, चालिंत जांव तो कोणायकी धोशी करिनातल्लो. पियेवन गलाटो करिनातल्लो. गाळी सोवनातल्लो.

गुसतुची येज्मान सिलेसतीनयी नेजी भाताच्या कामाक वेताली. नाजूक भलायकेची ती. घोवाचे सवयेक पूरतें समजून दोगां भूरगा सांगाता जियेताली. आलीस बाय घरांत रांदपाचें, मोडलां व्होळचें, ईर काडचें, गोरवांक पोसचें. असलीं कामां कर्न आसल्ली. प्राय जाल्ला न भायर कामाक वचनातल्ली.

हेरांक पळेताना कितें दिसला रयी, तांचे इतला क सक्कड बरयान आसल्लें. बेन्नाब गुसतुची दीस कूल पयशान पयशे लेक दवरतालो.

सोरो पियेवंक, घरा वोरवी हाडुंक, भूरगाक इसकोलाचें फीज बांदुंक. बेन्नाबच दितालो. गुसतुचें लेक केदनांय रिणाचेंच. गर्ज पडताना रीण दितालो. उपरांत वजय करतालो. गुसतूक बेन्नाबाच्या लेकाचेर कसो दुबाव नातल्लो, तशें बेन्नाबाक गुसतुच्या पामाणीक चाली थंय विश्वास चूकल्लो ना. बेन्नाब गुसतूक हिणसिनातल्लो,

दूरसानातल्लो; मोगान पळेतालो, कश्टांक पावतालो. एकामेका बरयान आसल्ले.

आलीस बायेच्या मोरनाचो खरचयी बेन्नाबान्च दीवंक आसल्लो. तो उपरांत गुसतुच्या लेकाक संदाय जातालो. आलीस बाय आदले पावटीं पडून, तिच्या कुटाचें हाड मोडल्ले

वेळारयी बेन्नाबान्च तिका आस्पत्रेक व्हर्न घाल्लें. मोडल्ला हाडाक स्टील बसवंक उण्यार पंद्रा हजार, ओक्तांक आनएक दोन हजार, तीन बोतली रगत दीवंक जण इतलें जाय पडत म्हण दात्तेरान सांगल्लें. ओपरेशन कर्न स्टील बसयना तर ती वांच्चिना म्हणयी दात्तेरांनी कळयिल्लें. गुसतूक मन आसला रयी तितलो व्हड आयवज रीण दीवंक बेन्नाबाक साध्य नातल्लें. पाद्रा बाकडे वयलेबार तो प्रसताप काडन, फिर्गजे थावन कितेंय कुमोक जमव्येत म्हण लेकल्लें प्रेजन जाल्लेंना. पाद्रा ब इगर्जेच्या थळाक मोसायीक घाल्चा वावरांत इतलो बिझी आसल्लो, आलीस बायेच्या कश्टां विशीं गुमान दीवंक ताका पूरसत नातल्ली. कशी आस्पत्रेक व्हेल्ली, तशीच आस्पत्रे थावन आलीस बायेक पाटीं हाडलें. काराचें भाडें आनी आस्पत्रेचें बिल्ल, चडीत देड हजार गुसतुच्या रिणाच्या लेकाक बरयिल्ले बेन्नाबान.

आलीस बायेन मांद्री धरली!

ꙍ

नेजिभाताच्या कामाक वेतेल्या सिलेसतिनाक घरा गोरवांचें आनी रांदपाचें काम चडीत जालें. आलीस बायेक वेळा वेळाक पोटाक दिंवचें, तिणे केल्लें म्हेळें काडचें, हप्ता क एक पावटीं कदेलार बसवन माडामुळाक व्हर्न मातें भर न्हाणंवचें, सांजेर शेंबोर सोरो उदकांत भरसून दिंवचो. अशें आवयची चाक्री करचें काम गुसतून करुंक पडल्ला न,

बेन्नाबाच्या कामांत हरकत जावंक लागली. तरयी ताणे सुदारसून व्हेलें.

मांद्री धरल्ली आलीस बाय हळतन पिडेसत जाली.

मोरचा चडुणे तीन म्हयना पयलें थावन नीस, पातळ केल्लें दूद, बोंड्या उदक आनी सोरो मात्र सेवताली. निदोन निदोन पाटीर रुवां पडलीं. दोन तीन पावटीं आत्तां मोरता तितले गडीस जाली आनी शेकीं सासणाक अंतरली.

बेन्नाब आनी गुसतू, सोजामा कडे मोरनाच्या पेटेच्या मोलाविशीं वारजीक कर्न आसताना, इगर्जेचो मीरना म सायकलाचेर हांकां सोदून आयिल्लो.

पाद्रराबान तक्षण आपयलां. मोर्न फाल्यां जायना खंय. खरशेवन म्हळें मीरना मान. बेन्नाब आनी गुसतू उटाउटीं इगर्जे कडे गेले.

***

सगळी विलेवारी पाद्रा बान्च केल्ली. श्हेरा थावन आयिल्ला मोरनाचे गाड्येर आलीस बायेची कूड, आस्पत्रेंतला मोरगांत, बरपाच्या गुडा भितर पाड जायनाशें तीन दीस दवरचे खातीर व्हेली. न्हाणंवचें, न्हेसंवचें थंयच करतात म्हळ्ळें तिची कूड गाड्येर दवरताना. चोवता दिसा सांजेर आलीस बायेचें मोर्न दवरल्लें. ते दीस, हऱ्येका अरदा वोराक इगर्जेच्यो घांटी मोरनाचें रुदान करुंक लागलो.

इगर्जेक व्हरचा दोन वोरां पयलें तिची कूड घरा हाडल्ली. कूड घरा हाडताना, आलीस बायेचो दुस्रो पूत पीटरयी आयिल्लो. तो तेच दीस गलफा थावन कोड्याळ विमानार आयिल्लो. हात–पांय कांपचे रावुंक गुसतू ते दीसयी पियेल्लो. ताचे सर्शीं वेतेल्यांक सोरयाचो वास मारतालो. आपला काजाराच्या दिसा उपरांत, बोवशा सगळा जिवितांत आलीस बायेक तितलो मान लाबल्लो ना. तितलें बरें कापड, तितलीं फुलां आनी तितला आपूरबायेचें श्हेरांतलें बेंड तिच्या काजाराकयी नातल्लें!

पूण तें भोगुंक तिचे कुडीक मात्र नीरिमल्लें. तिका जीव नातल्लो. सागोणेचे पेटेंत, नवेंच मोलादीक कापाड न्हेसयिल्ली तिची कूड बरफांतली काडल्ला न घामेताली! देक्तेल्यांक, बदलावण पळेवन आलीस बाय कावजेल्या तशें दिसतालें.

मोरनाच्या मिसाक कोयेर आसल्लें. बारा जण आल्तार भुर्गे आसल्ले. आल्तारेचे सरव दिवे पेटयिल्ले. फिर्गज विगार आनी सेजारचा फिर्गजेचे हेर दोग अशें तेगां पाद्रराबांनी मिसाची भेटवणी केली.

मिसा उपांत फिर्गज पाद्रा बान भुज्वण दीवन म्हळें; आवयचा मोरनाची खबर फोनार हांवें कळयताना, श्रीमान पी. जे. सिलवा, आलीस बायेचो मोगाचो पूत मसकतांत नातल्लो. ताच्या घरचानी दुबाय गेल्ला ताका खबर दिल्लीच ताणे म्हाका पांच मिनुटां भितर फोन केलें. गळगळ्यां रडलो तो. आनी आज तिचे खातीर तिचेर एक निमाणी दीश्ट घाल्चे खातीर आनी तिच्या आत्मा क शांती मागचे खातीर तितले पयस थावन तो आयला. एक आपूरबायेचें मोर्न तिका ताचेवरवीं फावो जालां. सगळे फिर्गजे तरफेन आमी ताका भुजावण पाटाव्यां आनी सर्गार थावन ती ताचेर आनी मसकतांत आसून हांगा येवंक सकोंक नातल्ला ताच्या

कुटमाचेर, आशिर्वादां मागोन धाडुंदी म्हण आमी माग्यां. तशेंच तिचो आन्येक पूत आनी सून आसात. तांकांय आमी भुजावण दिव्यां.

आपला आवयचा नांवार, पाद्रा बाच्या घरचे दुरुसतेक पी. जे. सिलवान ४ं हजार रुपय दान दिल्लें मुकला आयतारा पाद्रा बान मिसा वेळार वाचून सांगल्लें. मोरनाचो सक्कड खरच पीटरान्च दिल्लो.

सोरया गुसतुच्या आवयचा मोरनाचो दरबार, मोरनाक आयिल्ले विस्त्रोंचेपरीं नातल्ले. जिवीत कशेंय जांव, मोर्न राण्येच्या मोरना परीं जाल्लें!

आवयचा आत्मा क सात्वा दिसाचें मीस मात्र गुसतून बेन्नाबाकडे रीण घेवन दिल्लें.

मिसाक येताना त्या सकाळिंय तो पियेल्लो. पाद्रा बाक सोरयाचो वास येत म्हळ्ळे कावजेणेन, कशें मोरनाच्या मिसार तशें सात्वा दिसाच्या मिसा वेळारयी ताणे कुमगार सेवंक नातल्लो.

*** ——— ***

आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

# आशावादि प्रकाशनाचीं डिजिटल पुस्तकां

## डिजिटल ई-पुस्तकां

**2005**

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (कविता संकलन, कन्नड)

**2020-2022**

**लोकडावन** (कन्नड, नागरी, रोमी)
**पयणारी जर्नल** (कन्नड)
**पयणारी जर्नल** (नागरी)
**पयणारी जर्नल** (रोमी)
**सूर्यो उदेला** (कथा संकलन: कन्नड)
**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कन्नड)
**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी)
**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी)
**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)
**कथाविहान** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)
**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)
**चल दोन चंद्रांक** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)
**नवी दिशा** (मोनिका डे'सा, नागरी)
**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, नागरी)
**अंतरनाद** (उर्जिता भोबे, कन्नड)
**सिसिफस तेंगशेर** (शैलेंद्र मेहता, कन्नड)
**इंद्रधोणू उदेंव** (उदय म्हांबरो, कन्नड)
**मनस्फोट** (सियालिनी फेर्नांडीस, नागरी)
**मनाचें नातें** (फिलोमेना सांफ्रान्सिसको, नागरी)
**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)
**पडसाद** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)
**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कन्नड)
**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, नागरी)
**सांकव** (वल्ली क्वाड्रस, कन्नड)
**अपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, कन्नड)
**अपलो पर्की** (प्रसन्न निड्डोडी, नागरी)
**फांत्यापाराचें सपण** (वाल्टर नंदळिके, कन्नड)
**छाबूक आनी हेर कथा** (रोनालड मोंतेरो, कन्नड)
**सत्यकाम** (आर.एस.भास्कर, नागरी)
**तांब सूर्या हांव** (प्रकाश द. नायक, नागरी)
**मायी** (सरस्वती द. नायक, नागरी)

**2023**

**कवी आनी कविता** (शरतचंद्र शेणय, नागरी)
**मौन शब्ध** (एन. बालकृषण मल्ल्य, नागरी)
**आत्मनाद** (वैषणवी पी. रायकर, नागरी)
**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)
**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**2024**

**मृगजळ** (कथापाठ अध्ययन, कन्नड)
**मृगजळ** (कथापाठ अध्ययन, नागरी)

**2018-2024**

## डिजिटल आ(आडियो) पुस्तकां (२०१८ थावन)

कथादायज (२५ कथा)
सूर्यो उदेता (२७ कथा)
मायानगरी (३२ कथा)
सूर्यो उदेला (२७ कथा)
कथामृथ (२० कथा)
कथाझर (३० कथा)
मृगजळ (२० कथा)
लोकडावन (कोंकणी कवितेचें आडियो संकलन)



## डो.एडवर्ड एल. नज्रेत

पाटल्या पन्नास वर्सां थावन कोंकणिंत कथाकार जावन दोन कादंबरी, शेंबोरां वयर मोटव्यो कथा बरयल्यात. थोड्यो काणयो कन्नड भाशेंत तर्जण जाल्यात. भलायकेक लग्ती जाल्लीं सभार अंकणां वेग–वेगळ्या नेमाळ्यांनी बरयल्यांत. तशेंच सभार पुस्तकां प्रकाशीत केल्यांत. कोंकणी साहित्यीक काऱ्यांनी संघटक जावन मोटो आधार दिवून आयला. मोटव्या काणयांचीं पुस्तकां ह्ये परीं आसात;

- भुमी वैकुंठांत (१९९४)
- आडवारल्लें फळ (१९९५)
- संयबाचें पाताक (१९९८)
- चामादोराचो पूत (२००३)
- गोलिमार (२०१०)
- व्हडलें फेस्त (२०१६)
- मृगजळ (२०२४)

## पुरस्कार

- कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी थावन उत्तीम पुस्तक (१९९८)
- टी.एम.ए.पै. फौंडेशन थावन उत्तीम पुस्तक (१९९७)
- रचना वृत्तिपर पुरस्कार (२००७)
- कोंकणी कुटम पुरस्कार (२००८)
- संधेश पुरस्कार (२००९)
- कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमिचो जिण्ये आवदेचो पुरस्कार (२०११)
- दायजिदुबाय पुरस्कार (२०१२)
- विकटर रोड्रिगस स्मारक कोंकणी साहित्यीक पुरस्कार (२०१२)
- पयणारी वर्साचो कथाकार (२०२४)

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

\- आशावादि प्रकाशन